श्रीरामकृष्ण अमृतवाणी

महेंद्रनाथ गुप्त
(म)

खंड-१
भाग-२

8139
Deva-Deva
MAH

अणकार:
माणिकराव राम नायक गावणेकार

श्रीरामकृष्ण अमृतवाणी

KONKANI SANSKRITI PRATHISTHAN (R)
Konkani Centre,
Konkani Gao
Shantinagar,
Mangalore
575 016.
8139
Deva / Deva

KONKANI

श्रीरामकृष्ण अमृतवाणी

खंड-1 : भाग-2

महेंद्रनाथ गुप्त
(म)

अणकार
माणिकराव राम नायक गावणेकार

आधार
सुरेश जयवंत बोरकार

माणिकपद्म प्रकाशन
बांदोडा, फोंडें-गोंय

श्रीरामकृष्ण
अमृतवाणी
(खंड-1 : भाग-2)

बरोवपी :
श्री महेंद्रनाथ गुप्त

अणकार :
माणिकराव राम नायक गावणेकार

© **माणिकराव राम नायक गावणेकार**

पयली उजवाडावणी : **2019**

उजवाडावपी :
माणिकपद्म प्रकाशन
बांदोडा, फोंडें-गोंय

छापपी :
श्रीअत्री प्रिंटर्स
कोल्हापूर

मोल : ₹50/-

परमपुज्य

स. रवींद्रबाब केळेकारांक

अर्पण

FOREWORD

The teachings of Sri Ramakrishna Paramahamsa are said to be the condensed teaching of all our scriptures given in a simple language. They flow through the conversations of the great saint with his disciples. The anectodes and illustrations he uses makes even a man of meagre intellect to comprehend easily the highest truths. They were first brought out in a book form, after Sri Ramakrishna left his mortal frame by Sri Mahendra Nath Gupta(shortly M) who himself was present during the conversations.

When the book was published for the first time, Swami Vivekananda said to M in a letter, "....I cannot express in adequate terms how I have enjoyed it. I am really in a transport when I read these words. Strange, isn't it? Our teacher and Lord was so original, and each one of us will have to be original or nothing....."

Holy Mother, Sri Sarada Devi, the divine consort of Sri Ramakrishna also wrote to him, "...It was the Master who left these words in your keeping. Now, he is bringing them out according to the needs of the time....."

It is said that whoever comes in contact with these teachings will get attracted to the book and if he continues, experience of the spiritual bliss will be the result. He who hears these words, he is hearing the words of Lord Himself. He who holds this book is verily holding the feet of the Lord.

The teachings first brought out in Bengali have gone through translations to different languages---both Indian and Foreign. The present book is a translation of the same to Konkani language. On reading the book first time in Marathi and English, Shri Manikrao Ram Naik Gaunekar was very much inspired by it. He felt that the people of Konkan should not be deprived of such a great teaching

which will make even a fool to understand the highest truths. He has worked untiringly over the years to get the book translated into the Konkani, local language of Goa.

It is through divine will of Sri Ramakrishna Paramahamsa that this book is getting published. May the Lord bless the author with all that is good and beneficial.

Swami Hridananda
Secretary
Ramakrishna Mission, Goa

मनोगत

जाणटेल्यांची म्हण आसा : देवळांत नंदादीप लावपाची जर शक्त नासत तर त्या दिव्याची वात सारल्यार लेगीत इल्लें पुण्य मेळटा. हांवें कोंकणींत स्वताचें अशें कांयच बरोवंक ना, पूण कांय अणकार केल्यात. कोंकणी आवयच्या देवळांत ही अणकाररुपी वात सारपाक मेळटा हें म्हजें भाग्यच समजतां.

म्हजे इश्ट सर्गेस्त रवींद्रबाब केळेकारांनी म्हाका एक मंत्र दिल्लो -

जिणेंत अशें एक काम करपाक घे जें तुका जल्मभर पावतलें. आनी हांवें Gospel of Shri Ramkrishna हो एक मोलादीक ग्रंथ कोंकणींत करपाचो थारायलो.

हांव खूब खेपो श्री. रविंद्रबाबागेर वतालों. ते म्हणटाले, आपल्याक तो कोंकणींत करपाचो आसा. तांका बंगाली येताली. हांव तांगेर वतालों तेन्ना तांका ते विशीं विचारतालों. एक दीस ते विशीं हांवें तांकां विचारलें. तांणी म्हणलें, ''आतां कोंकणींत अणकारीत करप म्हजे कडल्यान जावचें ना.'' तेन्ना हांवें उमेदीन सांगलें, ''हांव करतां तें अणकारीत.'' तांका आनंद जालो. ते रोखडेच उठले. भितर वचून आलमारींतलें मराठींत अणकारीत केल्लें, 'श्रीरामकृष्ण वचनामृत' म्हजे कडे दिलें आनी सांगलें, ''संदर्भ म्हूण तुका हाचो उपेग जातलो.''

हांवें सांगलें, 'हांव अणकार करपाक रोखडोच सुरू करतां. तुवें प्रस्तावना बरोवंक जाय.'' तांणी म्हणलें ''बरे भशेन. पूण कोणा कडच्यानय निवळावन घे.'' हांव घरा कडेन आयलों. श्रीरामकृष्णांच्या फोटवाक पांयां पडलों. आनी म्हणलें, ''तुजी कृपा आसची.'' ते राती म्हाका एक दिश्टावो जालो. सपनांत एक स्वच्छ आवाज आयकूंक आयलो, ''तूं बरय म्हजी कृपा आसा.''

हांव जेन्ना जेन्ना रविंद्रबाबागेर वतालों तेन्ना तेन्ना म्हजें बरप खंय पावलां तें ते विचारताले. हांवें एक दीस रवींद्रबाबाक सांगलें, ''तीनशें पानां बरोवन जाल्यांत. प्रस्तावना बरय.'' तांणी म्हणलें, ''पुराय पुस्तक बरोवन जावं दी. मागीर बरयतां. कोण निवळायता तुजें लिखाण?'' हांवें सांगलें, ''सुरेशबाब बोरकार''. तांणी म्हणलें, 'कडक मास्तर तो, तुजें लिखाण बरे रितीन निवळायतलों.''

आयज पुस्तक बरोवन जालां. हें पुस्तक बरोवपा फाटल्यान तांचीच प्रेरणा आसा. तांणी म्हणिल्लें, ''हें पुस्तक कोंकणीत येवंकच जाय, प्रत्येकान हें वाचूंक जाय. मागीर

ईश्वर खंय आसा तें लोकांक बरें कळटलें.'' श्रीरामकृष्ण ह्या पुस्तकांत सांगतात, संवसारी मनीस लेगीत ईश्वराचो साक्षात्कार करून घेवंक शकता. ते अशेंय सांगतात, ईश्वराचो साक्षात्कार जेन्ना जाता तेन्ना साक्षात्कारी मनीस मनशांत ईश्वर पळयता आनी मनशांत जो ईश्वर पळयता तोच खरो साक्षात्कारी मनीस.

हें पुस्तक महेंद्र गुप्तान मूळ बंगालींत बरयलां. हो पयल्या खंडाचो दुसरो भाग, हांवें कोंकणी अणकार इंग्लीश अणकारा वयल्यान केला. मराठींत जो अणकार आसा ताचोय हांवें पालव घेतला.

श्री. सुरेशबाब बोरकारान सामक्या निसुवार्थीपणान म्हजें हें पुस्तक निवळावपाचें काम केलां. म्हणुनूच अशे इश्ट मेळप हें भाग्य. हे खातीर हांव ताच्या रिणांत सदांच उरतलों.

ह्या पुस्तकाचें टंकलेखन कुमारी प्रशिला नायकान केलां. मुद्दाम वास्को सावन येवन केन्ना केन्ना बरोवनय घेतालें. ताचे उपकार मानीत तितले थोडे. ताचो हांव खूब उपकारी आसां. श्री. बोरकारान तपासून परत टंक लेखन करपा वेळार ताचो कॉम्प्युटर मोडलो. तो सारको कसोच जायना जालो. सगलेंच परत टंकलेखन करचें पडलें. तें काम श्री. सुशांत नायकान हातांत घेतलें. टंक लेखन करून दिलें. इतलेंच न्हय पुस्तकाच्या आकारान करपाचें काम लेगीत तांणीच मोट्या कश्टान केल्ले खातीर हांव तांचो खूब उपकारी आसां. तशेंच रश्मी तनावडेकार, श्रीमती सावंत हांणी कांय भाग टंकलेखन केला. तशेंच कु. शैलजा देवुस्कर हांचोय हांव उपकारी आसां. तेच भशेन रिया ग्राफीक्स हांचोय हांव उपकारी आसा.

म्हजी घरकान्न सौ. पद्मजा गावणेकारान मदीं मदीं अचूक कोंकणी उतर सांगपाक खूब पालव दिला. तशेंच म्हगेलीं सगलीं घरचीं, तेच प्रमाण म्हजी नात सौरभी बुडकुले आनी नातू अमोल बुडकुले आनी म्हजो जांवय श्री. सुशांत कामत हांणी म्हजें लिखाण मदीं मदीं बरोवन घेतलां. म्हणून हांव तांचो सगल्यांचो उपकारी आसां. तेच प्रमाण श्री. सोममनाथ कामत धाकणकार हांणी पुस्तक बारकायेन वाचून सुचोवण्यो केल्यो. हांव तांचोय उपकारी आसां.

सर्गेस्त रवींद्रबाब केळेकार हे कोंकणीचे एक व्हड उदगाते, ते कोंकणीचे 'प्राण' आशिल्ले. शणै गोंयबाबां फाटल्यान तांणीच कोंकणीची घुडी फुडें व्हरपाक फुडाकार घेतलो. तांचे प्रेरणेनूच हांवें हें पुस्तक बरयलां. देखून हांव हें पुस्तक तांकांच अर्पण करतां.

माणिकराव राम नायक गावणेकार

प्रस्तावना

श्रीसमर्थ रामदास स्वामींच्या 'करूणाष्टकें'त अशें आयलां:

सदा सर्वदा योग तूझा घडावा।।26।।

रामदास स्वामी परमात्म्या कडेन आपलो योग घडून येवचो म्हणून प्रार्थना करतात. अशी प्रार्थना दर एक भक्त करता. योग घडून येवप म्हणल्यार परमात्म्यांत एकरूप जावप. अशें घडून येतलें जाल्यार परमात्मो दिसचो पडटलो. तो कसो दिसतलो?

श्रीसमर्थ रामदास स्वामींच्या 'श्रीमनाचे श्लोकां'त अशें आयलां:

गुरूवीण तो सर्वथाही न दिसे।।179।।

गुरू बगर तो केन्नाच कसोच दिसचो ना. आनी तो दिसले बगर ताच्यांत एकरूप जावंक जमचें ना.

अध्यात्माचें हें इतलें सादें आनी सरळ सारतत्व आसा. पूण हें सारतत्व सादें आनी सरळ आसुनूय मन हजार प्रश्न तयार करता. त्या प्रश्नांच्यो जापो मेळपाची गरज आसता.

गुरू, संत-महात्मे संवसारांत तेच खातीर येतात. अनादी काळा पसून ते येत आसात अशें म्हणटात. फकत हिंदुस्तानांतूच न्हय, हेर कडेनूय बी ते आयल्यात. पूण हिंदुस्तानांत ते चड प्रमाणांत आयल्यात. म्हणून हांगासरल्या लोकांचो अध्यात्मा वटेन कल चड आसा.

अशे संत-महात्मे ज्या वाठारांनी येतात ते वाठार धन्य. श्री गुरू अर्जुन देव हे शिखांचे पांचवे गुरू आपल्या गुरूक लेखून उद्‌गार काडटात:

धंनु सु देसु जहाँ तूं वसिआ

अशे वाठार धन्य आनी अश्या संत-महात्म्यांच्या संपर्कांत आयिल्ले लोकूय बी

धन्य. तांच्या जिवनाचें सार्थक जालें.

अध्यात्माची भूक लागिल्ल्यांक, मुमुक्षूंक, साधकांक ह्या संवसारांत रावनूय कशे तरेन परमात्म्या कडेन एकवट सादप आनी तो सादपाचे वाटेर मनाची जी खडेगांठ आडखळ आसा ती कशी पयस करप हें ते तांकां सांगतात. होंवयो, श्लोक, अभंग, दोहे, गझल, पदां अश्या काव्याच्या माध्यमान वा प्रवचनां, सत्संग, संवाद अश्या गद्याच्या माध्यमांतल्यान ते विसकटावणी करून सांगतात. मनाक लागून सगूण, निर्गूण, साकार, निराकार, द्वैत, अद्वैत, अशे कितलेशेच प्रश्न निर्माण जातात आनी ह्या सगल्या काथ्यांतल्यान खऱ्या मुमुक्षूक वाट काडपाक जमना. तेन्ना अश्या संत-महात्म्यांच्या संपर्कांत तो येतकच ताका ती मेळूंक पावता. आनी ताची चाल, मात्तूय कसल्या दुबावाचें सांवट नासतना एकेच दिकेन मेकळेपणान चलता.

अशे तरेचो म्हापुरूस बंगालांत 1836 वर्सा जल्माक आयलो आनी मुखार श्रीरामकृष्ण ह्या नांवान प्रसिद्ध जालो. कांय विभुती जल्मताच दैवी गूण घेवन येतात. श्रीरामकृष्णांचेंय तशेंच जालें. जल्मताच परमात्म्याची ओड तांकां स्वस्थ बसूंक दिना जाली. दक्षिणेश्वरच्या कालीमातेच्या देवळांत पुजारी म्हणून रावतकच ती कालीमाता हेंच आपले आराध्य दैवत अशें मानून तिचे सांगणेन ते आपलीं कामां करूंक लागले. तिका 'आई' म्हणून उलो मारून आपली तळमळ ते तिचे कडेन उकती करताले. आनी ही 'आई'य बी तांकां फावो तो आधार दिवन तांचें अध्यात्मीक उत्थान जावपा खातीर गरजे पुरतो संवसारीक वावर चलपाक फावो तो पालव दिताली.

परमात्म्या कडेन भक्ताचें नातें कितल्याच तरांचें आशिल्लें पळोवंक मेळटा. तमाम भक्तांचें धनी आनी दास अशें नातें आसा. श्रीराम आनी हनुमान हांचे मदीं हें अशें नातें. श्रीकृष्ण आनी राधा हांचे मदीं मोगी आनी मोगिका अशें नातें. श्रीकृष्ण आनी अर्जुन हांचे मदीं इश्टांचें नातें. परमात्मो आनी जेजू क्रिस्त हांचे मदीं बापूय आनी पूत अशें नातें जाल्यार परमात्मो आनी श्रीरामकृष्ण हांचे मदीं आवय आनी पूत अशें नातें.

कसल्याय स्वरूपाचें नातें आसलें जाल्यारूय गुरूची गरज लागताच लागता. सगल्या संत-महात्म्यांनी ही गजाल खूब मोटो भर दिवन सांगल्या.

कबीर साहिबांची वाणी आसाः

गुरु गोबिंद दोऊ खडे, का के लागौं पाँय।
बलिहारी गुरु आपने, जिन गोबिंद दियो बताय।।

अशें म्हणटात, शिश्य तयार आसता तेन्ना गुरू आपूण जावन ताचे सरीं पावता.

अशीच गजाल श्रीरामकृष्णां संबंदान घडली. तांची पणटी तेल वात घालून तयार आसली. ती पेटोवंक फकत दुसरे पेट्टे पणटेची गरज आसली. ती तांकां श्रीमत तोतापुरींच्या रुपान मेळ्ळी. परमहंस तोतापुरी 1865 वर्साचे सुरवातीक दक्षिणेश्वरा आयले. तोतापुरी कडेन वळख जातकच तांचे कडल्यान संन्यासाश्रमाची दिक्षा घेवची काय ना तें विचारपाक ते आपले 'आई'कडेन गेले आनी 'आई'न तांकां तशी परवानगी दिली. ते मोट्या आनंदान तोतापुरी कडेन आयले आनी दिक्षा घेवपाची आपली तयारी आसा म्हणपाचें तांकां सांगलें.

पुरातन काळा पसून चलत आयिल्ले परंपरे प्रमाण गुरून तांकां कौपीन, काषायवस्त्र आनी श्रीरामकृष्ण हें नाम दिलें. उपरांत उपदेशा खातीर ते गुरू मुखार एकाग्र चित्तान बसले.

तांकां समाधी अवस्था प्राप्त करून दिवपाक तोतापुरी तरेकवार पद्धतींनी धडपडटाले. पूण ध्यान करूंक बसले म्हणटकच 'आई'ची मूर्त तांच्या दोळ्यां मुखार येताली आनी मन कशेच तरेन निर्विकल्प जायनासलें.

अशें एक सारकें तीन दीस जातकच तोतापुरींनी एक कंवचेचो कुडको घेवन तो तांच्या दोनूय भुंवयांचे मदीं तोपून तांकां सांगलें, 'हांगा मन एकाग्र कर.'

उपरांत कसलोच विकल्प मनांत उरूंक नाशिल्ल्यान तांकां समाधी लागली. समाधींत आसतना तीन दीस गेले तरी श्रीरामकृष्ण समाधींतल्यान उठनात तें पळोवन तोतापुरींक अजाप जालें. जें साध्य करून घेवपा खातीर आपल्याक चाळीस वर्सां लागलीं तें श्रीरामकृष्णांक कांय न्हय करून तीन दिसां भितर मेळिल्लें पळोवन तांकां खूब आनंद जालो. श्रीरामकृष्ण निर्विकल्प समाधी जोडून म्हणल्यार परब्रह्मांतले सहजसमाधी अवस्थेंत पावल्यात म्हणपाचें तांकां कळून आयलें. आपले शक्तीन तांणी श्रीरामकृष्णांची समाधी देंवयली. श्रीरामकृष्ण आतां परमहंस जाल्ले.

श्रीरामकृष्ण आतां अध्यात्मीक ज्ञानान परिपूर्ण जाल्ले. तें ज्ञान आतां दुसऱ्यांक वांटपा खातीर ते तयार जाले.

शास्त्रांतलें आनी संतवचनांतलें सत्य मनबुद्दीच्या पेल्यानचें आसता. तें फकत सिद्ध पुरुशूच विसकटावन सांगूंक शकतात.

हीच गजाल श्रीरामकृष्णां कडल्यान घडली.

आनी हीच गजाल आमकां 'अमृतवचनां'त वाचूंक मेळटा.

श्री. महेंद्रनाथ गुप्त हे गृहस्थी शिक्षक तांचे म्हऱ्यांत 1882 ह्या वर्सा फेब्रुवारी म्हयन्यांत पावले. तेन्नाच्यान श्रीरामकृष्ण साधक, मुमुक्षू, पंडीत, नास्तीक, गिरेस्त, दुबळे, साधू, गृहस्थी अश्या सगल्या थरांतल्या लोकां कडेन जी भासाभास करताले,

अध्यात्मांतलीं गुह्यां आनी सत्यां जे तरेन ते दाखले दिवन, गितां म्हणून, दृश्टांत सांगून आनी अदीं मदीं तांकां येताले ते समाधी वरवीं सहजपणान, प्रत्यक्षपणान, स्वता देख जावन दाखयताले तें सगलें तांच्या 24 एप्रील 1886 ह्या दिसा मेरेन आनी उपरांत मे 1887 मेरेन जाल्ल्या शिष्यां मदलो संवाद तांणी दीसपटयेच्या रुपान बरोवन दवरलो.

मूळ बंगाली भाशेंत 'श्री श्री रामकृष्ण कथामृत' ह्या नांवान ती दीसपटी ग्रंथरुपान उजवाडाक आयली. तातूंत स्वता महेंद्रनाथ गुप्त 'म' ह्या नांवान तिसरो पुरुशी जावन अध्यात्माचो हो विशय आमचे मुखार हाडटात. हो सुमार देड हजार पानी ग्रंथ स्वामी निखलानंदांनी इंग्लीशींत The Gospel of Shri Ramakrishna ह्या नांवान अनुवादीत करून संवसारा मुखार हाडलो.

ताचेंच हें कोंकणी रूप.

भौ. माणिकराव गावणेकारांनी आपल्या जाणटेपणांत मोटे कश्ट घेवन हो ग्रंथ कोंकणींत अनुवादीत केला. कोंकणी वाचकांक हें अध्यात्मधन ह्या ग्रंथा वरवीं उपलब्ध जालां.

भौ. माणिकरावांनी हो येदो व्हड वावर केल्ले खातीर अध्यात्माची भूक लागिल्ले म्हजे सारके तांचे रिणी आसात.

सुरेश जयवंत बोरकार
परवरी–गोंय

टीप : गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी–गोंय हे संस्थेन 2007 वर्सा उजवाडायिल्ले 'कोंकणी शुद्धलेखनाचे नेम' हे पुस्तिकेंत दिल्ल्या नेमां प्रमाण ह्या ग्रंथांतलें शुद्धलेखन आसा.

मांडावळ

अध्याय : छत्तीस	1
अध्याय : सात्तीस	10
अध्याय : आठ्ठीस	16
अध्याय : एकुणचाळीस	18
अध्याय : चाळीस	28
अध्याय : एकेचाळीस	35
अध्याय : बेचाळीस	41
अध्याय : त्रेचाळीस	47
अध्याय : चवेचाळीस	49
अध्याय : पंचेचाळीस	52
अध्याय : शेचाळीस	54
अध्याय : सत्तेचाळीस	65
अध्याय : अठ्ठेचाळीस	75
अध्याय : एकुणपन्नास	77
अध्याय : पन्नास	86
अध्याय : एकावन	90
अध्याय : बावन	94
अध्याय : त्रेप्पन	102
अध्याय : चवपन	110
अध्याय : पंचावन	114
अध्याय : छाप्पन	122
अध्याय : सत्तावन	131
अध्याय : अठ्ठावन	139
अध्याय : एकुणसाठ	148
अध्याय : साठ	166

अध्याय : एकसठ 173
अध्याय : बासठ 183
अध्याय : त्रेसठ 186
अध्याय : चवसठ 193
अध्याय : पांसठ 196
अध्याय : सांसठ 199
अध्याय : सातसठ 205
अध्याय : आठसठ 210
अध्याय : एकुणसत्तर 213
अध्याय : सत्तर 222
अध्याय : एक्यात्तर 224

अध्याय : छत्तीस

कालीवाडींतल्या भक्तांच्या सांगातान

जून 4, 1883. सोमार. सकाळचीं सुमार णव वरां जाल्लीं. देवळाचे बागेंत भक्त जमूंक लागिल्ले. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वराचे तांगेले कुडींत गंगेक तोंड करून बशिल्ले.

म आदल्या दिसा थंयच राविल्लो. म तांचे लागींच बशिल्लो. बलराम आनी हेर भक्त थंय आशिल्ले. राखाल श्रीरामकृष्णांचे मांडयेर तकली दवरून थंयच न्हिदिल्लो. फाटले कितलेशेच दीस श्रीरामकृष्ण राखाला कडेन साक्षात ल्हान कृष्णाच्या भावान पळयताले.

त्रैलोक्यबाबू* फुडल्यानूच कालीमातेच्या दर्शना खातीर वताले तें पळोवन श्रीरामकृष्णांनी, राखालाक उठपाक सांगलें. श्रीरामकृष्ण बसले. त्रैलोक्यबाबूंनी येवन नमस्कार केलो.

श्रीरामकृष्ण: (त्रैलोक्यबाबूंक) कितें गा! काल यात्रेचें नाटक जालें ना?

त्रैलोक्य: ना महाराज. आमकां सारकी तयारी करूंक जमली ना.

श्रीरामकृष्ण: जालें तें जालें, पूण परत अशें जावचें ना हाची जतनाय घेयात. देवळाचे परंपरे प्रमाण जावंक जाय.

त्रैलोक्यबाबू योग्य जाप दिवन थंयच्यान गेले. कांय वेळा उपरांत विष्णूच्या देवळांतले पुजारी राम चटर्जी थंय आयले.

श्रीरामकृष्ण: (रामाक) त्रैलोक्यबाबूंक हांवें म्हणलें, 'ह्या वेळार नाटक जावंक ना हें बरें आसा पूण परत मात अशें जावंक जायना. म्हजें हें म्हणप बरोबर न्हय?'

राम: तातूंत कितें? महाराज, तुमी म्हणलां तें योग्यच आसा. जशी प्रथा आसा तशेंच जावप गरजेचें.

श्रीरामकृष्णांनी बलरामाक थंयच जेवन वचूंक सांगलें. जेवणा पयलीं श्रीरामकृष्णांनी

---

*मथूराचो चलो आनी राणी रासमणीचो नातू. देवळाचो तो 1871त धनी जाल्लो.

स्वताच्या ईश्वरी अणभवा विशीं खूब गजाली भक्तांक सांगल्यो. राखाल, म, रामलाल आनी कांय भक्त बशिल्ले.

हाजराचेर राग
श्रीरामकृष्ण आनी ईश्वर दर्शन

श्रीरामकृष्ण: मदीं मदीं तो हाजरा म्हाका उपदेश करपाक येता. म्हणटा, 'पोरां खातीर इतली चिंता कित्याक करता?' एक दीस गाडी करून बलरामाच्या घरा वतालों. मनाक हे विशीं सामको त्रास जाल्लो. हांवें जगन्मातेक म्हणलें, 'माते, हाजरा म्हणटा, नरेंद्राची आनी हेर भुरग्यांची हांव खुबूच चिंता करीत बसतां. तो म्हणटा, ईश्वराचें चिंतन करपाचें सोडून हांव ह्या भुरग्यांची चिंता कित्याक करतां?' हें उलयतां थंय आसां, इतल्यांत आईन दाखोवन दिलें, तीच सगलीं मनशां जाल्या.

तातूंत शुध्द आत्म्यांत तिचो उजवाड चड आसता. तसलें दर्शन जातकूच समाधी लागली. समाधी उपरांत हाजराचो खूब राग आयलो. मनांत आयलें, ह्या फटिंगान म्हजें मन ओगीच दुख्खी केलें, पूण परत विचार आयलो, ताका बावड्याक तरी हांव कित्याक दोश दिवं? ताका हें सगलें कळटा?

नरेंद्राची – श्रीरामकृष्णांची पयली भेट

श्रीरामकृष्ण: म्हाका सामकें खबर आसा. हे भुरगे म्हणचे प्रत्यक्ष नारायणूच. नरेंद्राची पयलेच खेपे भेट जाल्ली तेन्ना त्या वेळार ताका पळयलो. ताचे भितर देहबुद्द ना. ताचे छातयेक मातसो स्पर्श केला मात ताची भायल्या जगाची जाणच ना जाली. शुध्दीर येतकूच तो म्हणूंक लागलो, 'तुमी म्हाका हें कितें केलां? म्हाका घरा आवय-बापूय आसात.' यदू मल्लीकाच्या घराय असोच प्रसंग घडलो. ल्हव ल्हव ताका पळोवपाची व्याकूळताय वाडूंक लागली. प्राण सामकें आकूळ पिकूळ जावंक लागले. तेन्ना भोलानाथाक म्हणलें, 'आगा! म्हाका अशी ओड कित्याक लायता?' भोलानाथान म्हणलें, 'हाचो खुलासो तुमकां महाभारतांत मेळटलो. समाधीमग्न मनशाचें मन जेन्ना सकयल येता तेन्ना सत्वगुणी मनशाचो सांगात जाय आसता. सत्वगुणी मनशाक पळयता तेन्ना ताचें मन शांत जाता.' हें जेन्ना आयकलें तेन्ना म्हजें मन शांत जालें. मदीं मदीं तर हांव एकटोच बसतां आनी ताका पळोवपा खातीर रडत आसतां.

पयलींची जीण

श्रीरामकृष्णांचो प्रेम-उन्माद आनी रुपदर्शन

श्रीरामकृष्ण: आवयस! मनाच्या कसल्या कसल्या अवस्थांतल्यान गेलां हांव! पयले खेपो जेन्ना तो अणभव आयलो तेन्ना दीस केन्ना जाता आनी रात कशी वता, कांयच कळनाशिल्लें. सगले म्हणटाले, हांव पिसो जालां म्हूण. आनी ते तरी कितें म्हणटले! मागीर हांणी म्हजें लग्न करून उडयलें. त्या वेळार म्हजी ईश्वरी चैतन्यमय उन्माद अवस्था आशिल्ली. पयलीं पयलीं बायले विशीं म्हाका हुसको दिसतालो. मागीर विचार केलो, हांव खातलों तशी ती खातली-पियेतली आनी हांव रावतां तशी ती रावतली.

एक खेपो मावोड्या गेल्लों. थंय एक किर्तनाची कार्यावळ दवरिल्ली. तो एक व्हड धर्मीक उत्सव आशिल्लो आनी त्या निमतान खूब नाम संकिर्तन जाल्लें. मदीं मदीं म्हजें फुडें कितें जातलें हे विशीं विचार येताले. जगन्मातेक हांव म्हणटालों, हांगां सरले भाटकार जर म्हाका भौमान दीत तर हांव समजतलों, म्हजे अध्यात्मीक अणभव खरे म्हणून. आनी ते लेगीत आपूण जावन येताले आनी म्हजे कडेन उलयताले.

वा! कितली ती आनंदान उपाट भरिल्ली अवस्था! सामके सादे गजाली खातीर लेगीत ईश्वरी चैतन्याची जाण येताली. ईश्वराची सुंदर भावनेन पुजा करपाची म्हणून एका चौदा वर्सांचे कुमारिकेची पुजा केली. अशें दिसलें की साक्षात माता, जगन्माताच ते कुमारीकेच्या रुपान आयल्या. पुजा सोंपले उपरांत एक रुपया तिचे मुखार दवरून तिका पांयां पडलों. एक खेपो रामलिला पळोवंक गेल्लों. अशें दिसलें की संवंगां करपी खरेंच सीता, राम, लक्ष्मण, हनुमान, बिभीशण बी आसात. आनी मागीर त्या सगल्या नटांची आनी नटयांची पुजा केली.

त्या वेळार कुमारिकांक आफोवन तांची पुजा करतालों. अशें दिसतालें की साक्षात जगन्मातेचींच रुपां तीं.

एक दीस हांवें पळयलें, एक अस्तुरी निळीं वस्त्रां न्हेसून ओंवळिणीचे सकयल उबी आशिल्ली. ती वेश्या आशिल्ली. अचकीत तिका पळयना फुडें म्हाका सीतेचो दिश्टावो जालो. मुखार आशिल्ले अस्तुरेचो विसरूच पडलो. आनी अशें दिसलें की प्रत्यक्ष सीताच रावणाचे बंदखणींतल्यान सुटून रामाक मेळपाक वता. बरोच वेळ भायल्या जगाचो विसर पडलो आनी हांव समाधीमग्न जालों.

आनीक एक दीस कलकत्तांतल्या मळार भोंवपाक गेल्लों. हवेन भरिल्लो व्हडलो बोमाडो वयर गेल्लो तें पळोवपाक व्हड गर्दी जमिल्ली. अचकीत हांवें एक इंग्लीश भुरगो झाडाक तेंकून आसा तो पळयलो. झाडाक सामको तेंकून उबो आशिल्ल्यान ताचें शरीर तीन कडेन वांकडें जाल्लें. ताचेर नदर पडना बराबर श्रीकृष्णाचो दिश्टावो जालो

आनी म्हाका समाधी लागली.

एक खेपो शिऊडाक हांवें राखण्यांक जेवंक वाडलें. मिठाय तांच्या हातांत दिली. असो दिश्टावो जालो की ते साक्षात वृंदावनांतले राखणे आसात आनी मागीर तांच्या हातांतलें हांवेंय थोडें थोडें खालें.

त्या वेळार चड करून सदांच भायल्या जगाचें भान नासतालें. कांय दिसां खातीर मथूरबाबून म्हाका तांगेल्या जानबाजरांतल्या वाड्यार व्हरून दवरलो. थंय आसतना म्हाका अशें दिसूंक लागलें की हांव साक्षात जगन्मातेची दाशी जालां. घरांतल्यो बायलो म्हजे कडेन वागतना मात लेगीत लजनाशिल्ल्यो. हांव तांकां सामको तांचे भशेनूच एक बायल वा ल्हान भुरगो वा चली दिसतालों.

एके दाशीक सांगाताक घेवन मथूरबाबूचे धुवेक तिच्या घोवाचे कुडींत न्हिदपाक हांव पावयतालों. अजून लेगीत साद्या कारणा खातीर म्हाका ईश्वरी दिश्टावो जाता. राखाल पुटपुटत जप करता तें आयकून म्हाका स्वताचेर ताबो दवरूंक जमना. ईश्वराचे स्मृतीन मन भारावन सामकें घुसमटून वता.

जगन्मातेची दाशी म्हूण पुजा करतना तरातरांच्या अणभवांच्यो यादी श्रीरामकृष्ण सांगूंक लागले. तांणी म्हणलें, ''एक खेपो गवयाक हांवें संकिर्तन करपी एके अस्तुरेची नक्कल करून दिस्तादिस्त दाखयली. तांणी सांगलें, म्हजी नक्कल सामकी बरोबर आसा. आनी म्हाका, हांव हें खंय शिकलों काय म्हूण विचारलें''.

अशें म्हणून श्रीरामकृष्णांनी तीच नक्कल भक्तां मुखार करून दाखयली. ती पळोवन सगले जाण मोट्यान हांसले.

मणिलाल आनी हेर भक्त
'हेतू विरयत दयासिंधू' श्रीरामकृष्ण

दनपारच्या जेवणा उपरांत श्रीरामकृष्णांनी मातसो विसव घेतलो. मणिलाल मल्लीक भितर आयले आनी तांणी तांकां नमस्कार केलो आनी ते मुखार येवन बसले.

मल्लीक ब्राह्मसमाजाचे खूब पयलींचे सभासद. श्रीरामकृष्ण आजून न्हिदिल्लेच आशिल्ले. मणिलाल मदीं प्रश्न विचारताले. अर्दवट न्हिदेंतूच श्रीरामकृष्णय मदीं मदीं एक-दोन शब्दांनी जापो दिताले. मणिलालांनी सांगलें, ''शिवनाथ नित्यगोपाळाची खूब तोखणाय करता. आनी ताचो अध्यात्मीक पांवडो खूब व्हडलो आसा अशें म्हणटा.'' श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत न्हिदेंतूच आशिल्ले. हाजरा विशीं तांकां कितें दिसता, तेंय बी विचारताले.

मागीर ते तांगेल्या हांथरुणाचेर उठून बसले आनी मणिलालांक तांणी शिवनाथाचे भक्ती विशीं सांगलें.

श्रीरामकृष्ण: कितली उंचेली अवस्था ताची! ईश्वरा विशीं पद सुरू करतकूच दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवंक लागतात. हरीशाक पळोवनूच तो भाववश आनी आनंदीत जालो. ताणें सांगलें, 'हरीश खूब भाग्यवान.' हें ताणें सांगलें, कारण हरीश मदीं मदीं घरदार सोडून हांगां रावतालो.

श्रीरामकृष्णांनी मक विचारलें, ''बरें हें सांग, भक्तीचें कारण कितें? भवनाथ आनी हेर भुरग्यां भितर भक्ती जागृत कित्याक जाता?''

म ओगीच रावलो

श्रीरामकृष्ण: सांगूं? खरी गजाल अशी आसा की मनशां भायल्यान दिसपाक सगलीं एक सारकींच आसतात पूण तातूंत कोणा कोणा भितर चड खवो भरिल्लो आसता. पोळयेंत उड्डाचे दाळीचें पीठ भरप चड आसता आनी खवो लेगीत भरिल्लो आसता. पूण दोनय पोळयो भायल्यान दिसपाक सारक्योच आसतात न्हय! तशें ईश्वर दर्शनाची उत्कटताय, ताचे विशीं खर मोग आनी हेर अध्यात्मीक गूण हाकाच भरिल्लो खवो म्हणटात.

गुरूकृपेन मुक्ती आनी स्वरूप दर्शन
श्रीरामकृष्णांचें अभयदान
श्रीरामकृष्णांचो भक्तांक धीर

श्रीरामकृष्ण: (मक लेखून) कांय जाण समजतात, 'हांव बध्द जीव. म्हाका ज्ञानभक्तीचो केन्ना लाव जावपाचोच ना.' पूण गुरूची कृपा आसल्यार कसलोच भंय ना. एक खेपो एके वागणीन बोकड्यांच्या कळपाचेर हल्लो केलो. ती आशिल्ली गाबणी. उडी घेवपाच्या बोवाळांत तिणें एका पेट्याक जल्म दिलो. आनी स्वता प्राण सोडलो. फुडें जालें अशें की ती वागीण मेली आनी तो पेटो त्या बोकड्यांच्या कळपांतूच वाडूंक लागलो. बोकड्यो तण खाताल्यो, हो पेटोय तें पळोवन तांचेच भशेन करूंक लागलो. करतां करतां हो पेटो खूब व्हड जालो. तरी लेगीत तो तणूच खातालो. एक दीस त्या कळपाचेर आनीक एका वागान घुरी घाली. बोकड्यांच्या कळपांतल्या त्या तण खावपी वागाक पळोवन तो सामको अजापीत जालो. फाटलाव करून त्या रानटी वागान ताका धरलो. आनी ओडीत उदका म्हऱ्यांत व्हेलो आनी म्हणलें, 'पळय! पळय! तुजें तोंड पळय ह्या उदकांत. पळय! सामकें म्हजे सारकेंच तुजें तोंड आसा काय ना तें पळय. आनी हें थोडें मांस खा.' अशें म्हणून बळजबरेन

ताच्या तोंडांत मांस घालें. पूण तण खावपी वागान तें खालें ना आनी तो बें बें करूंक लागलो. निमणें रक्ताची रूच लागतकूच ताणें मांस खावपाक सुरवात केली. तेन्ना त्या रानटी वागान म्हणलें, 'समजलें आतां? हांव जो आसा तोच तूं आसा. तुजे आनी म्हजे भितर कांयच फरक ना. चल आतां म्हजे बराबर. आमी रानांत वचुया.'

म्हणून गुरूची कृपा जाल्यार कसलोच भंय ना. गुरूच समजावन सांगतलो, तुमी कोण! आनी तुमचें स्वरूप कितें तें! साधक जर थोडी-भोव साधना करीत तर गुरू सगलें कितें समजावन सांगतलो. मागीर ताकाच समजतलें - सत कितें आनी असत कितें तें. ईश्वरूच सत आनी संवसार मायावी.

एक खेपो एके राती एका खारव्यान कोणा एकाचे बागेंत वचून नुस्त्याची चोरी करपा खातीर थंयच्या तळ्यांत आपलें जाळ घालें. मालकाक खबर कळटकूच ताणें त्या खारव्याक धरपा खातीर तागेल्या चाकरां सांगतान ताका रेवाडो घालो. आनी मागीर कवदे पेटोवन चोराक सोदपाक तांणी सुरवात केली. इतले मदीं त्या नुस्तेकारान आंगाक गोबोर लायलो आनी एका झाडा सकयल तो साधू जावन बसलो. लोकांनी चोराक खूब सोदलो पूण कांयच उपेग जालो ना. कोणूच खंय मेळ्ळो ना. फकत एका झाडा सकयल एक साधू आंगाक बिबूत लावन ध्यानस्त बशिल्लो दिश्टी पडलो. दुसऱ्या दिसा गांवांत एकूच खबर की अमके बागेंत एक व्हड साधू आयला. मागीर सांगपा माणसुकी ना. लोकांच्यो झुंड्यो, फुलां, फळां घेवन येवंक लागल्यो. मिठाय मुखार दवरून लोक पांयां पडूंक लागले. साधू सामकार रुपये पयशे लेगीत दवरूंक लागले. खारवी आपले भितरूच विचार करूंक लागलो. कितें अजाप हें! हांव खरो साधू न्हय. तरी म्हजेर लोकांची ही भक्ती. तर मागीर हांव खरो साधू जालों जाल्यार म्हाका ईश्वराचें दर्शन खात्रेन जातलें. हाचे विशीं मात लेगीत दुबाव ना.

साधनेचें ढोंग करून जर धर्मभाव जागृत जाता. तर मागीर खरी साधना केली जाल्यार कितलो व्हड परिणाम जातलो हाची कल्पनाच केल्ली बरी. खर साधना करतकूच सत कितें आनी असत कितें तें कळूंक लागता. ईश्वरूच सत आनी संवसार मायावी.

हें सगलें आयकतना एक भक्त मनांत विचार करूंक लागलो. संवसार अनित्य? मागीर नुस्तेकारान संवसाराचो त्यागच केल्लो अशें जर आसत तर जे संवसारांत आसात तांचें कितें? तांणी लेगीत संवसाराचो त्यागच करूंक जाय? दयासागर श्रीरामकृष्णांनी जशें कितें ताचें मनोगत वळखून म्हणलें, "समज एका कारकुनाक धरून बंदखणींत घालो. थंय तो बंदखणींत जगता हे विशीं दुबाव ना. पूण जेन्ना ताका बंदखणींतल्यान सोडटले तेन्ना तो कितें रस्त्यांतल्यान नाचत रावतलो? तशें तो केन्नाच करचो ना. तो

परत कारकुनाचें काम मेळयतलो. आनी पयलीं भशेन कारकुनाचें काम करीत रावतलो. गुरू कृपेन एक खेपो ज्ञानाचो लाव जातकूच ते उपरांतूय संवसारांत जिवनमुक्त जावन रावं येता.'' अशे तरेन श्रीरामकृष्णांनी संवसारी लोकांक खात्री करून दिली.

श्रीरामकृष्ण आनी निराकारवाद
विश्वासच – सार

मणिलाल: दिसपट्टी पुजा करपा वेळार ईश्वराचें ध्यान खंय करपाचें?
श्रीरामकृष्ण: कित्याक म्हणटात अशें? ध्यान करपा खातीर काळीज ही एक उत्तम सुवात आसा. थंय करचें ध्यान.

मणिलाल ब्राह्मसमाजी आनी निराकारवादी. तांकां लेखून श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''कबीर म्हणटाले, 'साकार म्हजी आवय आनी निराकार म्हजो बापूय. हांव कोणाची पुजा करूं? कोणाक हांव दुशण दिवं? तागडेचीं दोनय दालीं सारकींच.'

हलधारी दिसाचें साकाराचें ध्यान करतालो आनी निराकाराचें ध्यान रातचें करतालो. खंयचोय भाव जरी धरलो तरी, जर तुमचो खर विश्वास आसत तर तुमकां ईश्वराचो साक्षात्कार खात्रेन जातलो. तुमी साकार रुपांत देवाचेर विश्वास दवरात वा निराकार रुपांत देवाचेर विश्वास दवरात. तुमची श्रध्दा शुध्द निर्मळ जाय.

पयलींची जीण – पयलेच खेपेक उन्माद

शंभू मल्लीक, बागबाजारा सावन पांयांनी दक्षिणेश्वरा कडले स्वताचे बागेंत येतालो. एक खेपो एका इश्टान ताका म्हणलें, 'इतलें पयसुलें अंतर पांयांनी चलत येवप जोखमीचें. गाडी करून कित्याक येना तूं?' हाचेर रागार जावन शंभून म्हणलें, 'कितें! देवाचें नांव घेत घेत हांव भितर सरलां. म्हजेर आनी कसलें संकश्ट येवं येता?' विश्वासान सगलें कितें मेळोवं येता. हांव सदांच म्हणटालों, 'अमक्याची भेट जातली वा देवळाचे बागेचो अधिकारी म्हजे कडेन येवन उलयत तर हांव हें सगलें खरें मानतलों' आनी हांव जें कितें मनांत धरतालों तें तशेंच घडटालें लेगीत.

म पाश्चात्य तर्कशास्त्र शिकिल्लो. हेत्वाभास ह्या प्रकरणांत ताणें वाचिल्लें, फांतोडेर पडिल्लीं सपनां खरीं थारतात अशी अंधश्रध्दा फकत मनिसूच मानतात. म्हणून ताणें श्रीरामकृष्णांक विचारलें, ''अपवाद म्हणून अशें घडलें ना अशें केन्ना जावंक ना?''

श्रीरामकृष्ण: ना. त्या वेळार सगलेंच खरें थारतालें. त्या वेळार देवाचें नांव घेतालों. आनी अशे तरेन घडटालें, असो विश्वास दवरतालों आनी तशेंच घडटालें. (मणिलालांक) पूण मतींत दवरात, सरळ उदार आसले बगर असली श्रध्दा आसूं नजं. हाडकुटो, खोल भितर गेल्ल्या दोळ्यांचो, तिरसो असले तरेचीं लक्षणां आशिल्ल्या लोकांचो सहजतायेन विश्वास बसना.

तिनसांज जाली. सेविकेन कुडींत धूप घालो. मणिलाल आनी हेर भक्त कलकत्ताक वचपाक गेले. म आनी राखाल कुडींत आशिल्ले. श्रीरामकृष्ण ल्हान पलंगाचेर बशिल्ले आनी जगन्मातेच्या चिंतनांत मग्न जावन गेल्ले. कुडींत सामकी शांतताय आशिल्ली.

थोड्या वेळा उपरांत देवस्थानाच्या मालकाची सेविका भगवती भितर आयली. तिणें पयशिल्ल्यान नमस्कार केलो. श्रीरामकृष्णांनी तिका बसपाक सांगलें. श्रीरामकृष्ण तिका कितल्याश्याच वर्सां सावन वळखताले. तरणेपणांत ती वायट चालीची बायल आशिल्ली, पूण श्रीरामकृष्ण दयेचे सागर - पतीतपावन. रोखडेंच तांणी तिचे बराबर पयलींच्यो गजाली करपाक सुरवात केली.

श्रीरामकृष्ण: तुजें वय जालें आतां. पयसो जो तुजे गांठीक आसा तातूंतल्यान तूं साधूंक - वैश्णवांक जेवंक घालता न्हय?

भगवती: (मातशी हांसून) हांकां हय तरी कशें म्हणूं?

श्रीरामकृष्ण: वृंदावन, काशी, आनी हेर तिर्थयात्रा केल्यात काय ना?

भगवती: (संकोचपणान) हांव हें कशें सांगूं? हांवें एक घाट बांदून दिला. थंय एके शिळेचेर म्हजें नांव कोरांतलां.

श्रीरामकृष्ण: अशें! बरें जालें!

भगवती: हय महाराज. म्हजें नांव श्रीमती भगवती दासी अशें थंय बरयलां.

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) वा! खूब बरें जालें.

श्रीरामकृष्णांच्या उतरांनी धीट जावन तिणें तांच्या पांयांक हात लावन नमस्कार केलो.

विंचवान चाबतकूच मनीस जसो उठ्ठा तशे श्रीरामकृष्ण उठून उबे रावले आनी आडुले, 'गोविंद, गोविंद.' कुडींत एका कोनशाक गंगेच्या उदकाची कळशी आशिल्ली. थंय धांवत धांवत वचून पांयांक जंय भगवतीन स्पर्श केल्लो थंय ती सुवात गंगेच्या उदकान धुली. भक्त जे कुडींत आशिल्ले ते हो प्रकार पळोवन सामके अजापीत जाले. भगवती सामकी निण्णली आनी तिका मरूंक पुरो जालें. ती बसुनूच रावली.

श्रीरामकृष्णांनी तिचें सांत्वन केलें आनी तिका मायेन म्हणलें, 'तुवें म्हाका

पयस रावुनूच नमस्कार करचो.' इतलें म्हणून जाल्ले गजालीचो तिका विसर पडचो म्हूण श्रीरामकृष्णांनी परत तिका मायेन म्हणलें, 'कांय गितां आयक.' अशें म्हणून ते गावंक लागले.

दिव्य माते विशीं सद्‌गुरू गावंक लागलेः

म्हज्या मनाचो काळो घुंगुल्लो निव्वळ आनंदांत ओडटा
श्यामा मातेच्या निळ्या चरण कमळां कडेन...

परत ते गावंक लागलेः

वयर म्हजे मातेच्या चरणरुपी मळबांत पतंगा वरी म्हजें मन उडटालें,
पूण मदींच पातकाची वाऱ्या वावजड आयली
आनी ताका रोखडेंच धरतेर हाडलें.

परत गावंक लागलेः

मना, तूं स्वता भितर राव;
आनीक कोणाच्याच घरांत वचूं नाका,
थंयच तूं सोदशी जाल्यार
तुका जाय तें थंयच मेळटलें.

परमेश्वर, अस्सल चिंतामणी
जो दर एक प्रार्थना सिध्दीक व्हरता
तो तुज्या काळजांत खोल आसा
जें सगल्यां मदीं आसा गिरेस्त रत्न

कितलीं मोतयां आनी माणकां
तुज्या काळजाचे
कुडी भायल्या आंगणांत
शिंवरून गेल्यांत.

अध्याय : सात्तीस

दक्षिणेश्वर – पयलींची जीण

जून 5, 1883. मंगळार. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वराकूच आशिल्ले. भक्त आयतराक चड येताले. आयज मंगळार आशिल्ल्यान चड गर्दी नाशिल्ली. राखाल आनी हाजरा श्रीरामकृष्णां म्हऱ्यांत रावताले. मय फाटल्या आयताराक आयिल्लो आनी सद्याक थंयच आशिल्लो.

दनपारच्या जेवणा उपरांत श्रीरामकृष्ण परत एक फावट आपल्या ईश्वरी अणभवाचे अवस्थे विशीं सांगूंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: (मक) कसले अवस्थेंतल्यान गेलां हांव? तेन्ना हांव हांगा जेविनाशिल्लों. बरागपुरांतल्या वा दक्षिणेश्वरांतल्या वा एडेदेहांतल्या एकाद्ऱ्या ब्राह्मणाच्या घरांत भितर सरतालों. आनी तेंय बी ऐन वेळार जेवणां जाले उपरांत वतालों. आनी फकत बसून रावतालों. तोंडांतल्यान एक उतर लेगीत काडिनासलों. घरांतल्या लोकांनी कित्याक आयला काय म्हूण विचारल्यार हांव फकत म्हणटालों, 'म्हाका कितेंय खावंक जाय'. मदीं मदीं आलम बाजारांतल्या राम चटर्जींच्या घरांत आफयनासतना वतालों. वा केन्नाय दक्षिणेश्वरा कडल्या चौधरींच्या घरा वतालों. पूण चौधरींच्या घरा केन्ना रुचीन जेवलों ना.

एक दीस मथूरबाबूक विनयलें, म्हाका देवेंद्र टागोरांच्या घरा व्हर म्हूण. हांवें ताका म्हणलें, 'देवेंद्र ईश्वराचें नांव घेता. म्हाका ताका पळयनशें जालां. म्हाका थंय घेवन वता?' मथूरबाबू खूब आभिमानी. आमंत्रणा बगर दुसऱ्यांल्या घरा कशे वतले? ही अपेक्षाच कशी धरपाची? पयलीं ते अनमनले. मागीर तांणी म्हणलें, 'बरें आसा. देवेंद्र आनी हांव एका बराबर शिकपी. हांव घेवन वतां तुमकां ताचे कडेन.'

एक दीस कळळें, बागबाजारच्या पुला लागीं दीना मुखर्जी नांवांचो मनीस

रावता. तो खूब भक्तीमान आसा. मथूरबाबूक सांगलें, म्हाका तांगेर व्हर म्हूण. म्हजो आगरो पळोवन म्हाका ते दीनाच्या घरा गाडयेन घेवन गेले. घर ल्हानूच आशिल्लें. तातूंत आनीक थंय व्हडले गाडयेन एक गिरेस्त मनीस आयलो. घरचीं मनशां आबूज जालीं. आमकांय खाकुडले वरी जालें. त्या दिसा दीनाच्या चल्याची मूंज चलताली. घर लोकांनी भरून गेल्लें. आमकां बसपाक सुवात नाशिल्ली. लागींचेच एके कुडींत भितर सरपाक गेलां मात कोणतरी आडुलो, 'रावात. थंय वचूं नाकात. थंय बायलो बसल्यात.' परिस्थिती सामकी बिकट. परत येतना मथूरबाबून म्हणलें, 'बाबा! हे फुडें तुमचें परत केन्नाच आयकुपाचों ना.' हांव हांसलों.

कितें ती अवस्था. कुमार सिंग साधूंक जेवण घालपाचो आशिल्लो. म्हाकाय आमंत्रण दिल्लें. थंय गेलों आनी पळयलें, खूब साधू जमल्यात. हांव सकयल बसतकूच तांतले कांय साधू म्हजे विशीं वासपूस करूंक लागले. तशें करतात तें पळोवन हांवें दुसरे कडेन वचून एकटोच बसचें अशें दिसलें. ते अशी वासपूस करतात तें पळोवन म्हाका अजाप जालें. सगले साधू जेवणाक बसले. तांणी जेवपाक सुरू करचे पयलीं हांवें जेवपाक सुरवात केली. कांय जाणांनी म्हणलें, 'कितें मनीस हो!'

हाजरा बराबर उलोवप
गुरू-शिश्य संवाद

पांच जावपाचीं जालीं. श्रीरामकृष्ण पडवेच्या पायऱ्यांचेर बशिल्ले. हाजरा, राखाल आनी म तांचे म्हऱ्यांत आशिल्ले. हाजराचो सोहंम भाव - हांवूच ब्रह्म आसां - वेदान्ती भाव.

श्रीरामकृष्ण: (हाजराक) हय. सगलो गोंदळ सोंपलो. मनशाक कळपाक मात जाय, ईश्वरूच आस्तिकां भितर आनी नास्तिकां भितर प्रगट जाल्लो आसा. बरोय तोच, वायटय तोच. तोच सत, तोच असत. जागेपण, न्हीद ह्यो सगल्यो ताच्योच अवस्था आनी परत तो ह्या अवस्थांचे पलतडीं आसा. एका शेतकामत्याक सामक्या जाणटेपणांत एक पूत जालो. आवय-बापूय ताची खूब अपुर्बाय करतालीं. ताका सामकीं जपतालीं. एक दीस तो शेतकामती शेतांत काम करता आसतना एका शेजाऱ्यान येवन सांगलें, ताचो पूत सामको बरो ना. आनी सामको अत्यवस्थ आसा. शेतकामती घरा येवन पळयत जाल्यार भुरग्यान जीव सोडला. बायलेन रडून आकांत केलो. पूण शेतकामत्याच्या

दोळ्यांतल्यान एक दूक लेगीत आयलें ना. ते खातीर आनिकूय कश्टी जावन बायलेन शेजाऱ्यांक म्हणलें, 'एदो व्हडलो पूत गेलो पूण हांच्या दोळ्यांतल्यान एक दूक लेगीत आयलें ना'. बरोच वेळ गेले उपरांत ताणें बायलेक म्हणलें, 'हें पळय, हांव कित्याक रडना तें सांगूं? गेल्ले रातीं म्हाका सपन पडलें. त्या सपनांत हांवें पळयलें, हांव राजा जालां आनी हांव सात भुरग्यांचो बापूय जालां. सपनांत पळयलें सगले राजपुत्र सामके सुंदर आनी गुणी. योग्य वेळार ते व्हड जाले आनी सगल्या कलांनी पारंगत आनी ज्ञानी जाले आनी तांणी विद्या मेळयली.' इतल्यांत म्हाका जाग आयली. आतां म्हाका हेंच कळना, तुज्या एका पुता खातीर रडूं, काय म्हज्या ह्या सात भुरग्यां खातीर. ज्ञानी पुरुशांचे नदरेन जागृत अवस्था सपन अवस्थे परस चड खरी, न्हय?

ईश्वरूच करतो. ताचेच इत्शेन सगलें कितें घडटा.

हाजरा: हें समजप खूब कठीण. भूकैलासाच्या साधूक लोकांनी तरातरांचे कश्ट दिवन एकेतरेन ताका मारुनूच उडयलो अशें म्हणचें पडटलें. तो समाधी अवस्थेंत तांकां मेळ्ळो. तांणी ताका जमनींत पुरलो. उदकांत उडयलो. मागीर तापिल्ल्या लोखणान दाग दिले. अशे तरेन ताका भानार हाडलो. निमणें ह्या सगल्या त्रासांनी तो मेलो. लोकांनी ताका छळ्ळो हातूंत दुबाव ना. मागीर तुमी म्हणटात ते प्रमाण ईश्वराचेच इत्शेन तो मेलो.

दुखखाचें कुवाडें आनी आत्म्याचें अमृतत्व

श्रीरामकृष्ण: जांचें जशें कर्म तशें फळय तांकां भोगचेंच पडटा. पूण साधूच्या मरणा विशीं म्हणपाचें आसत जाल्यार ताका मरण ईश्वराचे इत्शेन आयलें. वैज लोक बाटलेंत मकरध्वज तयार करतात. बाटली सगले वटेन माती लावन बरी धांपून घेतात आनी उज्यांत तापयतात. उज्याच्या धगान भितरलें भांगर कडटा आनी हेर रसायनां वांगडा एकठांय जावन मकरध्वज तयार जाता. मागीर वैज ती बाटली खूब जतनायेन फोडून भितरलें वखद काडटात. भितर एक फावट वखद तयार जालें म्हणटकच बाटली उरली कितें आनी फुटली कितें, दोनूय सारकेंच. तरी लोक समजतात की साधूक मारून उडयलो म्हूण. पूण कोण सांगतलो, ताचे भितरली वस्त तयार जावन गेल्या आसतली, देवाच्या साक्षात्कारा उपरांत कूड उरली कितें आनी गेली कितें एकूच.

साधू आनी अवतार हातूंतलो फरक

भूकैलासाचो साधू समाधींत आशिल्लो. समाधीच्यो खूब तरा आसतात. रुशिकेशच्या साधून केल्ल्या वर्णना प्रमाण म्हज्यो सगल्यो अवस्था सारक्यो जुळटात. अध्यात्मीक शक्तीचो प्रवाह शरिराचे भितर उसळटा अशें केन्ना केन्नाय दिसता. मुयेचे चाली भशेन गती आशिल्ले वरी. केन्ना केन्ना ताड ताड करीत वता, माकड एका रुखाच्या खांद्या वयल्यान दुसऱ्या खांद्याचेर उडयो मारता. केन्ना नुस्तें उदकांत पेंवत आसता तशें. जांकां अणभव आसा ताकाच हें कळूं येता. ते अवस्थेंत जगाचो विसर पडटा. मन थंयच्यान मातशें सकयल येतकूच हांव मातेक सांगतां, 'आई, म्हाका बरो कर. म्हाका लोकां कडेन उलोवंक जाय.'

ईश्वरकोटी पुरुशां बगर म्हणचे अवतारां बगर आनीक कोणाकूच समाधी प्राप्ती जाले उपरांत भानार येवंक जमना. कांय साधक साधनेच्या नेटार समाधींत वतात. पूण मागीर मात थंयच्यान ते परत येवंक पावनात. स्वता भगवान ज्या वेळार मनीस रुपांत जल्म घेता, जिवांचे मुक्तीची चावी आपल्या हातांत घेवन अवतार घेता तेन्ना मात तो जिवांच्या कल्याणा खातीर समाधींतल्यान परत येता.

म: (स्वगत) तर, मागीर कितें? श्रीरामकृष्णांच्या हातांत जिवांचे मुक्तीची चावी आसा?

हाजरा: ईश्वराक तुश्ट करूंक आयलें की जालें. मागीर अवतार आसूं वा नासूं.

आयज उमास. होळू होळू रात चडत आशिल्ली. आनी उमाशेचो दाट काळोख रुखांचेर आनी देवळाचेर पातळिल्लो. देवळाचे बागेंत हांगा आनी थंय मातशे दिवे पेट्टाले. गंगेच्या उदकांत काळ्या मळबाचें पडबिंब पडिल्लें. श्रीरामकृष्ण तांगेले कुडीचे दक्षिणेश्वरा कडले पडवेर बशिल्ले. श्रीरामकृष्णांची सभावीक भावमय अवस्था. तातूंत आनी उमास आनी कालीमातेचो काळो वर्ण. हे खातीर तांचो परमार्थीक भाव आनीक दाट जालो. मदीं मदीं ते ॐ आनी कालीमातेचो जप करताले. ते शेंदरेचेर आड पडिल्ले. आनी म बराबर ल्हव आवाजांत उलयताले.

श्रीरामकृष्ण: हय. ईश्वराचें दर्शन जावं येता. तो हो आसा न्हय ताका ईश्वराचें दर्शन जालां. पूण कोणाक हें सांगूंक नाकात आं! बरें. तुका देवाचें साकार रूप आवडटा काय देवाचें निराकार रूप आवडटा?

म: महाराज, हालींसराक म्हाका देवाचें निराकार रुपूच चड आवडटा. पूण म्हाका आतां समजूंक लागलां, ईश्वरूच स्वता हीं साकार रूपां जाला.

श्रीरामकृष्ण: तूं म्हाका एक दीस गाडी करून बेलाधरियाचे मोतीशिलाचे बागेंत घेवन वचशी? थंयचे तळयेंत जेन्ना तुमी चिरमुल्यो उडयतात तेन्ना तातूंतलीं नुस्तीं वयर येतात आनी खातात. वा! नुस्तीं उदकांत मजेन हांगा थंय खेळत भोंवतना पळोवपाक कितलो आनंद जाता म्हूण सांगूं! तांचो खेळ पळोवन तुजो अध्यात्मीक अणभव जागृत जातलो पळय! जशें कितें सच्चिदानंद दर्यांत आत्मरुपी नुस्तें भोंवत आसता. तेच प्रमाण खूब व्हडल्या मळार उबो रावतकूच म्हजे भितर ईश्वरी अणभव जागृत जाता. दिसता जशें कळशेंतलें नुस्तें तळयेंत पडलें.

ईश्वराचें दर्शन जावपाक साधना करूंक जाय. म्हाका खूब कठीण साधना करची पडटाली. बेलाच्या झाडा सकयल कितल्या तरांची साधना करची पडल्या म्हाका! हांव झाडा सकयल पडून रावतालों आनी म्हणटालों 'माते, म्हाका दर्शन दी.' दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं आनी म्हजें शरीर दुकांनी ओलें जातालें.

म: तुमी कितली तरी खर तपस्या केल्या! पूण लोक एका खिणांत ईश्वराचो साक्षात्कार जावचो अशी अपेक्षा करतात. फकत घरा भोंवतणीं बोट भोंवडावन मनीस वणत उबारूंक पावता?

श्रीरामकृष्ण: ना. सामकें तशें न्हय. लिला लेगीत सत्यच. आनी हें पळय, जेन्ना तूं हांगा येतलो तेन्ना तेन्ना रिकाम्या हातान येवं नाका. साधी वस्त जायना पूण कितें ना कितें घेवन यो. खरें म्हणल्यार हांवें हें सांगप योग्य न्हय. आत्मस्तुती कशी जातली. हें अधर सेनाक लेगीत सांगलें. येतना एका पयशाचें तरी कितें तरी घेवन येवचें. भवनाथाक म्हणलें, 'एका पयशाचें पान तरी घेवन यो.' भवनाथाची कितली भक्ती! पळयलें न्हय! नरेंद्र आनी भवनाथ नर-नारी कशे. नरेंद्राची ताचेर खूब भक्ती. नरेंद्राक तूं गाडी करून तुजे बराबर घेवन यो. आनी बराबर मिठाय घेवन यो. हाका लागून तुजें कल्याण जातलें.

ज्ञानमार्ग आनी नास्तीकपण

ज्ञान आनी भक्ती हे दोन मार्ग ईश्वरा कडेन व्हरतात. भक्ती मार्गान वचप्याक भायले आचार-विचार मातशें चडूच पाळचे पडटात. पूण ज्ञानमार्गान वचप्यांच्या हातांतल्यान असल्या आचारांचो भंग जालो तरी तितलेंशें लुकसाण जायना. ज्ञानाच्या उज्यान जळून सगल्यांचो गोबोर जाता. खूब व्हड धगधगपी उज्यांत केळ लेगीत उडयल्यार जळून गोबोर जावन वतली.

ज्ञानाचो मार्ग विवेक विचारांचो. केन्नाय अशें घडटा, नित्य-अनित्याचो विवेक करतां करतां मनशाचो ईश्वराच्या अस्तित्वा वयलो विश्वासूच उडटा. पूण नास्तीकपणाचे विचार आयले तरी खरो भक्त, जाका मना सावन ईश्वराची ओड लागल्या तो ईश्वराचें ध्यान-चिंतन सोडिना. जांचे जाणटेले एका फाटल्यान एक अश्या पिळग्या पिळग्यांनी शेतकामत करीत आयल्यात ते दुकळाच्या दिसांनी पीक येवचें ना म्हूण शेत रोवपाचें सोडिनात.

उश्याचेर तकली दवरून श्रीरामकृष्ण न्हिदिल्ले आसतनाय उलयत आशिल्ले. मदींच तांणी मक म्हणलें, ''म्हजे पांय मातशे फोडटात, मातशे दांबशी?'' अशे रितीन दयामय श्रीरामकृष्णांनी त्या शिश्याक स्वताच्या पांयांची सेवा करपाची संद दिली.

अध्याय : आठ्ठीस

दक्षिणेश्वर मंदीर

जून 8, 1883. शुक्रार. गरमेचे दीस, काली देवळांतल्यो सांजेच्यो आरती जाल्यो. श्रीरामकृष्ण कालीमातेचे मुर्ती मुखार उबे रावन दर्शन घेताले आनी चंवरी घेवन कांय वेळ मातेक वारो घालताले. आयज कलकत्ता सावन राम, केदार चटर्जी आनी तारक श्रीरामकृष्णां खातीर फुलां, हार, गोड खाणां घेवन गाडी करून आयिल्ले. केदाराचें वय सुमार पन्नास आसतलें. परम भक्त पयलीं ब्राह्मसमाजांत येवप-वचप करताले आनी देवाचो सोद घेवपा खातीर कितल्याश्याच पंथां कडेन तांचो संबंद आयिल्लो. निमणें श्रीरामकृष्णांक शरण आयिल्ले. ते सरकारी खात्यांत हिशोब पळोवपाचें काम करताले. आनी कलकत्ता लागसार गांवांत रावताले.

तारकाचें वय सुमार चोवीस आसतलें. लग्न जाले उपरांत थोड्याच दिसांनी ताची घरकान्न अंतरली. तो बारासात खेड्यांत रावतालो. तो कलकत्ता पसून पयस नाशिल्लो. ताचे वडील वयल्या पांवड्या वयले साधक आशिल्ले. ते कितलेशेच खेपो श्रीरामकृष्णां म्हज्यांत आयिल्ले.

तारक रामा कडेन खूब खेपो येतालो. रामाच्या आनी नित्यगोपाळाच्या सांगातान तो सदांच दक्षिणेश्वराक श्रीरामकृष्णांच्या दर्शनाक वतालो. सद्याक तो एका ऑफिसांत चाकरेक आशिल्लो. पूण संवसारा विशीं तो खूब उदासीन आसतालो.

श्रीरामकृष्ण काली देवळांतल्यान भायर येतकूच तांकां राम, केदार, म, तारक आनी हेर भक्त उबे आशिल्ले दिश्टी पडले. तारकाचे खाडकेक हात लावन श्रीरामकृष्णांनी ताका मायेन सांसपिलो. ताका पळोवन श्रीरामकृष्णांक खूब आनंद जालो.

कुडींत परत येतकूच ते ईश्वरी भावांत दोनय पांय पसरून जमनीर बसले. रामान आनी केदारान तरातरांच्या फुलांनी आनी फुलांच्या हारांनी श्रीरामकृष्णांचे पांय सजयले.

श्रीरामकृष्ण समाधीमग्न आशिल्ले. केदार पयलीं दुसऱ्या पंथांत वताले. तांच्यो कांय विचित्र संवयो आशिल्लयो. ते प्रमाण ते श्रीरामकृष्णांच्या पांयांचो आखाणो धरून बसले. समजूत अशी की हाका लागून स्वता भितर अध्यात्मीक शक्तीचो संचार जातलो. मातसो समाधी भाव देंवतकूच श्रीरामकृष्ण म्हणूंक लागले, ''माते, म्हजो आखाणो धरून हो म्हजें कितें करूंक पावतलो?'' केदार नमळायेन हात जोडून बशिल्ले.

श्रीरामकृष्ण: (समाधी भावांतच आसतना) तुमच्या मनाची अजून लेगीत कामिनी-कांचना कडेन ओड आसा. फकत तोंडान तातूंत म्हजें मन ना अशें म्हणून कितें उपेग? फुडें वचात.

रुप्याच्या राना उपरांत आनीक कितल्योश्योच गजाली आसात. रुप्या खण, भांगराची खण, हिऱ्यांची खण. थोडोसो ईश्वरी अणभव आयलो म्हणून सगलें कितें मेळ्ळें, अशें समजूं नाकात. श्रीरामकृष्णांनी परत एक खेपो आनंदमय अवस्थेंत जगन्मातेक म्हणलें, ''तांकां पयस व्हर'' केदाराचो ताळो सुकून आयलो. भिरांतेन तांणी रामाक विचारलें, ''श्रीरामकृष्ण कितें म्हणटात?''

अवतार आनी ताचे सांगाती

राखालाक पळोवन श्रीरामकृष्ण परत अध्यात्मीक भावांत गेले. तांणी मोगाळ शिश्याक म्हणलें, ''हांगा आयल्यार म्हाका खूब दीस जाले. तूं केन्ना आयलो?''

श्रीरामकृष्ण असो संकेत दिनात मूं, की ते ईश्वराचे अवतार आसात आनी राखाल आपलो ईश्वरी सांगाती. आनी अंतरंगा भितरलो, भक्तां मदलो, एक भक्त?

अध्याय : एकुणचाळीस

दक्षिणेश्वराक मणिपूरच्या आनी बेलघरच्या भक्तां वांगडा

जून 10, 1883. आयतार. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वराक तांगेले कुडींत बशिल्ले. सकाळचीं धा वरां जाल्लीं. राखाल, लाटू, म, किशोरी, रामलाल, हाजरा आनी हेर भक्त थंय आशिल्ले.

श्रीरामकृष्ण स्वताचें चरित्र, पयलींचे जिणें विशीं सांगताले.

श्रीरामकृष्ण: (भक्तांक) भुरगेपणांत कामारपुकूरच्या बायलांक आनी दादल्यांक सगल्यांकूच हांव आवडटालों. म्हजें गावप तांकां खुबूच आवडटालें. तातूंत हांव सगल्यांच्यो नकलो करतालों. अशे तरेन हांव तांची मनरिजवण करतालों. बायलो खावपाचे जिन्नस म्हजे खातीर राखून दवरताल्यो. सगल्यांचो म्हजेर भरवंसो. कोणूच म्हजेर अविश्वास दाखयनाशिल्लो. सगले जाण म्हाका घरचोच कशे मानताले.

एकाद्र्या सुखी आनंदी पारव्या भशेन आशिल्लों. ज्या घरांत आनंद, खोशी आसा त्याच घरांत हांव यो-वच करतालों. जंय दुख्ख दळडीर दिस, हांव थंयच्यान पळ काडटालों. भुरग्यां भितर गांवांतले एक दोग जाण म्हजे लागींचे इश्ट आशिल्ले. कांय जाणां कडेन म्हजी दाट इश्टागत जाल्ली. आतां हे सगले व्हड संवसारी जाल्यात. हालींसराक तांचे भितरले कांय जाण हांगा येतात आनी म्हाका पळोवन म्हणटात, "आरेच्या गांवांत जसो दिसतालो अजून लेगीत तसोच आसा." शाळेंत गणीत म्हाका गोंदळांत उडयतालें पूण चित्रां मात हांव बरीं काडटालों. आनी देवाच्यो ल्हान ल्हान मुर्ती हांव बन्यो करतालों.

धर्मार्थ संस्थां विशीं आनी रामायण – भागवता विशीं ओड

साधूं खातीर आनी गरिबां खातीर जंय अन्नछत्रां, धर्मशाळा आसताल्यो थंय हांव वतालों आनी बरोच वेळ पळयत रावतालों. जंय खंय रामायणाचें वा भागवताचें पारायण चलतालें थंय वचून आयकूंक बसतालों. पूण वाचन करप्यान ओगीच ढोंगीपणां केलीं जाल्यार दुसऱ्यांक ताची नक्कल करून दाखयतालों.

म्हाका बायलांचे हावभाव खूब बरे तरेन समजताले. तांच्या आवाजाची, उलोवपाची, हांव सारकी नक्कल करतालों. वायट चालीची बायल मनीस म्हाका रोखडीच वळखूंक येताली. तसले चालीच्यो विधवा बायलो तर वांकडो मागो काडटाल्यो. मोटे आवडीन केंस वळयताल्यो, तांकां लज उणी. बसपाची रीत लेगीत वेगळीच आसताली. पूण आसूं. आमी संवसारी लोकांच्यो गजाली करप पुरो करुया.

मागीर तांणी रामलालाक एक गीत म्हणपाक सांगलें. रामलाल गावंक लागलोः

कोण ही भिरांकूळ अस्तुरी मध्यान रातीच्या मळबा इतली काळी
कोण ही अस्तुरी जी नाचता झुजा मळीं
रगताच्या जांबळ्या दर्याचेर उफेतें निळें साळीक कशी
कोण ती,
अनंत विश्वूच वस्त्र म्हूण पांगुरपी
आनी कैफान, रागान, क्रूरतायेन आपले तीन दोळे गरगरायत
आसा कोण ती?
तिच्या पावलांच्या वजनान स्वताच थरथरता धरतरी
शिव, तिचो
शक्तिमान घरकार, जो भिरांकूळ त्रिशूळ वावुडपी
जीव नाशिल्ल्या प्रेता भशेन तिच्या जैतिवंत पांयां पोंदा निचेश्ट पडपी.

दुसऱ्या गितांत मंदोदरीचो – तिचो घोव रावण – ताच्या मरणा उपरांत – करूण विलाप आयकून श्रीरामकृष्णांच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवूंक लागलीं. तांणी म्हणलें, ''एक खेपो देवदार रुखाच्या भाटांत गेल्लों आसतना गंगे वयल्या तारयांनी हेंच गीत गायतना आयकलें आनी हांव खूब वेळ रडलों. निमणें लोकांक म्हाका कुडींत व्हरचो पडलो.''

गोपींचें प्रेम

मागीर रामलाल 'श्रीकृष्णाचेर गोपींचे प्रेम' हें गीत गावपाक लागलो. अक्रूर वृंदावना सावन श्रीकृष्णाक रथांत बसोवन मथुरेक घेवन वचपाचो आशिल्लो. गोपी ताका व्हरपाक दिनाशिल्ल्यो. कांय गोपींनी रथाचीं चक्रांच घट्ट धरिल्लीं. तर कांय गोपी रथा मुखार आडव्यो न्हिदिल्ल्यो. त्यो अक्रुराक दोश दिवंक लागल्यो. श्रीकृष्ण स्वताचेच इत्शेन वता म्हणपाचें तांकां खबर नाशिल्लें. हेंच अक्रूर तांकां समजावन सांगतालो.

रामालाल गायताः

धरूं नाकात, रथाचीं चक्रां धरूं नाकात
रथ कितें चक्रांनी चलता?
हीं चक्रां चलोवपी कृष्ण,
जाचे इत्शेन सगलें जगचक्र चलता.

गोपीं विशीं श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''गोपींचें कितलें प्रेम! कितली व्हड भक्ती अशिल्ली तांची कृष्णाचेर!'' राधान स्वताच्या हातान श्रीकृष्णाचें चित्र काडलें, पूण त्या चित्रांत ताचे पांय मात काडले नात. कित्याक त्याच पांयांनी तो मथुरेक पळून गेलो जाल्यार! भुरगेपणांत हांव तीं गितां खूब खूब गायतालों. एकाद्रें नाटक तर सुरवाती पसून निमणे मेरेन जशाचें तशें म्हणून दाखयतालों.''

जेवणा उपरांत श्रीरामकृष्ण आपणाल्या ल्हान पलंगाचेर बसले. अजून मेरेन तांकां विसव घेवपाक वेळ मेळूंक नाशिल्लो. भक्त मंडळी जमूंक लागिल्ली. पयलीं मणिरामपूर कडले कांय भक्त आयले. कांय भक्त बेलघर कडच्यान आयले. कांय भक्तांनी म्हणलें, ''आमी तुमगेले न्हिदेंत व्यत्यय हाडला, महाराज.''

श्रीरामकृष्णः ना. ना. तुमी म्हणटात तें सगलें रजोगुणी मनशाक सोबता. तांचे विशीं लोक म्हणटात, सध्याक वेळ ना. आतां ते परत न्हिदतले.

मणिरामपूरच्या भक्तांनी श्रीरामकृष्णांक विचारलें, ''ईश्वराची प्राप्ती कशी करून घेवप?''

श्रीरामकृष्णः थोडी साधना करूंक जाय. दुदांत लोणी आसा अशें फकत तोंडान म्हणून उपेग ना. ताचें विरजण घालून धंय करूंक जाय. धंय घुसळावनूच तुका लोणी मेळटा. साधकान अदीं मदीं मातशें निर्जन जाग्यार वचून एकांतांत रावूंक जाय. कांय

दीस एकांतांत रावले उपरांत, ईश्वरी भक्तीचो लाव जाले उपरांत संवसारांत रावपाक कांयच हरकत ना. कोणेंय जोतें घाल्यार ताका कांट्यांतल्यान चलपाक जाता. सगल्यांत महत्वाची गजाल म्हणल्यार विश्वास.

जशें मनशाचें ध्यान तशी ताची प्रेम जाणीव,
जशी मनशाची प्रेम जाणीव, तसो ताचो लाव;
आनी सगल्याचें मूळ, विश्वास.

जर मनशाक विश्वास आसत तर मागीर कित्याचोच भंय ना.

भक्त: महाराज, गुरू करपाची गरज आसा?

श्रीरामकृष्ण: हय खूब जाणांक गुरूची गरज आसता. पूण गुरूवाक्याचेर विश्वास जाय. गुरू होच ईश्वर अशें म्हणून गुरू कडेन पळयत जाल्यारूच अध्यात्मीक फळ मेळटा. म्हणून वैश्णव म्हणटात 'गुरू, कृष्ण, वैश्णव'. सदांच भगवंताचें नांव घेवंक जाय. कलीयुगांत ईश्वराचें नाम खूब परिणामकारक. ह्या युगांत प्राण अन्नाचेर निंबून आसता. म्हणून योग साधना जायना. टाळयो मारीत ईश्वराचें नांव घेतल्यार पातकरुपी शेवणीं उडून वतात.

संतांचो सत्संग खूब गरजेचो आसता. जसो जसो गंगेचे लागीं पावता तशी तशी हवा चड चड थंड लागतली आनी जसो जसो उज्या कडेन लागीं पावता तशी तशी हवा गरम लागतली.

आळशीपणां, आयचें काम मुखार धुकलप अशें करून कांयच लाव जावचो ना. संवसारी भोगा विशीं जांची वानसा आसता ते अध्यात्मीक लावा विशीं म्हणटात, 'सगलें कितें वेळार जातलें. आमकां केन्ना ना केन्ना ईश्वराचो साक्षात्कार जातलोच.' हांवें केशव सेनाक सांगलें, 'वारसो हक्का प्रमाण वांटणे विशीं भुरगो सामको उतावीळ जाल्लो पळयतकूच बापूय तो वयांत येवचे तीन वर्सां पयलींच संपत्तीचो ताचो वांटो ताका दिवन उडयता. आवय रांदता, भुरगें हांतरुणार न्हिदलां. आवय ताका चींव चोखूंक दिवन काम करता. पूण जेन्ना भुरगें चींव भायर उडयता आनी मोटच्या मोटच्यान रडूंक लागता, तेन्ना आवय रान्नी वयलें शिता तपलें सकयल काडून दवरता आनी ताका मांडयेर घेवन दूद दिता. हें सगलें हावें केशवाक सांगले. अशें म्हणटात की कलीयुगांत एक दीस आनी एक रात व्याकूळतायेन देवा खातीर रडल्यार ईश्वर दर्शन दिता.

देवाची तिडक येवन म्हणूंक जाय, 'तुवेंच म्हाका जल्माक घालो. आतां तुवें म्हाका

दर्शन दिवंकूच जाय.' संवसारांत राव नाजाल्यार आनीक खंयूय राव. ईश्वराचेर तुजें मन दवर. विशयान भरिल्लें मन ओली फस्का काडी कशें, कितलीय घांसली तरी ती पेटपाची ना. एकलव्य द्रोणाचार्याची मातयेची मूर्त मुखार दवरून धनुर्विध्या शिकलो.

'फुडें वचात' अशें एका लांकडां फोडपी मनशाक एका साधून सांगलें. तें आयकून तो फुडें वचत रावलो. पयलीं दिसलें चंदनाचें रान. मागीर लागली रुप्याची खण, उपरांत भांगराची आनी फुडें वतकूच हिऱ्याची खण.

अज्ञानी जीव मातयेच्यो वणटी अशिल्ल्या घरांत रावता. तसो भितरय तितलोसो उजवाड ना आनी भायर लेगीत खंयचीच वस्त पळोवंक पावना. ईश्वरी ज्ञान जाले उपरांत जे संवसारांत आसतात ते कंवचेच्या घरांत राविल्ले भशेन, भितर-भायर सगले कडेन उजवाड, भितरले तशेच भायले जिनस बरे पळोवंक पावतात.

ब्रह्म आनी जगन्माता एक

त्या एका बगर आनीक दुसरें कांयच ना. तोच परब्रह्म, तोच परमात्मो. तो आमचे भितर 'हांव' राखून दवरता तों मेरेन आमकां दिसता, आद्यशक्तीच्या रुपान तोच निर्मिती, स्थिती, प्रलय करीत आसता.

जें ब्रह्म तीच आद्यशक्ती. एकदां एका राजान एका योग्याक म्हणलें, 'म्हाका एका उतरान ज्ञान सांगात.' योग्यान म्हणलें, 'बरें आसा. एका उतरांतच तुका ज्ञान मेळटलें.' थोड्या वेळान अचकीत एक गारुडी राजा कडेन आयलो. राजान पळयलें, गारुडी फकत दोन बोटां जोरान घुंवडायत आसा आनी म्हणटा, 'राजा, पळय! पळय! हें पळय!' राजा शांतपणान, अजापीत जावन सगलें पळोवंक लागलो. थोड्या वेळान ताका दिसून आयलें, दोन बोटांचें एकूच बोट जावन गेलां. तें एकूच बोट तो घुंवडायत, घुंवडायत गारुडी म्हणूंक लागलो, ''राजा पळय! पळय! हें पळय!'' हाचो अर्थ असो, ब्रह्म आनी आद्यशक्ती पयलीं दोन अशीं दिसतात पूण ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत मागीर दोन उरनात. मागीर कसलोच भेद ना. अभेद. दोन न्हय एकूच. अद्वैत. एकमेव.

बेलघरच्या भक्तां वांगडा

बेलघरा कडच्यान गोविंद मुखोपाध्याय आनी हेर भक्त आयिल्ले. फाटीं एक खेपो श्रीरामकृष्ण तांच्या घरा गेल्ले. तेन्ना एका गवयान थंय 'जागो जागो जननी' हें गीत

गायिल्लें. तें आयकून श्रीरामकृष्ण समाधीमग्न जाल्ले. गोविंदान त्याच गवयाक आयजय बराबर हाडिल्लो. ताका पळोवन श्रीरामकृष्णांक खूब आनंद जालो. श्रीरामकृष्णांच्या उतराक मान दिवन गवयान कांय गितां गावन दाखयलीं. तातूंतल्या एका गितांत कुंडलिनी आनी स केंद्रां जागृत जातात म्हणपाचें वर्णन आशिल्लें.

माते, तूं जागी जा! जागी जा!
कितले दीस तूं मुलाधारीं निद्रिस्त आसा.
माते! तूं तुजें गुपीत कार्य पूर्ण कर.
मस्तकांतल्या हजार पाकळ्यांच्या साळका मदीं चड
जंय शक्तीशाली शिवाचो राबितो आसा;
स चक्रांचो शिघ्रतायेन भेद कर
आनी, ए नीजतत्वमणी, म्हजें दुख्ख पयस कर!

श्रीरामकृष्ण: ह्या गितांत कुंडलिनी शक्ती स चक्रांक कशी भेदून वता तें वर्णन केलां. ईश्वर भितरूय आसा आनी भायरूय आसा. अंतर्यामीं रावून तो मनाच्यो तरातरांच्यो अवस्था उत्पन्न करता. स चक्रांतल्यान भायर आयले उपरांत जीव मायेची शीम हुपून परमात्म्या कडेन एक जावन वता. हाचेंच नांव ईश्वर दर्शन.

मायेन वाट मेकळी केले बगर ईश्वर दर्शन जायना. एक खेपो राम, लक्ष्मण आनी सीता, तिगांय मेळून चलत वतालीं. सगल्यांत फुडें राम, मदीं सीता आनी निमाणो लक्ष्मण. सीता मदीं आशिल्ल्यान लक्ष्मणाक रामाक पळोवप शक्य जालें ना. तेच प्रमाण माया आड आयिल्ल्यान जीव ईश्वराक पळोवंक पावना. (मणि मल्लीकांक) तरीपूण ईश्वराची कृपा जाल्यार माया भक्तांच्या मार्गांतल्यान कुशीक सरता. जेन्ना अतिथी दारा मुखार उबो रावता तेन्ना शिपाय धनयाक म्हणटा, 'धनया, आमकां हुकूम दी. मागीर आमी हाका भितर सोडटात.'

विचारांचे दोन प्रवाह आसातः वेदान्त आनी पुराण. वेदान्ताच्या मता प्रमाण हें जग म्हणचे चित्तभ्रम. म्हणचेच जग हो एक भास, सपना भशेन. पूण पुराणाच्या मता प्रमाण, भक्ती शास्त्रा प्रमाण, खुद्द ईश्वरूच चोवीस वैश्वीक तत्वां जाला.

ताची भितर भायर सगले कडेन पुजा करात

जों मेरेन ईश्वरान आमचे भितर 'अहम' बोध दवरला तों मेरेन सगलेंच सत आसा. आनी आमच्यांनी सगलें जग सपना भशेन आसा अशें म्हणूं नजं. रान्नींत उजो आसा म्हणून रान्नी वयल्या आयदनांत तांदूळ, दाळ, बटाट आनी हेर वस्तू खतखत्तात. आनी खतखतीत उदकांत त्यो वस्तू, जश्यो कितें नाचतात आनी म्हणटात, 'आमी हांगा आसात, आमी नाचतात.' आमचें शरीर म्हणल्यार आयदन कशें. मन, बुद्द म्हणल्यार उदक आनी दाळ, तांदूळ, बटाट आनी हेर, इंद्रियांचे विशय कशे. इंद्रियां कडेन संलग्न जाल्लो 'अहम', जसो कितें म्हणीत आसता 'हांव नाचत आसां.' आनी सच्चिदानंद म्हणचे उजो. देखुनूच भक्ती शास्त्रांत ह्याच संवसाराक आनंदधामाचो महाल म्हणलां. रामप्रसाद ताच्या एका पदांत म्हणटात, 'हो संवसार म्हणचे एक मयसभाच आसा.' ताचेर एक भक्त जाप दिता, 'ना. हो संवसार एक आनंदधाम आसा.' अशें म्हणटात कालीचो भक्त, जिवनमुक्त सदांच आनंदी. भक्तांक अशें दिसता, जो ईश्वर तोच मायाजाल, तोच जीवजगत, सगलें कितें तोच जाला. भक्त ईश्वरा कडेन माया, विश्व आनी सगले प्राणीजात एक अशें म्हूण पळयतात तर कांय भक्त रामरुपान पळयतात. रामच सगलें कितें जाला. कांय भक्त सगले कडेन राधा आनी कृष्ण रुपान पळयतात. तांकां अशें दिसता, कृष्णच हीं चोवीस तत्वां जाला. पाचवें वक्ल दोळ्यांक लायलें की सगलें कितें पाचवेंच दिसता. भक्तांचेंय तशेंच.

तरीपूण भक्ती शास्त्र शक्तीचें प्रगटीकरण वेगवेगळें आसता म्हणपाचें मानता. रामच सगलें कितें जाला हें खरें, पूण कांय कडेन ताचें स्वताचेंच प्रगटीकरण चड जालां तर कांय कडेन उणें. अवताराच्या रुपांत ताचें प्रगटीकरण एके तरेचें आसा तर जिवांत दुसरे तरेचें. अवतार रुपांत लेगीत देहबुद्द आसताच. तशी धारणाच जाता माये खातीर. सीते खातीर राम कितलो रडलो! फरक इतलोच, अवतारी पुरूश स्वता जावन आपल्या दोळ्यांचेर पट्टी बांदता. ल्हान भुरगीं आपालिपा खेळटना पट्टी बांदतात तशी. पूण आवयन उलो मारतकच खेळ थांबयतात. जिवांची गजाल सामकी वेगळी. ज्या कुडक्यान तांचे दोळे बांदतात तो फाटी कडेन आठ गांठी घट्ट आंवळून बांदिल्लो आसता. आनी त्या गांठींक आठ मळसुद्योय लायिल्ले वरी आसतात. ह्यो आठ गांठी म्हणल्यार लज, दुस्वास, भंय, जात, कूळ, शील, शोक आनी निंदा. गुरून ह्यो गांठी सोडयले बगर त्यो सुटपाच्यो नात.

बेलघराच्या भक्तांक उपदेश

खऱ्या भक्तांचें लक्षण

एक भक्त: महाराज आमचेर कृपा करात.

श्रीरामकृष्ण: ईश्वर सगल्यांच्याच काळजांत आसा. तरीपूण गॅस कंपनी कडेन अर्जी करूंक जाय. ती गॅसाचे टांकये कडेन तुमच्या घरचो नळ जोडटली. व्याकूळतायेन मात अर्ज करपाची गरज आसा. अशें म्हणटात, ईश्वराचो साक्षात्कार जातलो जाल्यार तुमचे व्याकूळतायेंत तीन तरांच्यो ओडी एकठांय जावंक जाय. आवयची भुरग्या विशीं ओड, पतिव्रतेची घोवा विशीं ओड आनी विशयी मनशाची विशया विशींची ओड.

खरे भक्त वळखुपाचीं कांय लक्षणां आसात. गुरूचो उपदेश आयकून तो थीर जाता. गारुड्याची पुंगी वाजतकच सोरोप जसो जाता तसो.

नागाची गजाल वेगळी. आनीक एक लक्षण आसा. खऱ्या भक्तांक धारणा शक्त खूब आसता. फकत कंवचेचेर चित्र मुद्रीत जायना. ताका काळें द्रव लावंक जाय. मागीर चित्र मुद्रीत जाता. फोटो घेतना जाता तशें. तशीच, भक्ती म्हणचे काळें द्रव. आनीक एक लक्षण आसा. खऱ्या भक्ताचो इन्द्रियांचेर ताबो आसता. कामवासनेचेर ताचो ताबो आसता. गोपींच्या काळजांनी कामवासना नासताली.

आनी तुमी म्हणटात आमी संवसारी आसात. बरें समजा तुमी संवसारी आसात, मागीर हांव जाल्यार म्हणटां, घरा साधना करप चड बरें. किल्ल्यांत रावन दुस्मानांक तोंड दिवपा भशेन. शव साधना करता आसतना शव मदींच तोंड उगडून भंय दाखयत आसता. म्हणून ल्हायो,चणे हाता कडेन दवरतात. मदीं मदीं त्या शवाच्या तोंडांत घालपा खतीर. शव शांत जातकच मागिरूच निश्चींतपणान जप करपाक जमता. संवसारी लोकांक लेगीत तांगेलो परिवार असोच शांत दवरपाची गरज आसता. तांच्या अन्न-वस्त्राची आनी हेर वस्तूंची वेवस्था जावची पडटा. तेन्नाच साधना करपाक मेळटा.

जांकां संवसारांतले भोग भोगपाचे आसात तांणी संवसारांत रावनूच देवाची प्रार्थना करूंक जाय. देखुनूच नित्यानंदांनी संवसारी लोकां खातीर सवलत राखून दवरिल्ली. ते तांकां म्हणटाले, 'सांगटांचो पोळोव आनी तरणाटे बायलमनशेचे वेंगेंत रावपाक हरकत ना. पूण देवाचें नांव घेत रावात.'

खऱ्या खऱ्या संन्याशी मनशाची गजाल वेगळी. म्होंवामूस फुला बगर दुसऱ्या कित्याचेरूच बसना. चातक पक्षाक कुपाचें उदक सोडून बाकी सगलें उदक रूच नाशिल्लें. दुसरें कसलेंच उदक तो पियेवचो ना. सारको स्वाती नक्षत्राच्या उदका खातीर

आं करून बसतलो. खरो संन्याशी दुसरो कसलोच आनंद भोगपाचो ना. फकत ईश्वराचोच आनंद भोगतलो. म्होंवामूस फकत फुलाचेरूच बसतलो. खरो संन्याशी म्होंवामुसूच कसो. आनी संवसारी भक्त सादो मूस कसो जो गोड वस्तूंचेरूय बसता आनी व्हांवते जखमेचेरूय बसता.

तुमी इतले त्रास सोंसून हांगा आयल्यात. तुमी ईश्वराचो सोद घेवपाक भोंवत आसात. पूण सरसामान्य लोक बाग पळोवनूच खोशी जातात. बागेच्या धनयाक एक-दोग जाण सोदतात. लोक जगाची सुंदरकाय पळयतात. जगाच्या धनयाक कोणूच सोदिनात.

(गवया कडेन बोट दाखोवन) हांणी आतांच स चक्रां विशीं गीत म्हणलें. ह्यो सगल्यो योग शास्त्रांतल्यो गजाली. योग दोन तरांचे आसतात. हठयोग आनी राजयोग. हठयोग फकत शारिरीक कसरतच करीत आसता. सिद्धी मेळटली. लांब आयुश्य मेळटलें. ही तांची भावना आसता. अश्टसिद्धी प्राप्त जावच्यो हीच तांची मोख आसता. पूण राजयोगाची मोख म्हणचे भक्ती, प्रेम, ज्ञान, वैराग्य आनी हेर प्राप्ती. राजयोग बरोच.

वेदांतले सात पांवडे योगशास्त्रांतल्या स चक्रां कडेन चडशे जुळटात. वेदांतले पयले तीन पांवडे म्हणल्यार मुलाधार, स्वाधिश्ठान, मणिपूर चक्रां. सादारणपणान ह्याच तीन पांवड्यां भितर-गूद, लिंग,बोंबली हांचे भितर मनाची वसती आसता. मन ज्या वेळार चवथ्या पांवड्यार म्हणचे योग्यांच्या 'अनाहत' स्थानार येता, त्या वेळार जिवात्मो उज्याच्या तेमका वरी आसा अशें दर्शन जाता. ते भायर ज्योतीचें दर्शन जाता. त्या वेळार साधक उद्गार काडटा, 'आं ! हें कितें ! हें कितें!'

मन जेन्ना पांचव्या पांवड्यार पावता तेन्ना ईश्वरी कथाच आयकुपाची इत्सा जाता. हें योगांतलें विशुद्ध चक्र. सवो पांवडो आनी आज्ञा चक्र एकूच. ते सुवातेर मन गेल्यार ईश्वराचें दर्शन जाता. पूण तरी लेगीत ईश्वर आनी भक्त हांचे मदी आडखळ उरता. ही आडखळ लापयांवांतल्या कंवचे भशेन, जी तुका ज्योतीक स्पर्श करपा पासून पयस दवरता. मदीं कंवचेची आडखळ आसता म्हणून. जनक राजा पांचव्या पांवड्यार रावून ब्रह्मज्ञानाचो उपदेश करतालो. तो केन्ना पांचव्या तर केन्ना सव्या पांवड्यार आसतालो.

सय चक्रां हुपून वतकच सातवो पांवडो लागता. थंय वतकूच मनाचो ब्रह्मांत लय जावन वता. जिवात्मो आनी परमात्मो एक जावन वतात. साधक समाधींत वता. शरिरा विशींची जाणीव ना जाता. भायल्या जगा विशीं ताची जाणीव ना जावन वता.

विवीधतायेचें ज्ञान ना जावन वता. विचार करप थांबता. त्रैलंग स्वामीन एक खेपो म्हणिल्लें, विचार केल्यारूच विवीधतायेचो बोध जाता, तरातरांच्यो कल्पना उत्पन्न जातात. समाधी प्राप्त जाले उपरांत एकवीस दिसांनी तो शरीर सोडटा. पूण कुंडलिनीची सुप्त अध्यात्मीक शक्त जागृत जाले बगर चैतन्याचो लाव जायना.

ईश्वर दर्शन जल्ल्याच्यो कुरवो

ईश्वराचें दर्शन जांकां जालां तांच्यो कांय कुरवो आसात. जांकां भगवंताचें दर्शन जाता तो भुरग्या भशेन जाता. वा ताका उन्माद जाता वा तो अचेतन जाता वा पिसो कसो जाता आनी ताका सामकें कळटा आपूण यंत्र आनी तो यंत्री. तोच करतो आनी बाकी सगलीं ताचीं उपकरणां. कांय शीख भक्तांनी एक खेपो म्हाका म्हणिल्लें, 'झाडाचें पान हालता तें लेगीत ईश्वराचे इत्शेन.' रामाचे इत्शेन सगलें कितें घडटा असो बोध जावंक जाय. विणकारान म्हणलें, 'कापडाचें मोल रामाचे इत्शेनूच एक रूपया स आणे. रामाचे इत्शेनूच दरोडो पडलो. रामाचे इत्शेनूच दरोडेखोरांक धरले. रामाचे इत्शेनूच म्हाकाय पुलिसांनी धरून व्हेलो. आनी रामाचे इत्शेनूच म्हाका सोडुनूय दिलो.'

तिनसांज जाल्ली. श्रीरामकृष्णांक जेवले उपरांत विसव मेळ्ळो ना. ईश्वरा विशीं ते विसव घेनासतना उलयत आशिल्ले. निमणें भक्तांनी तांकां प्रणाम केलो आनी तांचो निरोप घेतलो.

अध्याय : चाळीस

दक्षिणेश्वर ग्रहस्थाश्रम
राखाल, अधर, म
राखालाचे वडील आनी तांचो मांव आनी हेर

जून 15, 1883. शुक्रार. श्रीरामकृष्णांच्या दर्शना खातीर भक्त दक्षिणेश्वराच्या कालीच्या देवळांत आयिल्ले. हिंदूंचो सण. दसऱ्या निमतान सुटी आशिल्ली. श्रीरामकृष्णांचे भेटेक आयिल्ल्या भक्तां मदीं अधर, म आनी राखालाचो बापूय आशिल्लो. राखालाच्या बापायचो मांवय आयिल्लो. श्रीरामकृष्णांचे कुडींत सगले जमनीर बशिल्ले.

राखलाच्या बापायचो मांव देवाचो भक्त. तांणी श्रीरामकृष्णांक विचारलें, ''महाराज, गृहस्थी म्हणून रावनय ईश्वराचो लाव जावं येता?''

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) कित्याक जावचो ना? संवसारांत चिखलांतल्या नुस्त्यां प्रमाण रावात. चिखलांतलें नुस्तें चिखलांत रावता पूण आंगाक चिखोल मात लागूंक दिना. वा एकाद्रे जारिणी भशेन रावात. ती घरचीं सगलीं कामां करीत आसता, पूण मन मात तिगेलें लागिल्लें आसता जारा कडेन. ईश्वरा कडेन मन दवरून संवसांरांतलीं सगलीं कामां करीत रावात. पूण हें सामकें कठीण. हांवें ब्राह्मसमाजांतल्या लोकांक सांगलें, 'जे कुडींत लोणच्याचीं बुंयांवां, उदकाची कळशी दवरल्या, ते कुडींत टायफोयडाचो रोगी. मागीर वायटकार बरो जावपाची अपेक्षा तूं कशी करता?'

मसाल्याच्या लोणच्याची फकत याद केली तरी तोंडाक उदक सुट्टा. दादल्याक अस्तुरी म्हणल्यार लोणचें आनी मनशांतली विशय तृश्णा तर सदांचीच. विशय तृश्णा म्हणचे टायफोयडाच्या रोगाची उदकाची तान. हे तृश्णेक अंत ना. दिसांजोर रोगी बडबडटा, ''हांव एक कळशी उदक पियेतलों''. मोठी वायट दशा. संवसारांत चोंय कडेन गोंदळच गोंदळ. हेवटेच्यान येशी तर खोरें मारतलों, थंयच्यान वचशी तर सान्न शेंवटून मारतलों आनी तेवटेच्यान वचशी तर जोत्यांनी मारतलों. असलो

सगलो कारभार. ते भायर निर्जन सुवातेर गेले बगर परमेश्वराचें चिंतन जमपाचें ना. शेट अलंकार करपा खातीर भांगर वितळटा. पूण तो ताचें काम कशें करतलो? ताका मदीं खूब त्रास दिलो जाल्यार?

तांदूळ कांडपाचे आसात. एकोडेच बसून ते कांडूंक जाय. तांदूळ कितले नितळ जाल्यात काय म्हूण पळोवपाक ते परत परत हातार घेवन पळोवचे पडटात. पूण कांडटां कांडटां जर परत परत तुका आफयलो तर कांडप्यान कांडपाचें तरी कशें?

उपाय – तिव्र वैराग्य. पयलींची जीण आनी गंगाप्रसादांची भेट

एक भक्त: महाराज, तर मागीर हाचेर उपाय कितें?

श्रीरामकृष्ण: उपाय आसा. तिव्र वैराग्य आसत तर काम जातलें. जी गजाल सत्य ना अशें जर पटलें तर ते वस्तूचो त्याच वेळार निश्चयान त्याग करपाचो. एक खेपो हांव खुबूच बरो नाशिल्लों. तेन्ना म्हाका गंगाप्रसाद सेन वैजा कडेन घेवन गेले. तांणी म्हणलें, 'हांव वखद दितां पूण उदकाचो थेंब लेगीत पियेवपाक जायना. दाळमाच्या रोसाचेर रावचें पडटलें'. सगल्यांक विचार पडलो, उदका बगर हो रावूंक हाका जमतलें काय ना? हांवें ठामपणान थारायलें, हांव उदक कसोच पियेवपाचों ना. विचार केलो, हांव तर परमहंस आसां. हांव बदक न्हय. हांव आसां राजहंस. हांव दुदाचेर रावतलों. कांय दीस निर्जन सुवातेर रावूंक जाय.

आपालिपा खेळांत भोज्जाक एक खेपो हात लायलो म्हणटकच तुका आनीक कोणाच्यान धरूंक नजं. भांगर जायात आनी मागीर तुमकां जाय थंय रावात. निर्जन सुवातेर रावून एक खेपो भक्तीचो लाव जातकच, ईश्वराचें दर्शन जातकच, मागीर संवसारांत लेगीत रावूं येता. (राखालाच्या बापायक) देखुनूच ह्या भुरग्यांक हांगा राव म्हणटां. कित्याक तर हांगा कांय दीस रावले उपरांत तांचे मदीं ईश्वरी प्रेम उत्पन्न जातलें. मागीर संवसारांत संवसारी म्हणून जीण जगपाक कसलीच हरकत ना.

पापपुण्य – संवसार रोगाचेर रामबाण वखद – संन्यास

एक भक्त: जर ईश्वरूच सगल्यां खातीर कारणीभूत आसा तर मागीर बरेंवायट, पापपुण्य हे विशीं लोकांनी कित्याक उलोवचें? कित्याक तर, पातक लेगीत मनीस ईश्वराचेच इत्शेन करता, अशें न्हय?

दुसरो भक्त: ईशवराची इत्सा कितें आसा हें आमकां कशें कळपाचें?
श्रीरामकृष्ण: जगांत पापपुण्य आसा हे विशीं दुबावूच ना. पूण भगवान स्वता मात ते पसून अलिप्त आसा. हवेंत सुगंध आसता तसो दुर्गंधूय आसता. पूण हवा मात अलिप्त आसता. देवाचे सृश्टीचें स्वरुपूच अशें आसा की तातूंत बरें-वायट, धर्म-अधर्म सगलेंच आसता. झाडां मदीं - कांय आंब्यांचीं, कांय पणसांचीं झाडां आसतात न्हय, तशेंच हें. संवसारांत दुश्टांची लेगीत गरज आसा. समजा एका भाटांत दुश्ट भागेली आसा तर थंय भाटकाराक दुश्ट गुंडूच धाडचो पडटलो. मागीर सगलें सारकें जातलें.

परत संवसारी मनशा विशीं उलोवप सुरू जालें.

श्रीरामकृष्ण: (भक्तांक) संवसारांत राविल्ल्यान मनाची शक्त नाका थंय वता. ही मानसीक शक्त जी ना जाता ती भरून काडपाक मनशान संन्याश्याची जीण आपणावंक जाय. पयलो जल्म बापूय दिता. ताचो दुसरो जल्म मुजी वेळार जाता. आनीक एक खेपो ताचो जल्म जाता तो संन्यास घेता तेन्ना. कामिनी आनी कांचन ह्यो धर्म जिणेंतल्यो दोन आडखळी. अस्तुरी विशीं आसक्ती साधकाक ईश्वराच्या मार्गा कडल्यान पयस व्हरता. मनशाचें पतन केन्ना जाता हें ताका कळना. एक खेपो किल्ल्यांत वतालों. वतना देंवती लागल्या म्हूण कळळें लेगीत ना. गाडी जेन्ना किल्ल्यांत पावली तेन्ना आमकां कळळें, आमी कितले सकयल पावल्यात तें! आवय! अस्तुरी दादल्याक कितली मोहांत उडयता! ताका कितेंच समजूंक दिना. कॅप्टन म्हणटा, 'म्हजी बायल खूब शाणी'. जाका भूत लागता ताका केन्नाच कळना, आपणाक भूत लागलां म्हूण. तो म्हणटा, 'कितें? हांव तर बरो आसां.'

भक्त हें सगलें शांततायेन आयकताले.

श्रीरामकृष्ण: संवसारांत फकत कामवासने पसून भंय आसता अशें न्हय. ते भायर क्रोध आसाच. कामनेच्या मार्गांत आडखळ आयली जाल्यार क्रोध येता.
म: जेवतना केन्ना केन्नाय एक माजर आपल्या दावखुलांनी म्हज्या ताटांतल्यान नुस्त्याकुडको व्हरता. तरीपूण हांव कांयच म्हणिना.
श्रीरामकृष्ण: अशें कित्याक? एक वेळ ताचेर बरें थापट मारल्यार जाता. तातूंत दोश कसलो? संवसारी मनशान फुस्स करचें. वीख मात ओंकचें न्हय. कोणाचेंच

केन्नाच वायट करचें न्हय. पूण दुस्मानाचे तावडेंतल्यान सुटका करून घेवपाची आसत जाल्यार रागाचो देखावो करूंक जाय. ना तर दुस्मान येवन तुमचेंच वायट करतलो. पूण संन्याश्यांक फुस्स करपाची लेगीत गरज ना.

एक भक्त: महाराज, संवसारांत रावन ईश्वराचो साक्षात्कार करून घेवपाक संवसारी मनशाक खूब कठीण. तुमी म्हणटात तशें कितल्या लोकांक वागपाक जमतलें? म्हाका तरी एकूय मेळना.

श्रीरामकृष्ण: शक्य ना कशें? हांवें स्वता डॅप्युटी मॅजिस्ट्रेट प्रताप सिंह हांचे बद्दल आयकलां. खूब बरो मनीस. दान, ध्यान, ईश्वरभक्ती अशे जायते गूण तांचे भितर आसात. म्हाका एक फावट ताणें आफयिल्लो. असले लोक आसतातच.

साधनेची गरज – गुरू वाक्याचेर विश्वास – व्यासाचो विश्वास

श्रीरामकृष्ण: साधना करपाची खूब गरज आसा. साधना करतकच जैत कित्याक मेळचें ना? खर विश्वास आसत जाल्यार मागीर चड त्रास घेवपाची गरज ना. गुरू वाक्याचेर विश्वास दवरूंक जाय. एक खेपो व्यासदेव यमुना न्हंयचे पलतडीं वचपाचे आशिल्ले. इतल्यांत थंय गोपी आयल्यो. त्या गोपींक लेगीत यमुना पलतडीं वचपाचें आशिल्लें. पूण व्हडें काय थंय दिसनाशिल्लें. तेन्ना तांणी व्यासाक म्हणलें, 'महाराज, आतां आमी कितें करपाचें?' व्यासान जाप दिली, 'कांय हरकत ना. हांव तुमकां पलतडीं पावयतां. पूण म्हाका खूब भूक लागल्या. तुमचे कडेन कितें खावपाक आसा?' गोपीं लागीं दूद, धंय, लोणी अशें बरेंच कितें आशिल्लें. व्यासान तें सगलें खालें. खावप जाले उपरांत गोपींनी विचारलें, 'महाराज, आतां न्हंये पलतडीं वचपाचें कशें कितें?' तेन्ना व्यासदेव यमुनेचे देगेर वचून उबे रावले आनी तांणी म्हणलें, 'ए यमुने, हांवें जर आयज कांयच खाल्लें नासत तर तुजें उदक दोनय कुशींनी वचून मदीं वाट जातली. अशें करतकूच आमकां सगल्यांक त्या मार्गान पलतडीं वचूंक मेळटलें.' व्यासान अशें म्हणटकच उदक कडेक सरलें. हें पळोवन गोपी सामक्यो अजापीत जाल्यो. त्यो तांचे भितर म्हणूंक लागल्यो, 'हांणी आतांच इतलें खालां आनी म्हणटात, हांवें जर आयज कांयच खाल्लें नासत...'

श्रीरामकृष्ण: हाकाच म्हणटात खर विश्वास. व्यासदेवांक सामको विश्वास आशिल्लो. ताणें स्वत: तें खांवक ना पूण ताच्या काळजांत जो नारायण आसा ताणें तें सगलें खालां. शंकराचार्य एक व्हड ब्रह्मज्ञानी आशिल्ले. हातूंत दुबाव ना. तरीपूण पयलीं

पयलीं तांचे भितर भेदबुद्द आशिल्ली. सगलें विश्वब्रह्मांड ब्रह्ममयीच आसा असो खर विश्वास तेन्ना तांचे भितर नाशिल्लो. एक खेपो ते गंगेर न्हावन परत येताले. अशा वेळार तांणी एका चांडाळाक मांस आशिल्लो खोंटलो घेवन पळयलो. कळनासतना त्या चांडाळाचो स्पर्श तांकां जालो. ते बराबर ते रागान आडुले, 'कोण रे तूं? तूं म्हाका आफुडलो मरे?' खाटकान जाप दिली, 'भगवान, तुमी म्हाका आफडूंक नात आनी हांवूय तुमकां आफडूंक ना. जो शुद्ध आत्मो परब्रह्म तें शरीर न्हय. तीं पांच तत्वांय न्हय वा चोवीस तत्वांय न्हय. शंकराचार्यांचे तकलेंत उजवाड पडलो. जडभरत, राहुगण राजाची पालखी व्हरतालो. तेन्ना आत्मज्ञानाच्योय गजाली उलयतालो. तेन्ना राजा पालखेंतल्यान सकयल देंवलो आनी ताणें तांकां म्हणलें, 'तुमी कोण? कृपा करून सांगात'. जडभरतान जाप दिली, 'हांव नेति नेति शुद्ध आत्मो.' ताका खर विश्वास आशिल्लो आपूण शुद्ध आत्मोच म्हणपाचो.

श्रीरामकृष्ण आनी योगाचें गुपीत
ज्ञानयोग आनी भक्तीयोग

श्रीरामकृष्णः 'हांव तो, हांव शुद्ध आत्मो'. हें जालें ज्ञानी लोकांचें मत. भक्त म्हणटा, हें विश्वब्रह्मांड भगवंताचेंच ऐश्वर्य. ताचोच म्हयमो. ऐश्वर्या बगर गिरेस्तांक कोण वळखता? पूण साधकाची भक्ती पळोवन धादोशी जावन भगवान म्हणटलो, 'तूं म्हणचेच हांव' ही वेगळी गजाल. राजा आपणाल्या दरबारांत बसला. अशा वेळार ताचो रांदपी वचून जर ताच्या आसनार बसलो आनी म्हणपाक लागलो, 'राजा तूं जो आसा तोच हांव आसां' तर लोक ताका पिशांत काडटले. पूण ताची सेवा पळोवन खोशी जावन राजान एक दीस जर ताका म्हणलें, 'आरे, तूं म्हजे म्हऱ्यांत येवन बस. तुज्यांत आनी म्हज्यांत कांयच फरक ना. तातूंत कांयच दोश ना.' आनी मागीर तो वचून राजा म्हऱ्यांत येवन बसत तर तातूंत कांयच वायट ना. सरसामान्य मनीस जर म्हणीत, 'हांवूच तो' तर तें बरोबर न्हय. न्हंयचें ल्हार अशें आमच्यांनी म्हणूं येता पूण ल्हारांची न्हंय अशें म्हणूं येता?

निश्कर्श असो की मन थीर नासल्यार योग जमपाचो ना. मागीर तुमी खंयचोय मार्ग आपणायात, मन योग्याच्या ताब्यांत आसता. योगी मनाच्या ताब्यांत नासता.

मन थीर जाल्यार प्राणवाय थीर जाता. कुंभक जमता. कुंभक भक्ती योगानय साध्य जावं येता. भक्तीन प्राणवायच्यो क्रिया थीर जातात. संकिर्तन करपी 'निताई आमचो

मस्त हती, निताई आमचो मस्त हती' म्हणून गावंक लागता. गायतां गायतां जेन्ना भावनेचो नेट वाडटा तेन्ना हें सगलें ते म्हणूंक पावनात. फकत 'हती, हती' म्हणटात आनी भावना आनीक खर जातकूच मागीर फकत 'ह', 'ह' इतलेंच म्हणटात. भावने खातीर प्राणवाय थीर जाता, आनी उपरांत कुंभक जाता.

समजा, एकलो आंगणांत सान्न मारता, अशा वेळार दुसऱ्यान येवन ताका सांगलें, 'आगा! तो अमको अमको आसा न्हय तो भायर पडलो.' मरण पाविल्लो मनीस त्या झाडू मारप्याचो कोण नातलग नासत तर ताचें सान्न मारपाचें काम चालूच उरतलें. मदींच तो म्हणटलो, 'आरेरे! खूब वायट जालें! मेलो बावडो! बरो मनीस आशिल्लो.' हेवटेच्यान सान्न मारप चालूच आसता. पूण तोच मेल्लो मनीस ताचो नातलग आसत जाल्यार ही खबर आयकना फुडें ताच्या हातांतली सान्न सकयल पडटा आनी तोंड 'आं' करून फट करून तो जमनीर बसकण मारता. त्या वेळार प्राणवाय थीर जाता. खंयचेंच काम वा विचार तो करूंक पावना. तुमी पळोवंक ना, बायलां मदींच जर एक बायल खुबूच अजापीत जावन कांयच उलयनासतना वा आयकनासतना पळयत रावली तर बाकीच्यो बायलो म्हणटात, समाधी लागली काय कितें? ते बायलेचो लेगीत प्राणवाय थीर जाल्लो आसता. म्हणुनूच एक उतर लेगीत तोंडांतल्यान काडिनासतना आं करून ती उबी रावता.

ज्ञानी मनशाचें लक्षण
साधक, सिद्ध आनी नित्य सिद्ध

'सोहम, सोहम' करुनूच उपेग ना. ज्ञानी मनशाचीं कांय लक्षणां आसात. नरेंद्राचे खूब मोटे दोळे. (एका भक्ता कडेन बोट दाखयत) हाच्या कपलाची आनी दोळ्यांची बसका लेगीत बरी आसा. आनी सगल्यांची एकूच अवस्था आसूं नजं. जीव चार तरांचे आसतात. बद्ध जीव, मुमुक्ष जीव, मुक्त जीव आनी नित्य जीव. सगल्यांकूच अध्यात्मीक साधना करची लागता अशेंय ना. सिद्ध पुरूश दोन तरांचे आसतात. एक नित्यसिद्ध आनी दुसरो साधनसिद्ध.

कांय जाणांक खूब साधना केले उपरांत ईश्वराचो साक्षात्कार जाता. तर कांय जाण जल्मताच सिद्ध आसतात. नित्यसिद्धां भितरलो प्रह्लाद हो एक आसा. प्रह्लादा सारके नित्यसिद्ध लेगीत प्रार्थना आनी ध्यान करतात. पूण तांकां साधना करचे पयलींच ईश्वरी साक्षात्कार जाल्लो आसता. दुदी पयलीं फळ आनी मागीर फूल तसो.

(राखालाच्या बापाय कडेन पळयत) नित्यसिद्ध सकयल्या कुळांत जरी जल्मलो तरी तो आजल्म सिद्धच आसता. तातूंत बदल कांयच जायना. चणो शेणांत जरी पडलो तरी झाड चण्याचेंच जातलें.

खाशेली शक्त आनी विद्यासागर. पोकळ पांडित्य

परमेश्वरान कोणाक उणी जाल्यार कोणाक चड शक्त दिल्या. एका मनशांत तूं दिव्याचो उजवाड पळयता तर दुसऱ्या मनशांत बेटरे दिव्याचो उजवाड. विद्यासागराचें एकूच वाक्य आयकून ताचे बुद्दीचो थाव हांव वळखलों. हांवें म्हणलें देवाची शक्त वेगवेगळ्या जिवांनीं वेगवेगळ्या प्रमाणांत आसता. तेन्ना तांणी म्हाका म्हणलें – 'महाराज, तर मागीर कितें देवान कांय जाणांक दुसऱ्यां परस चड शक्त दिल्या अशें म्हणटात?' ताचेर हांवें रोखडेंच म्हणलें, 'हय तर, खात्रेन दिल्या. शक्त चड उण्या प्रमाणांत नाशिल्ली जाल्यार मागीर तुमचें इतलें कशें नांव जालां तर? तुमी जाणात, तुमची ही विद्या, तुमची दया ह्या सगल्या गुणां खातिरूच न्हय आमी तुमचे कडेन आयल्यात! ना तर तुमकां कितें दोन शिंगां आसात?' विद्यासागरांची इतली विद्वत्ताय! इतलें नांव तांणी मेळयलें पूण भुरग्यां भशेन उलयताले. देवान कितें, कांय जाणांक चड आनी कांय जाणांक उणी शक्त दिल्या म्हणटा? सत अशें आसा, जेन्ना खारवी तागेले जाळें भायर काडटा तेन्ना पयलीं व्हडलें नुस्तें जशें विसवण, मेळटा तशें उखलून कडेक दवरता. मागीर पांयांनी चिखोल धवळटा. तेन्ना भितर लिपिल्लीं ल्हान ल्हान नुस्तीं भायर येतात. ईश्वराक जाणा जावन घेतलो जाल्यार ल्हवू ल्हवू भितरलीं ल्हान नुस्तीं भायर येतलीं. पोकळ पंडीत जावन कितें मेळटलें?

अध्याय : एकेचाळीस

दक्षिणेश्वर
तांत्रीक भक्त आनी संवसार
निर्लिप्त रावनूय भंय आसाच

जून 17, 1883. आयतार. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वरा कडले तांगेले कुडींत विसव घेताले. अधरान आनी मन येवन तांकां नमस्कार केलो. एक तांत्रीक भक्तय आयलो. राखाल, हाजरा, रामलाल आनी हेर ह्या दिसांनी श्रीरामकृष्णां म्हऱ्यांत रावताले.

श्रीरामकृष्ण: (भक्तांक) संवसारांत रावनूय अध्यात्मीक प्रगती कित्याक जावची न्हय? पूण ती खूब कठीण. जनका भशेन रुशी ज्ञान प्राप्त जाले उपरांत संवसारांत भितर सरले. तरी लेगीत संवसारांत भंय आसाच. निश्कामपणान काम करपी संवसारी मनशाक लेगीत जतनाय घेवंक जाय. एक खेपो एक भैरवी दिश्टी पडटकूच जनकान मान सकयल घाली. अस्तुरेक पळोवन तो आंखुडलो. ताचेर भैरवीन म्हणलें, 'जनका, अशें दिसता की तुका अजुनूय ज्ञान जावंक ना. अजून लेगीत अस्तुरी - पुरूश हांचे मदीं तूं भेदभाव करता.'

काजळान भरिल्ले कुडींत भोंवतना तुमी कितलेय चतुरायेन जतनाय घेतली तरी इल्लो तरी काळो दाग आंगाक लागतलोच लागतलो. हांवें पळयलां, संवसारी गृहस्थी सोंवळें न्हेसून पुजा करता. खूब व्हडलो भक्तीभाव आसता ताचो. इतलेंच न्हय, पुजा सोंपतकूच प्रसाद खाय मेरेन ताचो तोच भाव आसता. पूण पुजा सोंपली रे सोंपली परतोय तो पयलींचोच जाता. पयलीं भशेनूच राजस आनी तामस भाव दाखयता.

सत्वगुणांतल्यानूच भक्ती उत्पन्न जाता. पूण भक्तींत लेगीत सत्व, रज आनी तम गूण आसतात. भक्तींतलो सत्वगूण शुद्धसत्व आसता. एक खेपो भक्तांक हो प्राप्त जालो की तांचे मन ईश्वरा बगर हेर कित्यांतूच रमना. शरीर राखपा पुरतेंच तांचें शरिरा कडेन लक्ष आसता.

परमहंस त्रिगुणातीत
कर्मफळ आनी पापपुण्य तांकां लागना
केशव चंद्र सेन आनी समाज

पूण परमहंस तिनूय गुणांचे पलतडीं आसतात. तांचे कडेन हे तिनूय गूण आसतात. पूण वेव्हारांत नाशिल्ले भशेनूच, एकाद्र्या ल्हान भुरग्या भशेन अवस्था. खंयच्याच गुणांच्या ताब्यांत नात. हेच खातीर परमहंस ल्हान भुरग्यांक तांचे लागीं येवपाक दितात. तांचो सभाव आत्मसात करचो म्हूण.

परमहंस संचय करूंक वचना. पूण हो नेम संवसारी मनशांक लागू ना. तांकां तांच्या कुटुंबाच्या पोशणा खातीर संचय करपाची गरज आसता.

तांत्रीक भक्त: परमहंसांक पाप पुण्य हांचो बोध आसता?

श्रीरामकृष्ण: केशव सेनांनीय म्हाका होच प्रश्न विचारिल्लो. हांवें म्हणलें, 'आनीक चड हाचेर सांगलें तर तुमचो समाज उरपाचो ना.' तांणी म्हणलें, 'अशें आसत तर हांगाच उलोवपाचें थांबोवया.'

पापपुण्याचें म्हत्व कितें खबर आसा तुमकां? परमहंसांक सामकें दिसता, देवूच आमकां बरी मत दिता. आनी तोच आमकां वायट मतीय दिता. तुमी पळोवंक ना, गोडय फळां आसात आनी कोड्य फळां आसात. कांय रूख गोड फळां दितात तर कांय रूख कोडू तर कांय आंबट फळां दितात. परमेश्वरान आंब्यांचें झाड निर्माण केलां जें तुका गोड फळां दिता आनी दुसरें वटेन चिंचेचें झाड केलां जें तुका आंबट फळ दिता.

तांत्रीक भक्त: हय महाराज, खरें तें. दोंगरार उबे रावन पळयल्यार गुलाबाचे मळे नदर पावता थंय मेरेन दिश्टी पडटात.

श्रीरामकृष्ण: बरें वायट, पाप पुण्य, सत आनी असत हें सगलें ईश्वराचेच मायेचें ऐश्वर्य. पूण हें सगलें खूब गूढ गंभीर. पयसुल्ले विचार. ते अवस्थेंत समाज बी एकठांय राखप जायना म्हणपाचें परमहंसाक समजल्लें आसता.

तांत्रीक भक्त: पूण कर्मफळ आसा काय ना?

श्रीरामकृष्ण: तें लेगीत आमाच न्हय. बरें कर्म केल्यार बरें फळ मेळटा. आनी वायट कर्म केल्यार वायट फळ. मिरसांगो खातकच तुमकां तिखट हुलोप लागचो ना? पूण ही सगली देवाची लिला. ताचोच खेळ.

तांत्रीक भक्त: तर मागीर आमकां मार्ग खंयचो? आमकां पूर्व कर्मांचें फळ भोगचेंच पडटलें न्हय?

श्रीरामकृष्णः तें तशें आसत, पूण देवाच्या भक्तांची गजाल वेगळी. गीत आयकातः

मना, शेत कशें लायतात तें तुका खबर ना
देखुनूच शेत पडंग उरलां तुजे जिणेचें.
फकत तुवें तातूंत वावर केल्लो जाल्यार
कितलें गिरेस्त पीक तुका मेळपाचें

कालीच्या नांवान ताका वंय घाल
तुजें पीक तुका राखूंक जाय जाल्यार,
हीच सगल्यांत घट अशी वंय,
यमाक लेगीत तिचे सरीं येवंक भंय.

केन्ना ना केन्ना दीस येतलो
हें तुजें मोलादीक शेत सोडून वचपाचो;
म्हणून जाता तितलें पीक काड;
बीं म्हणून तुज्या गुरून दिल्ल्या
ईश्वराचें पवित्र नाम रोय
विश्वासान ताका भक्तीचें उदक घालून.
आनी तुका जर हें काम कठीण दिसता आसत
तर रामप्रसादाक तुका पालव दिवंक आफय.

ते परत गावंक लागलेः

यमाचो येवपाचो मार्ग हांवें बंदूच करून उडयला.
म्हज्या मनांतले सगले दुबाव आनी भंय सदां काळचे ना जावन गेल्यात
म्हज्या घराच्या णव दारांचेर शिव स्वताच राखण करता
घराक आधाराक एकूच खांबो आसून तीन दोरयांनी तें राखून दवरलां
मस्तकाच्या हजार पाकळ्यांच्या साळकांत भगवानान राबितो केला,
आनी थांबनाशिल्ले जतनायेन तो म्हाका थाकायता.

श्रीरामकृष्ण फुडें सांगूंक लागले.

"जो कोण काशींत मरता, जावं ब्राह्मण, जावं वेश्या तो शिवच जातलो. जेन्ना हरीनामान वा कालीनामान वा रामनामान मनशाचे दोळे भरून येतात तेन्ना ताका संध्या आनी हेर विधी करपाची गरजच उरना. सगलीं कर्मां आपशींच गळून पडटात. कर्मफळ ताका हात लावंक पावना."

अशें म्हणून ते परत गावंक लागलेः

जशें मनशाचें ध्यान, तशी ताची प्रेम जाणीव;
जशी मनशाची प्रेम जाणीव, तसो ताचो लाव;
आनी सगल्याचें मूळ, विश्वास.
कालीच्या चरणांच्या अमृत तळ्यांत,
म्हजें चित्त जर उरत बुडून
तर मागीर पुजा, होम, याग हांचो कितें लाव?

तांणी मागीर आनीक एक गीत गायलेंः

काली काली म्हणीत जर म्हजो प्राण वचपाचो आसत
तर मागीर गया, गंगा, काशी, कांची वा प्रभास
तिर्थांक हांव कित्याक वचूं?

मागीर तांणी म्हणलें, "जेन्ना मनीस ईश्वरा लागीं तद्रूप जाता, तेन्ना मागीर ताचे भितर असत बुद्द वा पापबुद्द उरना."

तांत्रीक भक्तः तुमी म्हणलां ते प्रमाण तांचे भितर फकत विद्येचो 'हांव' उरता.

श्रीरामकृष्णः हय. ताचे भितर 'विद्येचो हांव', 'भक्त हांव', 'दास हांव', 'बरो हांव' बाकी उरता. 'दुष्ट हांव' थंयच्यान नाच्च जाता.

तांत्रीक भक्तः महाराज, आयज आमचे जायते दुबाव ना जावन गेले.

श्रीरामकृष्णः आत्म्याचो साक्षात्कार जाले उपरांत सगले दुबाव ना जातात. भक्तीचो तमभाव आंगांत बाळगुचो आनी म्हणचें, कितें? हांवें रामाचें नांव घेतलां, कालीचें नांव घेतलां, तरी लेगीत हांव बद्ध जातलोंच कसो? म्हाका कर्म सिद्धांत लागू जातलोच कसो?

श्रीरामकृष्ण गावंक लागलेः

दुर्गेचें नांव घेतां घेतां हांवें जीव सोडलो जाल्यार,
ए सुभागिणी, तूं कशी
आडायतली म्हजी मुक्ती
हांव आसलों जरी दळिद्री?
चोरला आसत हांवें एक घोंटभर सोरो
वा जल्माक येवं नाशिल्लें मारलां आसत
वा बायलेक मारल्या आसत वा गायेक
वा ब्राह्मणाच्याय मरणाक कारण जालां आसत
पूण हें सगलें खरें आसून लेगीत
हातूंतलें कितेंच म्हाका करिना अस्वस्थ
कारण तुज्या पवित्र नामाचे शक्तीनं
म्हजो दळडिरो आत्मो अजुनूय
मेळावंक पळयता ब्रह्मपद.

श्रीरामकृष्ण: विश्वास. विश्वास. विश्वास. एक खेपो गुरून शिश्याक सांगलें, 'रामच सगलें कितें जाला.' जेन्ना एक सुणो त्या शिश्याची भाकरी खावंक लागलो तेन्ना तें पळोवन ताणें म्हणलें, 'ए रामा, मातसो राव. हांव तुजे भाकरेक तूप लायतां.' गुरू वाक्याचेर ताचो खर विश्वास.

अर्थ नाशिल्ले लोक कित्याचेरूच विश्वास दवरिनात. ते सदांच दुबाव घेतात. पूण एक खरें, आत्म्याचो साक्षात्कार जाय मेरेन दुबाव पुरायेन पयस जायना.

देवाचेर शुद्ध मोग जेन्ना आसता तेन्ना थंय कसलीच वान्सा नासता. अशे शुद्ध भक्तीनूच ईश्वराचो रोखडोच साक्षात्कार जाता. सिद्धी मेळोवप ही वान्साच जावन आसा. श्रीकृष्णान एक खेपो अर्जुनाक म्हणलें, 'इश्टा, आठ सिद्धीं भितरली एक सिद्धी लेगीत जर तुका मेळत तर ईश्वराचो साक्षात्कार तुका जावंक पावना. सिद्धी मेळत जाल्यार तुजी इल्ली शक्त वाडत, इतलेंच.'

तांत्रीक भक्त: महाराज, हालींसराक तंत्रीक क्रियांक फळ मेळना. अशें कित्याक जाता?
श्रीरामकृष्ण: त्यो योग्य रितीन जायनात आनी भक्तीनय जायनात. म्हणून फळय मेळना.

उलोवप सोंपतकच श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''ईश्वरा विशीं मोग ही सामकी पुळावी गरज. ईश्वराच्या खऱ्या भक्ताक कित्याचोच भंय ना. आनी कसलीच चिंता ना. जगन्माता जगदंबा सगलें कितें जाणा म्हणपाचें ताका खबर आसता. माजर हुंदराक एके तरेन हाताळटा आनी स्वताच्या पिल्लांक वेगळे तरेन.''

अध्याय : बेचाळीस

भक्तां वांगडा पानिहाटीच्या महोत्सवांत श्रीरामकृष्ण

जून 18, 1883. सोमार. श्रीरामकृष्णांक कलकत्ता लागसार आशिल्ल्या पानिहाटीच्या धर्मीक उत्सवाक आफयिल्ले. रघुनाथ दासांनी हो फोवां उत्सव सुरू केल्लो. दास श्रीचैतन्याचे शिश्य. अशें म्हणटात, रघुनाथ घरांतल्यान पळून वचून एकटेच भक्तींत मग्न जाताले आनी ईश्वरी आनंद भोगताले. एक दीस नित्यानंदांनी तांकां म्हणलें, 'चोर! तूं घरांतल्यान पळून वता आनी एकटोच ईश्वरी आनंद भोगता. आयज हांव तुका ख्यास्त करतलों. तुवें हो धर्मीक उत्सव फोवांचो कालो करून सगल्या भक्तांक आफोवन सुरू करूंक जाय.' त्या दिसा सावन सगले वैश्णव हो उत्सव वर्सान वर्स पानिहाटीक मनयताले. श्रीचैतन्याचे हजारांनी भक्त तातूंत वांटो घेताले. उत्सवाचें खाशेलपण म्हणल्यार हरीनाम संकिर्तन आनी हरीगूण गावन मग्न जावन नाचप. गंगेचे देगेर बांदिल्ल्या राधाकृष्णाचें देवूळ ह्या उत्सवाचें मुखेल केंद्र आशिल्लें.

मणी सेनांनी श्रीरामकृष्णांक ह्या उत्सवाक आफयिल्ले. गाडयेंत श्रीरामकृष्णां वांगडा राम, म, राखाल, भवनाथ आनी हेर कांय भक्त गेल्ले. पानिहाटीक वतना श्रीरामकृष्ण मजेंत आशिल्ले आनी भुरग्यां बराबर मस्करी फकाणां करताले.

पनिहाटीच्या उत्सवांत श्रीरामकृष्णांची भावना

श्रीरामकृष्ण उत्सवाचे सुवातेर पावले बराबर ते एकटेच गर्देंत रिगले. भक्त तर सगले अजापीत जावन गेले. ते नवद्वीप गोस्वामी मणी सेनांच्या गुरूंच्या किर्तन पंगडाक वचून मेळ्ळे आनी नाचूंक लागले. ते जगाक सामके विसरून गेले. मदीं मदीं ते समाधींत वताले. ते जमनीर पडत म्हूण नवद्वीप गोस्वामी तांकां आधार दिताले. उत्सवाक

हजारांनी भक्त जमिल्ले. जंय नदर वता थंय मनशांचें रान दिसतालें. श्रीरामकृष्णांचे भक्तीचे खर भावनेन जमो सामको भारावन गेल्लो आनी ईश्वराच्या नामाच्या गजरान सामको हालतालो, धोलतालो आनी सगलें वातावरण हरीनामाच्या गजरान घुमतालें. टाळ, मृदंग, हांच्या आवाजान वातावरण कशें भक्तीमय जाल्लें! वातावरण कशें भक्तीन भरून गेल्लें! सगल्या भक्तांक अशें दिसलें की श्रीरामकृष्णांच्या रुपांत गौरांग स्वताच अवतार घेवन नाचता. चोंय वटेन फुलांचो पावस तांच्या पांयांचेर आनी माथ्यार जातालो. हरिनामाचो गजर तर दर्याचो गाज कसो चोंय वटेन पातळत वतालो.

श्रीरामकृष्ण मदीं मदीं समाधींत वताले. खर समाधींत ते थीर उबे आसताले आनी तांच्या मुखार ईश्वरी सया मारताली. अर्दे भानार येतकूच श्रीरामकृष्ण नाचताले. केन्ना केन्ना मंद गतीन तर केन्ना केन्ना शिंवाच्या उन्मादान. अर्दे भानार येतकूच ते गावंक लागलेः

पळय, ते दोग भाव आयल्यात, जे रडटात हरीचें नाम गायतना,
जे भाव अत्यानंदांत नाचतात आनी हरीच्या नामान
संवसाराक नाचयतात!
तांकां पळय, आपूण रडटात, आनी सगल्या संवसाराकूय रडयतात,
जे भाव, धुमकायले तरी, पातक्यांक हरीचें नाम दितात.
तांकां पळय, हरीच्या प्रेमान बेबदे, संवसाराकूय बेबदे करतात!
पळय, ते दोग भाव आयल्यात, जे एकदां ब्रजाचे कनाय
आनी बलाय आसले,
ते जे गोपींच्या कळसुलांतल्यान लोणी फारायताले.
पळय, ते दोगूय आयल्यात, जे जातीकातींचे सगले नेम मोडटात,
दरएकल्याक भाव कसो वेंगावन, लोकांनी जाती भायले
केल्ल्यांक लेगीत;
जे सगलो संवासर पिसो करून हरीनामांत विरगळटात.

जे हरी सोडून दुसरे तिसरे कोण न्हय, आनी ताचें पवित्र नाम गायतात!
तांकां पळय, जगाई आनी मधाई ह्या गुंडांक पातकाच्या
मार्गांतल्यान वाटायतात,
ते जे दुस्मान आनी इश्ट म्हणून वेगळायनात!

त्या दोनूय भावांक पळय, गौर आनी निताई,
जे परतेय मनीसजातीक वाटावंक येतात

परत श्रीरामकृष्ण गावंक लागलेः

पळयात नादिया कशें हालता
गौरांगाच्या प्रेमाच्या ल्हारांनी!...

हो सगलो भक्तांचो चोंबो, मदीं श्रीरामकृष्णांक घेवन, राधाकृष्णाच्या देवळा कडेन वचूंक लागलो. खुबूच थोड्यांक भितर वचूंक मेळ्ळें. बाकीचे हेर दारा भायरूच रावले आनी एकांमेकांक धुकलीत श्रीरामकृष्णांचें दर्शन घेवपाक यत्न करूंक लागले. श्रीराधाकृष्णाच्या आंगणांत श्रीरामकृष्णांनी भावावस्थेंत परत नाचपाक सुरवात केली. मदीं मदीं ते समाधीमग्न जाताले. आंगणांत सारको हरीनामाचो गजर चलिल्लो तर तोच आवाज भायर मेरेन पावून हजारांनी लोक व्हडा व्हडान गजर करताले. होच आवाज गंगेच्या उदकांत यो-वच करपी बोटींतल्या लोकांच्या काळजांत घुमतालो आनी तेय बी व्हडा आवाजान हरीनामाचो गजर करताले.

हे प्रमाण संकिर्तन सोंपले उपरांत मणी सेनांनी श्रीरामकृष्णांक आनी नवद्वीप गोस्वामीक एके कुडींत व्हेले आनी तांकां प्रसाद, फळार दिवन तांची सेवा केली. मागीर राम, म आनी हेर भक्तांकय प्रसाद आनी फळार दिवन तांची सेवा केली.

नवद्वीप गोस्वामींक उपदेश

दनपरां श्रीरामकृष्ण हेर भक्तां वांगडा मणी सेनांच्या सालांत बसले. नवद्वीप लेगीत तांचे लागीं येवन बसले. मणी सेन श्रीरामकृष्णांक गाडयेचें भाडें दिवंक लागले. रामाक आनी हेर भक्तांक लेखून श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''ते कित्याक तुमचे कडच्यान भाडें घेतले? ते पयशे मेळयतात.'' मागीर ते नवद्वीप गोस्वामी वांगडा उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: भक्तीची पुराय वाड जातकच ताचें भावांत रुपांतर जाता. ताचे उपरांत म्हाभाव आनी मागीर प्रेम आनी निमणें ईश्वरी लाव. गौरांग म्हाभावांत आनी प्रेमाचे अवस्थेंत आसताले. हें प्रेम मेळटकूच भक्तांक जगाचो विसर पडटाच. इतलेंच न्हय तर स्वताची कूड जिचेर ताचो खूब मोग आसता, तिचो लेगीत ताका विसर पडटा. गौरांग

ह्याच प्रेमाचो अणभव घेतालो. दर्या पळोवन यमुनाच समजून ताणें तातूंत उडी घेतली.

सरसामान्य जिवांक म्हाभावाचो वा प्रेमाचो लाव जायना. ते 'भाव' मेरेन अणभव घेतात. गौरांग तिनूय अवस्थांचो अणभव घेताले, अशेंच न्हय?

नवद्वीपः हय महाराज. खरें तें. सामकी भितरली आवस्था, अर्द-जागृत अवस्था आनी जागृत अवस्था.

श्रीरामकृष्णः भितरले अवस्थेंत तो समाधीमग्न जातालो तेन्ना भायल्या जगा विशीं ताका भान नासतालें. अर्दजागृत अवस्थेंत तो फकत नाचूंक शकतालो. जागृत अवस्थेंत तो देवाच्या नांवांचो जप करतालो.

नवद्वीपान आपल्या पुताची वळख करून दिली. तो तरणाटो विद्यार्थी पवित्र शास्त्रग्रंथाचें अध्ययन करतालो. ताणें श्रीरामकृष्णांक नमस्कार केलो.

नवद्वीपः हो घरा शास्त्र अध्ययन करता. पयलीं ह्या देशांत वेदाची प्रत लेगीत पळोवंक मेळनाशिल्ली. मेक्स मूलरांनी ताचो अणकार केलो म्हणुनूच लोकांक ते वाचूंक तरी मेळ्ळे.

पांडित्य आनी शास्त्र

शास्त्राचो आपरोस समजून घेवंक जाय.

श्रीरामकृष्णः शास्त्राचो अती अभ्यास केल्यार बरें जावपाच्या बदला वायट जावपाची चड शक्यताय आसता. शास्त्राचो सार जाणून घेवप चड म्हत्वाचें. ते उपरांत पुस्तकाची कितें गरज? सार जाणून घेवंक जाय आनी तातूंत खोल बुडी मारूंक जाय. ईश्वराचो लाव जावपा खातीर हें करूंक जाय. म्हाका जगन्मातेन वेदान्ताचो सार समजावन दिला. तो असो, फकत ब्रह्म सत आनी जगत मिथ्या, धा खेपो गीता गीता म्हणटकच जें जाता तोच गीतेचो सार. उतर उरफाटें जाता. तें म्हणल्यार त्यागी. म्हणचे त्याग. गीतेचो सार असो आसा - ए मनशा, सर्वस्वाचा त्याग कर आनी ईश्वराचो साक्षात्कार जावपा खातीर अध्यात्मीक साधना कर.

नवद्वीपः पूण आमच्या मनाक त्याग करपाक कशें समजावपाचें?

श्रीरामकृष्णः तुमी गोस्वामी. देवळांत पुजारी म्हण रावपाचें तुमचें कर्तव्यच जावन आसा. तुमी संवसार त्याग करून उपेगाचें ना. नाजाल्यार देवळांतली पुजा आनी सेवा कोण करतलो? तुमी मनान त्याग करूंक जाय.

देवानूच लोकांक देख दिवपा खातीर तुमकां संवसारांत दवरल्यात. तुमी हजार खेपो

मनांत थारायशात. आपूण संन्यास घेतलों, पूण तें तशें जमपाचें ना. देवान तुमकां असो कितें सभाव दिला की संवसारांतलीं सगलीं कर्तव्यां तुमकां करचींच पडटलीं.

कृष्णान अर्जुनाक म्हणलें, 'अर्जुना! कितें म्हणटा! तूं झुजचो ना? तुज्यान फाटीं सरूंक जावचें ना. तुजो भावूच तुका झूज करूंक लायतलो.'

कृष्णान अर्जुनाचें नांव काडटा त्या खिणाकूच श्रीरामकृष्ण परत समाधी मग्न जाले. पळयतां पळयतां सगलें शरीर थीर जालें आनी दोळे खिळावन उरले. आनी स्वास जाता काय ना हें समजप लेगीत कठीण जालें. नवद्वीप गोस्वामी, तांचो पूत आनी हेर भक्त अजापीत जावन तांकां पळोवंक लागले. मातशे भानार येतकच तांणी नवद्वीपाक म्हणलें, ''त्याग आनी भोग. तुमी गोस्वामी कुळांतले. तुमचे भितर दोनय आसात. सध्याक तुमी फकत ताची प्रार्थना करपाची आनी अंतस्कर्णा पसून म्हणपाचें 'ए देवा, तुजे हे मनभुलयणे मायेचें ऐश्वर्य म्हाका नाका. म्हाका तूंच जाय.' भगवान तर सगल्यां भितर आसाच. मागीर भक्त कोणाक म्हणपाचें? जो देवा भितर रावता, जाचें मन, प्राण, अंतरात्मो, सगलें ताचेमय जालां तोच भक्त. ते पूर्णतायेन जागृत अवस्थेंत आयले आपले समाधी विशीं तांणी नवद्वीपाक म्हणलें, ''म्हजे समाधी अवस्थे विशीं कांय जाण म्हणटात की 'हो रोग आसा.' हांव तांकां अशी जाप दितां, 'जाच्या चैतन्यान सगलें जग चैतन्यमय जालां ताचें चिंतन करून कोण कसो अचेतन जातलो?'''

मणी सेनांनी आमंत्रीत ब्राह्मणांक आनी वैश्णवांक फावो त्या पयशांचीं भेट दिवन तयार केले. मागीर तांणी श्रीरामकृष्णांक पांच रुपया दिवचे केले.

आपूण पयशे घेवंक शकना अशें श्रीरामकृष्णांनी सांगलें. पूण मणीन आगरोच केलो. तेन्ना श्रीरामकृष्णांनी तांकां गुरूचो सोपूत घालून सांगलें, आपणांक आगरो करू नाका. मणींनी तांकां परत आगरो केलो. श्रीरामकृष्णांनी खंतीन मक विचारलें, हे पयशे आपणें घेवचे काय म्हूण? मन नापसंती दाखयली. तांकां म्हणलें, ''नाका महाराज, खंयचेच परिस्थितीत घेवं नाकात.'' मणींच्या इश्टांनी मागीर श्रीरामकृणां खातीर आनीक कांय मिठाय घेवपा खातीर ते पयशे राखाला कडेन दिले. श्रीरामकृष्णांनी मागीर मक म्हणले, ''हांवें मणीक ठामपणान सांगिल्लें, हांव पयशे घेवचों ना म्हूण. आतां हांव मेकळो जालां. राखालान ते घेतल्यात. आतां ती ताची जबाबदारी.''

उपरांत श्रीरामकृष्ण भक्तां सयत दक्षिणेश्वराक वचपा खातीर गाडयेंत बसले.

मातीशिलाचें देवूळ वतना रस्त्यारूच आशिल्लें. श्रीरामकृष्ण खूब दिसां सावन मक सांगताले तांकां घेवन एक खेपो त्या देवळाचे बागेंतली तळी पळोवपाक व्हर म्हूण. थंय ते मक निराकार देवाचें ध्यान कशें करचें हें शिकयतले आशिल्ले. थंय ते तळयेंत कितलींशींच नुस्तीं आशिल्लीं. त्या नुस्त्यांक कोणूच त्रास दिनाशिल्लो.

थंय येवपी लोक चिरमुल्यो आनी हेर जिनस उदकांत उडयताले. आनी व्हडलीं व्हडलीं नुस्तीं चोंब्यांनी थंय खावपाक येतालीं. आनी सगलीं नुस्तीं भियेनासतना मोट्या आनंदान उदकांत खेळत रावतालीं. थंय येवन श्रीरामकृष्णांनी मक म्हणलें, "ह्या नुस्त्यां कडेन पळय. निराकार देवाचें ध्यान करीत नुस्तीं जशीं आनंदान उदकांत पेंवतात, तेच भशेन चिदानंद दर्यांत आनंदान राव."

अध्याय : त्रेचाळीस

बलरामाच्या घरा
राखाल, म, हांचे सयत श्रीरामकृष्ण

जून 25, 1853. सोमार. श्रीरामकृष्ण आयज कलकत्ताक बलराम बाबूच्या घरा आयिल्ले. राखाल आनी म तांचे म्हऱ्यांतूच बशिल्ले. श्रीरामकृष्ण ईश्वरी आनंदांत आशिल्ले. ते भक्तां कडेन अर्दजागृत अवस्थेंत उलयताले.

श्रीरामकृष्णः हांव तुमकां खात्रेन सांगतां, सामकें मना पसून प्रार्थना केल्यार स्वस्वरुपाचें दर्शन जावंक शकता. मात ज्या प्रमाणांत विशयभोगाची वासना त्या प्रमाणांत स्वस्वरुपाचें दर्शन आडावतलें.

मः हय महाराज. तुमी सदांच सांगतात, देवाचे भक्तींत खोल उडी मारूंक जाय.

श्रीरामकृष्णः (आनंदान) हय. खरें तें. हांव तुमकां सांगतां. कसलोच आडवाद नासतना स्वस्वरुपाचें दर्शन सगल्यांक जावं येता.

मः तें खरें महाराज. पूण ईश्वरूच करतो. तो सगल्यां भितर रावन तरातरांनी ताचे शक्ती प्रमाण ईश्वरी रूप दाखयता. ईश्वर कांय जाणांक पूर्ण बोध दिता. तर कांय जाणांक अज्ञानांत दवरता.

स्वस्वरुपाची अनुभुती, ईश्वर साक्षात्कार वा
आत्मदर्शन हाचेर उपाय मना पसून प्रार्थना करप. नित्यलिला

श्रीरामकृष्णः ना. तशें न्हय तें. व्याकूळतायेन देवाची प्रार्थना करूंक जाय. कळवळ्यान प्रार्थना केल्यार देव ती प्रार्थना खात्रेन आयकता. ते विशीं दुबावूच ना.

एक भक्तः हय महाराज. आमचे मदीं 'हांव' हाची जाणीव आसा न्हय. म्हणून आमी प्रार्थना करुंकूच जाय.

श्रीरामकृष्णः (मक) ईश्वरी लिलेचो आलाशिरो घेत घेत नित्या मेरेन, पूर्ण सत्या मेरेन पावपाकूच जाय. सोपणांनी चडून माळयेर वचपा सारकें. एक खेपो नित्य. पूर्णसत्याचें दर्शन जाले उपरांत सकयल येवन ईश्वरी लिलेंत भक्तां वांगडा रावंक जाय. हें करता आसतना मन ईश्वरी भक्तींत सामकें भरून वचपें. हें म्हजें निमणें आनी परिपक्व मत. ईश्वराचीं तरातरांची रुपां, तो तरातरांच्यो लिला करता. ईश्वरलिला, देवलिला, मनीसलिला, जगतलिला. तो जिवांक भक्ती आनी प्रेम शिकोवपा खातीर धर्तरर मनीस रुपांत अवतार घेता. चैतन्याची देख घेयात न्हय. अवतार रुपासूय ईश्वरी प्रेमाचो आनी भक्तीचो आस्वाद घेवं येता. ईश्वराची लिला अपरंपार आसा. म्हाका गरज प्रेमाची, भक्तीची. म्हाका फकत दूद जाय. दूद गायचे होंटयेंतल्यान येता. अवतार म्हणचे गायेची होंटी.

श्रीरामकृष्ण अशें सुचयनात मूं? आपूण स्वताच ईश्वराचे अवतार आसात म्हूण. ते अशें सुचयतात काय. जांणी तांकां पळयलो तांणी ईश्वराचें दर्शन घेतलें म्हूण? चैतन्या विशीं उलयतना तांणी तें स्वता विशींच सांगूंक ना मूं?

अध्याय : चवेचाळीस

दक्षिणेश्वराक

हो जून 1883 तलो सामको गरमेचो दीस. दक्षिणेश्वरच्या शिव देवळाच्या सोपणाचेर श्रीरामकृष्ण बशिल्ले. म बर्फ बी घेवन आयिल्लो. आनी नमस्कार करून तांचे म्हऱ्यांत तो सोपणाचेरूच बशिल्लो.

ज्यॉन स्टुअर्ट मिल आनी श्रीरामकृष्ण
मनीस मर्यादा – बद्धजीव

श्रीरामकृष्ण: (मक) मणि मल्लिकाचो नातजांवय हांगा आयिल्लो. ताणें खंय एक पुस्तक वाचलें (ज्यॉन स्टुअर्ट मील हांचें आत्मचरित्र). ईश्वर तितलोसो ज्ञानी आनी सर्वज्ञ ना. नाजाल्यार जगांत इतलें दुख्ख कित्याक? मरणा विशीं सांगचें जाल्यार मनशाक एकदम मारून उडयल्यार बरें. ल्हव ल्हव ताचे हाल जावन मरपाची गरज कितें? तो बरोवपी फुडें म्हणटा, 'तो जर करतो आशिल्लो तर हाचे परस बरें जग तयार करून दाखयतलो आशिल्लो.'

म अजापीत जावन हें आयकतालो आनी तो कांयच उलयलो ना.

श्रीरामकृष्ण: (मक) ईश्वराची तरा आनी पद्दत मनीस केन्ना समजूंक पावतलो? म्हाका लेगीत केन्ना केन्नाय दिसता, देव केन्ना केन्ना बरो आसा आनी केन्ना केन्ना वायट आसा. तागेले म्हामायेंत ताणें आमकां घुसपावन दवरल्यात. तो आमकां केन्ना केन्नाय जागृत दवरता तर केन्ना केन्नाय नेणार दवरता. एका खिणांत अज्ञान पयस करता तर दुसऱ्याच खिणांत अज्ञानाचें धांपणें घालता. शेळ्यान भरिल्ल्या तळ्यांत जर तूं फातर मारशी तर हय न्हयशें उदक दिश्टी पडटलें. पूण रोखडोच शेळो नाचत नाचत येवन

उदकाचेर धांपणें घालतलो.

जों मेरेन देहबुद्द आसा तों मेरेन सूख-दुश्ख, जल्म-मरण, रोग-शोक आसता. हे सगले शरिराचेच भोग. आत्म्याचो हातूंत कांयच संबंद ना. ही कूड ना जाले उपरांत घडये देव ताका बरे सुवातेर घेवन वचत. बाळंतपणाच्यो वेणो आयले उपरांत भुरगें जल्माक येता तशें. आत्मज्ञान जाले उपरांत सूख-दुख्ख, जल्म-मरण हें सगलें सपन कशें दिसता.

आमची समजुपाची कुवत ती कितली? एका शेराच्या आयदनांत केन्ना धा शेर दूद घालूं येता? जर मिठाची बावली दर्याची खोलाय मेजपाक दर्यांत गेली तर ती खबर दिवपाक परती येवंक पावना. ती उदकांत विरगळटा आनी नाच्च जाता.

ताच्या दर्शनान सगले दुबाव पयसावतात

तिनसांज जाल्ली. देव देवतांच्यो आरती जावंक लागिल्ल्यो. श्रीरामकृष्ण तांगेलेच कुडींत ल्हान पलंगार बसून जगन्मातेचें चिंतन करताले. कितलेशेच भक्त थंय आशिल्ले. म आयज रातचो थंयच रावतलो. थोड्या वेळा उपरांत श्रीरामकृष्ण आपणाले कुडीचे उत्तरे कडले ल्हानशे पडवेर एका भक्ता बराबर एकांतांत उलयताले. तांणी म्हणलें, "ब्राह्म म्हुर्तार आनी सुर्योदयाच्या वेळार ध्यान करप बरें. तशेंच सद्दां तिनसनां मनशान ध्यान करचें."

निराकार देवाचें ध्यान कशें करचें हें तांणी भक्तांक सांगलें. थोड्या वेळा उपरांत ते अस्तंते कडले वाटकुळे पडवेर येवन बसले. रातचीं णव जाल्लीं. म लागींच बशिल्लो. श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, "हांगा जे कोण येतले तांचो सगल्यांचो दुबाव ना जावन वतलो. तुका कितें दिसता?"

मः हें खरें.

त्या वेळार गंगेच्या प्रवाहांत कांय तारये व्हडीं व्हलयताले आनी तोंडान गितां म्हणटाले. तांच्या गितांचो आवाज व्हंये वयल्यान घुमत घुमत श्रीरामकृष्णांच्या काना मेरन पावलो. श्रीरामकृष्ण आत्मीक अवस्थेंत गेले. सगल्या शरिराचेर कांटो उबो रावलो.

मक तांणी म्हणलें, "पळय. म्हज्या आंगाक हात लावन पळय." म सामको अजापीत जालो. ताच्या मनांत विचार आयलो. उपनिषदांत वर्णन केलां. परब्रह्म विश्वांत, मळबांत पातळून गेलां. त्याच परब्रह्मान नादरुपान श्रीरामकृष्णांच्या शरिराक

स्पर्श केला आसतलो काय? हेंच काय तें शब्दब्रह्म? कांय वेळा उपरांत श्रीरामकृष्ण परत उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्णः हांगा जे येतात ते बरे संस्कार घेवन जल्माक आयल्यात आसतले.

मः खरें आसा महाराज.

रामकृष्णः अधराचेर संस्कार बरे जाल्यात.

मः तें आनीक सांगपाची गरज ना.

श्रीरामकृष्णः कपट नाशिल्ल्या मनशाक ईश्वरी साक्षात्कार सहजतायेन जाता. मार्ग दोन आसात. एक उजू मार्ग आनी दुसरो दुश्टपणाचो मार्ग. मनशान सन्मार्गान वच्चें.

मः हय महाराज. जर सुताक एक लेगीत गांठ आसत तर सूत सुयेच्या नेड्यांतल्यान वचना.

सगल्या त्यागाची गरज

श्रीरामकृष्णः खातना, जेवणांत एकाद्रो केंस तोंडांत वचत जाल्यार सगलो घांस भायर उडोवचो पडटा.

मः तरीपूण तुमी सदांच म्हणटात, जांकां देवाचें दर्शन जालां तांकां असत संग कांयच दुखापत करूंक शकना. भगभगपी उज्यांत केळ लेगीत जळूं येता.

अध्याय : पंचेचाळीस

किर्तनानंदांत अधराच्या घरा देवी महात्म्य पाठ

जुलय 14, 1883. सोमार. आयज श्रीरामकृष्ण कलकत्तांतल्या अधराच्या घरा आयिल्ले. राखाल, म, आनी हेर भक्त श्रीरामकृष्णां वांगडा आशिल्ले. अधरान व्हड गवय राजनारायण आनी तांचे सांगाती हांची चंडी महात्म्य गावपाची कार्यावळ दवरिल्ली. देवघरांत राजनारायणांनी गावपाक सुरवात केली:

हांवें म्हजें काळीज मातेच्या निर्भय पावलांचेर ओंपलां,
हांव आनिआनीक यमाक भियेतां?...

आयकतना श्रीरामकृष्ण ईश्वरी भावांत गेले आनी भजन पंगडाक मेळ्ळे. मदीं मदीं कडव्यांतली एकाद्री वळ योग्य उतरांनी पूर्ण करताले. अशें करतां करतां ते समाधींत गेले आनी थीर उबे रावले. गवय परत गावंक लागले:

झुजामळ उजावाडान भरून उडोवपी कोण ही कामिनी?
काळ्यांत काळ्या मोडाच्या कुपा परस चकचकता कूड तिची काळी.
आनी तिच्या दांतांतल्यान विजेचीं दिपकावणीं केणां फुट्टात!
जशी ती धांवता तशे तिचे विस्कटिल्ले केंस हुबतात.
देव आनी असूर हांच्या झुजांक ती भियेनासून,
भेश्टावणें हांसप करीत ती पळून वचपी असुरांक मारीत सुट्टा.
आनी तिच्या दिपकावण्या लखलखांत झुजाचो कडकडो उकतो करता.

तिच्या भुंवयांचेर वलसाणीचे थेंबे कितले सुंदर दिसतात.
तिच्या काळ्या केंसा भोंवतणीं चोंब्यांनी म्होंवामूस गुंगायतात.
हो सुंदरकायेचो दर्या पळोवन चंद्रीम आपलें तोंड लिपयता.
सांगात म्हाका ही चेटकीण कोण काय आसत ती?
अजापांतलें अजाप शिव स्वताच प्रेत कसो हार खावन पडटा,
पांयां कडेन तिच्या
ती कोण हतयाचे गतीची, हें कमलाकांतान पारखिलां.
काली बगर ती आनीक कोणूच न्हय सगल्या विश्वाची माता!

श्रीरामकृष्ण परत समाधींत गेले.

अध्याय : शेचाळीस

भक्तां वांगडा

जुलय 21, 1883. शेनवार. दनपारचीं चार जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण रामलाल आनी हेर भक्तां वांगडा गाडयेंत बसून दक्षिणेश्वर सावन कलकत्ताक गेले. काली देवळाच्या दरवट्या भायर पावता म्हणसर तांकां म चार आंबे हातांत घेवन पांयांनीच येता तो मेळ्ळो. गाडी थांबली आनी मन श्रीरामकृष्णांक नमस्कार केलो. श्रीरामकृष्ण कलकत्तांतल्या कांय भक्तांक मेळपाक वताले.

श्रीरामकृष्णः (मक हांसत) तूंय आमचे बराबर यो. आमी अधराच्या घरा वतात.

म गाडयेंत आनंदान बसलो. म इंग्लीश शिकिल्लो. पयलीं जल्मांतले संस्कार मनीस घेवन येता हाचेर ताचो विश्वास नाशिल्लो. पूण थोड्याच दिसां पयलीं ताणें श्रीरामकृष्णां कडेन मान्य केलें. अधरबाबू कडेन पयलीं जल्माच्यो जायत्यो बऱ्यो गजाली आशिल्ल्यो. नाजाल्यार श्रीरामकृष्णांचेर तांची इतली भक्ती कशी आसतली आशिल्ली? त्या दिसा मागीर ताणें त्या विशया विशीं विचार केले उपरांत ताका समजून आयलें. आदल्या संस्कारां विशीं ताचो अजून लेगीत आसूंक जाय तितलो विश्वास बसूंक ना. आनी हे विशीं उलोवपाकच तो मुखेलपणान दक्षिणेश्वराक आयिल्लो.

श्रीरामकृष्णः बरें! अधरा विशीं तुजें मत कितें?

मः ईश्वरा विशीं तांकां खूब तळमळ आसा.

श्रीरामकृष्णः तो लेगीत तुजे विशी खूब बरें उलयता.

म थोडो वेळ कांयच उलय नासतना ओग्गी बसून रावलो. मागीर ताणें पयल्या जल्माच्या संस्कारां विशीं उलोवपाक सुरवात केली.

मः (श्रीरामकृष्णांक) म्हजो आदल्या जल्माच्या संस्कारांचेर बी व्हडलोसो विश्वास

ना. ते खातीर कितें देवा वयले म्हजे भक्तीचेर वायट परिणाम जातलो?

श्रीरामकृष्णः देवाचे सृश्टींत सगलेंच शक्य आसा इतलो विश्वास आसल्यार पुरो. केन्नाच तुज्या मनांत विचार लेगीत येवंक दिवं नाका तूं समजता तेंच खरें, हेरांचें सगलें फट. मागीर देवूच तुका सगलें कितें समजावन सांगतलो.

देवाची करणी मनीस कसो समजतलो? देवाचे निर्मणेच्या तासांक आनी आंगांक अंत आनी पार ना. आनी म्हणुनूच ईश्वराचे करणे विशीं, जाणा जावपा विशीं हांव यत्न करिना. हावें आयकलां, देवाचे सृश्टींत सगलें कितें घडपाक शकता, आनी हांवें तें मतींत दवरलां. देखून जगा विशीं हांव विचार करिना. पूण देवाचें फकत चिंतन करीत आसतां. एक खेपो हनुमानाक कोणें तरी विचारलें, 'आयज तीथ खंयची?' ताणें जाप दिली, 'तीथ बी म्हाका कांयच खबर ना. चंद्रीम आनी नखेत्रां हांचें स्थान खंय आसा आनी असल्यो कांय गजाली हांचे विशीं म्हाका कांयच खबर ना. हांव फकत रामाचेंच चिंत्तां.' देवाची करणी केन्ना कोणाक समजल्या? तो सामको लागीं आसा. तरी लेगीत ताका वळखुपाक आमकां जमना. कृष्ण साक्षात भगवान आसा हें बलरामाक समजूंक ना.

मः खरें आसा तें महाराज.

सामकी गुपीत गजाल

श्रीरामकृष्णः देवान आपणाले मायेन सगल्यांचेर आवरण घालां. तो आमकां कित्याचोच थांगपत्तो लागपाक दिना. कामिनी-कांचन ही माया जावन आसा. हे मायेक जो पयस करता ताकाच देवाचें दर्शन जाता. एक खेपो हांव जेन्ना देवाचे करणे विशीं कोणाक तरी सांगतालों तेन्ना देवान म्हाका अचकीत एक देखावो दाखयलो. अचकीत अशें दिसलें, म्हजे मुखार कामारपुकूरचें तळें आसा आनी एक मनीस ताचे वयलो शेळो पयस करता आनी उदक पियेता. उदक सामकें स्फटिका भशेन निवळ. हें ईश्वरान म्हाका दाखोवन दिलें. तें सच्चिदानंद ब्रह्मजल मायारुपी शेळ्यान धांपलां. जो तो शेळो पयस करतलो तोच उदक पियेतलो.

म्हजो एक गुपीत अणभव तुका सांगतां. एक खेपो हांव देवदार रुखाच्या रानांत गेल्लों. थंय बशिल्लो आसतना म्हाका एक दर्शन जालें. एके कुडीच्या चोरदारा भशेन कितें तरी मुखार दिसलें. कुडीचे भितरले वटेन म्हाका पळोवंक जमनाशिल्लें. हांवें ल्हान सुरयेन बोंथो करपाचो यत्न केलो. पूण तें म्हाका जमलें ना. हांवें बोंथो केलो

पूण माती ताचेर पडूंक लागली आनी बोंथो भरून गेलो. पूण अकस्मात थंय एक मोटो बोंथो जालो.

इतलें सांगून जाले उपरांत श्रीरामकृष्ण ओग्गी रावले. थोड्या वेळान तांणी सांगलें, ''पूण ह्यो सगल्यो गजाली गूढ आनी गंभीर आसात. म्हाका अशें दिसता, कोण तरी म्हजें तोंड दांबून धरता जावंक जाय. हांवें स्वता दोळ्यांनी पळयलां. ईश्वर योनींनी लेगीत आसा. एक खेपो सुणें आनी सुणो हांच्या मैथुनांत देव आशिल्ल्याचें पळयलें. ईश्वराच्या चैतन्यानूच सगलें जग चेतन जाल्लें आसा. केन्ना केन्नाय म्हाका दिसता, ल्हान नुस्त्यांत लेगीत तेंच चैतन्य दिसून येता.'' गाडी कलकत्तांतल्या शोभा बाजारांतल्या चौकांत आयली. श्रीरामकृष्णांनी आपलें उलोवप चालूच दवरलें, ''केन्ना केन्नाय म्हाका दिसता, पावसांत धर्तरी उदकान जशी थरथरता तशें हें विश्व ब्रह्मांड ईश्वरी चैतन्यांत विरगळटा. सांगपाचें म्हणल्यार म्हाका दर्शनां खूब जातात. पूण ते खातीर म्हाका अभिमान मात लेगीत दिसना.''

मः (हांसत) महाराज, तुमच्यांत आनी अभिमान खंयचो?

श्रीरामकृष्णः खरेंच सांगतां. म्हजे भितर म्हाका मात लेगीत अभिमान दिसना.

मः ग्रीक देशांत एका वेळार सॉक्रिटीस नांवाचो एक मनीस रावतालो. एक खेपो आकाशवाणी जाली. सगल्या मनशां मदीं तोच ज्ञानी आसा. हें आयकून ताका अजाप जालें. मागीर एके निर्जन सुवातेर बसून ताणें बरोच वेळ ध्यान केलें. तेन्ना ताका ताचें म्हत्व कळ्ळें. ताणें इश्टांक सांगलें, 'सगल्या लोकां भितर म्हाका कळ्ळां, म्हाका कांयच खबर ना.' हेर लोक समजतात तो बुदवंत म्हूण. पूण प्रत्येक मनीस समजता आपूण खूब ज्ञानी आसां. खरें पळयल्यार सगलेच अज्ञानी आसात.

श्रीरामकृष्णः मदीं मदीं हांव विचार करतां, म्हजे भितर अशें कितें ज्ञान आसा की हे इतले लोक म्हजे म्हऱ्यांत येतात! वैष्णव चंद्र केदो व्हडलो मनीस. तेवूय म्हणटात, 'तुमी जें कितें सांगतात तें सगलें शास्त्रांतच दिल्लें आसा. पूण तरी लेगीत हांव तुमचे म्हऱ्यांत कित्याक येतां खबर आसा? तें सगलें तुमच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळचें म्हणून.'

मः तुमचो शब्दान शब्द शास्त्रा कडेन जुळटा. नवद्वीप गोस्वामीनय त्या दिसा पानीहाटीच्या उत्सवा वेळार हेंच सांगिल्लें. त्या दिसा थंय तुमी सांगलें, 'गीता' हें उतर परत परत म्हणल्यार तें उरफाटें 'तागी' म्हणप जाता. जाचो अर्थ त्यागी असो जाता. जो गीतेचो आपरोस आसा. नवद्वीप गोस्वामीन तें व्याकरण शुद्ध आसा अशें सांगलें.

श्रीरामकृष्णः म्हजें उलोवप आनीक कोणा कडेन जुळिल्ले आसा अशें तुवें केन्ना आयकलां? खंयच्याय पंडिता कडेन वा साधू कडेन?

मः तुमकां ईश्वरान प्रत्यक्ष स्वताच्या हातान घडयला आनी हेरांक सांचो वापरून घडयल्यात. सगल्या जाणांक सृश्टीच्या नेमां प्रमाण घडयल्यात.

श्रीरामकृष्णः (थोडो वेळ हांसले, तांणी म्हणलें) खरें मना पासून सांगतां, म्हज्यांत गर्वाचो लवलेश लेगीत ना.

मः विद्येन निदान एकतरी फायदो जाता. आमकां जाणीव जाता आमकां कांयच कळना म्हूण. तशेंच आमी कांयच न्हय.

श्रीरामकृष्णः बरोबर तुजें. हांव कांयच न्हय. हांव कोणूच न्हय, इंग्लीश खगोल शास्त्राचेर तुजो विश्वास?

मः अस्तंत खगोल शास्त्राचे नेम लावन नवे नवे सोद लावपाक येतात. युरेनस नांवाच्या गिऱ्याची वांकडी तिकडी गती पळोवन दुर्बिणींतल्यान सारकें पारखिलें, मळबांत नेपच्युन नांवाचो नवोच एक गिरो चमकता हें सोदून काडलें. तांच्यांनी गिराणां केन्ना जातात तीं सांगूं येतात.

श्रीरामकृष्णः हय! तशें आसा खरें!

गाडी चालूच आशिल्ली. अधराच्या घरा कडेन लागीं पावत आयिल्ले. श्रीरामकृष्णांनी मक सांगलें, ''सत्याक चिकटून राव. मागीर ईश्वराचें दर्शन खात्रेन जातलेंच.''

मः त्या दिसा नवद्वीप स्वामीक तुमी म्हणिल्लें, ''ईश्वरा, म्हाका तूंच जाय. तुजे भुवनी मोहिनी मायेच्या ऐश्वर्यान म्हाका भुलोवं नाका. म्हाका तुजोच साक्षात्कार जावंक जाय.''

श्रीरामकृष्णः हय. अशें सामकें काळजा सावन आळोवंक जाय.

कितर्नानंदांत

श्रीरामकृष्ण अधराच्या घरा पावले आनी ते सालांत येवन बसले. तांचे बराबर रामलाल, म आनी हेर भक्त तांचे लागीं बसले. राखाल कलकत्ताक बापाय वांगडा रावतालो.

श्रीरामकृष्णः (अधराक) हांव येतां म्हूण राखालाक कळोवंक ना?

अधर: हांवें ताका कळयलां, महाराज.

श्रीरामकृष्णांची राखालाक पळोवपाची उत्कटताय पळोवन अधरान बेगोबेग ताका हाडपा खातीर आपणाली गाडी धाडून दिली. त्या दिसा श्रीरामकृष्णांक पळोवपा खातीर अधर सामके तळमळटाले. पूण श्रीरामकृष्ण आयज खात्रेन येतले म्हूण तांकां खबर नाशिल्लें.

अधर: खूब तेंप जालो तुमी हांगा येवंकूच नात. आयज तुमी येवचें म्हूण हांवें देवाची खूब प्रार्थना केली. इतलेंच न्हय, हांव रडलों लेगीत.

श्रीरामकृष्ण खोशी जाले आनी तांणी हांसत म्हणलें, "अशें म्हणटा!"

सांजवेळ जाली. दिवे पेटयले. श्रीरामकृष्णांनी हात जोडून जगन्मातेक नमस्कार केलो आनी ते ध्यान करीत शांततायेन बसले. आनी गोड आवाजांत भगवंताचें नामस्मरण करीत रावले. गोविंद, गोविंद, सच्चिदानंद, हरी हरी. शब्दाशब्दांतल्यान जसो कितें भक्तांच्या कानांचेर अमृताचो शिंवर जायत आशिल्लो.

ए शिवसांगाती, तूं भंय निवारणी, अशें तुजें नांव हांवें आयकलां,
आनी देखून म्हजो भार हांव तुजेर घालतां;
वांचय म्हाका! वांचय म्हाका, ए मोगाळ माते!
तूंच आसा व्यापून, तुज्या गर्भस्थानांतल्यान जो संवसार जल्मला.
तूं काली? तूं राधा? कोणाच्यान हे सारकें सांगूंक जातलें?
माते, दर एका जिवांत तुवें तुजो राबितो केला;
कुंडलिनी जावन तूं मुळाधार कमळांत रावता,
ताचे वयर स्वाधीश्ठान, जंय चार पाकळ्यांचें कमळ फुलता;
ए गूढ शक्ती कुंडलिनी, तूं थंयूय बी तुजें घर करता,
त्या फुलाच्या चार पाकळ्यांत, आनी वज्रासनाच्या स पाकळ्यांत.
बोंबले कडेन मणीपूर, धा पाकळी निळें कमळ फूल;
सुषुम्नेच्या मार्गान, तूं चडटा आनी थंय भितर सरता.
ए साळकां रागिणी, साळकाच्या चंवरांतूच तूं राबितो करता!
तांचे पलनडीं अमृताचें तळें, काळजाच्या अंतरंगांत,
जंय बारा पाकळ्यांचे साळीक तांबडे ज्योतींत नेत्र भुलयता.

तुज्या साळका वरी पांयांचो स्पर्श करून, माते, तूं जेन्ना तें उगडटा,
कदीम काळाचो काळजांतलो काळोख तुज्या दर्शनानूच फाफसता.
ताचे वयर, कंठांत आसा सोळा पाकळ्यांचें गोबरा रंगाचें साळीक;
ह्या साळकाच्या पाकळ्यां मदीं आसा विरळ मेकळी, गूढ सुवात.
ताचे पलतडीं अवकाशांत विरगळून वचपी विश्व दिसता.
आनी तरीय वयर भुंवयां मदीं, दोन पाकळ्यांचें साळीक फुलता,
जंय मनशाचें मन बंदिस्त जाता आनी हातांत उरता;
ह्या फुलांतल्यान जिणेचो खोशयेचो खेळ पळोवंक आंवडेता.
सगल्यां परस वयर माथ्या भितर महादेवाचें केंद्र, वसतीस्थान,
जंय हजार पाकळ्यांचें कमळ चकचकता.
ए शिवाचे सहचारिणी, ताच्या शिंवासना सरीं पावतकूच तूं बस ताचे सरीं!
ए माते ! तूं आसा आद्य शक्त, ती जिचीं इंद्रियां ताब्यांत आसात
हिमालयाची व्हड धूव उमा म्हणून योगी तुजें ध्यान करता.

तूं शिवाची आसा शक्त
म्हज्या सोंपनाशिल्ल्या आकांक्षांक आतां मारून उडय;
हांव केन्नाच परतो पडचों ना ह्या संवसार दर्यांत अशें कर.
माते, तूं आसा आद्य शक्ती, तूं पांच वैश्वीक तत्वां,
कोणाच्यान तुका जाणा जावं येता, जी सगल्या तत्वां भायर आसा?
फकत तुज्या भक्ता खातीर तू घेता विविध रुपां,
पूण जेन्ना तुज्या भक्ताची पांच इंद्रियां पांच तत्वांनी किरगळटात,
माते, फकत तुजेंच आकार विरयत सत्यरूप तो तेळटा.

रामलाल ह्यो वळी म्हणटालो तेन्नाः

''ताचे वयर कंठांत आसा सोळा पाकळ्यांचे गोबरा रंगाचें साळीक;
ह्या साळकाच्या पाकळ्यां मदीं आसा विरळ मेकळी गूढ सुवात.
ताचे पलतडीं अवकाशांत विरगळून वचपी विश्व दिसता.''

तशें श्रीरामकृष्णांनी मक म्हणलें, आयक. ''हाचेंच नांव निराकार सच्चिदानंद

दर्शन. कुंडलिनी विशुद्ध चक्राचो भेद करून वतकूच सगले कडेन मळब दर्शन जाता.''

म: हय महाराज.

श्रीरामकृष्ण: हें मायीक जीवजगत सामकें बालांडून वतकूच, मागिरूच त्या नित्य स्वरुपाची भेट जाता. नादाचे पलतडीं वतकूच मागीर समाधी. ओंकार साधना करतां करतां नादाचे पलतडीं पावता आनी मागीर समाधीचो लाव जाता.

फळां, मिठाय दिवन अधरान श्रीरामकृष्णांची सेवा केली. श्रीरामकृष्ण मागीर यदू मल्लीकाच्या घरा गेले.

जगन्माते मुखार समाधी

श्रीरामकृष्ण यदूच्या घरा आयले. थंय जगन्मातेची सेवा चलताली ते मुर्ती मुखार उबे रावले. मुर्तीक फुलांनी, हारांनी सजयिल्ली. तिका चंदन लायिल्लें. ह्या सगल्याक लागून अपूर्व सोबा आयिल्ली आनी देखावो ओडलायणो दिसतालो. वेदी मुखार लामणदिवे पेट्टाले. मुर्ती मुखार पुजारी बशिल्ले. श्रीरामकृष्णांनी एका सांगात्याक हिंदू प्रथे प्रमाण एक रुपया दवरपाक सांगलें.

प्रसन्न देवीचे मुर्ती मुखार श्रीरामकृष्ण हात जोडून उबे रावले. तांचे फाटल्यान भक्त उबे रावले. दर्शन घेतां घेतां ते समाधीमग्न जाले. तांचे दोळेय थीर जाले. बऱ्याच वेळा उपरांत तांणी एक व्हडलो स्वास घेतलो आनी ते परत भानार आयले. आनी ईश्वरी नशेंत आसतनाच तांणी म्हणलें, ''आई, येतां आं.'' पूण तांचे कडेन सुवात सोडूंक जाली ना. ते थंय उबेच रावले.

रामलालाक लेखून तांणी म्हणलें, ''तुमी तें पद म्हणात, मागीर हांव बरो जातलों.'' रामलालान गावपाक सुरवात केली:

माते, तूं शिव सांगाती. तुवें ह्या जगाक भुलोवन उडयलां....

श्रीरामकृष्ण भक्तां वांगडा सालांत गेले. ते मदीं मदीं म्हणटाले, ''माते म्हज्या काळजांत राव.'' यदू आपल्या इश्टां वांगडा सालांत बशिल्ले. श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत भाव दशेंतूच आशिल्ले. ते येवन बसले आनी गावंक लागले:

माते तू सदां आनंदमयी आसाच.
तुज्या निरुपेगी भुरग्याक आनंदा पसून पयसावं नाका...

गीत सोंपतकूच परत भावदशेंत आसतनाच यदूंक तांणी म्हणलें. ''बरें सांग, कितें गावं आतां?'' ''माते, हांव तुजें आठ म्हयन्याचें भुरगें, हें गीत गावं?''

ते गावंक लागलेः

आई, हांव कितें तुगेर जाल्लें आठ म्हयन्यांचें भुरगें?
तुजे तांबडे दोळे म्हाका भेश्टायतले कशे?
तुजे चरणकमलूच म्हजी गिरेस्तकाय,
जी शिव आपल्या अंतस्करणांत धरता;
तरीय, हांव म्हजें दायज जेन्ना सोदतां, तेन्ना म्हाका
आडमेळीं आनी आडखळी येतात.
म्हज्या काळजांत हांव तुजी देण बाळगितां, शिवान तुज्या जी मुद्रायल्या;
गरज लागलीच जाल्यार हांव तुजेर खटलो घालतलों,
आनी एका खिणा भितर जिखतलों.
तुवें म्हाका विरोध केलोच जाल्यार तुका कळटलें हांव पूत
कसले आवयचो.
हें कोडसाणीचें झगडें आवय आनी तिच्या पुता मदलें-
हो कसलो खेळ! रामप्रसाद म्हणटा, हांव तुका पिडापीड केले
बगर रावचों ना.
ह्या झगड्यांत तूं शरण वच मेरेन आनी निमाणें तुजे वेंगेंत म्हाका
घे मेरेन.

भानार येतकूच श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''हांव आतां मातेचो प्रसाद घेतां.'' आनी तांणी थोडो प्रसाद खालो. यदू मल्लीक आपल्या इश्टां वांगडा तांचे लागींच बशिल्ले. तांचे भितर कांय जाण तांची खुशामत करपी आशिल्ले.

श्रीरामकृष्णः (हांसत) बरें, हे सांगात, तुमी तुमच्या बराबर हे खुशमस्करे कित्याक बाळगितात?

यदूः (हांसत) समजा ते तशे आसत. तुमी तांचो उद्धार करचे नात?

श्रीरामकृष्णः (हांसत) गंगेचें उदक लेगीत सोऱ्याचें आयदन शुद्ध करूंक शकना.

सत्यवचन आनी श्रीरामकृष्ण

यादूबाबूंनी श्रीरामकृष्णांक उतर दिल्लें, आपूण घरांत चंडी देवीचें आख्यान घडोवन हाडटलों म्हणून. ताका बरेच दीस जावन गेल्ले. पूण तांणी तें उतर पाळूंक नाशिल्लें.

श्रीरामकृष्णः बरें, चंडी देवीच्या आख्याना विशीं कितें थारायलां?

यदूः खुबूच कामां आशिल्ल्यान हांव तें थारावंक पावलों ना.

श्रीरामकृष्णः कितें म्हणटा? मनीस उतर दिता तें ताका परत घेवंक मेळना. मनशाचीं उतरां म्हणल्यार हतया दांत कशीं. ते भायर येतात पूण परत भितर वचनात. मनशान ताचें उतर पाळूंक जाय. तुमचें कितें म्हणणें?

यदूः (हांसत) खरें तुमचें.

श्रीरामकृष्णः तुमी सामके हिशोबी मनीस. बरोच हिशोब करून तुमी काम करतात. तुमीं ब्राह्मणा भशेन. जो अशी गाय सोदता, जी सामकी कमी खाता, शेण चड दिता आनी दुदूय खूब दिता. (सगले हांसतात.)

बऱ्याच वेळा उपरांत तांणी यदूबाबूंक म्हणलें, "म्हाका आतां तुमचो सभाव ध्यानांत आयलो. अर्दो भाग थंड आनी अर्दो गरम. तुमचें ईश्वरांतय मन आसा आनी संवसारांतय." श्रीरामकृष्णांक आनी तांच्या भक्तांक यदूबाबून मिठाय आनी फळां दिवन सेवा केली. आनी मागीर ते सगले खेलात घोशांच्या घरा गेले.

खेलात घोशांच्या घरा

खेलात घोशांचें घर एक व्हड वाडो कशें. पूण थंय चड लोक रावनाशिल्ले. श्रीरामकृष्ण घरांत भितर सरले तशे ते भावाविश्ट जाले. म, रामलाल आनी हेर भक्त तांच्या वांगडा आशिल्ले. तांचो यजमान खेलात घोशांचो मेवणो. ते एक जाणटे मनीस. वैश्णव प्रथे प्रमाण तांच्या आंगार देवाच्या नांवांचे छाप आशिल्ले. आनी तांच्या हातांत एक पिशवी. तातूंत ते सदांच जपाची माळ व्हरताले. दक्षिणेश्वराक, श्रीरामकृष्णांक मेळपाक ते मदीं मदीं वताले. पूण चडशे वैश्णव संकुचीत धर्मीक विचारांचे आशिल्ले. ते शिवपंथियांचेर आनी वेदान्ती लोकांचेर टिका करताले.

श्रीरामकृष्णः म्हजोच धर्म कितें तो बरोबर आनी दुसरे धर्म सगले फट अशें समजप सामकें वायट. ईश्वर तर एकूच. दोन नाय. वेगळे वेगळे लोक ताका वेगळ्या नांवांनी हांगायतात. कांय जाण ताका अल्ला म्हणटात तर कांय जाण गॉड तर कांय जाण ताका

कृष्ण, शिव आनी ब्रह्म म्हणटात. तळ्यांतलें उदक कांय जाण एके सुवातेर पियेतात आनी ताका म्हणटात जल, दुसरे दुसरे सुवातेर पियेतात आनी ताका म्हणटात पानी आनी तिसरे सुवातेर ताका वॉटर म्हणटात. हिंदू ताका जल म्हणटात, क्रिस्तांव ताका वॉटर म्हणटात आनी मुसलमान ताका पानी म्हणटात. पूण वस्तू एकूच आनी तीच. मतां म्हणचे फकत 'मार्ग'. प्रत्येक धर्म फकत देवा कडेन वचपाचो एक मार्ग. जश्यो न्हंयो, वेगळ्या वेगळ्या दिकांनी येवन दर्याक मेळून एकठांय जातात. तशें वेदांत, पुराणांत आनी तंत्रांत एकूच सत्य सांगलां आनी तें म्हणल्यार तोच एक सच्चिदानंद. वेदांत सच्चिदानंद ब्रह्म. पुराणांत सच्चिदानंद कृष्ण, राम आनी हेर आनी तंत्रांत सच्चिदानंद शिव. सच्चिदानंद ब्रह्म, सच्चिदानंद कृष्ण, सच्चिदानंद शिव.'' सगले भक्त ओग्गी रावन आयकताले.

एक वैश्णव भक्त : महाराज, आमी ईश्वराचो विचार तरी कित्याक करचो?

जिवनमुक्त उत्तम भक्त, ईश्वर दर्शनाचें लक्षण

श्रीरामकृष्ण: जर मनशाक, तोच सगले कडेन आसा अश्या ज्ञानाची जाणीव आसत जाल्यार शरिरांत आसुनूय तो जिवनमुक्तच आसा. पूण सगलेच जाण देवाचेर असो विश्वास दवरिनात. ते फकत उलयतात. संवसारी मनशांनी कोणा कडच्यान तरी आयकलां, ईश्वर आसा आनी ताचेच इत्शेन सगलें कितें घडटा. पूण भितरल्यान ते तशें मानिनात.

तुमी जाणात, संवसारी मनशाची कल्पना कशे भशेन आसा ती? भुरगीं जेन्ना झगडटात तेन्ना तीं देवाच्या नांवान सोपूत घेतात, तशें तांणी तें उतर जाणट्यो मावश्यो झगडटना आयकलां. देवाक सगल्यांच्यांनी जाणा जावन घेवं येता? देवान बरें आनी वायट निर्माण केलां, भक्त आनी अभक्त, विश्वासू आनी दुबावी. अजापीत जें आमी पळयतात तें ताचे निर्मणेंत आसा. ताची शक्त कांय कडेन चड दिसता तर कांय कडेन उणी दिसून येता. सुर्याचो उजवाड जमनी परस उदकाचेर चड परावर्तीत जावन चकचकता. आनी उदकाय परस हारशांत चड चकचकता.

परत देवाच्याय भक्तां मदीं लेगीत दर्जो आसता. कांय उत्तम भक्त, कांय मध्यम तर कांय सामके उणे प्रतीचे आसतात. गीतेंत हें सगलें सांगलां.

वैश्णव भक्त: खरें महाराज.

श्रीरामकृष्णः उणे प्रतीचो भक्त म्हणटा, 'देव आसा पूण तो खूब पयस आसा. थंय वयर सर्गांत.' मध्यम भक्त म्हणटा, 'ईश्वर सर्वांभुती चैतन्य रुपान – प्राण रुपान भरला.' उत्तम भक्त म्हणटा, 'ईश्वर स्वताच ह्या सगल्या रुपांनी नटला. जें म्हणून दिसता तें त्या ईश्वराचेंच एकेक रूप आसा. तोच माया, जीव, जगत, सगलें प्राणीजात, सगलें कितें तोच जाला. ईश्वरा बगर आनीक कांयच अस्तित्वांत ना.'

वैश्णव भक्तः असली अवस्था केन्ना कोणाक मेळूं येता?

श्रीरामकृष्णः देवाचो साक्षात्कार जाले बगर असली अवस्था मेळूं नजं. पूण मनशाक ईश्वराचें दर्शन जालां हें कळपाक कांय कुरवो आसतात. साक्षात्कारी मनीस पिशा मनशा भशेन वागिल्लो दिसता. तो हांसता, रडटा, नाचता, गायता. केन्नाय पांच वर्सांच्या भुरग्या भशेन वागता. सरळ, उदार, अहंकारा विरयत, खंयचेच वस्तूं विशीं ओड नाशिल्लो, खंयच्याय गुणांच्या ताब्यांत नाशिल्लो. सदांच आनंदी. केन्नाय तो पिशा भशेन वागता. शुद्ध आनी अशुद्ध हाचे मदीं भेद मानिनाशिल्लो. तो नितळ आनी नितळ नाशिल्ल्यो वस्तू हांचे मदी फरक करिना. केन्नाय जड जाल्ले दोळे उकतेच. शुन्यांत पळोवपी. कसलेंय काम करपा खातीर ताका यत्नय करूंक जमना.

स्वताचे अवस्थे विशीं श्रीरामकृष्ण भितरल्यान सांगिनात मूं?

श्रीरामकृष्णः (वैश्णव भक्ताक) 'तूं आनी तुजें' हे जालें ज्ञान. आनी 'हांव आनी म्हजें' हाचें नांव अज्ञान.

'ए प्रभू, तूं करतो आनी हांव अकरतो' अशें दिसप हें ज्ञान. 'ए परमेश्वरा, सगलें तुजेंच. तन, मन, घरदार, जगत, सगलें सगलें तुजेंच. म्हजें कांयच ना. हाकाच म्हणटात ज्ञान. अज्ञानी मनीस म्हणटा 'हय. ईश्वर आसा पूण तो खूब पयस आसा.'

जो ज्ञानी आसता ताका सामकें खबर आसता, ईश्वर हांगा सामको म्हऱ्यांत काळजांत, अंतर्यामीं रुपान भितर आसता. आनी तोच सगल्या रुपांनी नटला. आनी सगल्यांच्या काळजांत अंतर्यामीं नियंतो म्हणून रावता.

अध्याय : सत्तेचाळीस

दक्षिणेश्वर, ब्रह्मतत्व आनी आद्यशक्ती

जुलय 22, 1883. आयतार. सुटी आशिल्ल्यान कितलेशेच संवसारी भक्त श्रीरामकृष्णांच्या दर्शनाक दक्षिणेश्वराक देवळाच्या प्राकारांत आशिल्ले तांचे कुडींत आयिल्ले. तरणाटे भक्त, चडशे शिकपी भुरगे, ह्या दिसांनी येताले. केन्नाय श्रीरामकृष्ण तांच्या अंतर्भक्तांक मंगळाराक वा आयताराक येवंक सांगताले. ते दीस धर्मीक शिकवण दिवपाक सुगुर्व्याचे अशें श्रीरामकृष्ण मानताले. अधर, राखाल आनी म कलकत्ता सावन मुद्दाम भाड्याची गाडी करून आयिल्ले. श्रीरामकृष्णांनी दनपारच्या जेवणा उपरांत थोडोसो विसव घेतलो. तांचे कुडींत पवित्र वातावरण खेळटालें. वणटीचेर देवांचीं चित्रां लायिल्लीं. तातूंत पिटर उदकांत बुडटा आनी जेजू क्रिस्त ताचो हात धरून ताका वयर काडटा अशें एच चित्र आशिल्लें. कुडी भायर सुवासीक फुलांनी भरिल्ली रुखावळ आशिल्ली. भायर गंगा न्हंय दक्षिणे कडेन व्हांवता ती दिश्टी पडटाली. ल्हान पलंगाचेर ते उत्तरे कडेन तोंड करून बशिल्ले. भक्तगण जमनीचेर, कोण शेंदरेचेर, तर कोण ल्हान आसनांचेर बशिल्ले. सगले जाण त्या म्हापुरसाची आनंदमूर्त एकसारके पळयताले. भौमानेस्त मणि मल्लीक पयलीं पसुनूच ब्राह्मभक्त. ते पांसश्ट वर्सांचे. तांकां मेळपाक आयिल्ले. कांय म्हयन्यां पयलींच ते काशीयात्रा करून आयिल्ले.

श्रीरामकृष्णाचें दर्शन घेवन ते काशीयात्रेचे अणभव सांगताले.

मणि मल्लीक: काशीक जो एक साधू मेळ्ळो तो म्हणटालो, 'इंद्रियांचो संयम केले बगर अध्यात्मीक अणभव मेळपाचो ना. फकत देव, देव म्हणून कांयच साध्य जावपाचें ना.'

श्रीरामकृष्ण: ताच्या सारक्या आचार्यांचें मत कशें आसा खबर आसा? तांच्या मता प्रमाण पयलीं साधना करपाक जाय. शम, दम, तितिक्षा हांचो अभ्यास करूंक जाय. तांची मोख निर्वाण मेळोवपाची. ते वेदान्त मार्गी. ते सतत विचार करीत आसतात.

'ब्रह्म सत्य, जगत मिथ्या'. हो एक कठीण मार्ग जावन आसा. जर जग फट आसा तर तुमीय फट जाले. मागीर हें जो सांगता तो गुरूय फट आनी ताचो हो उपदेश होय फटूच, एकद्र्या सपना भशेन.

पूण हो अणभव सरसामान्य मनशाच्या आवाठा भायलो. हें कशे भशेन तें जाणात तुमी? तुमी कापूर पेटयशात तर कांयच उरना. पूण जर लांकूड जळयत तर उण्यांत उणें इल्लोसो तरी गोबोर उरतलो. निमणे नियाळणी उपरांत भक्त समाधींत वता. मागीर ताका हांव, तूं, जग हे विशीं कांयच खबर नासता.

पद्मलोचन हे एक व्हड ज्ञानी. जरी हांव सतत जगन्मातेचो जप करीत आसतालों तरी ते म्हाका मानताले. ते वर्धमान महाराजांच्या दरबारांत पंडीत आशिल्ले. कलकत्ताक आयिल्ले तेन्ना कामारहाटी लागसार बागेंतल्या घरांत रावताले. म्हाका तांकां मेळपाची इत्सा जाली आनी हावें हृदयाक - ते गर्विश्ट काय कशे तें पळोवपाक धाडलो. ताणें येवन सांगलें, ते गर्विश्ट बी कांय न्हय म्हणून. मागीर तांकां हांव मेळ्ळों. इतले ज्ञानी आनी पंडीत आसून लेगीत हांवें म्हणिल्लीं रामप्रसादाचीं भक्तीमय गितां आयकतकूच पद्मलोचन रडले.

तांचे कडेन उलोवन आनंद मेळ्ळा तसो आनंद म्हाका आनीक कोणा कडेनूच उलोवन मेळूंक ना. तांणी म्हाका सांगलें, 'भक्त सांगात करपाची वान्सा सोडून दियात, नाजाल्यार सगल्या तरांचे लोक येतले आनी तुमकां अध्यात्मीक मार्गा सावन पयस व्हरतले.' वैश्णवचरणांचे गुरू उत्सवानंद हांचे कडेन तांणी पत्रां बरोवन भासाभास केली. तांणी म्हाका एक खेपा एक व्हड मजेदार घडणूक सांगली.

एक खेपो, शिव वा ब्रह्मा ह्या दोन देवां भितर व्हड कोण हें थारावपाक एक बसका आफयली. भासाभास करून निमणें निर्णय जायना तेन्ना थंयच्या पंडितांनी पद्मलोचनांक हे विशीं निर्णय दिवपाक सांगलें. पद्मलोचन हे सरळ मनाचे. तांणी सांगलें, 'म्हाका कशें खबर आसतलें? हांव वा म्हज्या चवदा पिळगेंतल्या एकाय पुर्वजान शिवाकय पळोवंक ना वा ब्रह्माकय पळोवंक ना. हांव कसो सांगतलों?' कामिनी - कांचनाच्या त्यागा विशीं तांणी म्हाका एक दीस सांगलें, 'तुमी हें सगलें कित्याक सोडून दिलां? अशे भेद - हे पयशे आनी ती माती. असली भेद बुद्द अज्ञाना खातीर जाता.'

हाचेर हांव कितें उलयतलों? हांवें सांगलें, 'बाबा रे! म्हाका हें सगलें समजना. पूण पयशे आनी हेर गजाली म्हाका आवडनात ताका कितें करूं?'

एक पंडीत आशिल्लो. तो खुबूच गर्विश्ट आशिल्लो. देवाचीं साकार रुपां तो मानिनाशिल्लो, पूण ईश्वराचें अतर्क्य कार्य कोण समजूंक पावतलो? ईश्वरान ताका

आद्यशक्तीच्या रुपान दर्शन दिलें. असल्या दर्शनान पंडीत बरोच वेळ बेशुद्ध पडलो. थोडोसो भानार येतकूच फकत 'का, का, का' इतलेंच म्हणूंक लागलो. पुरायेन काली लेगीत ताका म्हणूंक जमना जालें.

भक्तः महाराज, तुमी पंडीत विद्यासागरांक मेळ्ळ्यात. तुमकां तांचे विशीं कितें म्हणपाचें आसा?

श्रीरामकृष्णः विद्यासागरां कडेन पांडित्य आसा आनी दयाय आसा. पूण तांचे कडेन अंतर्मूख दिश्टी ना. तांचे भितर भांगर लिपलां. तांकां तें कळत जाल्यार भायलीं कामां कमी जातलीं आशिल्लीं आनी निमणें तीं पूर्णतायेन सोंपतलीं आसलीं. तांकां जर तांच्या काळजांत ईश्वर आसा म्हणून कळिल्लें तर तांचें मन ध्यानधारणे कडेन ओडटलें आशिल्लें. बऱ्याच जाणांक खूब दीस निश्काम कर्म करचें पडटा. मागिरूच वैराग्याचो उदय जाता, ईश्वरा कडेन मन लागता आनी निमणें तें ईश्वरांत मग्न जावन वता.

ईश्वर चंद्र विद्यासागर जीं कामां करतात तीं खूब बरीं आसतात. दया ही व्हडली गजाल. पूण दया आनी माया हातूंत खूब फरक आसा. दया खूब बरी पूण माया तशी न्हय. माया म्हणचे नात्यांतल्यां विशीं आसक्ती. बायल, भुरगीं, भाव, भयण, पुतणयो आनी आवय - बापूय हांचे वयलो मोग. पूण दया म्हणचे भेदभाव मानिनासतना सगले प्राणिजाती विशीं सारकोच मोग.

ब्रह्म त्रिगुणातीत
तोंडान सांगपाक येवपाचें ना

मः दया लेगीत एक बंधन जावंक शकता?

श्रीरामकृष्णः हय. तें बंधनूच. पूण हो समज सरसामान्य मनशाक समजूंक जड. दया सत्वगुणांतल्यान येता. सत्वगूण पालन करता, रजोगूण उत्पन्न करता आनी तमोगूण नाश करता. पूण ब्रह्म आसा, सत्य, रज आनी तम या तिनूय गुणांचे पलतडीं. ब्रह्म प्रकृतीचेय पलतडीं आसा. सत्या कडेन तिनूय गूण पावूंक शकनात. ते चोर कशे. चोर भौशीक सुवातेर येवंक शकनात. तांकां भंय दिसता, कोणें धरले जाल्यार! सत्व, रज आनी तम हे तिनूय गूण हे कितलेशेच चोर कशे.

एक काणी आयकात. एक खेपो एक मनीस रानांतल्यान वतालो. अशा वेळार तीन चोरांनी ताका धरलो आनी ताच्यो सगल्यो वस्तू झोमून घेतल्यो. तातूंतल्या एका

चोरान म्हणलें 'हाका जितो दवरून कितें उपेग?' अशें म्हणून तागेल्या तरसादीन ताका आतां तो मारतलो, तेन्ना दुसरो चोर मदीं पडलो आनी ताणें म्हणलें 'आरे नाका. हाका मारून किते उपेग? ताचे हात-पांय बांदून ताका हांगा उडोवया.' चोरांनी ताचे हात-पांय बांदले आनी ताका ते थंयच सोडून गेले. थोड्या वेळा उपरांत तिसरो चोर परतो आयलो आनी ताणें त्या मनशाक म्हणलें, 'तुका अशें केलें म्हणून म्हाका वायट दिसता. तुका दुखापत जावंक ना मूं? हांव तुजी दोरी सोडोवन तुका मेकळो करतां.' ताका मेकळो करतकूच चोरान म्हणलें, 'म्हजे बराबर यो. हांव तुका भौशीक रस्त्यार सोडटां.' बऱ्या वेळान ते रस्त्यार पावले. मागीर चोरान म्हणलें, 'ह्या रस्त्यान वच. थंय तुजें घर आसा.' हें आयकून त्या मनशान म्हणलें, 'तुमी म्हजेर खूब उपकार केल्यात. म्हजे वांगडा म्हज्या घरा येयात न्हय.' चोरान सांगलें, 'ना. तें जमचें ना. म्हाका थंय येवंक जमचें ना. पुलिसांक तें कळटलें.'

हो संवसार म्हणचे रान. तीन चोर हांगा पाळत दवरून आसात ते म्हणचे सत्व, रज आनी तम. ते सत्याचें ज्ञान मनशा कडच्यान चोरून व्हरतात. तमोगूण मनशाक जिवोच मारूंक सोदता. रजोगूण ताका संवसारांत बांदून दवरता. पूण सत्वगूण ताका रजोगुणांतल्यान आनी तमोगुणांतल्यान मेकळो करता. सत्वगुणाचो आलाशिरो घेतकूच मनीस काम, क्रोध आनी तमोगुणांच्या हेर परिणामां पसून मेकळो जाता. तशेंच सत्वगूण जिवाचें संवसार बंधन सैल करता पूण सत्वगूण लेगीत चोरूच. ताका मनशाक परम ज्ञान दिवंक जमना. पूण तो ईश्वराच्या परमधामाच्या मार्गार व्हरता. त्या रस्त्यार हाडून मागीर सत्वगूण ताका सांगता, 'तें पळय तुगेलें घर.' सत्वगूण लेगीत ब्रह्मज्ञाना पसून खूब पयस आसा.

ब्रह्म म्हणचे कितें हाचें वर्णन करूंक येना. जांकां ताचें ज्ञान जालां तांकां लेगीत तें सांगूंक येना. अशें म्हणटात, दर्याच्या काळ्या पाणयांत पाविल्लें तारूं परत येवंक पावना.

एक खेपो चार इश्ट भोंवतां भोंवतां अशे सुवातेर पावले जे सुवाते भोंवतणीं व्हडली वणत आशिल्ली. वणत खूब उंच आशिल्ली. वणटा भितर कितें आसा तें पळोवपाची सगल्यांकूच उमळशीक लागली. तानूंतलो एकटो वणटीचेर चडलो. भितर पळोवन ताका जें कितें दिसलें तें पळोवन तो अजापीत जालो आनी ताका उतर फुटना जालें. तो फकत आड्डलो. 'आ! हा' आनी ताणें भितर उडी घेतली. ताणें कितें पळयलें ताची खबर दिवंक तो पावलो ना. हेर इश्टय वयर चडले आनी पळोवन तांणीय तशेंच म्हणलें, 'आ! हा!' आनी भितर उडी मारली. आतां कोण सांगतलो वणटी भितर कितें आसा तें?

जडभरत, दत्तात्रेय, शुकदेव
हांचें तत्वज्ञान

जडभरत आनी दत्तात्रेय हांकां ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत ते ताचें वर्णन करूंक शकले नात. ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत समाधींत वतकूच मनशालो 'हांव' मात्तूय उरना. देखुनूच रामप्रसाद आपल्या मनाक लेखून गायताः

हो वावर तुका खुबूच कश्टांचो दिसता जाल्यार
आफय रामदासाक तुज्या पालवाक

ज्ञानान मनाचो सामको पूर्णतायेन लय जावंक जाय. पूण तितलें पुरो जायना. रामप्रसाद म्हणटा अहं तत्व सामकें ना जावन वचूंक जाय तरच मनशाक ब्रह्मज्ञानाचो लाव जाता.

एक भक्तः महाराज, देखुनूच शुकदेवाक परम सत्याचो लाव जावंक ना काय कितें?

श्रीरामकृष्णः कांय लोकांच्या मता प्रमाण शुकदेवान ब्रह्मदर्या फकत पळयलो आनी ताका स्पर्श केलो पूण तांणी तातूंत देंवून बुडी घेवंक ना. म्हणुनूच ते ह्या जगांत परत येवन अध्यात्मीक उपदेश दिताले. तर कांय लोक म्हणटात ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत ते ह्या नामरुपात्मक जगांत लोकांक शिक्षण दिवपाकूच परत आयले. राजा परिक्षीताक भागवत तांच्या तोंडांतल्यान आयकुपाचें आशिल्लें आनी लोकांकूय. खूब तरेन लोकांक उपदेश करपाचो आशिल्लो. म्हणुनूच ईश्वरान तांचो 'हांव' सामको ना करूंक ना. ईश्वरान तांचे भितर ज्ञानाचो 'अहं' राखून दवरलो.

एक भक्तः ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत मनीस संघटना चलोवंक शकता?

श्रीरामकृष्णः एक खेपो हांव केशव सेना कडेन ब्रह्मज्ञाना विशीं उलयतालों. तांणी म्हाका ब्रह्मज्ञाना विशीं आनीक चड सांगात म्हणून सांगिल्लें. हांवें म्हणलें, 'हांव जर चड सांगूंक लागलों तर तुमची संघटना आनी समाज तुमी दवरूंक पावचे नात.' 'जाल्यार मागीर हांगाच थांबात.' केशवान जाप केली. (सगले हांसतात). तरीय हांवें केशवाक म्हणलें, 'हांव आनी म्हजें' हें अज्ञान. अज्ञान आसले बगर मनशाक हांव करतो, हीं म्हजीं बायल-भुरगीं, धनीपण आनी मान-सन्मान असली भावना आसूंक शकना.' ताचेर केशव सेनान म्हणलें, 'महाराज मनशान जर हांवपणाचो त्याग केलो तर कांयच

उरचें ना.' हांवें तांकां धीर दिलो आनी म्हणलें, 'हांव कितें तुमकां सरसकट सगलोंच हांवपणाचो त्याग करपाक सांगिना. तुमी फकत 'कच्चो हांव' सोडून दिवचो. 'कच्चो हांव' आसतकूच हांव करतो, ही म्हजी बायल आनी भुरगीं, हांव गुरू असली भावना जाता. 'कच्च्या हांव'चो त्याग करात आनी 'पक्को हांव' सांबाळात. अशी भावना जातकूच हांव प्रभूचो दास, हांव ताचो भक्त, ईश्वरूच करतो आनी हांव ताचें साधन अशी भावना जातली. अशी धारणा म्हणल्यार 'पक्को हांव.'

ईश्वराचो आदेश जाले उपरांत मागीर धर्मपसार करप योग्य

एक भक्त: 'पक्को हांव' समाज निर्माण करूंक शकता?

रामकृष्ण: हांवें केशव सेनाक म्हणलें, 'हांवपण जें म्हणटात, हांव मुखेली, हांवें ही संघटना उबारल्या, हांव लोकांक शिक्षण दितां, हो 'कच्चो हांव'चो खेळ. धर्ममताचो प्रचार करप खूब कठीण. देवाचो आदेश आयलें बगर तें शक्य ना. देवाची आज्ञा सामकी गरजेची. भागवत कथा सांगपाचो आदेश शुकदेवाक मेळिल्लो. जर ईश्वराचो साक्षात्कार जाले उपरांत मनशाक ताचो आदेश मेळत आनी तो गुरू वा प्रचारक जायत तर प्रचार वा शिकोवप हातूंत दोश उरना. ताचो 'हांव' कच्चो न्हय तर तो पक्को 'हांव.'

हांवें केशव सेनाक हो 'कच्चो हांव' चो त्याग करपाक सांगलें. 'दास हांव', 'भक्त हांव' अशें जांकां दिसता तातूंत कांय दोश ना. हांवें तांकां सांगलें, 'तुमी संघटने विशी आनी तुमच्या अनुयायां विशीं सारकें उलयतात. पूण लोक तुमची संघटना सोडून वतात.' केशव सेनान म्हणलें, 'हें खरें महाराज. कितलींशींच वर्सा संघटनेंत रावून लोक दुसरे संघटनेंत वतात. वायट गजाल म्हणल्यार म्हाका सोडून वतना खूब गाळी घालून वतात.' हांवें म्हणलें, 'तुमी घेतना पारखून कित्याक घेनात? कोणाकय आनी कसलोय शिश्य घेवपांत कितें अर्थ आसा?'

केशवांक उपदेश आद्यशक्तीक मानात

हांवें केशव सेनाक सांगलें, 'तुमी जगन्मातेक, आद्यशक्तीक मानात. ब्रह्म आनी

ताची शक्ती वेगळीं न्हय. जें ब्रह्म, तीच आद्यशक्ती. जों मेरेन 'देह बुद्द' आसा तों मेरेन 'द्वैत बुद्द' उरतलीच. जें पळयता तें मनीस सांगूंक लागलो, द्वैत आयलेंच.' केशव सेनान कालांतरान कालीक मानली.

एक खेपो जेन्ना केशव तांगेल्या शिश्यां सयत हांगा आयले तेन्ना हांवें तांकां सांगलें, 'तुमचें प्रवचन म्हाका आयकूंक जाय.' तांणी चांदणी चौकांत प्रवचन दिलें. मागीर आमी सगले घाटार येवन बसले. थंय बरेंच उलोवप जालें. हांवें तांकां सांगलें, 'जो भगवान तोच एका रुपान भक्त. तोच आनीक एका रुपान भागवत.' म्हणात, 'भागवत - भक्त - भगवान' केशव आनी ताच्या शिश्यांनी तशें म्हणलें. मागीर तांकां म्हणपाक सांगलें, 'गुरू - कृष्ण - वैश्णव' ताचेर केशवान म्हणलें, 'महाराज, सद्याक इतलें पयस वचप नाका.' लोक म्हणटले, 'हांव कर्मठ हिंदू जालां म्हूण.'

पयलींची जीण
मायेचो खेळ पळोवन
श्रीरामकृष्णांक घुंवळ

तांणी फुडें सांगलें, तिनूय गुणांचे पलतडीं वचप सामकें कठीम काम. ईश्वराचो साक्षात्कार जाले बगर ते अवस्थे मेरेन पावंक येना. जीव मायेच्या राज्यांत रावता. माया ताका ईश्वराचें दर्शन घेवंक दिना. तिणेंच जिवांक आज्ञानांत दवरलां.

एक खेपो हृदयान हांगा एक पाडूक हाडलें. हांवें एक दीस ताका बागेंत चरचें म्हूण दोरान बांदिल्लें पळयलें. ताका हांवें विचारलें. 'हृदय, सद्दां पाडकाक थंय कित्याक बांदता?' ताणें सांगलें, 'मामा, हांव ह्या पाडकाक गांवांत धाडून दितलों. तें व्हड जातकूच ताका हांव नांगर ओडपाक लायतलों.' हीं ताचीं उतरां आयकले बराबर म्हजी मती गुंग जाली आनी हांव विचार करूंक लागलों, कितें हो मायेचो अजापीत खेळ! कलकत्ता सावन कामारपुकूर आनी शिउड कितलें पयस आसा? ह्या पाडकाक इतलें लांब चलत वच्चें पडटलें. थंय तें वाडटलें आनी निमणें ताका नांगराक बांदतले. हाचेंच नांव संवसार. हाचेंच नांव माया. हांव घुंवळ येवन पडलों. खूब वेळा उपरांत हांव सावचीत जालों.

दनपारचीं तीन वा चार वरां जाल्लीं. मक श्रीरामकृष्ण भावदशेंत आसतनाच एका पलंगाचेर बशिल्ले दिसले. थोड्या वेळा उपरांत ते जगन्माते कडेन उलयतना ताणें

आयकलें. श्रीरामकृष्ण म्हणटाले, ''माते, ताका फकत एकूच कण कित्याक म्हणून दिला?'' कांय खीण स्वस्थ बसले उपरांत तांणी सांगलें, ''माते, म्हाका कळटा तें. तो 'कण'च ताका पुरो जातलो. आनी तुजो हेतू सफल जातलो. तो कणच लोकांक उपदेश दिवपाचें कार्य करतलो.''

श्रीरामकृष्ण अशे तरेन तांगेल्या शिश्यांत अध्यात्मीक शक्तीचो संचार करीत आसात? तांकां कळ्ळां काय की फुडें तांचे शिश्य जगांत वतले आनी लोकोपदेश करतले?

राखालूय कुडींत आशिल्लो. श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत भावदशेंतूच आशिल्ले. राखालाक तांणी म्हणलें, ''तूं म्हजेर रागार जालो न्हय? तुका हांवें राग कित्याक हाडलो जाणां? तातूंत म्हजो कांय हेतू आसा. मागिरूच वखद लागू पडटलें आशिल्लें. दोतोर पयलीं फोड फोडटा, मागिरूच ताचेर वखदी पान बांदता.''

कांय वेळा उपरांत तांणी सांगलें, ''हय, हांव जाणां. हाजरा ह्या सुक्या लांकडाच्या कुडक्या भशेन. मागीर तो हांगा कित्याक रावता? हाकाय कांय अर्थ आसा, जटील--कुटीला सारके खलनायक आसतकूच नाटकाक रंग भरता. (मक लेखून) ईश्वरी रुपां मानूंक जाय. जगदात्री रुपाचो अर्थ जाणा तूं? ती जगाचें धारण करता. तिणें धारण करिना जाल्यार, पालन करिना जाल्यार जग पडटलें. नश्ट जावन वतलें. मनरुपी हतयाक जो आपणाल्या ताब्यांत दवरूंक पावता ताच्या काळजांत जगदात्री प्रगट जाता.''

राखाल: मन म्हणचे माजिल्लो हती.

श्रीरामकृष्ण: देखुनूच जगन्मातेक व्हरपी शींव त्या हतयाक ताब्यांत दवरता.

तिनसांज जाली. देवळांत सांजेच्यो आरती सुरू जाल्यो. श्रीरामकृष्ण देव देवतांचें नामस्मरण करीत आशिल्ले. ते ल्हान पलंगाचेर हात जोडून बशिल्ले. आनी जगन्मातेच्या चिंतनांत मग्न आशिल्ले. भायर चान्न्यान सगलो वाठार भरून गेल्लो. भितर श्रीरामकृष्णांचे कुडींत भक्त शांतपणान बशिल्ले आनी श्रीरामकृष्णांची शांत आनी थीर मूर्त पळयत आशिल्ले. इतले मजगतीं बेलघरचे गोविंद मुखर्जी आनी ताचे इश्ट कुडींत आयले. श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत भाव तन्मय अवस्थेंत आशिल्ले. कांय वेळा उपरांत तांणी भक्तांक म्हणलें, ''तुमचे दुबाव आसल्यार सांगात. हांव तांची फोडणीशी करतां.''

गोविंद आनी हेर भक्त विचार करूंक लागले.

गोविंद: महाराज, जगन्मातेचें रूप काळ्या वर्णाचें कित्याक?

श्रीरामकृष्ण: तुमी तिका काळ्या वर्णाची पळयतात कारण तुमी तिका खूब पयसुल्ल्यान

पळयतात. तिच्या म्हऱ्यांत वचात. तुमकां दिसतलें, ती सगल्या रंगां विरयत आसा. तळ्याचें उदक पयसुल्ल्यान काळशें दिसता. म्हऱ्यांत वचात आनी उदक हातांत घेयात. तुमकां दिसतलें, उदकाक कसलोच रंग ना. जितले तुमी ईश्वराचे म्हऱ्यांत वचत तितलें तुमकां कळटलें, ताका नांवय ना आनी रुपय ना. जर जगन्माते पसून पयस वचत तर ती निळ्या तणा फुलां भशेन दिसतली. श्यामा पुरूश काय प्रकृती? एक खेपो मनशान जगन्मातेचे मुर्तीच्या आंगार जानवें पळयलें. ताणें पुजाऱ्याक विचारलें, 'कितें? तुमी मातेच्या गळ्यांत जान्नवें घालें?' पुजाऱ्यान सांगलें, 'भावा! तूं खरेंच मातेक वळखलो. पूण म्हाका अजून लेगीत कळूंक ना, आई पुरूश काय प्रकृती! म्हणून हांवें मुर्तीच्या गळ्यांत जानवें घालें.'

जी श्यामा ती ब्रह्म. जी सरूप ती अरूपय आसा. जी सगूण तीच निर्गूण आसा. ब्रह्म हीच शक्ती. शक्तीच ब्रह्म. तीं दोन न्हय, तीं फकत दोन रुपां. पुरूश आनी प्रकृती एकाच परम सत्याचीं दोन रुपां. अभेद, सतचीत, आनंदमय. पूर्ण शक्तीमान.

गोविंद: योगमायेचो अर्थ कितें?

श्रीरामकृष्ण: योगमाया म्हणचे पुरूश प्रकृतीचो योग. संवसारांत जें कितें दिसता तें सगलें पुरूश प्रकृतीच्या योगांतल्यान जल्मल्लें आसता. शिव आनी कालीचीच मूर्त घेवया. शिवाचे छातयेर काली उबी आसा. शिव तिच्या पांयां सकयल प्रेत जावन पडला. काली शिवा कडेन पळयत आसा. हें सगलेंच पुरूश प्रकृतीच्या योगाचें प्रतीक जावन आसा. पुरूश निश्क्रीय म्हणुनूच शिव प्रेत जावन जमनीर पडला. पुरुशा कडेन युक्त जावन प्रकृती सगलें काम करता. अशे रितीन ती उत्पन्न करता, पालन आनी प्रलय करता. राधाकृष्णाचे जोड मुर्तीचो अर्थय तोच आसा. ह्या योगा खातिरूच त्यो मुर्ती एकामेका वटेन लकिल्ल्यो दिसतात. हो योग दाखोवपा खातिरूच श्रीकृष्ण नाकांत मोतीं घालता आनी राधा आपल्या नाकांत निलमणी घालता. राधा गोरी, मोतयांवरी लकलकीत. श्रीकृष्ण निळसो. हेच खातीर राधा निलमणी वापरता तर श्रीकृष्ण पीतवस्त्र आनी निळशें वस्त्र वापरता.

ईश्वराचो उत्तम भक्त कोण? जो ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत ईश्वरूच जीव, जगत, वैश्वीक वीस तत्वां, सगलें कितें ईश्वरूच जाला म्हणपाचें पळयता तो. सुरवेक नेति, नेति, विचार करीत तेर्रासार पावता. मागीर ताका कळटा, जे वस्तूंचो तेर्रास जाला तोच चुनो, विटो घेवन सोपणां केल्यांत. भक्तांक कळून येता, खूद ब्रह्मच जीव, जगत, सगलेंच कितें जालां.

शुश्क युक्तीवाद. हांव थुकता ताचेर, म्हाका गरज कितें ताची? (श्रीरामकृष्ण

जमनीर थुकतात.) शुश्क तर्क करून हांव स्वता सुको पाशाण कित्याक जावं? जों मेरेन हांव, तूं, चेतना म्हजे भितर आसतली तों मेरेन म्हजी ईश्वराच्या चरण कमलां कडेन शुद्ध भक्ती उरची अशें हांव मागतां. (गोविंदाक) केन्नाय हांव म्हणटां, तूंच 'हांव' आनी हांवूच 'तूं'. परत म्हाका दिसता, तूंच 'तूं' मागीर 'हांव' मात लेगीत म्हाका मेळना. शक्तीच अवतार रुपान प्रगट जाता. कांय लोकांच्या मतां प्रमाण राम आनी कृष्ण म्हणचे सच्चिदानंद दर्या वयलीं दोन ल्हारां.

ब्रह्माचें ज्ञान, अद्वैतज्ञान जाले उपरांत चैतन्याचो लाव जाता. तेन्ना दिसता ईश्वरूच सगल्या भुतांनी चेतना रुपान भरला. हो साक्षात्कार जाले उपरांत फकत आनंद, अद्वैत चैतन्य, आनी सासणाचो आनंद.

ईश्वर सरूप आसा
भोगवासना वतकूच व्याकूळताय येता

(मक) हांव तुका सांगतां, ईश्वरी रुपा विशीं अविश्वास दवरूं नाका. ईश्वराच्या रुपाचेर श्रद्धा दवर. मागीर जें रूप आवडटा त्या रुपाचें ध्यान कर.

(गोविंदाक) जों मेरेन जगांतले विशय भोगपाची भोग वासना आसता तों मेरेन जिवाक ईश्वर दर्शना खातीर खर इत्सा जावची ना. भुरगें जेन्ना खेळांतूच मग्न आसता तेन्ना तें सगलें विसरता. मिठाय दिवन खेळा पसून पयस व्हरपाचो यत्न करात. तुमकां तातूंत येस येवपाचें ना. तें तातूंतलें थोडेंशें खातलें. जेन्ना मिठाये वयल्यान वा खेळा वयल्यान मन उडटा तेन्ना मिठाय वा खेळ गोड लागना. मागीर तें म्हणटा, 'म्हाका आई म्हन्यांत वचूंक जाय.' मिठाय ताका नाका जाता.

जाची वळख लेगीत ना, ज्या मनशाक केन्नाच पळोवंक ना असो मनीस जर ताका म्हणीत, 'यो म्हजे बराबर, हांव तुका तुजे आवय कडेन व्हरतां' तरीय ताचे बराबर वचपाक तें भुरगें तयार जाता. आवय कडेन व्हरपी कोणाय बराबर भुरगें वतलें. अशें संवसारीक सूख भोगून सोंपतकूच आत्मो असो ईश्वरा खातीर तळमळूंक लागता. कितें केल्यार ईश्वर मेळटलो हो एकूच ध्यास त्या वेळार ताका लागता. जो कोण देवा विशीं कितेंय सांगता तें तो आयकता.

म: (स्वगत) आहाहा! भोगवासना गेले उपरांत ईश्वरा खातीर पंचप्राण व्याकूळ जातात.

अध्याय : अठ्ठेचाळीस

जिणेचो उद्देश

ऑगस्ट 18, 1883. शेनवार. श्रीरामकृष्ण कलकत्तांतल्या बलराम बोसच्या घरा आयिल्ले. भक्तांक ते अवताराचो गूट समजावन सांगताले.

श्रीरामकृष्ण: लोकांक अध्यात्मीक ज्ञान समजावन सांगपा खातीर ईश्वराचे अवतार संवसारांत भक्तांच्या सांगातान भक्तीमय जीण जगतात. तांची जीण म्हणल्यार तेर्रासाचेर चडून वतकूच परत सोपणां देंवप. हेर लोकांनी ह्या तेर्रासाचेर चडपा खातीर भक्तांच्या सोपणांचो आलाशिरो घेवपाचो. हें तांणी ज्ञानाचो लाव जाय मेरेन आनी सगल्यो वासना सामक्यो ना जाय मेरेन करपाचें. जेन्ना सगल्यो वासना ना जातल्यो तेन्नाच तेर्रासाचेर पावप जातलें. हिशोब सारको जाय मेरेन पसरकार न्हिदूंक वचना. हिशोब सारको जातकूच तो न्हिदूंक वतलो.

(मक) जर मनशान बुडी मारली तर तो जैतिवंत जातलोच जातलो. बरें हें सांग. केशव सेन, शिवनाथ आनी हेर ब्राह्म मुखेली जे तरेन उपासना चलयतात ती तुका कशी दिसता?

म: तुमी म्हणटात ते प्रमाण हे लोक बागेचें वर्णन करपांतूच समाधान मानतात. बागेच्या मालकाची भेट घेवपाची गजाल क्वचीत उलयतात. बागेचें वर्णन करपांतूच तांचे उपासनेची सुरवात आनी तातुंतूच तांचो शेवट जाता.

श्रीरामकृष्ण: तुजें बरोबर आसा. बागेच्या मालकाक सोदून ताचे बराबर उलोवप हेंच आमचें मुखेल कर्तव्य आसा. ईश्वर दर्शनूच आमचे जिणेची मुखेल मोख जावन आसा.

हाचे उपरांत ते अधराच्या घरा गेले. सांज जाले उपरांत अधराच्या सालांत तांणी नाम संकिर्तन केलें आनी ते नाचले. म, राखाल, आनी हेर भक्त हाजीर आसले.

संकिर्तन जाले उपरांत श्रीरामकृष्ण बसले. ते अजून भावसमाधींत आशिल्ले. तांणी राखालाक म्हणलें, ''ही धर्मीक खर भावना पावसाळ्यांतल्या पावसा भशेन न्हय, जो घोग्यांनी पडटा आनी घोग्यांनी व्हांवन वता. हांगा स्वयंभू शिव आसा. मनशांच्या हातांनी स्थापन केल्लो न्हय. पूण तो स्वताच धर्तरेच्या पोटांतल्यान आपसूक प्रगट जाला तसो. त्या दिसा तूं रागार जावन दक्षिणेश्वर सोडून गेलो. हांवें जगन्माते कडेन तुका क्षमा करची म्हणून प्रार्थना केली.''

श्रीरामकृष्ण अजून भावसमाधींतूच आशिल्ले. तातुंतूच तांणी अधराक म्हणलें. ''म्हज्या पुता, तूं ज्या देवाच्या नांवाचो जप करता ताचेंच ध्यान करीत राव.'' अशें म्हणून तांणी अधराचे जिबेक तांच्या बोटांनी स्पर्श करून तिचेर कितें तरी बरयलें. श्रीरामकृष्णांनी अधराक अशे रितीन दिक्षा बी दिवंक ना मूं?

अध्याय : एकुणपन्नास

श्रीरामकृष्ण आनी म

ऑगस्ट 19, 1883. आयतार. पुनवे उपरांतचो पयलो दीस. श्रीरामकृष्ण दनपारच्या जेवणा उपरांत विसव घेताले. देवळांत दनपारचो म्हानिवेद्य दाखोवन जाल्लो आनी देवळाचीं दारां बंद केल्लीं.

दनपार सोंपूंक नाशिल्ली. श्रीरामकृष्ण तांगेले कुडींत ल्हान पलंगाचेर बशिल्ले. मन तांकां साश्टांग नमस्कार केलो आनी तो जमनीर बसलो. श्रीरामकृष्ण वेदान्त तत्वज्ञानाचेर ताचे बराबर उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: (मक) अश्टावक्र संहितेंत आत्मज्ञानाचेर भासाभास केल्या. अद्वैतवादी आत्मज्ञानी म्हणटात, 'सोहम', अर्थात 'हांवूच तो परमात्मो' हें जालें वेदान्तवादी संन्याश्यांचें मत. पूण संवसारी ग्रहस्थी खातीर हें म्हणणें बरोबर न्हय. संवसारी मनशाक सगलीं कामां जाणविकायेन स्वताच करूंक जाय. अशें आशिल्ल्यान तांच्यांनी 'हांवूच तो, कर्म विरयत परमात्मो' कशें म्हणूं येता? वेदान्तवादी म्हणटात, आत्मो निर्लिप्त आसा. सूख, दुख्ख, पातक, पुण्य आनी हेर गजाली आत्म्याक दुखापत करूंक शकनात. पूण देहाची आसक्ती आशिल्ल्या लोकांक मात दुबाव विरयत तांच्यांनी कश्ट दिवं येता. धुंवराक वणटी पिड्ड्यार करूंक येता. पूण मळबाक ताच्यान कांयच करूंक जायना. असल्या वेदान्तीं विशीं कृष्णकिशोर म्हणटालो, हांव 'ख' म्हणचेच मळब. तो व्हड भक्त आशिल्ल्यान ताणें तशें म्हणल्यार सोबता. पूण दुसऱ्यांक तें योग्य न्हय.

पातक आनी पुण्य
माया काय दया

पूण हांव मुक्त आत्मो अशें म्हणप खूब योग्य आसा. 'हांव मुक्त, हांव मुक्त' अशें

सदांच म्हणीत रावल्यार मनीस खरेंच एक दीस मुक्त जावन वतलो. उरफाटें, 'हांव बद्ध, हांव बद्ध' अशें सदांच म्हणल्यार तो मनीस संवसाराच्या बंधनातूच बद्ध जावन वतलो. मुखर्जी फकत म्हणटा, 'हांव पातकी, हांव पातकी'. तो खरेंच पातकांच्या कोंडांत उरतलो. म्हणुनूच हांव पातकी आसतलोंच कसो, अशी धारणा दवरची आनी म्हणचें, 'हांवें देवाचें नांव घेतलां, आतां हांव बंधनांत कसो आसतलों?'

(मक) हें पळय, आयज हांव सामको खंती जालां. हृदयान बरयलां, तो खूब बरो ना म्हणून. ते विशी म्हाका खंत कित्याक जाता? ही माया काय दया?

मक योग्य उतरां सुचलीं नात आनी तो ओग्गी रावलो.

श्रीरामकृष्ण: माया म्हणचे कितें ते तुका खबर आसा? आवय, बापूय, भाव, भयणी, बायल, भुरगीं, पुतणये आनी धुवड्यो, असल्या नातलगां विशीं आपुलकी म्हणचे माया. दया म्हणचे सगल्या प्राणिमात्रांचेर मोग करप. हृदू विशीं, म्हज्या भावनां विशीं कितें म्हणपाचें? ती माया काय दया? हृदून म्हजे खातीर खूब केलां. ताणें मना पसून म्हजी सेवा केल्या आनी हांव जेन्ना बरो नाशिल्लों तेन्ना म्हजे खातीर स्वता कश्ट काडल्यात आनी सेवाय केल्या. मागीर ताणें खूब माया आनी छळय केला. इतलो छळ आनी त्रास दिला की म्हज्यान सोंसू नजं जावन हांव एक खेपो घाटा वयल्यान गंगेंत उडी घेवन आत्महत्या करपाच्या बेतांत आशिल्लों. पूण ताणें म्हजें खूब खूब केलां. आतां ताका थोडे पयशे मेळ्ळ्यार म्हजें मन शांत जातलें. पूण हांव ते खातीर कोणा कडेन मागतलों? गिरेस्तां केडन असल्यो गजाली उलोवपाक कोणाक आवडटलें?

विष्णूपूराक मृण्मयीदर्शन

दनपारचीं दोन वा तीन वरां जाल्लीं. अधर सेन आनी बलराम आयिल्ले. श्रीरामकृष्णांक नमस्कार करून ते जमनीर बसले. तांणी श्रीरामकृष्णांचे भलायकेची वासपूस केली. श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''हय. हांव शरिरान बरो आसां. पूण मन मात मातशें खंती जालां.''

पूण हृदू आनी ताच्या छळा विशीं कांय सांगलें ना. तांणी देवी सिंहवाहिनी विशीं उलोवप सुरू केलें.

श्रीरामकृष्ण: हय, हांवें ते देवीचें दर्शन घेतलें. कलकत्तांतल्या मल्लीकाच्या घराब्यांतलो एकटो ते देवीची पुजा करता. ह्या घराब्याची परिस्थिती सामकी बिकट जाल्या आनी ज्या घरांत ते रावतात तें घर सामकें मोडूंक पावलां. वणटींचेर आनी

जमनीचेर शेळो दाटला आनी पारव्यांचे विश्ठेन तें भरलां. वणटींचें शिमीट आनी चुनो आनी प्लास्टर गळून पडटा. पूण मल्लीक घराब्याचें दुसऱ्या घराब्यांचे परिस्थिती परस बरें आसा. ह्या घराब्यांचे परिस्थितींत भरभराटीचीं चिन्नां दिसनात. (मक) 'बरें, हे कितें दाखयता अशें तुका दिसता?'

म ओगीच रावलो.

श्रीरामकृष्णः प्रत्येकान ताच्या फाटल्या कर्मां प्रमाण फळ भोगुंकूच जाय. पयलीं जल्माचे संस्कार आनी प्रारब्ध कर्मांचें फळ मनशान मानुंकूच जाय. तरिपूण त्या मोडिल्ल्या घरांतूय देवीचें मूख दैवी तेजान लखलखत आशिल्लें पळयलें. मुर्तींत ईश्वरी अस्तित्व मानुंकूच जाय.

एख खेपो हांव विष्णूपूराक गेल्लों. थंयच्या राजान सुंदर सुंदर देवळां बांदल्यांत. तातूंतल्या एका देवळांत जगन्माता मृण्मयीची मूर्त आसा. देवळा लागीं लालबंद आनी कृष्णबंद नांवांचीं तळीं आसात. एका तळ्याचें उदक बायलो केंसांक लायतात तसल्या उटण्याचो वास म्हाका आयलो. हाचें कारण कितें? त्या वेळार अस्तुऱ्यो देवी मृण्मयींच्या दर्शनाक येतात तेन्ना तिका उटणें लायतात म्हणपाचें म्हाका खबर नाशिल्लें. तळ्या लागींच म्हाका समाधी लागली. अजून हांवें देवळांतली मूर्त पळोवंक नाशिल्ली. भावावेशांत थंयच त्या तळ्यांत मृण्मयीचें दर्शन जालें. कमरा मेरेन देवी उदकांतल्यान वयर आयल्या अशें.

इतले म्हणसर हेर भक्त थंय पावले. कोणेंतरी काबुलांतले राज्यक्रांती आनी यादवी झुजा संबंदान उल्लेख केलो. एका भक्तान सांगलें, अफगणिस्तानच्या अमीर याकुब खानाक सत्ता भ्रश्ट केला. ताणें श्रीरामकृष्णांक सांगलें, ''अमीर देवाचे व्हड भक्त आशिल्ले.''

श्रीरामकृष्णः हें पळय. शरीर धारण केलें म्हणटकच सूख-दुख्ख आयलेंच. ते शरिराचे गुणधर्मूच आसात. कवी कंकणाच्या चंडीमहात्म्यांत सांगलां, कालुवीराक कादयेंत घाल्लो आनी जड फातर ताचे छातयेर दवरिल्लो. तशें पळयल्यार कालुवीराचो जल्म विश्वाचे जगन्मातेच्या वरदानानूच जाल्लो. आत्म्यान देह धारण केलो की ताच्या बराबर सूख-दुख्खां चुकोवंक मेळनात. तशेंच श्रीमंताची गजाल घेयात. श्रीमंत हो एक व्हड भक्त. ताची आवय खुलाना जगन्मातेची व्हड भक्त. पूण तांचे अप्रतिश्ठेक अंतपार नाशिल्लो. ताका सुळार मारपाचोच उरिल्लो.

लांकूडकाराचीच गजाल घेयात. तो देवीचो व्हड भक्त. देवीचें साक्षात दर्शन जाल्लें ताका. ताचेर देवीची व्हड कृपा आनी मोग आशिल्लो. पूण ताका लांकडां कापपाचोच

वेवसाय करचो पडलो आनी तसलें कश्टाचें काम करुनूच ताका पोट भरचें पडलें. परत श्रीकृष्णाची माता देवकी बंदखणींत आशिल्ली. देवान तिका चतुर्भूज शंखचक्र गदाधारीच्या रुपान दर्शन दिलें. इतलें आसून लेगीत ती बंदखणींतल्यान मुटली ना.

म: बंदखणींतल्यान सुटपाचीच गजाल कित्याक म्हणटात तुमी? हें शरिरूच सगल्या दुख्खाचें घर. त्या शरिराच्या कचाट्यांतल्यान तो सुटूंक जाय आशिल्लो न्हय?

श्रीरामकृष्ण: प्रारब्ध कर्माचीं फळां भोगुंकूच जाय, हो नेम. जों मेरेन फाटल्या कर्मांचें भोग भोगपाचे आसतात, तों मेरेन देह धारण करचोच पडटा. एक खेपो एक कुड्डो गंगेंत न्हालो आनी तो पातकां पसून मुक्त जालो. पूण ताचें कुड्डेपण तशेंच उरलें. (हांसतात.) ताच्या फाटल्या वायट कर्मां खातीर ताका हे कश्ट भोगचे पडले.

म: हय महाराज. धोणवांतल्यान सुटिल्ल्या बाणाचेर आमची सत्ता नासता.

श्रीरामकृष्ण: भक्तांक सूख-दुख्खां कितलींय भोगचीं पडूं. तांचे कडेन ज्ञान भक्तीची गिरेस्तकाय सदांच आसता. ही गिरेस्तकाय केन्नाच ताका सोडून वचना. पांडवांचीच गजाल घेयात. तांणी खूब हालअपेश्टा सोंसल्यो तरीपूण तांचो ईश्वरा वयलो विश्वास एक खेपो लेगीत हाल्लो ना. तांचे सारके ज्ञानी, तांचे सारके भक्त कितलेशे मेळटले?

नरेंद्र आनी कॅप्टन

अशा वेळार नरेंद्र आनी कॅप्टन विश्वनाथ उपाध्याय आयले. नरेंद्र तेन्ना बावीस वर्सांचो आशिल्लो आनी कॉलेजींत शिकतालो. तांणी श्रीरामकृष्णांक नमस्कार केलें आनी ते बसले. श्रीरामकृष्णांनी नरेंद्राक गावपाक सांगलें. कुडींत अस्तंते कडले वणटीर तंबोरो हुमकळटालो. नरेंद्र जसो तबलें, डग्गो सादोवंक लागलो, तशे भक्तांचे दोळे ताचे कडेन लागले.

श्रीरामकृष्ण: (नरेंद्राक) पयलीं भशेन तबलें आतां वाजना.

कॅप्टन: तीं पूर्णतायेन भरल्यांत म्हूण तीं शांत आसात. जसो उदकान भरिल्लो कळसो वा तीं साधू भशेन, जे ईश्वरी चैतन्यान भरतकूच शांत आसतात तशें.

श्रीरामकृष्ण: पूण नारदा सारक्या ऋषींचें कितें?

कॅप्टन: लोकांच्या दुख्खान भारावन गेल्ल्यानच ते उलयताले.

श्रीरामकृष्ण: बरोबर आसा तुमचें. नारद, शुकदेव, समाधी उपरांत संवसारांत परत आयले आनी लोकांचेर दया करपा खातीर, उपकार करपा खातीर, तांणी तांचें मौनव्र

मोडलें.

नरेंद्र गावंक लागलोः

आरे, तो सुभागीपणाचो दीस म्हजे खातीर केन्ना उदेतलो
केन्ना, तो जो आसा पूर्ण बरें, पूर्ण सौंदर्य, आनी पूर्ण सत्य,
म्हज्या काळजाचो अंतरगाभारो उजवाडायतलो?
केन्ना पूण हांव निमाणें, ताचें दर्शन घेवन,
त्या आनंदाच्या दर्यांत बुडटलों?...

पदांतलीं दोन-चार उतरां आयकतां आयकतांच श्रीरामकृष्ण खोल समाधींत गेले. हात जोडून उदेंते कडेन तोंड करून ते बशिल्ले. शरीर थीर जाल्लें. आनंददर्यांत ते मग्न आशिल्ले, जगा पसून मन मुक्त जाल्लें. तांचो स्वासोस्वास सामको थांबिल्लो. एका चित्रा भशेन दोळ्यांची पातकडी हालनासतना ते थीर बशिल्ले. ईश्वरी आनंदाच्या खोल खोल दर्यांत तांचें मन बुडून गेल्लें कशें.

सच्चिदानंद लावाचो उपाय
ज्ञानी आनी भक्त हांचे मदीं फरक

नरेंद्र कूड सोडून उदेंते कडले पडवेर गेलो. थंय हाजरा हातांत जपमाळ घेवन कांबळीचेर बशिल्लो. ते दोगूय जाण उलोवंक लागले. हेर भक्त आयले. श्रीरामकृष्णांची समाधी देंवली आनी तांणी चोंय वटेन पळयलें. तांकां नरेंद्र थंय दिसलो ना. तंबोरो जमनीचेर आशिल्लो. तांणी पळयलें, भक्त उत्सुकतायेन तांचे कडेन एक सारके पळयताले.

श्रीरामकृष्णः (नरेंद्राक लेखून) ताणें उजो पेटयला. आतां तो कुडींत रावलो कितें वा भायर गेलो कितें ताका म्हत्व ना.

(कॅप्टनाक आनी हेर भक्तांक) स्वताचेर चिदानंदाचो गूण थापात. मागीर तुमकांय तो आनंद मेळटलो. चिदानंद तर मुळांतूच तुमचे भितर आसा. मायेच्या आवरणा खाला आनी वस्तूरुपान आडमेळीं हाडपी शक्ती खाला तो चिदानंद लिपला. विशया संबंदीं आसक्ती जशी जशी उणी जातली तशी तशी ईश्वरा विशीं ओड वाडटली.

कॅप्टनः कलाकत्तांतल्या तुमच्या घरा कडेन जशे जशे तुमी पावतले तशे तशे तुमी

काशीक फाटीं घालतले. आनी काशी कडेन जशे जशे वतले तशे तशे तुमी तुमच्या घरा पसून पयस वतले.

श्रीरामकृष्णः जशी जशी राधा कृष्णा कडेन पावताली तशें तशें तिका कृष्णाच्या शरिराचो गोड परमळ येवंक लागतालो. ईश्वरा कडेन जशे जशे तुमी लागीं पावतले तशे तशे ताचे कडलो तुमचो भक्तीभाव वाडटलो. न्हंय जितली दर्याक लागीं पावता तितले तिचे भितर भरतेचें उदक भरसता. ज्ञानी स्वता भितर ईश्वरी चैतन्याचो अणभव घेता. ताची अवस्था गंगेच्या वयल्या झोता भशेन. एकेच दिशेन व्हांवपी. ताका सगलें विश्वच मिथ्या, एका सपना भशेन. तो सदांच स्वस्वरुपी, थीर आसता. पूण भक्ताची गजाल वेगळी. ताचो भावप्रवाह एकेच दिशेन वचना. तातूंत भरती सुकती आसता. ईश्वरी आनंदांत तो केन्ना हांसता, केन्ना नाचता, तर केन्ना गायता. भक्तांक देवा बराबर विलास करपाक आवडटा. सच्चिदानंद दर्यांत तो केन्ना पेंवता, केन्ना बुडी मारता, तर केन्ना उदकाचे वयर उफेता, बर्फाचे कुडके उदकांत उफेतात तसो. (हांसतात.)

सच्चिदानंद आनी सच्चिदानंदमयी ब्रह्म आनी आद्यशक्ती एकूच

ज्ञानी ब्रह्माचो साक्षात्कार करून घेवंक सोदता पूण भक्ताची मोख भगवान प्राप्त करून घेवपाची - सर्व शक्तीमान आनी शडऐश्वर्यपूर्ण. तरी ब्रह्म आनी शक्ती खरें म्हणल्यार वेगळीं न्हय. दोनय एकूच. जो सच्चिदानंद, तीच सच्चिदानंदमयी जगन्माता. जसो हिरो आनी ताची प्रभा. हिऱ्याची प्रभा म्हणली की हिऱ्याचें ज्ञान जाताच आनी हिरो म्हणलो की ताची प्रभा आयलीच. हिऱ्याक सोडून ताचे प्रभेची कल्पनाच करूंक येना आनी ताचे प्रभेक वेगळावन हिऱ्याचो विचारूच करपाक येना.

सच्चिदानंद ज्ञान सामकें अद्वितीय आसा. ताचे बगर दुसरें नाच. पूण तें वेगळ्या वेगळ्या रुपान आनी वेगळ्या वेगळ्या पांवड्याचेर प्रगट जायत आशिल्ल्यान तें वेगळें असो भास मात जाता. म्हणून परमेश्वराचीं वेगळीं वेगळीं रुपां दिसतात. भक्त गायता, "हे म्हजे जगन्माते, हें सगलें तूंच" जंय जंय तुमी करणी पळयतात - निर्मणी, सांबाळ, विसर्जन हातूंत शक्तीचें प्रगटीकरण आसा. पूण उदक हें उदकूच. तें केन्ना शांत, तर केन्ना ल्हारांनी भरिल्लें, तर केन्ना बुडबुडे आसतात. परमतत्वच आद्यशक्ती जी निर्मणी, सांबाळ, आनी नाश करता. देखीक कॅप्टन तोच जरी तो कांयच काम करिनासतना रावलो तरी तोच कॅप्टन वा तो ताची पुजा करता तेन्नाय तोच आसता.

वा गव्हर्नर जनरलाक मेळटा तेन्नाय कॅप्टन आसता. वेगळे वेगळे अवस्थेंत, वेगळ्या वेगळ्या वेळार ताका आमी वेगळीं वेगळीं नांवां दितात.

कॅप्टन: हय महाराज, तशेंच तें.

श्रीरामकृष्ण: हांवें हेंच केशव सेनाक सांगलें.

कॅप्टन: केशव सेन कर्मठ हिंदू न्हय. तांचे लहरी प्रमाण आनी पद्धती प्रमाण ते वागतात. ते सुस्थितींत आशिल्ले गृहस्थी, साधू न्हय.

श्रीरामकृष्ण: (हेर भक्तांक) ते म्हाका केशव सेना कडेन वचपाक मनाय करतात.

कॅप्टन: पूण महाराज, तुमी तुमचे इत्शे प्रमाण वागतात. हांव कितें करूं?

श्रीरामकृष्ण: (तीखसाणेन) हांवें केशव सेना कडेन कित्याक वच्चें न्हय? तुमी गव्हर्नर जनरला कडेन पयशे आनी हेर गजालीं खातीर वतात तें तुमकां बरें दिसता? केशव सेन देवाचें चिंतन आनी हरिनाम घेतात. तुमी सदांच म्हणटात न्हय, ईश्वर स्वताच विश्व जाला आनी सगल्या जिवांच्या रुपान नटला. केशव सेना भितर लेगीत देव आसा न्हय?

नरेंद्राच्या सांगातान
ज्ञानयोग आनी भक्तीयोग हांचो समन्वय

अशें उलोवन श्रीरामकृष्ण मदींच उठून कुडींतल्यान भायर सरले आनी वायव्ये कडले पडवेर गेले. कॅप्टन आनी हेर भक्त कुडींतूच बसून तांची परत येवपाची वाट पळोवंक लागले. म श्रीरामकृष्णांच्या सांगातान पडवेर गेलो, जंय नरेंद्र हाजरा बराबर उलयतालो. श्रीरामकृष्णांक खबर आशिल्लें, हाजराक सुकी तात्वीक भासाभास करपाक आवडटाली. हाजरा म्हणटालो, ''जग हें फट, सपना भशेन. पुजा करप, देवाक निवेद्य दाखोवप, हो सगलो मनाचो भ्रम. फकत स्वस्वरुपाचें चिंतन करीत रावप ही अध्यात्मीक मोख जावन आसा.'' मागीर तो म्हणटालो, ''हांवूच तो'' पूण अशें आसून लेगीत ताका पयशां विशीं, वस्तूं विशीं आनी मान सन्मानां विशीं मोह आसतालो. श्रीरामकृष्ण हांसले आनी तांणी हाजराक आनी नरेंद्राक म्हणलें, ''कितें उलयतात तुमी?''

नरेंद्र: (हांसत) आमी व्हडल्या व्हडल्या विशयांची भासाभास करतात. हेरांक समजुपाक कठीण.

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) पूण शुद्ध ज्ञान आनी शुद्ध भक्ती एकूच, साधकांक दोनय एकेच

मोखी कडेन व्हरतात. भक्तीचो मार्ग हो कितलोसोच सोंपो.

नरेंद्रान एका पदाचो उल्लेख केलोः

तुज्या प्रेमान म्हाका सामको पिसो कर
म्हाका ज्ञानाची वा तर्काची कितें गरज?

नरेंद्रान मक म्हणलें, ''तो Hamilton चें पुस्तक वाचतालो. तातूंत तो बरयता, 'A learned ignorance is the end of philosophy and the beginning of religion,"

श्रीरामकृष्णः (मक) हाचो अर्थ कितें?

नरेंद्रान बंगालींत अर्थ सांगलो. (पढत मूर्खपण म्हणल्यार तत्वज्ञानाचो शेवट आनी धर्माची सुरवात.) श्रीरामकृष्णांनी आनंदान इंग्लीशींत म्हणलें ''थँक्यू! थँक्यू!,' जे मोहक पद्धतीन तांणी ही उतरां म्हणलीं ते खातीर सगले जाण हांसले. तांकां खबर आशिल्लें, तांची इंग्लीश उतरावळ डजनभर उतरांचीच आशिल्ली.

नरेंद्राचें गुणवर्णन

सांज जाली. चडश्या भक्तांनी नरेंद्रा सयत श्रीरामकृष्णांचो निरोप घेतलो. श्रीरामकृष्ण भायर आयले आनी तांणी अस्तंते कडल्या दरवाट्या कडल्यान गंगे कडेन खीणभर पळयलें. दोन पुजारी सांजेचे पुजे खातीर न्हाताले. गांवांतले तरणाटे बागेंत भोंवताले वा कोंक्रिटान बांदिल्ल्या बांदार उबे रावन खळखळ करपी न्हंये कडेन पळयताले. हेर चड विचार करपी पंचवटीचे निर्जन शांत सुवातेर भोंवताले.

काळोख जालो. सेवकान श्रीरामकृष्णांचे कुडींतलो दिवो लायलो. धूप घालो. शिवाच्या बारा देवळांनी आनी कृष्ण आनी काली देवळांतूय पुजा आरती सुरू जाल्यो. पुनवेचो दुसरो दीस आशिल्ल्यान रूख आनी देवळां चान्न्यांत न्हालीं. पवित्र न्हंयेचीं हजारांनी ल्हारां रुप्या चान्न्यांत चकचकूंक लागिल्लीं. श्रीरामकृष्ण तांचे कुडींत परत आयले. जगन्मातेक नमस्कार करून ते ताळयो वाजयत देवाच्या गोड नांवांचो जप करीत रावले. कुडींत कितलींशींच देवदेवांचीं चित्रां लायिल्लीं. तातूंत ध्रूव, प्रह्लाद, काली, राधा-कृष्ण, आनी रामाचो राज्यभिशेक अशीं चित्रां आशिल्लीं. श्रीरामकृष्णांनी चित्रां मुखार नमस्कार केलो आनी तांचीं नांवां घेतलीं. मागीर तांणी म्हणलें, ''ब्रह्म-आत्मो-भगवान, भागवत - भक्त - भगवान, ब्रह्मशक्ती, शक्ती-ब्रह्म, वेद, पुराण, तंत्र, गीता,

गायत्री.'' मागीर तांणी म्हणलें, ''हांवें तुज्या चरणांचो आलाशिरो घेतला. जगन्माते हांव न्हय. पूण तूंच, हांव यंत्र, तूं यंत्री,'' बी.

श्रीरामकृष्ण अशे रितीन जगन्मातेचें चिंतन करता आसतना कांय भक्त, बागेंत भोंवताले ते तांचे कुडींत जमले. श्रीरामकृष्ण तांच्या ल्हान पलंगाचेर बसले. तांणी भक्तांक सांगलें, ''नरेंद्र, भवनाथ, राखाल आनी हेर तांचे सारके भक्त हे नित्य सिद्ध, ते सासणाचे मुक्त. तांकां अध्यात्म साधनेची गरज ना. नरेंद्राकच पळयात. तो कोणाचीच पर्वा करिना. एक दीस कॅप्टनाचे गाडयेंत तो म्हजे बराबर वतालो. कॅप्टनान ताका बरे सुवातेर बसपाक सांगलें. पूण नरेंद्रान ताचे कडेन पळयलें लेगीत ना. म्हजें लेगीत तो पळयना, तो जाणा तें सगलें म्हाका सांगिना कित्याक हेरां मुखार ताचे विद्वत्तेची हांव तोखणाय करीत म्हणून. तो अज्ञाना पसून आनी मोहा पसुनूय मुक्त आसा. ताका कसलेंच बंधन ना. तो एक व्हड आत्मो. ताचे कडेन कितलेशेच गूण आसात. तो संगितांत तरबेज, गावपीय आनी वाजोवपीय म्हणून. तो अश्टतासांचो विद्वान. तो जितेंद्रीय. आनी म्हणटा, केन्नाच लग्न जावचो ना म्हणून. नरेंद्र आनी भवनाथ हांचे मदीं दाट इश्टागत आसा. जशें कितें दादलो आनी अस्तुरी. नरेंद्र हांगा चडसो येना. तें एक बरें. कित्याक म्हणल्यार तो येतकूच हांव थाऱ्यार उरना.

अध्याय : पन्नास

दक्षिणेश्वराच्या देवळांत भक्तांच्या सांगातान

ऑगस्ट 20, 1883. सोमार. श्रीरामकृष्ण ल्हान पलंगाचेर मच्छारदाणये भितर ध्यान करीत बशिल्ले.

सांजवेळचीं सात-आठ वरां जाल्लीं. म जमनीर बशिल्लो. ताच्या सांगाताक ताचो इश्ट हरीबाबू आशिल्लो. हरी हो अठ्ठावीस वर्सांचो पूण इकरा वर्सां फाटीं ताची बायल संवसाराक अंतरली. पूण ताणें दुसरें लग्न केलें ना. आपल्या आवय-बापायचेर, भाव-भयणींचेर ताचो खूब मोग. तांची तो खूब सेवा करतालो.

हाजरा दक्षिणेश्वराक रावतालो. राखाल श्रीरामकृष्णां म्हऱ्यांत रावतालो. पूण मदीं मदीं अधराच्या घरा रावतालो. नरेंद्र, भवनाथ, अधर, म, राम, मनोमोहन आनी हेर भक्त दर आठवड्याक येतालेच.

श्रीरामकृष्णांचो पुतणयो आपल्या गांवघरा बरो नाशिल्लो. श्रीरामकृष्णांक ताचे विशीं हुसको दिसतालो. एका भक्तान ताका थोडे पयशे धाडिल्ले. पूण श्रीरामकृष्णांक तें खबर नाशिल्लें.

जेन्ना श्रीरामकृष्ण मच्छरदाणये भायर आयले आनी ल्हान पलंगाचेर बसले तेन्ना भक्तांनी तांकां नमस्कार केलो.

श्रीरामकृष्ण: (मक) हांव मच्छरदाणये भितर बसून ध्यान करतालों. मनांत आयलें ध्यान म्हणचे एका रुपाची कल्पना करून ध्यान करप आनीक कांय न्हय आनी तातूंत म्हजें मन रमलें ना. जर देवान स्वताच जावन एकदम दर्शन दिलें तरच मनशाक समाधान. परत मनांत आयलें, कोण ध्यान करतलो आनी कित्याचेर ध्यान करप?

म: हय महाराज. तुमीच म्हणिल्लें, ईश्वर स्वताच जीव जगत सगलें कितें जाला. जो ध्यान करता तो ईश्वरूच.

श्रीरामकृष्णः आनीक सांगचें म्हणल्यार ईश्वराचे इत्शे बगर ध्यान जावपाचें ना. ईश्वर जेन्ना करूंक लायतलो तेन्नाच मनीस ध्यान करूंक पावतलो. तुजें कितें म्हणणें?

मः खरें तुमचें महाराज. तुमकां तशें दिसता कारण तुमचे भितर 'हांव' ना. जांच्यांत अहंपण ना तांकां तशेंच दिसता.

श्रीरामकृष्णः पूण अहंपणाचो अंश आसप बरो. ताका लागून मनशाक स्वता ईश्वराचो सेवक अशी भावना जाता. जों मेरेन हांव सगलें काम करतां असो बोध आसा तों मेरेन 'हांव दास, तूं प्रभू' असलो भाव खूब बरो. जेन्ना मनशाक आपूण काम करतां म्हूण जाणीव आसता तेन्ना ईश्वरा कडेन सेवक आनी प्रभू अशें नातें दवरप खूब बरें.

श्रीरामकृष्ण आनी ब्रह्म साक्षात्काराची लक्षणां

म परब्रह्माच्या स्वरुपा विशीं सदांच विचार करतालो.

श्रीरामकृष्णः (मक) ब्रह्म मळबा भशेन. तातूंत कसलेच बदल नात. पूण शक्ती खातिरूच तें विवीधतायेन नटलां. परत ब्रह्म उज्या भशेन. ताका कसलोच रंग ना. जर तूं उज्यांत धवी भुकटी घालशी तर तो धवो दिसतलो, तांबडी भुकटी घाल्यार तांबडो आनी काळी घाल्यार काळो.

सत्व, रज, तम हे शक्तीचेच गूण. ब्रह्म ह्या तिनय गुणांचे पलतडीं आसा. ब्रह्म म्हणचे कितें हाचें वर्णन करूंक येना. तें उतरांचे पलतडीं आसा. वाणीचे पलतडीं. वेदान्ताचे पद्धती प्रमाण नेति, नेति करीत जें उरता तें ब्रह्म. आनी जें आनंद तेंच ब्रह्म, तें ब्रह्मानंद स्वरूप.

समजा एके चलयेचो घोव मावोड्या आयला. ताचे बराबरचे इश्ट आयल्यात आनी सालांत बसल्यात. चली आनी तिच्यो इश्टिणी ताका जनेलांतल्यान पळयतात. तिच्या इश्टिणींक तिचो घोव खंयचो तें खबर ना. आनी एका तरणाट्या कडेन बोट करून त्यो विचारतात, ''हो तुजो घोव?'' तिणें हांसत म्हणलें न्हय. तांणी मागीर दुसऱ्या तरणाट्याक दाखोवन विचारलें. तिणें परत सांगलें, हो न्हय. तिसऱ्या मनशाक दाखोवन तांणी विचारलें आनी तिणें तोय न्हय म्हूण सांगलें. तांणी तिच्या घोवा कडेन बोट दाखोवन विचारलें मागीर हो तर? तिणें हय म्हणलें ना, आनी न्हय म्हणलें ना, पूण ती फकत हांसली आनी ओग्गी बसली. तिचे इश्टिणींक कळ्ळें होच तो तिचो घोव.

ब्रह्माच्या स्वरुपाचो साक्षात्कार जाले उपरांत मनीस शांत जाता.

गृहस्थीचें कर्तव्य

(मक लेखून) बरें. हांव इतलो कित्याक उलयतां?

म: भक्तां मदीं अध्यात्मीक चेतना जागृत जावची म्हणून तुमी उलयतात. तुमी एक खेपो म्हणिल्लें ते प्रमाण, जेन्ना तापिल्ल्या तुपांत कच्ची पुरी पडटा तेन्ना ती कडकड असो आवाज करता.

श्रीरामकृष्ण म कडेन हाजरा विशीं उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: (मक) सज्जनाचो सभाव कसो आसता जाणा तूं? तो केन्नाच कोणाक दुखयना. तो कोणाकूच त्रास दिना. कांय लोकांचो सभाव असो आसता की जेन्ना ते कोणाचेय मेजवानेक वतात तेन्ना तांकां बसूंक खाशेली सुवात जाय आसता. जो मनीस ईश्वराचो खरो भक्त आसता, तो केन्नाच वांकडें पावल घालचो ना. कोणाकय ओगीच पिडा दिवचो ना. वायट मनशांचे संगतींत रावप बरें न्हय. तांचे पसून दोन हात पयसूच रावंक जाय आनी अशे तरेन स्वताची राखण करूंक जाय. (मक) अशेंच न्हय तें?

म: हय महाराज. दुश्टांचे संगतींत मन सामकें सकयल्या पांवड्यार येता. पूण तुमी म्हणटात ते प्रमाण वीर मनशाची गजाल वेगळी.

श्रीरामकृष्ण: तें कशें?

म: उजो जेन्ना कमी आसता तेन्ना तातूंत एक ल्हान लांकडा कापटी घाल्यार लेगीत उजो पालवता. पूण भगभगपी उज्यांत केळ जरी घाली तरी ती जळून तिचो गोबोर जातलो.

श्रीरामकृष्णांनी म कडेन ताचो इश्ट हरीबाबू विशीं वासपूस केली.

म: तो तुमच्या दर्शनाक आयला. ताची बायल भायर पडल्यार बरींच वर्सां जालीं.

श्रीरामकृष्ण: (हरीक) कसलें काम करता तूं?

म: तशें अमुकूच काम करता अशें ना. पूण घरा कडेन आवय-बापूय, भाव-भयणी आसात. तांची तो खूब जतनाय घेता. तांकां सांबाळटा.

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) म्हणचे! हें कशें? तुमी त्या जाणट्या दुदी फोडप्या भशेन जाले. तूं तर धड संवसारी न्हय वा हरिभक्तय न्हय. हें बरोबर न्हय. तुवें पळयलां आसतलें, घराण्यांत एक जाणटो मनीस आसता. तो दीस रात भुरग्यांची काळजी घेता. तो सालांत गुडगुडी ओडीत बसता. खास अशें काम नाशिल्ल्यान तो आळसायेन जीण घालयता. मदीं मदीं रांदचे कुडींत वचून दुदी फोडून दिता. कित्याक बायलांक दुदी फोडपाक मनाय आसा. म्हणून त्यो भुरग्यांक ताका दुदी फोडपाक आफोवंक धाडटात. इतलोच

ताचो उपेग. ते खातीर ताका टोपण नांव पडलां 'जाणटो दुदी फोडपी.'

तूं हेंय कर आनी तेंय कर. संवसारांतलीं कामांय कर आनी भगवंताच्या चरण कमलां कडेन चित्त दवरून काम कर. जेन्ना तू एकटो आसतलो आनी कांयच काम नासतलें तेन्ना भक्तां विशीं पुस्तकां, जशें भागवत वा चैतन्य चरित्र वाच.

आतां रातचीं धा जाल्लीं. श्रीरामकृष्णांनी थोडेंशें पुडींग आनी एक-दोन पुरयो खाल्यो. तांकां नमस्कार करून मन आनी ताच्या इश्टांनी तांचो निरोप घेतलो.

अध्याय : एकावन

गुरू-शिश्य संवाद
गुपीत कथा

सप्टेंबर 7, 1883. शुक्रार. रातचीं साडेसात वरां जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण आनी म श्रीरामकृष्णांचे कुडींत उलयत बशिल्ले.

श्रीरामकृष्णः त्या दिसा हांव कलकत्ताक वतालों. गाडयेंतल्यान वतना हांवें पळयलें, सगल्यांचें लक्ष ल्हान गजालींचेरूच केंद्रीत जालां. प्रत्येक जाण पोटाचीच चिंता करता आनी एक सारके अन्ना खातीर धांवत आसतात. दर एकल्याचें मन कामिनी-कांचना कडेन. फकत एकदोगांचेंच मन उच्च विचारां कडेन, उर्ध्व दिश्टी आशिलें. ईश्वरा कडेन मन आसा अशें.

मः आतांच्या युगांत ही पोटाची चिंता चडूच वाडल्या. इंग्लीशांची नक्कल करीत लोकांचें मन छानछोकी वटेन चड चड वळ्ळां. म्हूण तांच्यो गरजोय वाडल्यात.

श्रीरामकृष्णः बरें. इंग्लीशांचें ईश्वरा विशीं कितें मत आसा?

मः ते लोक निराकार देवांत विश्वास दवरतात.

ब्रह्मज्ञान आनी अभेदबुद्द
श्रीरामकृष्ण कितें ईश्वरावतार आसात?

श्रीरामकृष्णः आमचे कडेनूय तें एक मत प्रचलीत आसा.

कांय वेळ श्रीरामकृष्ण आनी शिश्य ओग्गी रावले. मागीर श्रीरामकृष्णांनी स्वताच्या ब्रह्मज्ञानाचे अणभव सांगपाक सुरवात केली.

श्रीरामकृष्णः एक दीस म्हाका चैतन्याचें दर्शन जालें. अद्वितीय आनी अखंड चैतन्य.

पयलीं अशें दाखयलें, अगणीत मनशां, जनावरां आनी हेर जीवजंतू आसात. तांचे मदीं अमीर उमराव आसात. मुसलमान, हांव स्वता, भंगी, सुणीं सगलें कितें आसा. तातूंत एक खाड आशिल्लो मुसलमान आसून ताच्या हातांत शितान भरिल्लो मातयेचो एक थाळो आसा. तो त्या थाळ्यांतलें शीत सगल्यांच्या तोंडांत थोडें थोडें घालता. हांवें लेगीत थोडी रूच घेतली.

आनीक एक दीस म्हाका दाखयलें, शीत, भाजी आनी हेर खावपाचे जिनस आनी हळशीक आनी घाण लेगीत चोंय वटेन पडल्या. अचकीत म्हज्या शरिरांतलो जिवात्मो भायर येवन त्या सगल्याचो आस्वाद घेवंक लागलो. उज्याची एकाद्री ज्योत कशी, आनी ताणें सगल्या गजालींची एक-एक खेपो रूच घेतली. विश्टेची लेगीत. म्हाका अशें दाखयल्लें, सगलें एक आसा. अद्वितीय आनी अखंड चैतन्य आसा. आनीक एका दिसाची गजाल. म्हाका अशें दाखयलें, म्हजे भक्त आसात. म्हजे सामके लागींचे, म्हजे स्वताचे अशे भक्त आसात. ताचे उपरांत देवळांतल्या आरती वेळार घांटी आनी शंख वाजले बराबर हांव हवेलीच्या तेर्रासाचेर चडून व्याकूळतायेन मोट्या मोट्यान आड्डून म्हणटां, 'आरे, तुमी सगले खंय आसात? हांगा येयात. तुमकां पळोवपाक हांव सामको तळमळटां.'

(मक) म्हज्या सगल्या दर्शनां विशीं तुजें कितें म्हणणें?

मः ईश्वर तुमचे वरवीं लिला खेळटा. म्हाका इतलें कळ्ळां, तुमी यंत्र आनी ईश्वर हो यंत्री. हेर जिवांक ताणें जशे कितें यंत्राच्या सांच्यांत घालून तयार केल्यात आनी तुमकां मात स्वताच्या हातांनी घडयल्यात.

श्रीरामकृष्णः बरें. हाजरा म्हणटा, ईश्वराचें दर्शन जाले उपरांत मनशाक स ईश्वरी शक्तींचो लाव जाता.

मः जांकां शुद्ध भक्ती जाय आसता तांकां शक्ती मेळोवपाची वान्साच नासता.

श्रीरामकृष्णः चड करून फाटल्या जल्मांत हाजरा दळिद्री आशिल्लो आसूंक जाय. देखुनूच तर तो सारकें सारकें ईश्वरी शक्तीच्या लावा विशी उलयता. हांव रांदप्या कडेन कितें उलयलों हें ताका जाणा जावपाक जाय आशिल्लें. तो म्हाका म्हणटा, 'तुमकां रांदप्या कडेन उलोवपाची गरज ना. हांव स्वताच देवळाच्या वेवस्थापका कडेन उलयतां आनी तुमकां जाय त्यो सगल्यो वस्तू मेळटल्यो हाची वेवस्था करतां.' (म मोट्यान हांसता.) अशे रितीन तो म्हजे कडेन उलयता आनी हांव कांयच सांगिना.

मः बऱ्याच फावटीं तुमी म्हणलां भक्त जो ईश्वराचेर मोगा खातिरूच मोग करता ताका ईश्वराचें ऐश्वर्य पळोवपाची वान्सा नासता, खरो भक्त ईश्वराक गोपाळ भावांत

पळोवपाची वान्सा धरता. सुरवेक ईश्वर लोहचुंबक जाता आनी भक्त सूय. पूण निमणें भक्त स्वताच लोहचुंबक जाता आनी ईश्वर सूय. म्हणचे भक्ता लागीं ईश्वर ल्हान जाता.
श्रीरामकृष्ण: हय. जसो उदेंतेचो सूर्य. त्या सुर्याक तुमच्यांनी सहजतायेन पळोवं येता. दोळे दिपकावनात. उरफाटें, दोळे तृप्त जातात. भक्तां खातीर ईश्वर मृदू, मोव भाव धारण करता. ताचें ऐश्वर्य कडेक दवरून तो भक्तां मुखार प्रगट जाता.

दोगय जाण मातशे ओगी बसले.

म: तुमचीं दर्शनां खरीं कित्याक आसूं नये? तीं जर असत्य आसत, तर हें जग आनिकूय चड असत्य आसतलें. कारण गिन्यानाचें साधन, जें मन, तें तर एकूच आसता न्हय? तुमचें शुद्ध मन हीं दर्शनां पळोवंक पावता. आनी जगाचें ज्ञान आमकां हें आमचे सादारण मन करून दिता.
श्रीरामकृष्ण: तुका अनित्यत्वाची कल्पना योग्य तरेन जाल्या अशें दिसता. बरें, म्हाका सांग हाजरा विशीं तुजें म्हणणें कितें?
म: म्हाका खबर ना. (श्रीरामकृष्ण हांसतात.)
श्रीरामकृष्ण: बरें. हांव आनीक कोणा भशेन आसां अशें तुका दिसता?
म: ना महाराज. तुमची तुळा कोणाच बराबर करूं नजं.
श्रीरामकृष्ण: (हांसत) 'अचीन' म्हणून रूख आसा तें आयकलां?
म: ना महाराज.
श्रीरामकृष्ण: त्या नांवाचो एक रूख आसा. पूण कोणाकूच तो रूख कसो तें खबर ना.
म: तेच भशेन तुमकां वळखप शक्य ना. तुमकां मनीस जितलो चड वळखतलो तितलो तो उन्नत जातलो.

म ओग्गी आशिल्लो. तो स्वता विचार करूंक लागलो. श्रीरामकृष्णांनी 'उदेंतेचो सूर्य' आनी 'वळखूंक येनाशिल्लो रूख' हे विशीं उल्लेख केलो. ताचो अर्थ ईश्वराचो अवतार न्हय मूं? मनशा बरवीं ही ईश्वराची लिला न्हय मूं? स्वता श्रीरामकृष्ण कितें अवतार? हेच खातीर ते भक्तांक हवेलीच्या तेर्रासाचेर उबे रावन आड्डले नात मूं? 'आरे, तुमी खंय आसात? म्हजे कडेन येयात.'

श्रीरामकृष्ण काली देवळाचे आग्नेय कडले पडवेच्या पायऱ्यांचेर बशिल्ले. राखाल, म आनी हाजरा तांच्या बराबर आशिल्ले. तांच्या भुरगेपणांतल्या दिसां विशीं ते मजेन उलयताले. जेन्ना तिनसांज जाली तेन्ना ते तांचे कुडींत आयले आनी तांगेल्या ल्हान

पलंगाचेर बसले. रोखडेच ते समाधींत गेले आनी समाधी अवस्थेंतूच जगन्माते कडेन उलोवंक लागले. तांणी म्हणलें, ''माते, हो बोवाळ किते खातीर? हांव थंय वचूं? तूं म्हाका व्हरता जाल्यार हांव वतलों.'' रामकृष्ण एका भक्ताच्या घरा वचपाचे आशिल्ले. श्रीरामकृष्ण ते खातीर जगन्मातेची मान्यताय घेताले?

परत ते तिचे कडेन उलयले. घडये लागींच्या शिश्यां विशीं 'माते, ताका खता विरयत कर. माते, ताका कणा इतलेंच कित्याक दिलें?' एक खीण ओगी रावन तांणी म्हणलें ''आ, आतां कळ्ळें, तुजें काम करूंक ताका तितलेंच पुरो.''

तेच अवस्थेंत आसतना तांणी भक्तांक सांगलें, ''जें ब्रह्म आसा तीच शक्ती. हांव ताकाच उलो मारतां, परत माता म्हणून. हांव ताका ब्रह्म म्हणटां जेन्ना तें अचेतन आसता आनी शक्ती म्हणटां जेन्ना ती निर्मणी करता, सांबाळटा आनी नाश करता. उदका भशेन. केन्ना केन्ना थीर आनी केन्ना ल्हारांनी भरिल्लें. ईश्वरी अवतार हो शक्तीचे लिलेचोच भाग. ईश्वरी अवताराचो हेतूच जावन आसा लोकां भितर ईश्वरा विशीं परम भक्ती रुजोवप. अवतार हे गायेचे पाने कशे. एकूच सुवात जंय तुका दूद मेळटा. ईश्वर मनीस रुपांतूच अवतार घेता. अवतार हो व्हड ज्ञानाचो सांठो. तळ्याचे खोल पोकळेंत नुस्त्याचो सांठो आसता.'' कांय भक्त अजापान म्हणूंक लागले, ''श्रीरामकृष्ण हे कृष्ण चैतन्य, क्रिस्त, हांचे भशेन ईश्वरी अवतार काय?''

अध्याय : बावन

दक्षिणेश्वराच्या देवळांत
भक्तां वांगडा

सप्टेंबर 9, 1883. आयतार. श्रीरामकृष्णांचें दनपारचें जेवण जालें आनी ते ल्हान पलंगाचेर बसले. राखाल, म आनी रतन जमनीर बशिल्ले. रतन यदू मल्लीकाचे बागेंतल्या घराची राखण करतालो. ताची श्रीरामकृष्णांचेर खूब भक्ती. मदीं मदीं राम चटर्जी आनी हाजरा कुडींतल्यान भायर भितर करताले. दोन वरां जाल्यांत आसतलीं. रतनान तांकां सांगलें, ''यदू मल्लीकाच्या कलकत्तांतल्या घरा नीळकंठ धर्मीक नाटक करतले.''

रतन: (श्रीरामकृष्णांक) तुमी वचुंकूच जाय. तारीख थारायल्या.

श्रीरामकृष्ण: हें बरें आसा. म्हाकाय वचपाचें आसा. नीळकंठ व्हड भक्तीन गायता.

एक भक्त: खरें आसा तें महाराज.

श्रीरामकृष्ण : तो गायतां गायतां ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतात. (रतनाक) म्हजो विचार आसा, नाटक पळोवंक वतलों तेन्ना कलकत्तांत एक रात रावचें.

रतन: हें तर अती उत्तम.

राम चटर्जी आनी हेर भक्तांनी यदू मल्लीकाच्या घरांतले चोरये विशीं विचारलें.

रतन: हय, यदू बाबूच्या घरांतल्या देवघरांतल्यान देवाच्यो भांगराच्यो पादुको चोरल्यात. घरांत व्हडलो बोवाळ जाला. चोराक धरपा खातीर मंतरिल्ल्या ताटाची युक्ती तो करूंक सांदता. मगलें जाण एक दिल्लें कुडींत बसतलें आनी मागीर ज्या मनशान त्यो पादुको चोरल्यात ताचे वटेन तें ताट वतलें.

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) ताट चलत वतलें? कशें? तें आपशींच चलतलें कशें?

रतन: एक मनीस तें जमनीचेर दांबता.

एक भक्त: ती एक हात चालाखी. ती एक व्हड चलाखी.

श्रीरामकृष्ण: खरी चलाखी मनीस ईश्वराचो साक्षात्कार करून घेता ती. असली चलाखी ही सगल्यांत व्हड आनी बरी चलाखी.

तांत्रीक साधना आनी
श्रीरामकृष्णांचो संतानभाव

अशें उलोवप चालू आसतना कांय बंगाली गृहस्थी भितर आयले आनी श्रीरामकृष्णांक नमस्कार करून सकयल बसले. तांचे भितरल्या एकट्याक श्रीरामकृष्ण पयलीं पसून वळखताले. हे लोक तंत्रमताची साधना करताले. तांचो तो पंथच आशिल्लो. तांचे भितरलो एकटो धर्माच्या नांवां खाला पातक करतालो. तंत्र विधी करतना कांय अटींचेर दादले आनी बायलो हांकां एकामेकां भितर मेळपाक मान्यताय दितालो. श्रीरामकृष्ण सगल्या अस्तुऱ्यां कडेन, वेश्यां कडेन लेगीत - जगन्मातेची रुपां म्हणून पळयताले. सगल्यांकूच ते 'आई' म्हणून उलो मारताले.

श्रीरामकृष्णः (हांसत) अचलानंद खंय आसा? अचलानंद आनी ताचे शिश्य हांची आनी म्हजी देख वेगळी. म्हजे नदरेन हांव सगल्या अस्तुऱ्यांक म्हजी आवय कशी मानतां.

आयिल्ले गृहस्थी ओगीच बसून रावले.

श्रीरामकृष्ण : प्रत्येक अस्तुरी म्हाका आवय कशी. प्रत्येक अस्तुरी म्हाका माते समान. अचलानंद मदीं मदीं हांगा येवन रावतालो. खर आनी खूब सोरो पियेतालो. म्हजो अस्तुरी विशीं संतानभाव आयकून तो मोट्या नेटान आपलें मत योग्य कशें तें सांगूंक लागलो. आपलेंच मत खरें हें हट्टान सांगतालो. तुमी अस्तुरे सांगातान वीरभावाची साधना कित्याक मानिनात? तुमी शिवाचेंय म्हणणें मानिनात? खुद शिवूच तंत्राचे जनक. तातूंत तरेतरेच्यो साधना सांगल्यात. वीर भावाचीय साधना सांगल्या.

हांवें ताका सांगलें, 'आरे बाबा, म्हाका कांयच खबर ना. म्हाका हातूंतलें कांयच आवडना. म्हाका प्रत्येक अस्तुरी ही आवय आसा.'

बापायचें कर्तव्य
सिद्धी, पयसो, ताचो उपेग

अचलानंद तागेल्या स्वताच्याच भुरग्यांचो सांबाळ करिनाशिल्लो. म्हाका म्हणटालो, 'देवूच सांबाळ करतलो.' हांव ओग्गी रावलों. पूण म्हाका ते विशीं दिसलें तें अशें, तुज्या भुरग्यांक कोण सांबाळटलो? बायल भुरग्यांचो त्याग करप हें पयशे कमोवपाचे साधन जावंक जायना. लोकांक दिसतलें, तुमी घरादाराचो त्याग केला,

तुमी एक व्हड सत्पुरूश आसात म्हणून. हे खातीर तुमकां पयशेय दितले अशे तरेन तुमी खूब पयशे कमयतले.

कोर्टांत खटलो जिखून पयशे मेळोवप, दुसऱ्याचो खटलो कोर्टात जिखपा खातीर तुमकां मजत करप आनी इश्टेट मेळोवन दिवप, असल्या कामां खातीर अध्यात्मीक साधना करप हें सामकें हीन बुद्दीचें काम.

पयशांनी अन्न वस्त्रांची गरज भागता. घर बांदपाक येता. देवाची पुजा करपाक येता. हो पयशांचो बरो उपेग. पयशे छानछोकी वा देहसूख भोगपाक वा समाजांत मान सन्मान विकतो घेवपाक नासता.

लोक सिद्धी मेळोवपा खातीर तांत्रीक साधना करतात. कितली नीच साधना ही. कृष्णान अर्जुनाक सांगलें, 'इश्टा, आठ सिद्धींतली एक सिद्धी लेगीत मेळयल्यार तुजी शक्त थोडीशी वाडटली. पूण म्हजी प्राप्ती जावपाची ना. सिद्धी आंगांत आसल्यार माये पसून सुटका ना. आनी माये खातीर अहंकार वाडटा.'

श्रीरामकृष्ण आनी हटयोग

शरीर, पयसो हें सगलें शाश्वत न्हय. ते खातीर इतले त्रास कित्याक घेवपाचे? हटयोग्यांचीच दशा पळयात न्हय. तांची एकूच मोख - लांब पिराय हातासपाची. ईश्वराचो साक्षात्कार करून घेवपा कडेन तांचें लक्ष ना. नेती, धोती, पोट नितळ करप हातुंतूच मग्न, नळयेंतल्यान दूद पियेवप आनी हेर उपाय करप. फकत तोच हेत दवरून.

एक शेट आशिल्लो. ताची जीब अचकीत उरफाटी जाली आनी ताळवेक वचून बसली. समाधींत गेल्ले भशेन ताची अवस्था जाली. तो थंयचे थंय थीर जालो आनी बरेच दीस तो ते अवस्थेंत उरलो. लोक येवन ताची पुजा करूंक लागले. कांय वर्सां उपरांत ताची जीब अचकीत सारकी जाली आनी तो पयलीं भशेन भानार आयलो. तेन्ना तो परत तागेलो वेवसाय करूंक लागलो. (सगले हांसतात.) ह्यो सगल्यो शारिरीक क्रिया आनी तांचो ईश्वरा कडेन कांयच संबंद ना.

एक मनीस ब्यांयशीं तरांचीं आसनां करतालो. पूण भितरल्यान ताका कामिनी-कांचनाची ओड आशिल्ली. एक दीस ताका हजार रुपयांची बँक नोट मेळ्ळी. ताका मोह सुटलो आनी ताणें ती गिळ्ळी. फुडें फाटीं केन्ना तरी भायर काडटलों

असो विचार करून. नोट केन्ना तरी भायर काडली. पूण ताका तीन वर्सां बंदखणींत धाडलो. हांव सरळ बुद्दीचो. म्हाका दिसलें ह्या मनशान व्हड अध्यात्मीक उदरगत केल्या म्हणून. हय, खरेंच सांगतां. हांव सोपूत घेवन सांगतां.

श्रीरामकृष्ण आनी कामिनी-कांचन

एक खेपो सिंथीच्या महेंद्र पालांनी रामलालाक पांच रुपयांची नोट दिली. ते गेले उपरांत पयशे किते खातीर दिल्यात काय म्हूण हांवें ताका विचारलें. ताणें सांगलें, 'ती नोट म्हजेच खातीर दिल्या.' म्हाका दिसलें दुदाचें देणें दिवपाक उपेगी पडटले. ते राती हांव न्हिदूंक गेलों. म्हजेर विश्वास दवर. म्हाका त्रास जालो आनी अचकीत म्हाका जाग आयली. म्हाका दिसलें, एक माजर म्हजे छातये भितर म्हाका बुचकिता. हांव रोखडोच रामलाला कडेन गेलों आनी ताका विचारलें, 'महेंद्रान पयशे कोणाक दिल्यात? तुजे काकीक दिल्यात?' रामलालान सांगलें, 'ना. ते तुमचे खातीर दिल्यात.' तेन्ना हांवें म्हणलें, 'चल, आतां वच आनी पयशे परत दिवन रोखडोच यो. नाजाल्यार म्हाका चैन पडपाची ना.' रामलालान सकाळीं फुडेंच पयशे परते दिले आनी तेन्ना म्हाका बरें दिसलें.

एक दीस एक गिरेस्त मनीस हांगा आयलो आनी ताणें म्हाका म्हणलें, 'महाराज, हांव हो खटलो जिखतलों अशें तुमी कितें तरी करूंक जाय. तुमचें नांव आयकून हांव हांगा आयलां.' हांवें म्हणलें, 'तुजी कितें तरी चूक जाल्या. तूं सोदता तो मनीस हांव न्हय. अचलानंद हो तूं सोदता तो मनीस.'

ईश्वराचो खरो भक्त शरीर, पयसो हांची पर्वा करिना. तो म्हणटा, 'देह सुखा खातीर पयशे, नांव वा लोकमान्यताये खातीर हांवें अध्यात्मीक साधना कित्याक करची? हें सगलें अनित्य. एक-दोन दिसांचें.'

आयिल्ल्या सोयऱ्यांनी श्रीरामकृष्णांक नमस्कार करून तांचो निरोप घेतलो. ते गेले उपरांत श्रीरामकृष्ण हांसले आनी तांणी मक म्हणलें, 'चोराक केन्नाच तूं धर्माच्यो गजाली आयकुपाक प्रवृत्त करूंक शकना.' (सगले हांसतात.)

स्वताचे श्रद्धेचें मूळ
ईश्वरा वयली श्रद्धा

श्रीरामकृष्णः बरें नरेंद्रा विशीं तुजें म्हणणें कितें?

मः खूब तेजिश्ट.

श्रीरामकृष्णः हय. ताची जशी बुद्द व्हड तशी ताची विद्याय व्हड. परत गावप, वाजोवप हातुंतूय तो तरबेज. तशेंच तो जितेंद्रीय. तो म्हणटा केन्नाच लग्न करचो ना म्हणून.

मः तुमी एक खेपो म्हणिल्लें, जो सदांच पातकाचो विचार करता तो खरेंच पातकी जावन वता. तो पातका पासून मुक्त जावंक पावना. पूण हांव ईश्वराचो पूत असो विश्वास आसल्यार ताच्यान अध्यात्मीक जिणेंत बरी उदरगत करूं येता.

श्रीरामकृष्णः हय. विश्वास, कृष्णकिशोराचो केदो व्हड विश्वास! म्हणटालो, 'हांवें एक खेपो देवाचें नांव घेतलां तें पुरो न्हय? हांव पातकी उरतलोंच कसो? हांव शुद्ध आनी निर्मळ आसां,' एक दीस हलधारीन म्हणिल्लें, 'अजामिळान लेगीत ईश्वराक प्रसन्न करपा खातीर तपस्या केल्ली. तपस्ये बगर ईश्वराची कृपा मेळूंक येता? एक खेपो 'नारायण' म्हणून कितें जातलें?' हीं उतरां आयकून कृष्णकिशोराक कितलो राग येवचो! फुडें जेन्ना तो फुलां काडपाक बागेंत आयलो तेन्ना हलधारी कडेन ताणें मात लेगीत पळयलें ना. हलधारीचो बापूय व्हड भक्त. न्हावपा वेळार कमरभर उदकांत रावतालो आनी पवित्र मंत्र जपत ईश्वराचें ध्यान करतालो. तेन्ना ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं.

एक दीस आर्यदाह हांगा गंगेच्या घाटार एक साधू आयलो. आमी ताका पळोवपा विशीं उलयताले. हलधारीन म्हणलें ही पंचभुतांची मनशाची कूड पळोवन आमकां कितें मेळटलें? कृष्णकिशोरान ते विशीं आयकलें आनी म्हणले, 'कितें! साधूच्या दर्शनान कितें मेळटलें? जो कृष्णाचें नांव घेत आसता ताची कूड चिन्मय जावन वता. अशा मनशाक सगलेंच चिन्मय दिसता. ताका कृष्ण चिन्मय दिसता आनी तांचें धाम चिन्मय दिसता.' ताणें अशेंय म्हणलें, 'एक खेपो कृष्णनाम वा रामनाम घेतल्यार लेगीत शंबर संध्या केल्ल्याचें फळ मेळटा.'

ताच्या एका पुतान मरणा वेळार रामाचें नांव घेतिल्लें. कृष्णकिशोरान म्हणलें, 'ताणें रामाचें नांव घेतलां. आतां हुसको करपाची गरज ना.' तरीपूण मदीं मदीं ताची याद येवन तो रडटालो. कितेंय जालें तरी तो ताचो पूत न्हय! पुजा, जप, भक्ती, विश्वास आनी श्रद्धा दवरिनासतना केली जाल्यार कांयच साध्य जावचें ना. खरें न्हय?

म: हय महाराज. खरें तें.

श्रीरामकृष्ण: गंगेच्या घाटार लोक न्हावपाक येतात तें हांव पळयतां. आखल्या संवसारांतल्यो गजाली चलतात थंय. विधवा काकी म्हणटा, 'कितें सांगूं. हांव ना जाल्यार तांची दुर्गा पुजा जायना. बारीक - सारीक गजाली म्हाकाच करच्यो पडटात. घरांत लग्न आसता तेन्ना सगलें म्हाकाच पळोवचें पडटा. न्हवऱ्या-व्हंकलेचें हांतरूण घालप लेगीत.'

म: पूण तांकां आमी दुशण कित्याक दिवपाचें? तांणी वेळ कसो काडपाचो?

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) कांय लोकांची माळये वयले सुवातेर देवाची कूड आसता. पुजे खातीर निवेद्य करप, फुलां घालप, गंद काडप, हें सगलें करता आसतना देवा विशीं एक उतर लेगीत उलयनात. ते कितें उलयतात पळयात. 'आयज कितें म्हणून रांदपाचें? आयज बाजारांत बरी भाजी मेळ्ळीच ना. काल कडी बरीऽऽ जाल्ली. तो भुरगो म्हजो पुतणयो. हय रे! तूं अजून तीच नोकरी करता? हांव कशी आसां तें आनीक विचारूं नाका. म्हजो हरी भायर पडलो.' पळय! पुजा करता आसतना देवाचे कुडींत असल्यो गजाली.

म: खरें आसा महाराज. चडश्या सुवातांनी ह्यो गजाली चलतात. तुमी म्हणटात ते प्रमाण ईश्वरा खातीर जो तळमळटा, ताका कितें चड दीस पुजा बी करची पडटा?

चिन्यम रूप म्हणचे कितें?
ज्ञान आनी विज्ञान. ईश्वरूच सत

श्रीरामकृष्ण आनी म एकांतांत उलयताले.

म: महाराज, परमेश्वर जर स्वताच सगलें कितें जाला, जाल्यार मागीर मनशां मनशांत अशे तरेतरेच्यो भावना कित्याक म्हणून आसच्यो?

श्रीरामकृष्ण: दुबाव विरयत ईश्वर सगल्या प्राण्यांत चैतन्य रुपांत पातळ्ळा खरो, पूण ताचे शक्तीचें प्रगटीकरण वेगवेगळ्या जिवांनी वेगवेगळें आसता. कांय सुवातांनी विद्याशक्ती दिसता तर कांय सुवातांनी अविद्याशक्ती दिसता. कांय कडेन शक्तीचो उजवाड चड तर कांय कडेन उणो. तूं पळयता न्हय मनशां भितरूच कांय जाण फटींग, जुगारी आसतात तर कांय जाण वागा सारकीं आसतात. हांव तांकां म्हणटां 'फटींग नारायण, वाग नारायण.'

म: (हांसत) महाराज, अश्या लोकांक पयसुल्ल्यानूच नमस्कार करूंक जाय. वाग

नारायण म्हूण ताका वेगेंत घेतलो जाल्यार तो आमकां खावन उडयतलो.

श्रीरामकृष्ण: तो आनी ताची शक्त, ब्रह्म, आनी ब्रह्मशक्ती हांचे बगर कांयच अस्तित्वांत ना. फकत हीच शक्त अस्तित्वांत आसा. रामाचें स्तवन करतना नारदान म्हणिल्लें, 'ए रामा, तूंच शिव आनी सीता भगवती. तूंच ब्रह्म आनी सीता ब्राह्मणी, तूं इंद्र आनी सीता इंद्राणी, तू नारायण आनी सीता लक्ष्मी. ए रामा, पुरुशलिंगी जें कितें आसा तें तूं आनी स्त्रिलिंगी जें कितें आसा तें सीता.'

म: महाराज, ईश्वराचें चिन्यमरूप कशें आसता?

श्रीरामकृष्ण थोडो वेळ विचार करूंक लागले आनी मागीर सवकास सांगूंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: तें कशें आसता तुका सांगूं? तें उदका भशेन आसता. हें पळय. ह्यो सगल्यो गजाली स्वता साधना करतकूच समजतात.

ईश्वराच्या रुपाचेर विश्वास दवर. ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत एकत्वाचें दर्शन जाता. ब्रह्म आनी ताची शक्ती एकूच असो अणभव येता. जशें उजो आनी ताची लासणी शक्ती - उज्याचो विचार करतकूच लासणे शक्तीचोय विचार करचो लागता आनी लासणे शक्तीचो विचार करतकूच उजोय दोळ्यां मुखार रावता. तशेंच ब्रह्म आनी शक्ती. हें जशें दूद आनी ताचें धवेपण, उदक आनी ताचें वलेपण आसता तशें.

पूण ब्रह्मज्ञानाचे पलतडची एक अवस्था आसता. ज्ञाना उपरांत येता विज्ञान. आपल्याक ज्ञान जालां हाची जाका जाणीव जाल्या ताका अज्ञानाचीय जाणीव जाता. वशिश्ठ मुनी तागेल्या शंबर पुतांच्या मरणान सामको दुख्खी जाल्लो. येद्या व्हडल्या ज्ञानी मनशाची अशी दशा कित्याक जावची अशें लक्ष्मणान विचारतकूच रामान म्हणलें, 'बाबा रे! ज्ञान आनी अज्ञान दोनायच्याय पलतडीं वचूंक जाय. ज्ञाना बराबरूच अज्ञानाची जाणीव आयलीच. पांयांत कांटो लागतूकच दुसरो एक कांटो घेवन तो पयलो कांटो काडून उडोवंक जाय. आनी मागीर दुसरोय कांटो भायर उडोवंक जाय.'

म: म्हणचे मनशान ज्ञान आनी अज्ञान दोनय भायर उडोवंक जाय, अशें न्हय?

श्रीरामकृष्ण: हय. ते खातीर विज्ञान आपणावंक जाय. जांकां उजवाडाची जाणीव आसा तांकां काळखाचीय जाणीव आसता. सुखाची जाणीव आसता तांकां दुख्खाचीय जाणीव आसता. पुण्याची जाणीव आसता तांकां पातकाचीय जाणीव आसता. जांकां सद्गुणाची जाणीव आसता तांकां दुर्गुणाचीय जाणीव आसता. जांकां बऱ्याची जाणीव आसता तांकां वायटाचीय जाणीव आसता. 'हांव' पणाचो बोध आसता ताका 'तूं'

पणाचोय बोध आसता.

विज्ञान म्हणचे कितें? ईश्वराक खाशेले रितीन जाणप हें विज्ञान. लांकडांत उजो आसा असो विश्वास आसप हें ज्ञान, पूण उज्याचेर शीत शिजोवप, शीत जेवप आनी घटमूट जावप हाचें नांव विज्ञान. ईश्वर आसा असो काळजांतल्यान बोध जावप हाचें नांव ज्ञान, पूण देवा कडेन उलोवप, वात्सल्य, सख्य, दास्य, मधूर बी भावांनी ताच्या सांगाताचो आनंद घेवप हाचें नांव विज्ञान. जीव जगत तो स्वताच जाला असो साक्षात्कार जावप हें विज्ञान.

कांय जाणांचें मत अशें आसा की परमेश्वराचें दर्शन जावं नजं. कोण कोणालें दर्शन घेतलो? ईश्वर तुमचे भायर आसा? तुमी पळयल्ले म्हणटात ते, आमीच आमकां पळोवपाचें आसता. तारूं, एक खेपो दर्याच्या काळ्या पाणयांत भितर वतकूच तें परत येना. मागीर तो अणभव कोण सांगतलो?

म: खरें आसा महाराज. तुमी म्हणटात ते प्रमाण यादस्तिकाचे तेंगशेर चडटकूच, मागीर सकयल कितें आसता ताची जाणीव नासता. घोड्या गाडयो, दादले, बायलो, घरां, दुकानां, कचेऱ्यो आनी हेर सगलें हाची कांयच जाण नासता.

श्रीरामकृष्ण: ह्या दिसांनी हांव कालीमातेच्या देवळांत वचना. हो गुन्याव न्हय मूं? नरेंद्र केन्नाय म्हणटालो, कितें! ते अजून लेगीत कालीच्या देवळांत वतात?

म: प्रत्येक दिसा तुमचें मन नवे अवस्थेंत आसता. तुमी आनीक केन्ना देवाचो अपराध करतले?

श्रीरामकृष्ण: हृदया विशीं कोणें तरी सेनाक म्हणलें, तो खुबूच बरो ना. ताचे खातीर दोन पुडवीं आनी दोन सदरे घेवन येयात. आमी ते ताच्या गांवांत धाडून दितात. दोन रुपये दिल्यात. हाका तुमी कितें म्हणटले? सेनान दोन रुपये दिल्यात हाका तुमी कितें म्हणटले? तांचे कडेन खूब पयशे आसात, तरीपूण ते इतले चामटे. तुमकां कितें दिसता?

म: जे ईश्वराचो लाव जावचो म्हूण तळमळटात ते असलें वर्तन करचे नात. ज्ञान लाव जांची मोख आसा ते अशें करचे नात.

श्रीरामकृष्ण: ईश्वरूच एकमेव सत आनी बाकी सगलें असत.

अध्याय : त्रेप्पन

अधराच्या घरा राखाल, ईशान आनी हेर भक्तां वांगडा श्रीरामकृष्ण

भुरग्यांचो विश्वास, अस्पृश्य जाती आनी शंकराचार्य, साधूचें काळीज

सप्टेंबर 22, 1883. शेनवार. श्रीरामकृष्ण कलकत्तांतल्या अधराच्या घरांतल्या सालांत बशिल्ले. तांचे बराबर राखाल, अधर, म, ईशान आनी हेर भक्त आशिल्ले. शेजारचेय बरेच लोक आयिल्ले. दनपारचो वेळ.

श्रीरामकृष्णांची ईशानाचेर खूब माया आशिल्ली. ईशान महालेखाकाराचे (अकाउंटण्ट जनरल) कचेरींत अधिकारी म्हणून काम करताले. फुडें तांच्या भुरग्यांनीय सरकारी खात्यांत उंचेल्यो सुवातो मेळयल्यो. तातूंतलो एक नरेंद्राचो वर्गइश्ट. ते सदळ हातान गरिबांक आनी गरजेवंतांक मदत करताले. निवृत्त जाले उपरांत ते दान धर्म आनी अध्यात्मीक साधना करताले. ते मदीं मदीं श्रीरामकृष्णांच्या दर्शनाक येताले.

श्रीरामकृष्ण: (ईशानाक) भुरग्यान पत्र धाडलें ही गजाल तुमी सांगात पळोवया.

ईशान: (हांसत) एक खेपो एका भुरग्यान आयकलें की ईश्वर हो आमचो निर्मातो म्हणून. ताणें तागेली प्रार्थना देवाक आयकुवपा खातीर, देवाकूच पत्र बरयलें आनी पोस्टांत घालें. लाखाट्याचेर नामो बरयलो 'सर्व'. (हांसतात.)

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) तुमी ती गजाल आयकल्या? असो भुरग्या भशेन विश्वास आसत तरूच अध्यात्मीक प्रगती करूं येता. (ईशानाक) कर्मत्यागा विशीं सांगात पळोवया.

ईशान: ईश्वराचो लाव जाले उपरांत धर्मीक कर्मां, संध्या बी सुट्टात. एक दीस कांय लोक गंगेचे देगेर बसून संध्या करताले. तातूंतलो एक संध्या करिनासतना असोच बशिल्लो. ताका ताचें कारण विचारतकूच ताणें सांगलें, हांव अशौच पाळटां. अशौचांत संध्या करपाची नासता. मरण अशौच आनी जल्मय अशौच. म्हाका दोनय आसात. म्हजी अविद्या आवय मेल्या आनी आत्मज्ञान - भुरगें म्हाका जालां.

श्रीरामकृष्ण: आत्मज्ञान जाले उपरांत जाती-भेद कसो ना जाता ताचे विशीं सागशात?

ईशान: गंगेंत न्हावन एक खेपो शंकराचार्य पायऱ्यो चडून वयर येताले. अशा वेळार कुत्र्याक बराबर घेवन एक चांडाळ, तांचे मुखार उबो आशिल्लो पळोवन तांणी म्हणलें, 'तूं म्हाका आफुडलो.' चांडाळान जाप दिली, 'देवा, हांव तुमकां आफुडलों ना आनी तुमीय म्हाका आफुडले नात. आत्मो सगल्यांच्या अंतार्यामीं आसा आनी निर्लिप्त आसा. तो भश्टना. सोऱ्यांत पडटा तें सुर्याचे बिंब आनी गंगेच्या उदकांत पडटा तें सुर्याचे बिंब ह्या दोगांय भितर कितें फरक आसा?'

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) ते समन्वयाचे गजाली विशीं सांगात. सगल्या मार्गांनी ईश्वराची प्राप्ती कशी जाता तेंय सांगात.

ईशान: (हांसत) हरी आनी हर ह्या दोनय उतरांचो धातू एक. भेद आसा तो प्रत्ययाचो. खरें पळयल्यार जो हरी तोच हर. जर देवाचेर विश्वास आसत तर कोणाची पुजा करता ताका अर्थ नासता.

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) सगल्यां परस साधूंचें काळीज व्हडलें, ही गजाल सांगात पळोवया.

ईशान: (हांसत) सगल्यां परस धर्तरी व्हडली. धर्तरे परस दर्या व्हडलो. आनी दर्या परस मळब व्हडलें. पूण विष्णू सगल्यां देवांचो मुखेल, हांणी एकाच पावलान, धर्तरी, मळब आनी सर्ग तिनूय लोक व्यापून उडयले आनी तें विष्णूचें पावल साधूच्या काळजांत. म्हणून साधूचें काळीज सगल्यां परस व्हडलें.

ह्यो सगल्यो गजाली आयकून भक्त मंडळी आनंदीत जाली.

आद्यशक्तीच्या उपासनेंतूच ब्रह्म उपासना आसता
ब्रह्म आनी शक्ती एकूच

ईशान निर्जन सुवातेर वचून गायत्री मंत्राचो जप करून ब्रह्माची आराधना करूंक सोदताले. पूण श्रीरामकृष्णांचें म्हणणें अशें की विशयबुद्दीचो पुरायेन त्याग केले बगर ब्रह्मज्ञान जावपाचें ना. पूण कलीयुगांत मनशाचो प्राणूच अन्नांत आसता. ताची विशयबुद्द वचना. मन सदांच विशयांतूच घुटमळत आसता. म्हणुनूच श्रीरामकृष्ण ब्रह्माची वेदीक उपासनेची कलीयुगांत गरज ना म्हणटाले. आनी शक्तीची उपासना करपाक सांगताले. जें ब्रह्म तीच शक्ती. शक्तीची उपासना करतकूच ब्रह्माची उपासना केल्ले भशेन जाता.

श्रीरामकृष्ण: (ईशानाक) 'नेति नेति' करीत ओगीच वेळ कित्याक वगडायतात?

ब्रह्मा संबंदीं कांयच म्हणूंक येना. इतलेंच म्हणूं येता, 'तें आसा.'

आमी जें कितें पळयतात, ज्या कित्याचो विचार करतात तें सगलें ते आद्यशक्तीचेंच, ते चितशक्तीचेंच ऐश्वर्य. सृजन, पालन, संहार, जीव, जगत, तशेंच ध्यान, ध्यातो, भक्ती, प्रेम सगलें कितें तिचेंच ऐश्वर्य आसा.

पूण ब्रह्म आनी ताची शक्ती एकूच. लंकेक सावन परत येतकूच एक दीस हनुमानान रामाचें स्तवन करून म्हणलें, 'ए रामा, तूंच परम ब्रह्म आनी सीता तुजी शक्ती, दोनूय एकूच.' जसो सोरोप आनी ताची वांकडी तिकडी चाल. ही वांकडी चाल मनांत येतकूच सोरोप दोळ्यां मुखार येता. आनी सोरपाचो विचार येतकूच ताचे चालीची याद जाता. दुदाची कल्पना करतकूच ताच्या धवेपणाची कल्पना येताच आनी धवेपण म्हणटकूच दूद दोळ्यां मुखार येता. वा ब्रह्म आनी शक्ती, उदक आनी वलसाणी भशेन. उदकाचो विचार येतकूच ताचे वलसाणीची याद येता. आनी उदकाचे वलसाणीचो विचार येतकूच उदक मनांत येता.

तेच आद्यशक्तीन, ते म्हामायेन ब्रह्माचेर पांगरूण घालां. पांगरूण पयस करतकूच मनशाक कळटा 'हांव पयलीं आशिल्लों तसोच आसां. हांव, हांव तूंच आसा, तूंच हांव आसां.'

जों मेरेन पांगरूण आसा, वेदान्ताचें म्हणणे 'हांवूच तो' म्हणचेच मनीस परब्रह्म आसा अशें म्हणप बरोबर न्हय. ल्हार उदकाचो भाग. पूण उदक ल्हाराचो भाग न्हय. जों मेरेन पांगरूण आसा तों मेरेन देवाक 'आई' म्हणून आळोवप बरें. देवाक उलो असो मारचो. उलो मारतना 'तूं आई, हांव तुजें भुरगें', 'तूं प्रभू, हांव तुजो दास'. धनी आनी सेवक भावूच बरो. असल्या धनी-सेवक भावांतल्यानूच शांत, सख्य आनी हेर भाव उत्पन्न जातात. जेन्ना धनी सेवकाचेर मोग करता, तेन्ना धनयाच्यान ताका म्हणूं येता, 'यो म्हज्या म्हज्यांत बस. तुजे-म्हजे भितर कांयच भेद ना.' पूण नोकर जर स्वता जावन धनयाच्या म्हज्यांत बसूंक सोदूंक लागलो तर धनयाक राग येवचो ना?

आद्यशक्ती आनी अवतार लिला आनी ईशान
माया म्हणचे कितें? वेद, पुराण आनी तंत्र हांचो समन्वय

अवतार रुपांत लिला - हो सगलो चितशक्तीच्या ऐश्वर्याचो विलास आसा.

ईशान: महाराज, हरी आनी हर एकाच धातू पसून जाल्यात. दोनांयचो धातू एकूच. फरक फकत प्रत्ययाचो.

श्रीरामकृष्ण : हय. फकत एकूच, दोन न्हयच. वेद म्हणटा 'ॐ सच्चिदानंद ब्रह्म,' पुराण म्हणटा 'ॐ सच्चिदानंद कृष्ण', आनी तंत्र म्हणटा 'ॐ सच्चिदानंद शिव'. तेच चितशक्तीन म्हामायेच्या रुपान सगल्यांक अज्ञानाचें पांगरूण घालून भुलयल्यात. अध्यात्म रामायणांत अशें सांगलां, जेन्ना रुशींनी रामाचें दर्शन घेतलें तेन्ना तांणी अशी प्रार्थन केली, 'ए रामा, तुज्या भुवन मोहिनी मायेन आमकां भुलोवं नाका.'

ईशान: ही माया म्हणचे आसा तरी कितें?

श्रीरामकृष्ण: जें जें कितें तुमी पळयतात, विचार करतात वा आयकतात ही सगली माया. एकाच उतरान सांगचें जाल्यार 'कामिनी-कांचनच' मायेचो पड्डो जावन आसा. खावचीं पानां खावप, नुस्तें खावप, विडी ओडप, तेल लावप हातूंत दोश ना. फकत हांचो त्याग करून मनशाक कितें मेळटलें?

कामिनी-कांचनाच्या त्यागाची गरज आसा. तो खरो आनी परम त्याग. संवसारी मनशांनी मदीं मदीं निर्जन सुवातेर वचून अध्यात्मीक साधना करून ईश्वरी भक्तीचो लाव करून घेवंक जाय. तांणी मनानूच त्याग करचो पूण संन्याशान मात शरिरान आनी मनान दोनय वटांनी त्याग करूंक जाय.

केशव चंद्र सेन आनी संन्यास. नवविधान आनी निराकारवाद. पिशें

हांवें एक खेपो केशव सेनाक म्हणलें, 'जर टायफोयड वायटककाराचे कुडींत, उदकाचो कळसो आनी लोणच्याची बाटली दवरली तर तो वायटकार बरो कसो जातलो? मदीं मदीं मनशान निर्जन सुवातेर वचून रावंक जाय.'

एक भक्त: महाराज, नवविधान समाजा विशीं तुमकां कितें दिसता? म्हाका जाल्यार सगलें मेळून ती खिचडी कशी दिसता.

श्रीरामकृष्ण: कांय लोक म्हणटात की ती आर्विल्ली संघटना. हांव विचार करतां, ब्राह्मसमाजाचो वेगळोच नवो ईश्वर आसा काय कितें? ब्राह्मोस नव्या पंथा विशीं - नवविधान - नवो मार्ग अशें उलयतात. जायत, नवो मार्ग जायत. कोण जाणा स दर्शनां आसात. घडये तशेंच हें एक तातूंतलेंच आसत.

पूण निराकारवादी खंय चुकतात खबर आसा? तांची चूक हीच, ते म्हणटात, ईश्वर फकत निराकार. आनी ज्या लोकांक तें पटना तांगेलें सगलें ते फट म्हणटात. पूण म्हाका खबर आसा, ईश्वर साकारय आसा आनी निराकारय आसा आनी ईश्वराक

आनीक कितलींशींच तासां आसतलीं. तो सगलें कितें जावंक शकता. (ईशानाक लेखून) तो चितशक्ती, तीच म्हामाया चोवीस तत्वां जाल्या. एक दीस हांव ध्यान करतां करतां, म्हजें मन गेलें रसकाच्या घरा. तो भंगी. हांवें मनाक म्हणलें, 'हांगाच राव फटिंगा' जगन्मातेन म्हाका दाखयलें, ह्या घरांतले दादले बायलो हीं फकत रुपडीं, तांचे भितर तीच चितशक्ती आसा. शरिराच्या स चक्रांतल्यान भोंवत रावपी तीच कुंडलिनी.

ती आद्यशक्ती स्त्री काय पुरूश? एक खेपो कामारपुकूराक पळयलें. लाहां कडेन काली पूजा चलता आनी जगन्मातेच्या गळ्यांत जानवें घालां. एकट्यान विचारलें, 'तुवें मातेच्या आंगार जानवें कित्याक घालां?' घरच्या धनयान सांगलें, 'भावा, तूंच मातेक बरोबर वळखलो. पूण म्हाका मात अजून लेगीत कळूंक ना आई पुरूश काय अस्तुरी तें.'

अशें म्हणटात, म्हामायेन शिवाक गिळून उडयलो. आनी तिचे भितरलीं स चक्रां जागीं जातकूच शिव तिचे मांडयेंतल्यान भायर आयलो. मागीर शिवान तंत्र साधना निर्माण केली. ते चितशक्तीक, ते म्हामायेक मना पासून शरण वचूंक जाय.

ईशानः तुमी आमचेर कृपा करची.

ईशानाक उपदेश, बडी मारीत
गुरूचें कितें प्रयोजन?
ब्राह्मण, चंडी, शास्त्र आनी ईशान. पढीक पंडीत

श्रीरामकृष्णः सामकें सरळ मनान म्हणात, ' परमेश्वरा, म्हाका दर्शन दी.' आनी देवा खातीर रडात आनी देवाक आळयात, 'देवा, कामिनी-कांचना पसून म्हजें मन पयस वचूं दी.' आनी खोल बुडी मारात. वयर वयर उफेवन वा उदका वयरूच पेंवन केन्ना मोतयां मेळ्ळ्यांत? खोल बुडी मारूंक जाय.

गुरू कडल्यान उपदेश घेवंक जाय. एकदां एक मनीस शिवाची फातराची मूर्त सोदतालो. कोणें तरी ताका सांगलें 'ते न्हंयचेर वचात. थंय एक रूख दिसतलो तुमकां. ताका तेंकुनूच उदकांत भोंवरो आसतलो. थंयच खोल बुडी मारल्यार शिवाची मूर्त मेळटली,' म्हणून म्हणटां हांव, गुरू पसून उपदेश घेवंक जाय.

ईशानः खरें आसा महाराज.

श्रीरामकृष्णः सच्चिदानंदूच गुरूरुपान येता. मनीस गुरू कडल्यान दिक्षा घेवन जर शिश्य ताका मनिसूच समजत रावत तर तो कांयच मेळोवंक पाव ना. गुरू कडेन साक्षात

ईश्वराचें रूप म्हणुनूच पळोवंक जाय. मागिरूच गुरून दिल्ल्या मंत्राचेर शिश्याचो विश्वास बसतलो. एक खेपो विश्वास बसलो की काम जालें. एकलव्यान रानांत द्रोणाचार्याची मातयेची मूर्त करून तो धनुर्विद्या शिकलो. त्या द्रोणाचार्याचे मातयेचे मुर्तीची तो प्रत्यक्ष मुखार उबो आसा अशें समजून पुजा करतालो. तशें करुनूच तो धनुर्विद्येंत पारंगत जालो.

आनी ब्राह्मण-पुजाऱ्यां बराबर तुमी चड इश्टागत करूं नाकात. पयशे जोडप ही तांची एकूच मोख. हांवें स्वता पळयलां, ब्राह्मण, पुजारी स्वस्त्यन करतना चंडी देवीचो पाठ वाचताले काय आनीक कितें करताले तें समजप कठीण जातालें. अर्दी अदीक पानां वाचिनासतना परतिताले. (हांसतात.) आत्महत्ये खातीर ल्हान सुरी लेगीत पुरो आसता. दुसऱ्यांक मारपाक मात ढाल आनी तरसादीची गरज लागता. शास्त्राचो हेतूच तो.

खूब तरांचीं शास्त्रां वाचपाची खरें म्हणल्यार गरज ना. जर विवेक नासत तर फकत पांडित्याचो कितें उपेग? स दर्शनांचो अभ्यास करून लेगीत कांयच उपेग ना. निर्जन सुवातेर वचून एकांतांत रडत रडत ताका होरावंक जाय. तोच सगलें कितें करून दितलो.

अध्यात्मीक साधना करपा खातीर ईशान गंगेच्या कांठार घर बांदतात अशें श्रीरामकृष्णांच्या कानार गेल्लें. श्रीरामकृष्णांनी उत्सूकतायेन ईशानाक विचारलें, ''घर बांदून जालें? हांव तुमकां सांगूंक सोदतां, जितलें तुमचें अध्यात्मीक जिणे विशीं लोकांक उणें कळत तितलें तुमकां बरें पडटलें. सत्वगुणी लोक ध्यान निर्जन कोनशाक वा रानांत करतात वा मनांतूच करतात. केन्ना केन्नाय ते मच्छरदाणये भितर बसून ध्यान करतात.''

मदीं मदीं ईशानबाबू हाजराक घरा आफयताले. हाजराक भायल्यान शुद्धतायेचें पिशें आशिल्लें. श्रीरामकृष्ण ताका खूब खेपो अशें करपाक मनाय करताले.

श्रीरामकृष्णः (ईशानाक) आनीक एक गजाल ध्यानांत दवरात. भायले शुद्धते विशीं अतिताय करपाची कांयच गरज ना. एक खेपो एका साधूक खूब तान लागली. तेवटेन एकटो तागेले चामड्याचे पिशवेंत उदक घेवन वतालो. तो ताका उदक दिवंक लागलो. साधून ताका ताची उदकाची पिशवी नितळ आसा काय म्हूण विचारलें. उदक व्हरप्यान सांगलें, 'महाराज, म्हजी चामड्याची पिशवी सामकी नितळ आसा. पूण तुमच्या चामड्या भितर सगले तरेची घाण भरल्या म्हणून हांव म्हणटां, म्हज्या

चामड्या पिशवेंतलें उदक पी म्हूण. तुमकां कांयच वायट जावपाचें ना.' तुमची चामडी म्हणचे ताका म्हणूंक जाय तुमचें शरीर, तुमचें पोट आनी हेर गजाली.

देवाच्या नांवाचेर विश्वास दवरात. म्हणचे तिर्थयात्रा बी करपाची गरज ना.

अशें म्हणून ईश्वरी भावांत तन्मय जावन श्रीरामकृष्णांनी गावंक सुरवात केली:

काली काली म्हणीत जर म्हजो प्राण वचपाचो आसत,
तर मागीर गया, गंगा, काशी, कांची, प्रभास
तिर्थांक हांव कित्याक वचूं?

ईशानबाबू ओगीच रावले.

श्रीरामकृष्ण: (ईशानाक) जर तुमकां आनीक कसलेय दुबाव आसत तर विचारात.

ईशान: तुमी 'विश्वास' हे विशीं उलयतना सगलें कितें सांगलें.

श्रीरामकृष्ण: मना पसून पुराय विश्वास दवरल्यार ईश्वराचो साक्षात्कार जावं येता. ईश्वरा विशीं सगल्या गजालींचेर विश्वास दवरल्यार साक्षात्कार बेगीन जावं येता. जी गाय वेंचून आनी मेजकेंच खाता, ती दूद कमी दितली. पूण तिणें सगल्या तरांचो झाडो-पालो खायत तर ती घसघश्यांनी दूद दितली. एक खेपो हांवें काणी आयकल्ली. एका मनशाक ईश्वराचो आदेश मेळ्ळो की ताणें मेंढयां भितरच तागेल्या ईश्ट देवाक पळोवचो. ताणें ताचेर रोखडोच विश्वास दवरलो. कारण ईश्वरच सगल्या प्राणीमात्रांत आसा.

एका गुरून ताच्या शिश्यांक सांगलें, रामूच सगल्या जिवांनी आसा. तो शिश्य एक व्हड श्रद्धा दवरपी. एक दीस एका सुण्यान ताच्या हातांतली भाकरी झोमून घेतली आनी तो धांवपाक लागलो. हातांत लोणयाची वाटी घेवन सुण्या फाटल्यान तो धांवत रावलो. आनी परत परत म्हणीत रावलो, 'ए रामा, एक खीणभर राव. भाकरेक लोणी लावंक ना.'

कृष्णकिशोराचो केदो व्हड विश्वास! तो म्हणटालो, 'ॐ कृष्ण, ॐ राम,' ह्या मंत्राचो जप केल्यार कोटी संध्या केल्ल्याचें फळ मेळटा. एक खेपो ताणें हळूच सांगिल्लें, 'म्हाका संध्या आनी हेर भक्तीमार्ग आवडनात. पूण कोणाक सांगूं नाकात.' केन्नाय म्हाका अशेंच दिसता काली मातेन म्हाका दाखोवन दिलां, तीच सगलें कितें जाल्या. एक दीस हांव सुरूच्या रुखांतल्यान पंचवटी कडेन वतालों. एक सुणो म्हजे फाटल्यान येतालो. हांव पंचवटी म्हऱ्यांत येवन उबो रावलों. मनांत एक असो विचार

आयलो, मातेक ह्याच सुण्या वरवीं म्हाका कितें तरी सांगूंक जाय. तुमी जें म्हणिल्लें ते सामकें बरोबर आसा. विश्वासानूच कितें जाय तें मेळटा.

संवसारी आनी भगवत कृपा

ईशान: पूण आमी आसात संवसारी.

श्रीरामकृष्ण: म्हणून कितें जालें? ताची कृपा जाल्यार अशक्य आसा तें लेगीत शक्य जावं येता. रामप्रसादान पद म्हणिल्लें. 'हो संवसार म्हणल्यार एक भ्रमाचें जाळें.' ताकाच लेखून एका मनशान ताका जाप म्हूण एक गीत रचलां.

हो संवसार आसा आनंदाचें धाम
हांगा हांव खातां, पियेतां आनी मजा करता
ए वैजा*, तूं मूर्ख. तूं फकत भायलें तितलेंच पळयता.
जनकाचें बळगें अपूर्व,
संवसाराचें वा आत्म्याचें ताका कितें उणें?
एकाक धरून दुसऱ्याक तसोच
तो दुदाचो उपाट भरिल्लो पेलो पियेता!

पूण पयलीं निर्जन सुवातेर वचून अध्यात्मीक साधना करून ईश्वराचो साक्षात्कार करून घेवंक जाय आनी मागिरूच संवसारांत रावंक जाय. तरूच जनकराजा जावं येता. नाजाल्यार कशें जमतलें तें? शिवाचीच देख घेवया. ताचे कडेन सगलें कितें आसा. कार्तिकेय, गणेश, लक्ष्मी आनी सरस्वती. तरी लेगीत ईश्वरी भावांत नाचता आनी रामाच्या नांवाचो जप करता आनी केन्ना केन्नाय समाधीमग्न आसता.

---

* रामप्रसाद वैज आशिल्लो.

अध्याय : चवपन

दक्षिणेश्वराक भक्तांच्या सांगातान
वैश्णवांक आनी ब्राह्मांक उपदेश

सप्टेंबर 23, 1883. आयतार. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वराक, तांचे कुडींत भक्तां सांगातान बशिल्ले. तांचे बराबर राखाल, म आनी हेर भक्त अशिल्ले. हाजरा भायले पडवेर बशिल्लो, श्रीरामकृष्ण भक्तां वांगडा गजाली करताले.

श्रीरामकृष्णः (एका भक्ताक) नरेंद्राक ह्या दिसांनी तूं लेगीत आवडना. (मक) अधराच्या घरा कडेन नरेंद्र म्हाका मेळूंक कित्याक आयलो ना?

नरेंद्र अश्टतासांचो. ताचे कडेन सगले गूण आसात. पद म्हणपाक, वाजोवपाक आनी अभ्यासांत, सगल्यांत तरबेज. तो स्वतंत्र आसा आनी तो कोणाचीच पर्वा करिना. त्या दिसा कॅप्टनाचे गाडयेंतल्यान हांगच्यान कलकत्ताक परत वतना कॅप्टनान कितलें सांगलें आपले म्हऱ्यांत बस म्हणून. पूण नरेंद्र दुसरे वटेच्यान वचून बसलो. ताणें कॅप्टना कडेन पळयलें लेगीत ना. फकत पांडित्यान मनशाक कितें मेळटलें? खरी गरज आसा ती प्रार्थनेची, अध्यात्मीक साधनेची. इंदेशाचो गौरी पंडीतय आशिल्लो आनी भक्तय आशिल्लो. तो कालीमातेची पुजा करतालो. मदीं मदीं तो ईश्वरी भावांत गुल्ल जातालो. जेन्ना तो कालीमातेचें स्तोत्र गायतालो तेन्ना पंडिताची गत ताचे मुखार गांयडोळा भशेन जाताली. तें आयकून हांव लेगीत आनंदान भावाविश्ट जातालों.

सुरवेक तो शक्तीचो कर्मठ उपासक आशिल्लो. तुळशी पानां काडटालो. तीं दोन बडयांच्या पालवान. बोटांनी तांकां आफुडनाशिल्लो. (सगले हांसतात.) मागीर तो घरा गेलो. घरच्यान परत येतकूच तो तसो पयलीं भशेन वागना जालो. हिंदू पुराणांतल्या गजालींचो तो बरो अर्थ लायतालो. रावणाचीं धा तोंडां म्हणचे धा इंद्रियां. कुंभकर्ण तमोगुणी, रावण रजोगुणी आनी बिभीशण सतोगुणी देखुनूच बिभीशणाक रामाची प्राप्ती जाली.

दनपारचें जेवण जातकूच श्रीरामकृष्ण विसव घेता आसतनाच राम, तारक आनी हेर भक्त कलकत्ता सावन पावले. नित्यगोपाळ, तारक आनी हेर भक्त रामागेर रावताले. राम, श्रीरामकृष्णांचो गृहस्थी शिश्य. नित्यगोपाळ सदांच उंचेल्या ईश्वरी भावांत आसतालो. तारकाचें मन लेगीत ईश्वरी भावांत आसतालें. तो दुसऱ्यां बराबर चड उलयनाशिल्लो.

राम तांच्या वेव्हारीक गरजां कडेन लक्ष दितालो. राखाल मदीं मदीं अधराच्या घरा दीस सारतालो.

राम: (श्रीरामकृष्णांक) आमी पखवाज वाजोवपाक शिकतात.

श्रीरामकृष्ण: (रामबाबूंक) नित्यगोपाळ लेगीत?

राम: ना महाराज. तो मातसो वाजयता.

श्रीरामकृष्ण: आनी तारक?

राम: आं ताका मात बरेंच येता.

श्रीरामकृष्ण: मागीर तो आतां मान सकयल घालून जमनीर पळोवचो ना. आनीक एके गजाली कडेन मन गेले उपरांत ईश्वरा कडेन तें चड वचना.

राम: हांव पखवाज शिकतां किर्तनाक सांगात करपाक.

श्रीरामकृष्ण: (मक) हांवें आयकलां, तुंवूय गाणें शिकता म्हणून. हें खरें न्हय?

म: ना महाराज. हांव फकत मदीं मदीं तोंड उगडटां.

श्रीरामकृष्ण: तुवें तें पद म्हणलां - 'आर काज नाई ज्ञानविचारे, दे मा आमास पागल करे.' म्हाका ज्ञानविचारांची आतां आनीक कांयच गरज ना. आई तूं म्हाका तुज्या प्रेमान पिसो करून उडय.

येता जाल्यार हें पद गावन दाखय. हें पद म्हजो भाव बरे तरेन प्रगट करता.

हाजराक उपदेश, सगल्यांचेर मोग कर
निंदा नालस्ती करूं नाका

हाजरा कांय लोकांचो दुस्वास करतालो. हें श्रीरामकृष्णांक आवडनाशिल्लें. हे विशीं गजाली सुरू जाल्यो.

श्रीरामकृष्ण: (भक्तांक) थंय गांवांत आसतना हांव सदांच एकल्याच्या घरा वतालों. थंयचे भुरगे म्हज्याच वयाचे. ते सगले जाण पयर हांगा आयिल्ले. दोन-तीन दीस ते हांगा रावले. तांची आवय लेगीत हाजरा भशेन सगल्यांचो दुस्वास करताली. मागीर कितें तरी जालें आनी तिच्या पांयाक गांगरीन जालें. सगले कडेन घाण येवंक लागली. तिचे कुडींत कोणाच्यान वचूंक नजं जालें. हांवें ही गजाल हाजराक सांगली आनी

सांगलें, 'कोणाचो दुस्वास करूं नाका.'

सांजेचे श्रीरामकृष्ण आंगणाच्या पायऱ्यां दिके कडल्या कोनशाक उबे आशिल्ले. तेन्नाच तांकां समाधी लागली. त्या दिसांनी श्रीरामकृष्ण ईश्वरी आनंदी अवस्थेंतूच आसताले. साधे गजालींक लेखून तांचें जगाचें भान सुट्टालें. येवपी भक्तां कडेन ते थोडे उलयताले. पूण चडशे अंतर्मूख अवस्थेंत आसताले. आनी सदचे वरी तांकां पुजापाठ करूंक जमनाशिल्लें.

श्रीरामकृष्णांची जड अवस्था

समाधी देंवले उपरांत श्रीरामकृष्ण उबे आसतनाच जगन्माते कडेन उलोवंक लागले. तांणी म्हणलें, ''माते, पुजा गेली, जपूय गेलो. माते कृपा कर. म्हाका जड करूं नाका. देवा कडेन सेवक आनी धनी असोच म्हजो भाव दवर. माते, तुजे विशीं उलयतलों. तुज्या नांवाचो जप करतलों अशें जावं दी. म्हाका तुजें गुणगान गांवं दी. म्हज्या शरिराक इल्लें बळगें दी. म्हणचे हांव थोडो चलतलों. जंय तुजी कथा चलता, जंय तुजे भक्त रावतात थंय म्हाका वचूंक मेळटलें.''

आयज सकाळीं श्रीरामकृष्णांनी काली देवळांत वचून जगन्मातेच्या पांयां कडेन फुलां ओंपलीं. परत ते माते कडेन उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: माते, आयज सकाळीं तुज्या पांयांचेर हांवें फुलां ओंपल्यांत. म्हाका दिसलें, बरेंच जालें. परत म्हजें मन उपचारीक पुजे कडेन गेलें म्हूण. पूण म्हाका आतां अशें कित्याक दिसता? परत म्हाका असो जड कित्याक करता?

चंद्रीम अजून उदेवंक नाशिल्लो. रातचो काळोकिट्ट काळोख. श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत भावसमाधींतच आशिल्ले. तेच अवस्थेंत ते तांगेले कुडींत त्या ल्हान पलंगाचेर बशिल्ले आनी जगन्माते कदेन उलयताले. तांणी म्हणलें, ''ही खाशेली गायत्री मंत्राची साधना कित्याक? ह्या पाख्यां वयल्यान त्या पाख्यांचेर उडयो कित्याक? कोणें सांगलें ताका हें करपाक? घडये ताचेच इत्शेन तो करता आसतलो? बरें आसा. करूं न्हय ताका ही साधना?''

पयल्या दिसा श्रीरामकृष्णांनी ईशानाक वेदीक उपासने पसून पयस रावल्यार बरें अशें सांगिल्लें. कित्याक कलीयुगांत असली उपासना योग्य न्हय म्हूण तांणी ईशानाक सांगिल्लें, जगन्मातेची ईश्वर म्हणून पुजा कर.

श्रीरामकृष्णः (मक) म्हगेल्यो ह्यो सगल्यो कल्पना काय हें सगलें सत्य?

म शांत रावलो. जगन्माते कडेन श्रीरामकृष्णांचो लागींचार पळोवन म थक्क जालो. ताका दिसलें, जगन्माता आमच्या सगल्यां भितर आनी भायर आसा. खरेंच ती आमचे सामकी लागीं आसूंक जाय. ना जाल्यार श्रीरामकृष्ण जगन्माते कडेन इतले हळू हळू कित्याक उलयतले आशिल्ले?

अध्याय : पंचावन

पांडित्य आनी साधुत्व
नारदीय भक्ती

सप्टेंबर 26, 1883. बुधवार. श्रीरामकृष्णां कडेन भक्त मंडळी आयज कमी आशिल्ली. चडशे भक्त आयतारा येताले. राखाल आनी लाटू चडशे श्रीरामकृष्णां कडेनच रावताले. म दनपरां आयलो. श्रीरामकृष्ण तेन्ना ल्हान पलंगाचेर बशिल्ले आशिल्ले. ते नरेंद्रा विशीं उलोवपाक लागले.

श्रीरामकृष्ण: (मक) ह्या दिसांनी नरेंद्राक पळयला? (हांसत) म्हजे विशीं ताणें म्हणिल्लें, 'ते अजून कालीमंदिरांत वतात. पूण जेन्ना तांकां खरें कितें तें समजतलें तेन्ना ते देवळांत वच्चे नात.' हो हांगा मदीं मदीं येता म्हूण तागेले घरचे लोक ताचेर खोशी नात. त्या दिसा तो हांगा गाडी करून आयिल्लो. सुरेंद्रान ताचे गाडयेचें भाडें दिल्लें. ते खातीर ताची आत्या सुरेंद्रा बराबर झगडूंक गेल्ली.

मागीर श्रीरामकृष्ण तांगेल्या जाग्या वयल्यान उठले. ईशान्ये कडले पडवेर गेले. थंय हाजरा, किशोर, राखाल आनी हेर भक्त बशिल्ले.

श्रीरामकृष्ण: (मक) तूं हांगा कसो? शाळा ना?

म: आयज देड वराचेर शाळा सोडल्या.

श्रीरामकृष्ण: इतले बेगीन कित्याक?

म: विद्यासागरान शाळेक भेट दिल्या. तांचीच शाळा ती. जेन्ना ते भेट दितात तेन्ना शाळेक अर्द दीस सुटी दितात.

श्रीरामकृष्ण: विद्यासागर दिल्लें उतर कित्याक पाळिना? जो सत्य वचनी अस्तुरेक माते समान पळयता, ताका ईश्वरी साक्षात्कार जायना जाल्यार तुळशीचें बचन फट जातलें. सत्याक धरून रावलो जाल्यार भगवंताची प्राप्ती जरूर जातली. त्या दिसा विद्यासागरान म्हणिल्लें, ते म्हाका भेट दितले म्हूण, पूण तांणी तांचें उतर पाळळें ना.

पंडीत आनी साधू हांचे मदीं खूब फरक आसता. जो फकत पंडीत आसता ताचें मन कामिनी-कांचना भितर सदांच घुटमळत आसता. पूण साधूचें मन हरीच्या चरण कमळां कडेन आसता. पंडीत सांगता एक आनी करता दुसरेंच. साधूचें तशें नासता. जाणें आपलें मन ईश्वराच्या चरण कमळां कडेन ओंपलां तागेलें उलोवप वागप हें सगलेंच आगळें वेगळें. काशीक हांवें एक नानक पंथाचो तरणाटो संन्याशी पळयलो. तुज्याच वयाचो आसतलो. म्हाका तो मोगाळ साधू म्हणटालो. काशीक तागेलो मठ आशिल्लो. म्हाका थंय ताणें एक दीस आफोवन व्हेलो. मठाचो महंत घरची घरकान्न कशी. ताका हांवें विचारलें, 'उपाय कितें?' ताणें सांगलें, 'कलीयुगांत नारदाचो मार्गूच श्रेश्ठ.' तो पुस्तक वाचतालो. वाचप सोंपतकूच ताणें म्हणलें, 'उदकांत विष्णू, जमनीर विष्णू, पर्वताच्या माथ्यार विष्णू, सगलें विष्णूमय जगत.' निमणें ताणें म्हणलें, 'शांती, शांती, सासणाची शांती.'

एक दीस तो गीता वाचतालो. मठाचे नेम तो कडकपणान पाळटालो. ते प्रमाण विशयी लोकां कडेन पळोवन तो पवित्र पुस्तक वाचपाक तयार नाशिल्लो. मथूरबाबू म्हजे बराबर आशिल्ले. ताणें म्हजे वटेच्यान तोंड केलें आनी मथूरबाबू कडेन फाट केली आनी वाचपाक सुरवात केली. ह्याच नानक पंथी साधून म्हाका सांगिल्लें, कलियुगांत नारदाचो भक्ती मार्गूच योग्य म्हणून.

म: ह्या पंथांतले साधू वेदान्तवादी नात?

श्रीरामकृष्ण: आसात तर, वेदान्तवादी आसात, पूण ते भक्ती मार्गय मानतात. खरी गजाल अशी आसा की कलीयुगांत मनीस पुरायेन वेदान्त मार्ग आपणावंक शकना. एक खेपो एका मनशान म्हाका सांगलें, तो गायत्रीचें पुरश्च्चरण करतलो म्हूण. हांवें सांगलें, 'तूं तंत्रा प्रमाण तें कित्याक करिना? कलियुगांत तंत्रसाधना प्रभावी आसता.'

वैदीक कर्मकांड करप अत्यंत कठीण. तशेंच ह्या काळांत लोक गुलामीची जीण जगतात. अशें म्हणटात, बारा वर्सां वा चड कोण दास्य करतात ते गुलाम जातात. जांची इतलीं वर्सां गुलामी केली त्या धनयाचे गूण हांच्या आंगांत येतात. तांची गुलामी करतां करतां तांचें सत्व, रज, तम गूण, तांची हिंसक प्रवृती, तांची भोग लालसा आनी हेर गूण गुलामी करप्यांच्या आंगांत देंवतात. ते धनयांची सेवा करतात. इतलेंच न्हय तर सेवेचो काळ सोंपले उपरांत तांकां 'पेन्शन'य मेळटा.

हांगा एक खेपो एक वेदान्तवादी साधू आयिल्लो. कुपां पळोवन तो नाचतालो. वादळ पावस येतकूच ताच्या आनंदाक शीम उरनाशिल्ली. ध्यानाच्या वेळार कोणय ताचे लागीं गेल्यार तो खूब रागार जातालो. एक दीस तो ध्यान करता आसतना हांव ताचे म्हऱ्यांत गेलों आनी तो म्हजेर रागार जालो. तो सदांच विवेक बुद्दीन वागतालो. ब्रह्मच सत्य, जगत मिथ्या अशे ताचे विचार.

माये खातीर तरातरांचीं रुपां दिसतात म्हणून तो हातांत झुंबराचें भींग घेवन भोंवतालो. भिंगांतल्यान पळयतकूच तरातरांचे रंग दिसतात. पूण खरेपणी कसलेच रंग नासतात. तशेंच खरेपणी ब्रह्म सोडून आनीक कांय नासता. तरीपूण माये खातीर अहंकारान तरेतरेच्यो वस्तू दिसतात. माया उत्पन्न जातली, आसक्ती जातली ह्या भंयान तो खंयचोय जिनस एका परस चड वेळ पळय नाशिल्लो. न्हाता आसतना मळबांत शेवणें उडटना पळोवन तो विचार करतालो. तो व्याकरणय जाणा आशिल्लो. तीन दीस तो हांगा आशिल्लो. एक दीस गंगेचे देगेर लागीं मुरलीचो स्वर आयकलो आनी ताणें म्हणलें, 'जांकां ब्रह्मदर्शन जालां तांकां हो स्वर आयकून समाधी लागतली.'

साधू संबंदान उलयतां उलयतां श्रीरामकृष्ण भक्तांक परमहंसाची अवस्था कशी आसता हें दाखोवंक लागले. तांचें भुरग्या प्रमाण चलप, मुखामळार हांसो उफाळून पातळप, दोळ्यांतल्यान आनंदूच व्हांवता कसो आनी शरीर सामकें दिगंबर अवस्थेंत.

उपरांत ते परत ल्हान पलंगाचेर वचून बसले आनी तांणी परत मन भुलोवपी उतरांचो पावस घालो.

श्रीरामकृष्णः (मक) हांव नांगट्या लागीं वेदान्त शिकलों. ब्रह्मच सत्य, जग मिथ्या. जादुगार जादू करता. तो आंब्याचें झाड उत्पन्न करता आनी ताका आंबेय लागतात. पूण ही सगली हातचलाखी. नदरबंदीचो खेळ. जादुगारच कितें तो सत्य.

मः अशें दिसता, सगली जीण म्हणल्यार दीर्घ काळाची न्हीद. इतलें मात खरें की वस्तू खऱ्या स्वरुपांत आमकां दिसनात. ज्या मनाक मळबाचें स्वरूप लेगीत समजना त्या मनान आमी जग पळयतात. मागीर आमगेलें ज्ञान बरोबर कशें आसतलें?

श्रीरामकृष्णः आनीक एक तरा आसा मळबा कडेन पळोवपाची. आमी मळब सारकें पळयनात. अशें दिसता की मळब धारे कडेन जमनीक तेंकलां. अशें आसतकूच मनीस खरें कशें पळयतलो? टायफोयडाच्या पेशंटाचें मन तशें मनशाचें भ्रमिश्ट मन. अशें म्हणून श्रीरामकृष्ण तांच्या गोड आवाजान गावंक लागलेः

हांव भोगलां तो कसलो काय हो भ्रमिश्ट जोर!
ए माते, तुजी कृपा हें एकूच म्हजें वखद.

फुडें श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''खरेंच, भ्रमाचीच अवस्था ही. पळय न्हय संवसारी मनशां तांचे भितर कशीं झगडटात पळय. तीं किते खातीर झगडटात तें कांणाकूच खबर ना. झगडीं कशीं, 'अशें अशें तुजें जावं,' कितलो बोवाळ, कितलें आडडप, कितल्यो गाळी, फस्ती.''

म: हांवें किशोरीक म्हणलें, 'पेटी रिकामी. भितर कांय ना. पूण दोन मनीस दोनय वटांच्यान ती ओडटात. अशें समजून की भितर पयशे आसात. खरें म्हणल्यार हें शरिरूच सगल्या अनर्थाचें मूळ न्हय? हें सगलें पळोवन ज्ञानी लोक आपले भितर म्हणटात, ही उश्याचिरी एक खेपो गळून पडली की कितली खोशी जाता मनशाक!

श्रीरामकृष्ण आनी म काली देवळा कडेन गेले.

श्रीरामकृष्ण: अशें कित्याक म्हणटा तू? हो संवसार म्हणल्यार भ्रमाची चौकट जायत पूण अशेंय म्हणटात, संवसार म्हणल्यार आनंदाचें भुवन. शरीर उरलें म्हूण कितें जालें? मनशाक संवसाराचें आनंदभुवन करूं येता.

म: पूण ह्या संवसारांत सासणाचो आनंद खंय आसा?

श्रीरामकृष्ण: हय. खंय आसा तसलो आनंद?

श्रीरामकृष्ण कालीमातेचे गर्भकुडी मुखार येवन उबे रावले आनी जगन्मातेक तांणी साश्टांग नमस्कार केलो. मनूय नमस्कार केलो. उपरांत श्रीरामकृष्ण गर्भकुडीच्या मुखा वयल्या सकयल्या ओट्यार कालीमाते कडेन तोंड करून मंडपाच्या एका खांब्याक तेंकून बसले. ते फकत तांबडे देगेचें एक धोतर न्हेशिल्ले. ताचो एक शेव फाटीर आनी खांदार आशिल्लो. म तांचे म्हऱ्यांत बशिल्लो.

म: ह्या जगांत जर सासणाचो आनंद ना तर मागीर देह धारण करपाची गरज कितें? म्हाका खबर आसा, फाटलीं कर्मां भोगपा खातीर हो देह आसा. पूण आतां कसलीं कर्मां करता तें कोणाक खबर आसा?

खेदाची गजाल म्हणल्यार मदले मदीं आमी चिड्डून वतात.

श्रीरामकृष्ण: चणो घाणींत पडलो तरी जें झाड जातलें तें चण्याचेंच.

म: तरीपूण आठ बंधनां आसातूच न्हय?

सच्चिदानंद गुरू
गुरूकृपेन मुक्ती

श्रीरामकृष्ण: तीं आठ बंधनां न्हय. पूण आठ बेडयो. म्हणून कितें जालें? पूण ईश्वराची कृपा जातकूच एका खिणांत आठय बंधनां गळून पडटात. तें कशें तें सांगूं? हजार वर्सांची एक काळखा कूड आसा, थंय दिवो घेवन गेल्यार एका खिणांत काळोख ना जाता. सामको एकदम. इल्लो इल्लो न्हय. तसो जादुगाराचो प्रयोग पळोवंक ना? खूब गांठी आशिल्ली दोरी घेवन तो जादुगार तिचें एक टोंक एके सुवातेर कित्याक

तरी बांदता आनी दुसरें टोंक स्वताच्या हातांत घेवन ते दोरयेक एक दोन झटके दिता आनी रोखड्योच सगल्यो गांठी सुट्टात पूण दुसऱ्यान ह्योच गांठी कितल्योय सोडयल्यो तरी कांयच जायना. म्हणचेच गुरूकृपा जातकूच अज्ञानाच्यो गांठी खिणा भितर सुट्टात.

केशव सेनाच्या परिवर्तनाचें कारण – श्रीरामकृष्ण

बरें केशव सेना भितर इतलो बदल कित्याक जालो हें तुज्यान सांगूंक जायत? ते हांगा आतऱ्यापयऱ्यान येताले. साधू संतांक नमस्कार कसो करतात तें ते हांगाच शिकले. एक दीस हांवें तांकां म्हणलें, 'तुमी साधूंक नमस्कार जे पद्धतीन करतात ते पद्धतीन करप नासता.' हरीश बरोबर म्हणटा, 'सगले चेक हांगा पयलीं पास जावंक जाय. मागिरूच ते बँकेंत वाटावंक मेळटले.' (हांसतात.)

म स्वास आडावन हें सगलें आयकतालो. ताका समजून आयलें, सच्चिदानंद – गुरूच्या रुपान – चेक पास करता.

पयलींची जीण
न्यांगटाबाबाचो उपदेश. ताका जाणप शक्य ना

श्रीरामकृष्ण: तर्क-विर्तक करूं नाका. देवाक कोणाच्यान जाणा जावं येता? हांवें तें न्यांगटा कडल्यान आयकल्लें, की सगलें विश्व ब्रह्मांड ब्रह्माच्या एका अंशा पसून जालां. हाजरा चड तर्की. तागेलें सदांच हिशोबान उलोवप. परमेश्वराच्या इतल्या अंशा पसून विश्व जालां आनी इतलें बाकी उरलां. तागेलो असलो हिशोब आयकून म्हजी तकलीच भणभणटा. म्हाका खबर आसा, म्हाका कांयच खबर ना. केन्नाय म्हाका दिसता परमेश्वर बरो आनी केन्ना केन्नाय म्हाका दिसता तो वायट आसा म्हूण. ताका कितें हांव समजूंक शकतां?

म: खरें आसा महाराज. ताका केन्ना कोण समजूंक शकला? प्रत्येकाक दिसता, ताचे इल्लेशे बुद्दीच्या नेटार आपल्याक ईश्वर पुरायेन समजला म्हणून. तुमी म्हणटात ते प्रमाण एक मूय एक खेपो साकरेच्या पर्वतार गेली. थंयच्या एका साकरेच्या कणानूच तिचें पोट भरलें. हें पळोवन तिणें मनांत थारायलें, दुसरे खेपो येतली तेन्ना त्या वेळार सगलो पर्वतूच तिच्या घरा घेवन वतलीं.

श्रीरामकृष्णः ईश्वराक कोणाच्यान जाणा जावंक येतलें? आनी ताका जाणून घेवपाचो हांव मात लेगीत यत्न करिना. हांव फकत ताका आई म्हूण आळयतां. आईक करपाचें आसा तें करूं दी. तिची इत्सा आसत तर ती म्हाका समजावन दितली. पूण तिची इत्सा जर नासत तर हांव अज्ञानी रावपांतूच सुखी आसतलों. म्हजो सभाव माजराच्या पिला भशेन. माजराचें पील फकत म्याँव म्याँव करता. बाकीचें सगलें तें आवयचेर सोडटा. माजर मागीर ताका रांदचे कुडींत दवरता तर केन्नाय धनयाच्या हांथरुणार दवरता. ल्हान भुरग्याक फकत आवय जाय आसता. ताची आवय कितली गिरेस्त हें ताका खबर नासता आनी ताका खबर करून घेवपाची वान्साय आसना. ताका इतलेंच खबर आसता, म्हजी आई आसा. म्हाका हुसको कसलो? वावराडेच्या भुरग्याक लेगीत खबर आसता की ताची आवय आसा. वावराडेच्या भुरग्याचें धनयाच्या भुरग्यां बराबर जरी झगडें जालें तरी तें म्हणटा, 'म्हजी आई आसा. हांव सांगतलें आं.' म्हजो लेगीत भुरग्याचोच भाव.

अचकीत श्रीरामकृष्णांनी मक स्वताचे छातयेक हात लावन सांगलें, "हय. हाचे भितर कितें तरी आसा. तुका कितें दिसता?"

म श्रीरामकृष्णां कडेन अजापीत जावन पळयत रावलो. ताणें मनांत म्हणलें, "श्रीरामकृष्णाच्या काळजांत कितें साक्षात जगदंबा विराजमान जाल्या काय? हांच्या रुपान तिणेंच शरीर धारण करूंक ना मूं? जिवांच्या कल्याणा खातीर?"

श्रीरामकृष्णांनी जगदंबेची प्रार्थना करपाक सुरवात केली. "ए माते, ॐकार रुपिणी माते, लोक तुजे विशीं कितल्योश्योच गजाली सांगतात. पूण म्हाका तातूंतलें कांयच कळना. हांव अजाण, म्हाका कांयच समजना. माते, हांवें तुज्या पांयांचो आलाशिरो घेतला. म्हाका तुजोच आश्रय. माते, तुज्या चरणां कडेन म्हजी शुद्ध भक्ती आसूं दी इतलेंच कर. अशी भक्ती आसूं दी की जी परत कांयच मागची ना. आनी तुज्या भुवन मोहिनी मायेन म्हाका मुग्ध करूं नाका. तुजोच भरवंसो. तुकाच हांव शरण आयलां."

देवळांतली सांजेची पुजा, आरती जाली. श्रीरामकृष्ण परत तांचे कुडींत येवन बसले. तांचे बराबर म आशिल्लो.

फाटलीं दोन वर्सां सावन म चें श्रीरामकृष्णां कडेन येवप-वचप चलिल्लें आनी तांच्या दर्शनान आनी कृपेन तो धन्य जाल्लो. श्रीरामकृष्ण ताका सांगीत आसताले, "ईश्वर साकार तसोच निराकार आसा. भक्तां खातीर तो रुपां धारण करता." जे

निराकारवादी आसात तांकां ते म्हणटाले, ''तुमी तुमच्या विश्वासाक धरून रावात. पूण ध्यानांत दवरात, परमेश्वराक सगलें कितें शक्य आसा. तो साकारय आसा आनी परत, निराकारय आसा. इतलेंच न्हय तर तो आनिकूय कितेंतरी खूब जावंक शकता.''

साकार-निराकार कर्तव्याची जाणीव

श्रीरामकृष्णः (मक) तुवें ईश्वराचें निराकार रूप मान्य केलां, अशें न्हय?
म : हय महाराज, पूण तुमी म्हणटात ताचेरूय म्हजो विश्वास आसा. देवाक सगलें कितें शक्य आसा. देवाक साकार रुपां धारण करप शक्य आसा.
श्रीरामकृष्णः हें तर बरें जालें. अशेंच आनीक एक ध्यानांत दवर. तो चैतन्यरुपांत, चराचर विश्वांत भरून आसा. सजीव आनी निर्जीव जगांत.
मः हांव ताका चैतन्याक चेतोवपी समजतां. चैतन्यरुपी जिवां भितर चैतन्य अशें हांव ईश्वराक समजतां.
श्रीरामकृष्ण : सध्या ह्या ध्येयाक चिकटून राव. ओडून ताणून भाव बदलपाची कांयच गरज ना. ल्हव ल्हव तुका कळटलें, चेतनांतलें हें चैतन्य तें ईश्वराचेंच चैतन्य. तोच चैतन्यस्वरूप विश्वांत वेग-वेगळ्या चेतन रुपांनी भरून रावला.

तुका हांव विचारूंक सोदतां. पयसो, ऐश्वर्य हांचे कडेन तुजी ओड आसा?
मः ना महाराज. पूण चिंते पसून मुक्त जावपा खातीर पयसो जोडपाची इत्सा धरतां. म्हणचे चिंते बगर ईश्वराचें चिंतन करपाक मेळूंक जाय.
श्रीरामकृष्णः आ, तें सामकें सभावीक.
मः हो कितें लोभ जालो? म्हाका तशें दिसना.
श्रीरामकृष्णः खरें आसा तुजें दिसप. नाजाल्यार तुज्या भुरग्यांक कोण पळयतलो? तुका जर तूं अकरतो दिसपाक लागलो तर त्या भुरग्यांची अवस्था कितें जातली?
मः हांवें अशें आयकलां की जों मेरेन मनशाक कर्तव्याची जाणीव आसा तों मेरेन ताका ज्ञान जावप शक्य ना. कर्तव्य म्हणचे प्रखर सुर्यूच.
श्रीरामकृष्णः सध्या होच भाव दवर. ते उपरांत जेन्ना आपसूक ही कर्तव्याची जाणीव गळून पडटली तेन्नाची गजाल वेगळी.

ते थोडो वेळ कांय उलयनासतना ओग्गी बसून रावले.

मः थोडेंशें ज्ञान जातकूच संवसार! पूर्ण जाणीव जातकूच विरगळून वता तशें. जशें कॉलरान जाता तशें.

श्रीरामकृष्ण: आ! राम राम !

मचो उलोवपाचो हेत असो की कॉलरान मरपी मनशाक मरतना शुद्ध आशिल्ल्यान प्राणांतीक वेदना जातात. तेच प्रमाण थोडेंशें ज्ञान जाल्यार ज्ञानी मनशाक हें जग फट आशिल्ल्याची जाणीव जातकूच संवसार करतना मरणप्राय दुख्ख जाता.

म: पुरायेन अज्ञानी आशिल्ले हे टायफॉयड जाल्ले रोगी. मरतना सामके बेशुद्धूच आसतात. मरणा वेळा वयल्या वेदनांची जाणीव तांकां नासता.

श्रीरामकृष्ण: तूंच सांग, पयसो आसतकूच तशाक व्हडलेंशें कितें मेळोवंक जमता? गोपाळ सेन एदो व्हडलो गिरेस्त पूण तागेलीं भुरगीं ताका आयकनात म्हणून कागाळी करीत आसता.

म: संवसारांत गरिबी हें एकूच दुख्ख? स शडरिपू आसात. ते भायर रोग आनी शोक जावप हींय दुख्खां आसतात.

श्रीरामकृष्ण: आनी मानमरातब, ते भायर लोकमान्यताय मेळोवपाची वान्सा. बरें, म्हजो कसलो भाव आसता?

म: आतांच न्हिदून उठिल्ल्या मनशाचो आसता न्हय तसो. तो भानार आयिल्लो आसता. तुमी सदांच ईश्वरा कडेन एकरूप जाल्ले आसतात.

श्रीरामकृष्ण: तुका सपनांत केन्ना हांव दिसतां?

म: हय, महाराज. खूब खेपो.

श्रीरामकृष्ण: कसो? हांव तुका उपदेश करतां अशें तुका सपनांत दिसता?

म ओगी रावलो.

श्रीरामकृष्ण: हांव जर केन्नाय तुका उपदेश करतना दिसलों तर समज की स्वता सच्चिदानंदच उपदेश करता.

ते उपरांत मन जें कितें सपनांत पळयलें, अणभवलें तें ताणें श्रीरामकृष्णांक सांगलें. श्रीरामकृष्णांनी लक्ष दिवन सगलें आयकलें.

श्रीरामकृष्ण: (मक) हें खूब बरें जालें. आतां हाचे फुडें विचार करूं नाका. तूं शक्तीचो उपासक आसा.

अध्याय : छाप्पन

अधर सेना कडचो दुर्गापुजा उत्सव

ऑक्टोबर 10, 1883. बुधवार. दुर्गापुजेच्या उत्सवा निमतान अधरान श्रीरामकृष्णांक आपल्या घरा आफयिल्ले. जगन्मातेचे पुजेचो हो तिसरो दीस. जेन्ना श्रीरामकृष्ण अधराच्या घरा पावले तेन्ना थंय अधराचे इश्ट शरद, बलरामाचे वडील आनी अधराचे शेजारी आनी नातलग तांचीच वाट पळयताले.

श्रीरामकृष्ण सांजेची पुजा, आरती पळोवपाक देवाचे कुडींत गेले. पुजा, आरती सोंपले उपरांत भावाविश्ट अवस्थेंत ते थंय उबे रावले आनी जगन्मातेची स्तुती करीत गावंक लागलेः

हे खोल पिडापिडी पसून, ए भवतारिणी, म्हाका वाटाय!
हांव सामको यमाच्या धमक्यांनी भियेवन गेलां!
एकोडो हांव, रोखडोच ना जातलों;
वाटाय म्हाका, वाटाय म्हाका आतां हांव मागतां!

सगल्या संवसाराची जननी! तूं वीस कुळवेचो आधार
तूं, सगल्यांची मोहिनी, सगल्या जिवितांची तूं आवय
वृंदावनांत तूं आसा ओडलायणी राधा,
वृजाच्या प्रियजनाची तूं अतिप्रीय मोगीण.

कृष्णाची आनंदमयी सखी, कृष्णलिलेचो विलास,
हिमालयाचें बाळक, गोपीं मदीं उत्कृश्ट, गोविंदाची प्रियतमा!
पवित्र गंगा, मोक्ष दिणी!
शक्ती! तुजो म्हयमो, चल्ला अख्ख्या विश्वीं

तूं शिवप्रिया, तूं सदांच आानंदमयी,
तूं सर्वेस्वरुपिणी,
केन्ना तूं सगूण रुपांत, केन्ना तूं निर्गूण रुपी.
कोणाच्यान जाणा जावं येता तुजो म्हयमो?
तूं म्हादेवाची प्रिया, अनंतकाळाची

श्रीरामकृष्ण, दुसरे माळयेर अधराच्या सालांत वचून बसले. कुडींत आफयिल्ले लोकय आसले. श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत समाधी अवस्थेंतूच आशिल्ले. तांणी म्हणलें, ''मानादिकांनो, म्हजें खावन जालां. आतां तुमी सगले जेवन घेयात.''

श्रीरामकृष्ण अशें सांगनात मूं, जगन्मातेन अधरान दाखयिल्लो निवेद्य ग्रहण केलो म्हणून? श्रीरामकृष्ण जगन्मातेच्या भावांच्या आदेशांत तन्मय जावन म्हणिना मूं? ''म्हजें खावन जालें''. ते उपरांत जगन्मातेक उद्देशून तांणी म्हणलें, ''हांव खावं काय तूं खाता? माते, माते तूं तर ईश्वरी आनंद दिवपी मदीररुपिणी.''

श्रीरामकृष्ण कितें स्वताक आनी जगन्मातेक अभिन्न समजताले? लोकशिक्षणा खातीर स्वयं जगन्माताच कितें संतानरुपान अवतिर्ण जाल्या? म्हणून कितें श्रीरामकृष्ण म्हजें खावन जालें म्हणटात काय? त्या भावावेशांतूच तांकां स्वताच्या देहांतली शटचक्रां आनी तातूंत राबितो करपी जगन्माता दिसूंक लागली? तांकां लेखून ते गावंक लागलेः

मातेच्या रहस्याचें चिंतन करतां करतां
हांव तर थक्कूच जावन गेलां,
तिच्या फकत नांवानूच ना जाता
काळाचो, यमाचो भंय,
तिच्या पांया खाला महाकाय पडला.

तिचो वर्ण काळो कित्याक काय?
काळेपणाचीं रुपां जायतीं, पूण ती
दिसता अजापभरीत काळी,
जेन्ना तिचें ध्यान काळजांत जाता,
थंयचें फुलिल्लें साळीक ती उजवाडान भरता.

तिचें रूप काळें, आनी तिचें नांव
काली, काली काळ्या परसूय काळी
अशी ती! तिका पळयतकूच

मनीस वता चडूच भुलून
ताका सुखायना दुसरें खंयचेंच रूप

अजापीत जावन रामप्रसाद विचारता,
ही विलक्षण अस्तुरी खंय रावता?
तिच्या फकत नांवान, ताचें मन
जरी अजून तिका ताणें पळोवंकूच ना
तिच्यांत एकदम लीन जाता.

भक्तांची भिरांत पयसावता फकत तांणी जगन्मातेच्या पांयां कडेन आलशिरो मागल्यार. हेच खातीर काय महाराजांनी मुखा वयलें पद म्हणलें?

हांवें म्हजें काळीज मातेच्या निर्भय पावलांचेर ओंपलां,
हांव आनिआनीक यमाक भियेतां?
म्हज्या माथ्याच्या केंसांच्या झुपक्यांत
सर्वशक्तीमान मंत्र, कालीमातेचें नांव बांदून आसा.
जगाच्या तिठ्यार हांवें, म्हजो देह विकून उडयला
आनी तातूंतल्यान श्रीदुर्गेचें नांव विकतें घेतलां.

म्हज्या काळजांत खोल हांवें कालीचें नांव रोयलां,
स्वर्गांतलो कल्परूख;
जेन्ना यम, मरणाचो राजा येतलो
तेन्ना ताका हांव म्हजें काळीज उकतें करतलों आनी तो
थंय वाडटा तो दाखयतलों.
म्हज्यांतले स शक्तीमान दुस्मान हांवें धांवडायल्यात;
संवसाराच्या दर्यांतल्यान वचपाक हांव तयार आसां
आड्डून, 'दुर्गे, तुजो जयजयकार जावं!'

शरदबाबू तांगेल्या पुताच्या मरणाक लागून सामके दुखखी आनी थतरवितर जाल्ले. म्हणून अधरान तांकां श्रीरामकृष्णांच्या दर्शनाक दक्षिणेश्वराक हाडिल्ले. शरदबाबू श्रीचैतन्याचे भक्त. श्रीरामकृष्णांनी तांचे कडेन पळयलें आनी तांचें मन गौरांगाच्या प्रेमान भारावलें.

ते गावंक लागले:

म्हजें आंग इतलें भांगराचें कशें जालें? अशें जावपाचो हो वेळ न्हय,
कितलींशींच युगां वचूंक जाय, गौरांगा सारको दिसूंक
ह्या द्वापारयुगांत हांगा म्हजी लिला अजून सोंपूंक ना,
कितलो अजापीत हो बदल!

मोर चकचकता, सगलो भांगरूच, आनी कोगूळ लेगीत चकचकता
भांगर कशें!
भोंवतणीं म्हज्या हांगा सगलें भांगराचें जालां! कितेंच दुसरें दिसना
भांगर सोडून, खंयूय हांव पळोवं
हाचो अर्थ कितें, हो चमत्कार, जें कितें पळयतां तें सगलें भांगरूच?

आं, ताचो अर्थ आतां म्हाका कळूंक लागला,
राधा मथुरेक आयल्या आनी ताका लागून म्हजी कात भांगर जाल्या
कारण ती म्हणल्यार भोंवर कशी, आनी देखून म्हाका तिणें आपलो
रंग दिला.
आतां मेरेन काळेंनिळशें म्हजें आंग, तरी एका खिणांत
तें भांगराळें जालां. तिचें ध्यान करून हांव राधा जालां काय?

म्हाकाच खबर ना हांव खंय आसां - मथुरेंत काय नवद्विपांत,
पूण हें अशें कशें घडून आयलें?
बलराम अजून निताई म्हूण जल्मूंक ना, न्हय म्हणून नारद
श्रीवस जावंक ना, यशोदाय बी आतां सची* कशी
अजून येवंक ना. म्हजें एकल्याचेंच रूप
पूण त्या सगल्यां मदीं
भांगराचें कित्याक जावचें?

अजून बापूय नंद जगन्नाथ म्हूण जल्मूंक ना, तरीपूण
हांव असो भांगराचो जालों कसो?
कारण, घडये, मथुरेंत गोड राधा आयल्या, म्हजे कातीन
गौरांगाचो भांगराळो उश्णो घेतला.

श्रीरामकृष्ण परत एक फावट गौरंगाच्या मोगान उन्मत जावन गावंक लागले:

खरेंच गौरांग सुखदायी परमानंदांत शेणून गेला,
आनंदाच्या तुडुंबपणांत तो हांसता आनी रडटा आनी नाचता
आनी गायता.
रान पळयल्यार ताका वृंदावन दिसता, गंगा पळयतांच निळी यमुना.
भायल्यान जरीय तो सगलो भांगरूच आसलो, तो मोट्या मोट्यान
हुंडकेता आनी रडटा.
तरीय तो भितर काळोच. कृष्णाच्या काळ्या रंगा इतलोच काळो आसा.

श्रीरामकृष्ण, अस्तुरेच्या भावांत गौरांगाच्या मोगान परत गावंक लागले:

म्हज्यो शेजान्नी कित्याक इतलो बोवाळ घालतात?
म्हजेर किटाळां कित्याक म्हूण हाडटात?
फकत गौरांगा खातीर?
म्हज्यो भावना तांकां मातपूण कळतीत?
हांव कशीं पूण तांकां सांगतलीं?
केन्ना पूण हांव सांगूंक पावतलीं तरी?
आरेरे! कोणाक पूण हांव विसकायतलीं?
आ! पूण म्हाका लजेन मरपाक लायतल्यो त्यो म्हज्यो शेजान्नी!

एक दीस श्रीवासाच्या घरा,
मायेन किर्तन करतालो गोरा,
तेन्ना आंगणांतले जमनीर
पडून, परमानंदांत तो लोळ्ळो,
हांव थंयच जी उबी ताचे सरीं
थंय तो समाधींत पळोवन पडिल्लो
भायलें सगलें भान विसरलीं
श्रीवासाचे घरकान्नीन म्हाका करी सर सावचीत.

आनीक एका दिसा भक्तांच्या पुरसांवांत,
गोरा मोटे गोडायेन किर्तन करतालो
जाती भायल्यांक आपलें वेंगेंत घेवन,

---

* सची आनी जगन्नाथ हे गौरंगाचे आवय बापूय आनी यशोदा आनी नंदा हे कृष्णाचे आवय बापूय.

सवर्णांचीं काळजां ताणें मोवाळ्ळीं
नादियाच्या बाजारांतल्यान
ताणें हरीचें गोड नांव गायलें,
हांव गेलीं जोम्या वांगडा, आनी लागींच्यान
ताच्या भांगराळ्या पायांचें दर्शन घेतलें.

एकदां तो गंगेचे देगेर उबो आसलो,
ताची कूड सूर्य आनी चंद्रीम कशी चकचकीत
आपले सुंदरकायेन सगल्यांक भुल्लुसावन.
हांवूय बी आयिल्लीं थोडें उदक व्हरूंक
म्हजी कळशी घसरली आनी जमनीर पडली.
म्हजी नणण, गांवभवानी, तिणें म्हाका पळयलें,
आनी आतां ती ही गजाल सगल्याक करूंक लागली.

बलरामाचो बापूय वैश्णव आसलो, देखून, श्रीरामकृष्णांनी श्रीकृष्णा विशींच्या गोपींच्या दिव्य प्रेमा विशींय गायलें:

इश्टिणी, म्हाका म्हजो कृष्ण मेळूंक ना! ताचे बगर म्हजें घर कितलें उमेद नासतना!
आ! कृष्ण फकत म्हजे तकले वयले केंस जाल्लो,
हांव जतनायेन तांची विणी घालपाचीं आनी तिचेर ओंवळां माळपाचीं
जतनायेन हांव म्हज्या कृष्णकेंसांची विणी घालपाचीं,
कृष्ण काळो आनी काळे म्हजें केंस; काळें काळ्यांत एक जावपाचें!

आ! कृष्ण फकत म्हज्या नाकांतली पिली जाल्लो,
सद्दां म्हज्या नाकांतल्यान तो झेलपाचो, आनी म्हजे दोनूय ओंठ ताका तेंकपाचे
पूण आरेरे! तशें केन्नाच जावपाचें ना! ओगीच हांवें गरजे भायर कित्याक सपनेवपाचें?
म्हज्या नाकांतली पिली जावंक कृष्णान कित्याक पूण पळोवपाचें?

आ! कृष्ण फकत म्हज्या हातांतलीं कांकणां जाल्लो,
तो सदांच म्हज्या मनगटांक दसून रावपाचो आनी हांव गर्वान चलपाचीं,
म्हजीं कांकणां हालयत, तीं वाजोवन, म्हजे हात हालयत तीं दाखोवंक,
म्हजीं कृष्णकांकणां घालून, राजपथा वयल्यान हांव चलपाचीं.

श्रीरामकृष्णांचो सर्वधर्मसमन्वय
बलरामाच्या वडिलां बराबर उलोवप

बलरामाचे वडील एक गिरस्त मनीस. ओरिसांत खूब कडेन तांच्यो जमनी आसात. ते कर्मठ वैश्णव आशिल्ले. तांणी देवळां बांदिल्लीं. यात्रेकारांक तिर्थथळांनी अन्नछत्रां उगडिल्लीं. तांगेल्या आयुश्यांतले निमणे दीस तांणी वृंदावनांत घालयले. वैश्णव चडशे संकुचीत वृत्तींचे आशिल्ले. कांय जाण तर तंत्र आनी वेदान्ती अनुयायींचो दुस्वास करताले. पूण श्रीरामकृष्णांक मात असली संकुचीत वृत्ती कशीच आवडनाशिल्ली. ते म्हणटाले, व्याकूळताय आनी तळमळ आसल्यार सगल्याच मार्गांनी आनी सगल्याच मतां प्रमाण ईश्वराचो लाव जातलो. देखुनूच श्रीरामकृष्ण बलरामाच्या वडिलांची धर्ममतां उदार करपा खातीर तांकां उपदेश करताले.

श्रीरामकृष्णः (मक) एक खेपो म्हज्या मनांत आयलें, हांवें एके विचारसरणीचें कित्याक जावपाचें? मागीर हांवें वृंदावनांत वैश्णव पंथाची दिक्षा घेतली आनी वैश्णव वैराग्याचो वेश धारण केलो. तीन दीस वैश्णव साधनेंत काडले. परत दक्षिणेश्वराक राममंत्र घेतलो. कपलाचेर मोटो तिबो, गळ्यांत दोरयेक बांदिल्लो एक हिरो, उपरांत कांय दिसांनी हें सगलें सोडून दिलें.

बलरामांच्या वडिलांक उपदेश
ईश्वर सगूण तसोच निर्गूण
साकार तसोच निराकार

एका मनशा कडेन एक आयदन आशिल्लें. लोक ताचे कडेन कपडे रंगोवपाक दितालें. आयदनांत तयार केल्लो रंग आशिल्लो. आयदनांत कपडे बुडयले उपरांत जांकां जो रंग जाय ते तेचो कपडो रंगोवन मेळटालो. हें पळोवन एक मनीस अजापीत जालो. तांणें त्या रंगाऱ्याक म्हणलें, म्हज्या कपड्यांक तुमच्या आयदनांत आसा तोच रंग दियात.

श्रीरामकृष्णांक अशें म्हणूंक जाय काय, की सगल्या धर्मांचे लोक तांचे कडेन येवन आपआपल्या पंथा प्रमाण चैतन्याचो लाव करून घेतात न्हय मू?

श्रीरामकृष्णः (बलरामाच्या वडिलांक) आनीक ग्रंथ वाचूं नाकात. पूण तुमी भक्तीचीं पुस्तकां वाचात. जशें चैतन्यांचें 'चरित्र' सांगपाचें म्हणल्यार, ईश्वराचेर मोग करप आनी ताच्या माधुर्याचो आस्वाद घेवप. भगवान रस भक्त रसीक. भक्त गोड ईश्वरी आनंद पियेता. तशेंच, भगवान साळीक आनी भक्त भुंगो - त्या साळकांतलें म्होंव तो चोखता.

भगवान नासल्यार भक्ताक जशें रावं नजं जाता तसोच भगवानाकूय भक्तां बगर रावं नजं जाता. आतां भक्त जाता रस आनी भगवान जाता रसीक, भक्त जाता साळीक आनी भगवान भुंगो. स्वताचेंच माधूर्य चाखपा खातीर ते दोन जाल्यात, विभक्त जाल्यात. राधाकृष्ण विलासाचें मर्म तर हेंच.

तिर्थाटन, माळ घालप
भायलो पोशेग, आचार खंय मेरेन

साधका अवस्थेंत सुरवेक तिर्थाटन, गळ्यांत मणयांची माळ घालप भक्तान करचें, पूण मोख ईश्वराचो लाव जाले उपरांत हे सगले भायले विधी ल्हव ल्हव गळून पडटात. मागीर फकत उरता ईश्वराच्या नांवाचो जप करप आनी ताचें चिंतन, ध्यान करप.

सोळा रुपयांची मोड एकठांय केल्यार ताची रास जातली. पूण सोळाच रुपया एके कडेन दवरले जाल्यार ती व्हडली रक्कम दिसची ना. तांच्या जाग्यार तांची एक भांगरा म्होर केल्यार आंवाठ सामको उणो दिसतलो. आनी ताच्या बदला एक हिरो घेतल्यार लोकांक कळचें लेगीत ना तुजे कडेन कितें आसा म्हूण.

कर्मठ वैश्णव धर्माच्या भायल्या अवडंबराचेर नेट दितात. जे कोण भक्त माळो वापरिनात, तिबो लायनात, तांची हे वैश्णव टिका करतात. म्हणुनूच श्रीरामकृष्ण म्हणिनात मूं, ईश्वराचें दर्शन जाले उपरांत भायल्या अवडंबराचो तितलोसो नेट नासता म्हणून? अध्यात्मीक मोख मेळयले उपरांत उपचारीक पुजा उणी जाता. हेच खातीर श्रीरामकृष्ण अशें म्हणिनाशिल्ले मूं?

श्रीरामकृष्णः (बलरामांच्या वडिलांक) कर्ताभजा पंथी भक्तांचे चार वर्ग आसात. प्रवर्तक, साधक, सिद्ध आनी सिद्धांतले सिद्ध. प्रवर्तक कपलाक तिबो लावप, गळ्यांत माळो घालप आनी भायल्या आचाराचेर नेट दितात. साधक लोकांचें तितलेशें अवडंबर नासता. देख दिवची जाल्यार - बौल हांची. सिद्ध म्हणचे ईश्वर आसा असो भक्तांचो अढळ विश्वास आसता ते. सिद्धांतले सिद्ध म्हणचे पुर्णतायेक पाविल्ले. चैतन्य देवा भशेन. तांकां ईश्वराचें दर्शन तर जाल्लें आसताच, इतलेंच न्हय ते सदांच ताचे कडेन उलयत लेगीत आसतात. साक्षात्काराची ती निमणी अवस्था.

सात्वीक साधन
सगल्या धर्मांचो समन्वय

साधक कितल्याश्याच तरांचे आसतात. सात्वीक साधक तांगेली साधना गुपीतपणान करतात. तांचें साधन, भजन सगलें लोकांक कळनासतना करतात. दिसपाक

सादारण लोकां भशेन पूण मच्छरदाणयेंत बसून ध्यान करतात.

राजसीक साधकाचें भायलें अवडंबर खूब आसता. गळ्यांत रुद्राक्षाच्यो माळो, कपलाक चंदनाचे तिबे, भगवी कफनी, रेशमी वस्त्रां, भांगराच्या मणयांची जपमाळ आनी हेर कांय गजाली. सायन बोर्ड लावन तांगेल्या मालाची जायरात करपी पसरकारूच कशे.

सगले धर्म आनी सगले मार्ग तांच्या अनुयायांक एकाच देवाची प्रार्थन करपाक मार्गदर्शन करतात. म्हणून खंयच्याय पंथाचो, खंयच्याय धर्माचो वा मताचो अनादर करपाची गरज ना. वेदांत त्या एका ईश्वराकूच म्हणलां सच्चिदानंद ब्रह्म. पुराणांत ताका म्हणलां सच्चिदानंद कृष्ण, तंत्रांत ताका सच्चिदानंद शिव. सगल्याक तोच एक सच्चिदानंद आसा.

वैश्णवांत लेगीत तरातरांचे पंथ आसात. वेद जाका ब्रह्म म्हणटात ताकाच वैश्णवांतलो एक पंथ अलखनिरंजन म्हणटा. अलख म्हणचे जें दाखेवंक येना तें वा इंद्रियांनी जें पळोवंक जमना तें. ह्या पंथा प्रमाण राधा आनी कृष्ण हीं दोनय अलखा वयले दोन बुडबुडे.

वेदान्ताच्या मता प्रमाण देवाचो अवतार नासता. वेदान्तवादी म्हणटात, राम आनी कृष्ण हे सच्चिदानंद दर्या वयलीं दोन ल्हारां. सत्य सांगचें जाल्यार दोन नाच. फकत एकूच आसा. देवाक खंयच्याय नावान आळयात. ताका जर मना पसून आळयत तर तो उल्याक खात्रेन पावतलो. तो व्याकूळतायेन भरिल्लो आसत तर तो जैतिवंत जातलो.

श्रीरामकृष्ण भक्तांक सांगता आसतनाच ते ईश्वरी चैतन्यांत भावतन्मय जाले. थोडेशे भानार येतकूच तांणी बलरामाच्या वडिलांक म्हणलें, ''तुमी बलरामाचे वडील न्हय?''

सगले ओग्गी बशिल्ले. बलरामाचे वडील शांतपणान जपमाळ ओडीत आशिल्ले.

श्रीरामकृष्ण : (मक आनी हेरांक) बरें, हे लोक खूब जप करतात. तिर्थयात्रा करीत आसतात. तरीपूण हे अशेच कित्याक? हांची प्रगती कित्याक जायना? हांचे बाबतींत अशें दिसता, अठरा म्हयन्यांचें एक वर्स कशें.

एक खेपो हरीशाक म्हणलें, 'ईश्वरा खातीर व्याकूळताय नासत तर काशीक वचून कितें उपेग? आनी जर ती व्याकूळताय आसा, तर हांगाच काशी आसा. ते इतलीं तिर्थां करतात, देवाच्या नांवाचो इतलो जप करतात पूण कितेंच साध्य कित्याक जायना? कारण तांकां देवा खातीर व्याकूळताय नासता. व्याकूळतायेन आनी काळजांतल्यान ताका आळयल्यार ईश्वर भक्तांक दर्शन दिताच दिता.

नाटकांत तुमी पळयतात, सुरवेक माचयेर खूब गडबड आसता. बोवाळ आसता. त्या वेळार कृष्णाचें दर्शन जायना. ते उपरांत नारदमुनी व्याकूळ जावन विणा वाजयत वाजयत भक्तीन आळयता, गायता, 'ए गोविंदा म्हजो प्राण, म्हजो आत्मो.' त्या वेळार कृष्ण स्वस्थ बसूंक शकना आनी रोखडोच गोरवां राखणो गोपाळां सयत दर्शन दिता.

अध्याय : सत्तावन

दक्षिणेश्वर, पुनव

ऑक्टोबर 16, 1883. मंगळार. श्रीरामकृष्ण तांचे कुडींत राखाल, बलरामांचे वडील, बेणी पाल, म, मणि मल्लीक, ईशान, किशोर आनी हेरां वांगडा आशिल्ले.

श्रीरामकृष्ण: उदार मताचे भक्त सगल्याच देवतांक मानतात. जशे कृष्ण, काली, शिव, राम आनी हेर.

बलरामांचे वडील: हय महाराज. बायल-घोवान कसलेय तरेचे कपडे जरी वापरले तरी तांकां वळखतात जोडपें म्हणून तशें.

श्रीरामकृष्ण: पूण निश्ठा म्हणून आसा. एकनिश्ठ भक्ती म्हणून कितें आसाच. गोपी जेन्ना मथुरेक गेल्यो तेन्ना तांणी थंय माथ्याक पगडी घाल्लो कृष्ण पळयलो. तें पळोवन तांणी पदर तोंडार ओडलो आनी म्हणलें, 'कोण हो मनीस पितांबरधारी? मोराचें पांख मुकुटाक लायिल्लो तो आमचो श्रीकृष्ण खंय आसा?' हनुमानाची लेगीत एकनिश्ठ भक्ती आशिल्ली. द्वापार युगांत तो जेन्ना द्वारकेक गेल्लो तेन्ना कृष्णान रुक्मिणीक म्हणलें, 'राम स्वरूप पळयले बगर हनुमान खोशी जावचो ना' आनी ताका खोशी करपा खातीर तांणी रामरूप धारण केलें.

रामकृष्णांची अदभूत अवस्था – नित्य लिलायोग

पूण मोगाळ भक्तांनो, म्हजें मन एके वेगळेच अवस्थेंत आसा. म्हजें मन सारकें परम नित्य सत्या पसून सापेक्ष लिलेंत येता आनी परत सापेक्ष लिलेंतल्यान परम नित्य सत्यांत वता. परम नित्य सत्यांत पावप हाकाच म्हणटात ब्रह्मज्ञान. पूण अशें ज्ञान प्राप्त जावप खूब कठीण. संवसारांतल्यो विशयबुद्दी मुळा सकट ना जाले बगर ब्रह्मज्ञान

जावप शक्य ना. राजा हिमालयागेर जेन्ना जगन्मातेन जल्म घेतलो, तेन्ना तिणें आपल्या बापायक आपलीं तरातरांची रुपां दाखयलीं. ताचेर हिमालयान म्हणलें, 'म्हाका आतां ब्रह्मदर्शन जावचें अशी इत्सा आसा.' जगन्मातेन जाप दिली, 'बाबा, अशीच जर तुमची इत्सा आसत तर तुमकां साधूसंग करचो पडटलो.' संवसारा पसून पयस वचून मदीं मदीं निर्जन सुवातेर वचूंक जाय आनी मदीं मदीं साधूच्या सांगातांत रावंक जाय.

त्या एकाच पसून बहुवीध जालां. परम नित्य सत्या पसुनूच लिलेचो जल्म जाला. अशी एक अवस्था जंय 'विवीध'य ना आनी 'एक'य ना. कित्याक, एक आसल्यारूच विवीध आसता. ब्रह्माची तुळाच करूं नजं. उपमा दिवन ताचें स्वरूप समजावन सांगूंक येना. काळोख आनी उजवाड ह्या दोनांयचेय मदीं ताचें स्थान. ब्रह्म म्हणचे तेज, प्रकाश, पूण उजवाड पळयतात तसलो उजवाड न्हय. तो जड भौतीक उजवाड न्हय.

परत जेन्ना ईश्वर म्हज्या मनाची अवस्था बदलून उडयता, जेन्ना ईश्वर म्हजें मन सकयल सापेक्ष लिलेंत हाडटा त्या वेळार म्हाका दिसता, ईश्वरूच सगलें कितें जाला. निर्मणी करपी माया, जीव, जगत आनी सगलें.

ईश्वर करतो, 'तूं आनी तुजें'

परत तो केन्ना केन्नाय म्हाका दाखयता, ताणेंच हें सगलें जग आनी जीव निर्माण केल्यात. जशें कितें तो धनी आनी जग ताची बाग. तोच करतो आनी ताचेंच हें सगलें जीव जगत. हाचेंच नाव ज्ञान आनी हांव करतो, हांव बापूय, हाचेंच नांव अज्ञान. हें म्हजें घर, हो म्हजो घराबो, ही म्हजी धनदौलत. हे म्हजे नातलग. ह्या सगल्याक म्हणटात अज्ञान.

बलरामाचे वडील: खरें आसा महाराज.

श्रीरामकृष्ण: जों मेरेन ईश्वरूच करतो अशी जाणीव जायना तों मेरेन ह्या जगांत तुका येवचें पडटा. तुका परत परत जल्म घेवचो पडटा. ईश्वरा, तूंच करतो असो बोध जातकूच तुका परत जल्म घेवचो पडना.

जों मेरेन तुका म्हणूंक येना, 'हे भगवान, फकत तूंच सत्य,' तुजी हे जिणेंतल्यान सुटका ना. वचप आनी येवप, परत जल्माक येवप हें तुका चुकोवंक येना. मुक्ती मेळपाची ना. आनी परत म्हजें म्हजें म्हणून फायदो कितें? इश्टेटीचो वेवस्थापक म्हणटा ही आमची बाग, हो आमचो पलंग, हें आमचें फर्नीचर, पूण धनी जेन्ना ताका नोकरे वयल्यान काडून उडयता तेन्ना बागेंतल्यान ताका वापरूंक दिल्ली आंब्याच्या लांकडाची

उपेग नाशिल्ली पेटी लेगीत व्हरपाचो अधिकार नासता. 'हांव आनी म्हजें' हांणीच सत्याक लिपोवन उडयलां. हेच खातीर आमी सत्याक पळोवंक शकनात. अद्वैतज्ञान जाले बगर चैतन्य दर्शन, ब्रह्मचैतन्याचो लाव जायना. चैतन्यदर्शन जातकूच नित्यानंद, चिरंतन सूख. परमहंस अवस्था प्राप्त जातकूच हो अखंड आनंद भोगूंक मेळटा.

वेदान्तमताक ईश्वराचो अवतार मान्य ना. तांच्या मतान चैतन्यदेव म्हणचे अद्वैत्य दर्या वयलो बुडबुडो. चैतन्यदर्शन कशें आसता खबर आसा तुमकां? एकाद्रे काळखा कुडींत फस्का काडी पेटयतकूच अकस्मात उजवाड जाता न्हय, तशें!

भक्ती मार्गी लोकांनी अवतारांक मान्यताय दिल्या. कर्ताभजा पंथांतली एक बायल म्हजी अवस्था पळोवन म्हणूंक लागली, 'तुमकां भितरल्यान साक्षात्कार जाला. चड नाचूंक आनी गावं नाकात. पिकिल्लीं द्राक्षां कापसांत गुठलावन व्हडा जतनायेन दवरचीं पडटात. सुनेक दीस वतकूच मांय ल्हव ल्हव तिचें उणें उणें करीत वता. भगवददर्शनाचें लक्षणच हें आसा की ल्हव ल्हव कर्मत्याग जायत आसता. ह्या मनशाचे भितर (श्रीरामकृष्णांच्या) खरें रत्न आसा.'

हांव खातां तें पळोवन ती म्हणटाली, 'महाराज, तुमी स्वता खातात काय कोणाक दुसऱ्याक भरयतात?' ह्या अहंकारानूच सत्य धांपून उडयलां. नरेंद्रान एक खेपो म्हणिल्लें, 'मनशाचो *हांव* जितलो उणो उणो जातलो तितलो तितलो ईश्वरी *हांव* लागीं येतलो.' केदार म्हणटा, 'घड्या भितर माती जितली चड आसतली तितलें उदक कमी आसतलें.' कृष्णान अर्जुनाक सांगलें, 'इश्टा, आठ सिद्धींतली एक जरी सिद्धी आंगांत आसत तर म्हजो लाव जावचो ना. थोडीशी शक्त वाडटली इतलेंच. हाका लागून तुज्यान लोकांचें मातशें बरें करूंक जाता, हें खरें न्हय?'

हेच खातीर हांवें जगन्माते कडेन शुद्ध भक्ती मागली. अशी भक्ती जी परत कांयच मागिना.

अशें उलयतां उलयतां श्रीरामकृष्ण समाधींत गेले. थंय ते निश्चल बसून रावले. भायल्या जगाक सामके विसरले. परत जगा विशीं भानार येतकूच ते गावंक लागलेः

इश्टा, तो म्हाका अजून मेळूंक ना. जाच्या मोगान म्हाका पिसो केला.

श्रीरामकृष्णांचे विनंती वयल्यान रामलाल गावंक लागलो. चैतन्यदेवान संन्याशी जीण कशी वेंगायली हे विशीं ताणें वर्णन केलें.

आरे केशव भारतीचे* खोंपींत कसलें दर्शन म्हाका जाल्लें
गोरा, आपले तुळा नाशिल्ले सोबितायेंत,
सहस्र झऱ्यांनी दुकां व्हांवयता!
पिशा हतया भशेन तो अतिआनंदांत नाचता आनी गायता,
हिसपा भायर कसो मोग पियेला.

जमनीर आडवो लोळून आनी आपल्या दुकां मदीं पेंवन,
तो रडटा आनी हरीच्या नांवान आड्डता,
आपल्या आड्ड्यांनी स्वर्गूच चिरून,
शिंवाच्या आड्ड्यां परसूय मोट्यो;
मागीर खूब नमळायेन तो मनशांचो मोग मागता
समजुचे खातीर आपल्याक परमेश्वराचो दास.

केंस ताशिल्लो, अशा ताणें योगीची भगवी कफनी घाल्या;
सामकें निबर काळीज लेगीत विरगळटा
ताचो शुद्ध आनी स्वर्गीय मोग पळोवन.
मनशाच्या खोल दुख्खान पिसो जावन,
ताणें सगलेंच सोडलां
आनी मेकळेपणान तो मोग शिंवरायता.

आरे, तो प्रेमदास ताचो दास जावचो आनी दारादारांतल्यान
गौरांगाची निरंतर तुस्त गावची
दारादारांतल्यान भोंवतनां!

हरीचरणीं एक खेपो भक्ती उत्पन्न जातकूच मागीर जातीचो विचार उरना. हे विशीं संत तुळसीदासाचीं उतरां सांगपाक श्रीरामकृष्णांनी मणि मल्लीकाक सांगलें.
मणि मल्लीक: ''तानेन गळो सुकून प्राण व्याकूळ जालो आनी चोंय वटेन गंगा, यमुना, शरयू न्हंयचें उदक वा कितल्याश्याच दुसऱ्या न्हंयांचें आनी तळयांचें उदक आसलें, तरी चातक पक्षी खंयच्याच उदकाक चोंच लावचो ना. फकत स्वाती नखेत्राच्या

---

* चैतन्याचो गुरू

पावसाचें उदकूच पियेवपा खातीर मळबा कडेन तो दोळे लावन बसतलो.''
श्रीरामकृष्णः हाचो अर्थ इतलोच की ईश्वराच्या चरणांची भक्तीच सगल्याचो सार आसा. हेर सगलें असार, फट.

अस्पृश्यांचो प्रश्न, तांची हरिनामांत शुद्धी

मणि मल्लीकः तुलसीदास अशेंय सांगता, 'आठय धातू परिसाच्या स्पर्शान भांगर जातात. तेच प्रमाण सगल्यो जाती - अस्पृश्य, चांडाळ लेगीत हरिनाम घेतकूच शुद्ध जातात. पूण हरिनामा बगर चारूय जातींचे लोक चांडाळूच.'
श्रीरामकृष्णः ज्या चामड्याक आफुडचें लेगीत न्हय अशें म्हूण शास्त्र सांगता तें चामडें रांपयले उपरांत देवळांत लेगीत घेवन वचूं येता. भगवंताच्या पावन नामांत मनीस पवित्र जाता. देखुनूच देवाच्या नांवाच्या जपाची संवंय करून घेवंक जाय. यदू मल्लीकाचे आवयक हांवें सांगलें, 'जेन्ना यम घेवन वचपाक येतलो, तेन्ना सगल्यो संवसार चिंताच मनांत येतल्यो. घरदार, भुरगींबाळां, मृत्युपत्र आनी हेर गजालीच मनांत येतल्यो. चुकून लेगीत परमेश्वराचें स्मरण जावपाचें ना. अशें जावचें न्हय, मरणा वेळार देवाचीच याद जावची अशी जर इत्सा आसत तर ताका उपाय म्हणचे आतांच देवाच्या नांवाचो जप करपाचो. ताच्या नामजपाचो अभ्यास करपाचो होच ताचेर उपाय. असल्या अभ्यासान मरणाच्या दाडवणांत वता आसतना लेगीत देवाचें नांव तोंडांत येतलें. माजरान सुकण्याचेर झोंपय मारतकूच सुकणें क्यांव क्यांव करता. 'राम राम, हरे कृष्ण' म्हणिना.

यमराजाक येवकार दिवपाक तयार राविल्लेंच बरें. जाणटेपणांत निर्जन सुवातेर वचून फकत ईश्वर चिंतन आनी ताचें नामस्मरण करचें. हतयाक न्हाणोवन हतयां पागेंत व्हरून बांदल्यार परत ताच्या आंगाक धुल्ल, माती लागपाची ना.

बलरामाचे वडील, मणि मल्लीक आनी वेणी पाल हे जाणटे जाल्यात. देखुनूच श्रीरामकृष्ण चड करून तांचें मंगल जावचें म्हूण हो सगलो उपदेश करतात आसतले काय?
श्रीरामकृष्णः निर्जन सुवातेर वचून ताचें नामस्मरण करूंक जाय हें हांव कित्याक सांगतां? ह्या जगांत रावतना दीस रात मनीस चिंतेन दुख्खी जाला. तुमी पळोवंक ना, एके हातभर जमनी खातीर भाव भावाचो खून करता. शीख म्हणटालो 'जमीन, बायल आनी पयसो ह्या तीन कारणां खातीर सगलीं दुख्खां आनी हाहाकार जाता.'

तुमी संवसार करतात. तातूंत भंय कसलो? जेन्ना रामान दशरथाक सांगलें, आपूण संवसार सोडून वतां म्हूण, तेन्ना दशरथाक मोटी चिंता जाली. ताणें वशिश्ठा कडेन मत घेतलें. वशिश्ठान रामाक म्हणलें, 'रामा, तूं हो जो संवसार सोडटा म्हणटा तो किते खातीर? म्हाका विचार करून सांग. ईश्वरा वेगळें हें विश्व आसा? त्याग करपा सारकें कितें आसा आनी घेवपा सारकें कितें आसा? ईश्वरा बगर कांयच ना ह्या संवसारांत. ब्रह्मूच ईश्वर, माया, जीव, जगत रुपांनी नटलां.'

कबलरामाचे वडील: महाराज, हें मोटें कठीण आसा.

श्रीरामकृष्ण: साधकाक, अध्यात्मीक साधना करतना हो संवसार मयसभा कशी दिसता. पूण ज्ञानलाव जाले उपरांत, देवाचें दर्शन जाले उपरांत तोच संवसार आनंदधाम जाता.

वैश्णव ग्रंथांत सांगलां, ईश्वराचो लाव विश्वासानूच जाता. तर्काच्या आधारान तो मेळना. फकत विश्वास. कृष्णकिशोराचो केदो विश्वास! वृंदावनांत एके सकयले जातीच्या मनशान ताका उदक काडून दिलें. कृष्णकिशोरान ताका म्हणलें, 'तूं ईश्वराचें नांव घे.' त्या मनशान शिवाचें नांव घेतले उपरांत, कृष्णकिशोर दुबावा विरयत उदक पियेलो. तो म्हणटालो, जर मनीस देवाचें नांव घेत तर ताच्या पातकांच्या प्रायश्चिता खातीर पयशे खर्चुपाची गरज आसा? कितें मूर्खपण! दुखण्यांतल्यान बरे जावपा खातीर लोक देवाक तुळशीचीं पानां घालून पुजा करतात तें पळोवन कृष्णकिशोराक अजाप जातालें. हांगा घाटांचेर ताणें आमकां सांगलें, रामाचें नांव घेत म्हजे दीस वच्चे असो म्हाका तुमी आशिर्वाद दियात. जेन्ना हांव ताच्या घरा वतालों, तेन्ना म्हाका पळोवन तो आनंदान नाचतालो. रामान लक्ष्मणाक म्हणलें. 'लक्ष्मणा, ईश्वरी प्रेमांत तन्मय जावन जंय जंय म्हणून लोक नाचत आनी गायत आसतात अशें तुका दिसतलें, तूं खात्रेन जाणा जा, थंय थंय हांव उपस्थीत आसां.' चैतन्य ह्या आनंदाची बरी देख जावन आसात. ते ईश्वरी प्रेमांत हांसताले आनी रडटाले, नाचताले आनी गायताले, चैतन्यदेव हो आवतार. चैतन्याच्या रुपांत ईश्वरानूच साक्षात अवतार घेतला.

श्रीरामकृष्ण चैतन्य देवाच्या ईश्वरी प्रेमा विशीं गावंक लागले. उपरांत बलरामाचे वडील, मणि मल्लीक, बेणी पाल आनी हेर भक्तांनी श्रीरामकृष्णांचो निरोप घेतलो.

सांजवेळा कलकत्तांतल्या कासारीतुलांतले भक्त आयले. श्रीरामकृष्ण तांचे बराबर ईश्वरी भावांत मुग्ध जावन नाचले. नाच जाले उपरांत ते अध्यात्मीक भावांत गेले. तांणी म्हणलें, ''हांव मातसो स्वताच वतां.'' किशोर तांचे पांय चेपपाक फुडें सरलो. पूण श्रीरामकृष्णांनी कोणाकूच स्पर्श करूंक दिलो ना.

ईशान आयले. श्रीरामकृष्ण बशिल्ले आशिल्ले. आजून ते अध्यात्मीक भावांतूच आशिल्ले. कांय वेळा उपरांत ईशाना बराबर गजाली करूंक लागले. ईशानाची इत्सा आशिल्ली, आपणें गायत्रीचें पुरश्चरण करचें.

श्रीरामकृष्णः (ईशानाक) तुमचे अंतःप्रेरणे प्रमाण करात. म्हाका दिसता तुमच्या मनांत आतां कसलोच दुबाव उरूंक नासतलो. कलीयुगांत वेदाचो मार्ग योग्य न्हय. तंत्र मार्ग प्रभावी आसता.

वेदमार्ग कलीयुगा खातीर न्हय, तंत्रमार्गच योग्य

ईशानः हांवें प्रायश्चीत घेवपाचो संकल्पूच केला.

श्रीरामकृष्णः तुमचें अशें म्हणणें आसा की तंत्राच्या मार्गान वचपाक येना म्हूण? जें ब्रह्म तीच शक्ती, काली.

काली आनी ब्रह्म एक. हें गूढ गुपीत जाणा जाल्ल्यान
हांवें धर्म आनी अधर्म दोगांयचोय त्याग केला.

ईशानः चंडी देवीच्या स्तोत्रांत अशें म्हणलां, ब्रह्मच आद्यशक्ती. ब्रह्म आनी शक्ती एकूच.

श्रीरामकृष्णः फकत तोंडान उलयलो म्हूण जायना. तें जेन्ना आपूण आत्मसात करतलो तेन्नाच तें खरें. अध्यात्मीक साधनेंतल्यान आपली चित्तशुद्धी जाता. मागीर आपणाक सारकें कळटा, फकत ईश्वरूच करतो. ईश्वरूच मन, प्राण आनी बुद्द जाला. आमी ताचीं यंत्रां.

तूंच तो जो हतयाक रेब्यांत लोळयता,
तूंच जो थोंट्या कडल्यान पर्वत बालांडटा.

चित्त शुद्ध जाले उपरांत तुका कळटा, फकत देवूच तुजे कडच्यान पुरश्चरण आनी हेर कर्मां करून घेता.

तूं तुजीं स्वताच कामां करता; लोक म्हणटात, आपणेंच तीं केल्यांत.

ईश्वराचें दर्शन जाले उपरांत सगले दुबाव ना जातात. त्या वेळार भक्तांक वारो

फावोशे तरेन व्हांवता. तो चिंते पसून मुक्त जाता. फावोशे तरेन वारो व्हांवले उपरांत तारयो जशें शीड लावन येरें सकयल सोडटा आनी चिलमीचे झुरके मारीत बसता तशे मागीर भक्त निश्चिंत जावन बसतात.

ईशान गेले उपरांत श्रीरामकृष्ण म बराबर उलोवंक लागले. तांणी मक विचारलें, नरेंद्र, राखाल, अधर, हाजरा हे ताका कशे दिसतात आनी ते सरळ आसात? आनी विचारलें, ''आनी हांव तुका कसो दिसतां?''

मन सांगलें, ''तुमी सरळ आसात तशेच खोलय आसात. तुमकां समजप खुबूच कठीण.'' श्रीरामकृष्ण हांसूंक लागले.

अध्याय : अठ्ठावन

सिंदूरियापट्टी ब्राह्मसमाज आनी हेर लोकां बराबर उलोवप

नोव्हेंबर 26, 1883. सिंदूरियापट्टी ब्राह्मसमाजाच्या वर्सुकी उत्सवाचो हो दीस. मणिलाल मल्लीकांच्या घरा हो उत्सव मनयतात. उपासना घर वालींनी, पानांनी, तरातरांच्या फुलांनी, हारांनी सुंदरकायेन सजयिल्लें आनी खूब भक्तगण जमिल्ले आनी उपासना केन्ना सुरू जातली ताची उत्कटायेन वाट पळयताले. आयज ते चडच उमेदीर आशिल्ले. कित्याक म्हणल्यार श्रीरामकृष्ण थंय येवपाचे आशिल्ले. ब्राह्मसमाजाचे मुखेली केशव, विजय, शिवनाथ आनी हेर श्रीरामकृष्णांचेर खूब प्रेम करताले. सदांच ईश्वरी भावांत आशिल्ले. तांची अध्यात्मीक जिणेची ओड, तांचो आंतरीक विश्वास, तांची ईश्वरा लागीं आशिल्ली इश्टागत, बायलां विशीं तांचो आदर, जे बायलांक जगन्मातेचें रूप अशें समजताले, तांचो शुद्ध निश्कपट सभाव, विशया विशीं गजालींचो वीट, तांचो सगल्या धर्मां विशीं आदर आनी प्रेम, सगल्या संप्रदायांच्या भक्तांक मेळपाची ओड, ह्यो सगल्यो गजाली ब्राह्मभक्तांक तांचे कडेन ओडून हाडटाल्यो आनी म्हणुनूच आयज पयसुल्ल्यान खूब ब्राह्मभक्त तांच्या दर्शनाचो लाव जावचो आनी तांची अमृतवाणी आयकुपाक मेळची म्हणून आयिल्ले.

उपासना सुरू जावचे पयलीं श्रीरामकृष्ण त्या घरा पावले आनी विजयकृष्ण गोस्वामी कडेन आनी हेर भक्तां कडेन उलोवंक लागले. सभाघरांत दिवे लागले आनी रोखडीच उपासना सुरू जावपाची आशिल्ली.

श्रीरामकृष्णांनी शिवनाथ उत्सवाक येतलो काय म्हूण विचारलें. ब्राह्मभक्तान सांगलें, 'ताका दुसरीं म्हत्वाचीं कामां आसात म्हणून तो येवचो ना.'

श्रीरामकृष्ण: जेन्ना हांव शिवनाथाक मेळटां तेन्ना म्हाका खूब आनंद जाता. सदांच तो भक्त रसांत बुडिल्लो आसता. आनी जाका खूब लोक मानतात, आदर करतात, ताचे

कडेन खात्रेन ईश्वरी शक्त आसुंकूच जाय. पूण ताचे कडेन एक व्हड दोश आसा. तो तागेलें उतर पाळिना. थंय दक्षिणेश्वराक एक खेपो येता म्हूण ताणें म्हाका सांगिल्लें. पूण तो आयलो ना. तशें ताणें सांगुनूय धाडलें ना. हें बरें न्हय. अशें म्हणटात, सत्य उलोवप ही कलीयुगांतली तपस्या. सत्याक नेटान दसून रावल्यार भगवानाचो साक्षात्कार जाता. सत्याचेर जर निश्ठा नासत तर हांव सहजतायेन सगलें वगडायतां. जर हांवें सहजतायेन म्हणलें, हांव सुरूच्या रुखा मदीं वतलों म्हूण, तर म्हाका थंय वचुंकूच जाय. जरी म्हाका थंय वचपाची गरज नासली तरी. नाजाल्यार सत्या कडली निश्ठा वतली. जगन्मातेचो दिश्टावो जातकूच हांवें फूल हातांत घेवन प्रार्थना केली. 'माते, हें घे तुजें ज्ञान आनी हें घे तुजें अज्ञान. दोनय घे आनी म्हाका फकत शुद्ध भक्ती दी. ही घे तुजी पवित्रताय आनी ही घे तुजी अपवित्रताय. माते, दोनय घे आनी म्हाका शुद्ध भक्ती दी. हें घे तुजें बरेपण आनी हें घे तुजें वायटपण. माते हीं दोनय घे आनी म्हाका शुद्ध भक्ती दी. हें घे तुजें पुण्य आनी हें घे तुजें पाप. माते, हीं दोनय घे आनी म्हाका शुद्ध भक्ती दी.' हें सगलें हांव म्हणटालों पूण म्हाका अशें मात म्हणूंक जमनाशिल्लें, 'हें घे तुजें सत्य आनी हें तुजें असत्य. हीं दोनय घे.' तिच्या पांयां कडेन सगलें दिवंक जमतालें पूण सत्य मात दिवंक पावलों ना.

ब्राह्मसमाजाचे पद्धती प्रमाण उपासना सुरू जाली. आचार्य वेदीचेर बसले, सुरवेची प्रार्थना जाले उपरांत आचार्य परब्रह्मा विशीं वेदोक्त म्हामंत्र म्हणूंक लागले आनी सगले ब्राह्मभक्त एकठांय जावन परब्रह्माचें स्तवन करूंक लागले. तांणी एकठांय प्रार्थना केली. ब्रह्म सत्य, ज्ञान आनी अनंत आसा. तें आनंदरूप आनी अमर आसा. ब्रह्म शांत, कल्याणमय आनी एकमेव आसा. तें शुद्ध आनी पातका विरयत आसा. सगल्या भक्तांचीं मनां शांत आनी थीर जालीं आनी ते दोळे धांपून ध्यानमग्न जाले.

श्रीरामकृष्ण समाधीमग्न जाले. स्पंदन विरयत, थीरदिश्टी, निशब्द अशे बसले. कांय वेळा उपरांत तांणी तांचे दोळे उगडले. चोंय वटेन पळयलें आनी अचकीत ओंठार 'ब्रह्म, ब्रह्म' म्हणीत उबे रावले. रोखडेंच झांज मृदंगाच्या तालार संकिर्तन सुरू जालें. श्रीरामकृष्ण प्रेमानंदांत मग्न जावन भक्तां बराबर नाचूंक लागले. विजय आनी हेर भक्त तांचे भोंवतणीं नाचूंक लागले. सगल्यांचेर भुरळ पडली. कितल्याश्याच जाणांनी ईश्वरी नामाच्या किर्तनानंदाचो आस्वाद घेतलो आनी तांकां पूर्णतायेन संवसाराचो विसर पडलो. खीणभर तरी संवसारांतलीं विशयसुखां तांकां कोडू दिसूंक लागलीं. किर्तन जाले उपरांत सगले जाण श्रीरामकृष्ण कितें उलयतात तें आयकूंक तांचे भोवतणीं बसले.

गृहस्थी लोकांक उपदेश

श्रीरामकृष्णः वैराग्यपणान संवसारी मनशान संवसार करप खूब कठीण. एक खेपो प्रतापान (ब्राह्मसमाजाचो मुखेली) म्हाका म्हणलें, 'महाराज, आमी जनक राजाची देख घेतल्या. जनकान वैराग्यपण राखून संवसार केलो. आमी ताची देख घेवन संवसार करतले.' हांवें ताका सांगलें, 'आमी जनक राजा भशेन संवसार करतले अशें फकत म्हणलें म्हूण आमी जनक राजा जावंक जायत? जनक राजान ज्ञान मेळोवपा खातीर कितली तपस्या केली! ताणें, कितलींशींच वर्सां खर तपस्या केल्ली आनी मागिरूच तो संवसारांत परत आयिल्लो.

तर मागीर कितें संवसारी लोकांक कांयच आशा ना? आसा, खात्रेन आसा. तांणी निर्जन सुवातेर वचून कांय दीस अध्यात्मीक तपस्या करूंक जाय. अशे तरेन तांकां ज्ञान मेळटलें आनी भक्तीचो लाव जातलो. ते उपरांत संवसारांत येवन संवसार केलो तर तांचें कांयच लुकसाण जावचें ना. पूण निर्जन जाग्यार जेन्ना तुमी तपस्या करतात तेन्ना तुमी तुमच्या घराब्या पसून पयस रावात. तुमी तुमची बायल, पूत, धूव, आवय, बापूय, भयण, भाव, इश्ट वा नातलग हांकां तुमचे लागीं दवरूंक जायना. निर्जन जाग्यार साधना करतना तुमी असो विचार करूंक जाय, ह्या जगांत म्हजो कोण ना. म्हजें सर्वस्व तो देव.

तुमी दोळ्यांत दुकां हाडून ज्ञान आनी भक्ती मेळची म्हूण देवाची प्रार्थना करूंक जाय. आतां तुमी विचारतले, आपल्या घराब्याक सोडून कितले दीस निर्जन जाग्यार रावपाचें? निदान एक दीस तरी. अशे तरेन रावले तरी लेगीत तें खुबूच बरें. तीन दीस रावल्यार चडूच बरें. मनशान निर्जन जाग्यार बारा दीस, म्हयनो, तीन म्हयने वा एक वर्स ताका फावता ते प्रमाण आनी शक्ती प्रमाण रावचें. ज्ञान आनी भक्तीचो लाव करून घेवन संवसार केल्यार ताका संवसाराचो व्हडलोसो भंय ना.

हाताक तेल लावन पोणसूल फोडलें जाल्यार ताचो दीख हाताक लागचो ना. आपा-लिपा खेळटना लिपपी भुरग्यान जर आजयेक हात लायलो तर लिपपी भुरग्याक धरपाचो भंय नासता. एक खेपो परिसाक स्पर्श करून भांगर जालें, म्हणटकूच तें भांगर हजार वर्सां जमनींत पुरून दवरलें तरी वयर काडटकच तें चकचकीत भांगरूच आसता. मन दुदा भशेन. तुमी जर मनाक संवसाररुपी उदकांत दवरलें तर दूद आनी उदक एकठांय जावन एकजीव जातलें. तेच खातीर दूद कडेक दवरून तातूंत विरजण घालून ताचें धंय करतात आनी तें हालोवन लोणी काडटात. निर्जन जाग्यार साधना

करून मनरुपी दुदांतल्यान ज्ञानभक्तीरुपी लोणी काडून जाले उपरांत मागीर तें लोणी संवसाररुपी उदकांत दवरलें तरी एक जावन वच्चें ना. उरफाटें सवसाररुपी उदकांत मन उफेतच रावतलें.

विजयकृष्ण गोस्वामीची निर्जन सुवातेचेर साधना

विजय हालींच गये सावन परत आयिल्लो. थंय तो बरेच दीस निर्जन सुवातेचेर रावन आयिल्लो. तेच प्रमाण ताणें साधूसंग केल्लो. ताणें भगवे कपडे घाल्ले आनी मानसीक अवस्था उंचेल्या पांवड्याची आनी अंतर्मूख अशी जाल्ली. श्रीरामकृष्णां मुखार तो तकली सकयल घालून बशिल्लो. कसल्या तरी खोल विचारांत ताची तंद्री लागिल्ली. विजया कडेन दयेन पळयत श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''विजय, तुजी सुवात तुका कशी मेळ्ळी?

हांव तुका एक काणी सांगतां. एक खेपो दोग साधू भोंवत भोंवत एका शारांत पावले. तातूंतलो एक व्हडा अजापान आं करून शारांतलो बाजार, दुकानां, इमारती पळयतालो. अशा वेळार ताचो दुसरो इश्ट मेळ्ळो. त्या दुसऱ्या इश्टान म्हणलें, 'अजापीत जावन शार भोंवता. तुजें सामान सुमान खंय आसा?'

पयल्या मनशान म्हणलें, 'पयल्या पयलीं हांवें कूड पळयली. म्हगेलें सामान तातूंत दवरलें, दाराक कुलूप लायलें आनी मनाक सुशेग जालो. आतां शारांत हांव मजेंत भोंवतां.'

देखुनूच हांव तुका विचारतां, ''विजय, तुका तुजी कूड मेळ्ळी काय म्हूण.'' (मक आनी हेर भक्तांक) पळयात. विजयांतलो झरो आयज मेरेन धांपून उरिल्लो, आतां तो मेकळो जाला.

विजय आनी शिवनाथ. निश्काम कर्म संन्याश्याचो वासनात्याग

श्रीरामकृष्णः (विजयाक) पळय, शिवनाथ सदांच त्रासांत आनी गडबडींत आसता. ताका म्हयन्यांळ्यां खातीर बरोवचें पडटा आनी कितलींशींच कामां करचीं पडटात. संवसारीक कामां बराबर चिंता आनी अस्वस्थताय आयलीच. भागवतांत सांगलां, अवधुतान चोवीस गुरू केले. त्या गुरूं भितर एक घोण आशिल्ली. एका जाग्यार नुस्तेकार नुस्तें धरताले. अशा वेळार एके घोणीन झोंपय मारून एक नुस्तें धरलें. पूण

तिचे चोंचींत नुस्तें पळोवन सुमार एक हजार कावळे तिचे फाटीक लागले आनी कांव कांव करून तांणी मोटो बोवाळ केलो. नुस्तें घेवन ती घोण जे दिकेन वताली तेच वटेन कावळे तिचे फाटल्यान वताले. घोण दक्षिणे कडेन गेली. कावळेय थंय तिचे फाटल्यान गेले. म्हणून ती उत्तरे कडेन गेली, कावळे तिचे फाटल्यान थंय लेगीत गेले. हे प्रमाण उदेंत, अस्तंत करीत ती सगल्या दिकांनी गेली. पूण कांय उपेग जालो ना. निमणें गोंदळ जावन भोंवतां भोंवतां तिचे चोंचींतल्यान नुस्तें सकयल पडलें. मागीर कावळ्यांनी घोणीक सोडली आनी ते नुस्त्या फाटल्यान गेले. अशे तरेन चिंते पसून मुक्त जाल्ल्यान ती एका रुखाचे खांदयेर वचून स्वस्थ बसली आनी मनांत विचार करूंक लागली. तें दळदिरें नुस्तेंच ह्या म्हज्या सगल्या त्रासांचें मूळ कारण जावन आसा. आतां म्हजे कडेन नुस्तें ना आनी म्हणून हांव आतां निश्चिंत आनी शांत आसां.

अवधूत घोणी पसून होच धडो शिकलो. जों मेरेन मनशा कडेन नुस्तें आसा म्हणचेच भोगवासना आसा, तों मेरेन कर्म उरतलेंच आनी कर्मा फाटल्यान चिंता, काळजी आनी अस्वस्थताय आसतलीच. वासनेचो त्याग जातकूच कर्माचो क्षय जाता. आनी आत्म्याक शांतताय मेळटा.

तरीपूण निश्काम कर्म बरें. ताका लागून अस्वस्थताय उत्पन्न जायना. पूण निश्काम कर्म करप खूब कठीण दिसता. खूब निश्काम कर्म करीत आसता पूण कोण जाणां खंयच्यान वासना येता तें कळ लेगीत ना. पयलीं जर खूब अध्यात्मीक साधना केल्ली आसत तर तिच्या नेटार कोण एकाद्रो निश्काम कर्म करूंक पावत. ईश्वर दर्शना उपरांत निश्काम कर्म आपसूक घडटा. बऱ्याच वेळा ईश्वर दर्शना उपरांत कर्म गळून पडटा. खुबूच कमी, नारदां सारके लोक उपदेश करपाचें काम करतात.

संन्याशी संचय करिनात
प्रेमान कर्म त्याग जाता

अवधूताचो म्होंवामूस हो आनीक एक गुरू आशिल्लो. म्होंवामूस दीस-रात खूब कश्ट करता आनी म्होंव एकठांय करता पूण म्होंवाचो उपेग मात ताका जायना. दुसरो कोण तरी येता आनी म्होंवांपोळें घेवन वता. म्होंवामुसां पसून अवधूत हेंच शिकलो. मनशान संचय करचो न्हय. साधूंनी ईश्वराचेर शंबर टक्के भार घालून रावचें. तांणी संचय करूंक जायना. पूण हें संवसारी मनशांक लागू ना. तांकां तांचो घराबो वयर काडपाचो आसता. ते खातीर तांकां संचय करपाची गरज आसता. सुकणीं आनी साधू संचय करिनात. पुण पिलां जाले उपरांत सुकणींय संचय करतातूच. पिलां खातीर तीं

चोंचींतल्यान खावपाचें अन्न हाडटात.

हें पळय विजय. तुका एक सांगून दवरतां. जर साधू स्वता कडेन सांटली पोटली आनी खूब गांठी आशिल्ली कपड्या पोटली बाळगिता आसत तर त्या साधूचेर विश्वास दवरूं नाका. हांवें पंचवटींत वडाच्या रुखा सकयल असले साधू पळयल्यात. दोग-तीग जाण थंय बसल्यात. कोण मसूर निवळ करता, कांय जाण कपडे शिंवतात. आनी सगले जाण एका गिरेस्त मनशान जेवणावळ घाल्ली हे विशीं गजाली करतात. तांचे भितर ते उलयतात. ते म्हणटात, 'त्या गिरेस्तान जेवणावळीचेर हजारांनी रुपया खर्च केले आनी साधूंक मचमचीत आनी पंचपक्कानाचें जेवण घालें. जेवणाक पुरयो, जिलबी, लाडू, बर्फी बी वाडली.' (हांसतात.)

विजय: तें खरें आसा महाराज. गयेंत असले साधू हांवेंय पळयल्यात. तांकां गयेचे लोटावाला साधू म्हणटात.

श्रीरामकृष्ण: (विजयाक) ईश्वराचेर प्रेम जातकूच कर्म त्याग आपसुकूच जाता. जर कांय जाणांक ईश्वर कर्म करपाक लायता आसत तर तांकां कर्म करूं दी. तुजो मात आतां वेळ आयला सगलें काम सोडून दिवपाचो. सगल्याचो त्याग कर आनी म्हण, 'मना, तुवें हांवें फकत जगन्मातेक पळोवपाचें. आनीक कोणेंच मदीं पडचें न्हय.' अशें म्हणून श्रीरामकृष्णांनी आत्मीक ओडलायण्या सुरांत गावपाक सुरवात केली:

काळजांत दवर, म्हजे मोलादीक मातेक
ल्हुवान भितर, ए मना,
फकत तुवें आनी हांवेंच तिका पळोवचें,
दुसऱ्या कोणाक रिगूंक दिनासतना

मना, एकांतपणांत तूं तिचो आनंद घे,
सगल्यो वासना दवरून कुशीक,
फकत जीब घे जी मदीं मदीं
ए माते! ए माते! म्हणटली.

नीच इत्शेक थंय आमचे कडेन
लागीं येवंक दिवं नाका,
पूण खऱ्या ज्ञानाक थंय पाऱ्यार दवर,
सदांच जागरूक आनी दक्ष.

लज, दुस्वास, भंय

मागीर श्रीरामकृष्णांनी विजयाक म्हणलें, ''परमेश्वराक मना पसून सामको शरण वच आनी भंयाचो, लजेचो सामको त्याग कर. हांव ईश्वराचें नांव घेवन आनंदान नाचन तर लोक म्हाका कितें म्हणटले हे भावनेचोय त्याग कर. अशें म्हणटात, लज, दुस्वास आनी भंय ह्यो तीन गजाली आसात तों मेरेन ईश्वराचें दर्शन जावं नजं. आनी तें सामकें खरें आसा. लज, दुस्वास, भंय, जात, गर्व, गुपीत दवरपाची इत्सा आनी अशे तरेच्यो गजाली, हीं सगलीं बंधनां आसात. ह्या बंधनांतल्यान मेकळो जातकूच मनीस मुक्त जाता.

बंधनांत जेन्ना आसता तेन्ना ताका जीव म्हणटात. बंधनां पसून मुक्त आसता तेन्ना ताका शिव म्हणटात. भगवत प्रेम, ईश्वराचो परमानंद ही दुर्लभ गजाल.

सगल्यांत पयलीं मनीस भक्तीचो लाव करून घेता. भक्ती म्हणचे ईश्वराचेर पुरायेन निश्ठा आसप. जशी बायलेची तिच्या घोवाचेर आसता तशी. देवाचेर शुद्ध भक्ती आसप खूब कठीण. अशे शुद्ध भक्तीन मन, प्राण सगलें ईश्वरांत लीन जावन वता.

मागीर येता भाव. खर मोग. भावान मनीस स्तब्ध जाता. ताचो प्राणवाय थीर जावन वता. आपसूक कुंभक जाता. जे भशेन तुबकांतल्यान गुळी सोडटना मनशाचो स्वास आनी उलोवप थांबता तसो. पूण प्रेम, परम मोग ह्यो खूब दुर्मीळ गजाली. चैतन्यादेवा कडेन तें प्रेम आशिल्लें.

जेन्ना अशें प्रेम आसता, तेन्ना सगल्या भायल्या गजालींचो विसर पडटा. मनशाक जगाचोय विसर पडटा. स्वताच्याच शरिराचो, जें ताका सामकें आवडटा, ताचोय विसर पडटा.

श्रीरामकृष्ण गावंक लागलेः

आरे, केन्ना तो भाग्यवंत दीस उदेतलो
जेन्ना भगवान हरीचें हांव नांव घेतना
म्हज्या दोळ्यांतल्यान आनंददुकां व्हांवतलीं?
आरे, केन्ना तो भाग्यवंत दीस उदेतलो
जेन्ना संवसाराच्यो म्हज्यो वान्सा
म्हज्या काळजांतल्यान ना जातल्यो,
आनी ताच्या पवित्र नामाच्या फुरफुऱ्यान

सगली म्हजी ल्हंव फुलून वतली?
आरे, तो भाग्यवंत दीस केन्ना उदेतलो?

भाव आनी कुंभक, म्हावायू उठल्यार भगवान दर्शन जाता

हे प्रमाण उलोवणें चालू आसतना कांय आमंत्रीत ब्राह्मभक्त थंय पावले. तांचे भितर कांय पंडीत आनी व्हड व्हड सरकारी अधिकारी आशिल्ले.

श्रीरामकृष्णांनी सांगलें, ''भक्तां भितर भाव उत्पन्न जातकूच वायू थीर जाता.'' तांणी फुडें सांगलें, ''अर्जुनान जेन्ना मोख पळोवन बाण मारपाचें थारायलें तेन्ना ताची नुस्त्याच्या दोळ्या कडेनूच नदर लागिल्ली. आनीक खंयच नाशिल्ली. इतलेंच न्हय तर दोळो सोडून नुस्त्याच्या दुसऱ्या खंयच्याच अवयवा कडेन ताची नदर नाशिल्ली. अशे अवस्थेंत वायू थिरावता आनी कुंभक जाता. ईश्वर दर्शन जाल्ल्याचें आनीक एक लक्षण म्हणल्यार म्हावायू भितरल्यान कण्या कडेन आनी थंयच्यान मेंदवा केडन धांवता. मागीर भक्ताक समाधी लागता आनी ताका ईश्वराचें दर्शन घडटा.'' आतांच आयिल्ल्या अश्या त्या भक्तां कडेन पळोवन श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''पंडीत, जांचे भितर भगवदभक्ती ना तांच्या उलोवपांत कसलोच ताळतंत्र नासता. पंडीत समाध्यायींनी एक खेपो म्हणलें, 'ईश्वर सामको रस नाशिल्लो. सुको. तुमचे भक्तीन आनी मोगान ताका म्होंवाळ करात'. देवाक असो सुको, रसहीन म्हणप - जाका 'वेद' परम आनंदाचो आपरोस म्हणटात तांकां कितें म्हणपाचें? हाचो अर्थ इतलोच की त्या पंडिताक ईश्वर म्हणचे कितें तें कांयच खबर ना. म्हणून तो असलीं अर्थ नाशिल्लीं उतरां बडबडटा.

एका मनशान एक खेपो म्हणलें, 'म्हज्या मामाच्या गोठ्यांत खूब घोडे आसात,' ताचे वयल्यान समजात, ताचे कडेन घोडे नाच म्हूण. घोडे कोणूच गोठ्यांत बांदिनात.

कांय लोक ऐश्वर्य, सत्ता, गिरेस्तकाय, भौमान, पद ह्या सगल्यांचो खूब गर्व करतात. पूण हें सगलें खिणयाळें. मरतना कांयच बरोबर उरचें ना.

एक गीत आसाः

मना, मतींत धर! तुजो स्वताचो असो कोणूच तुजो न्हय.
व्यर्थ तुजें ह्या संवसारांत भोंवप

मायेच्या ह्या सुक्ष्म जाळ्यांत घुसपून गेल्लें तूं
विसरूं नाका, कालीमातेच्या नांवाक

फकत एक वा दोन मनीस तुका हे धर्तरीचेर मान दीत
धनी आनी स्वामी म्हणून; रोखडेंच
तें रूप, इतलें जें आतां मानादीक, तें कुशीक उडोवचेंच पडटलें,
जेन्ना मरण तुका धरतलें.

तुजो मोगाळ मनीस लेगीत, जाचे खातीर, जितें आसा सर,
तूं मरसर झरता,
तेन्ना तुज्या वांगडा वच्चो ना, तोय बी तुका निरोप दितलो,
आनी अमंगळ म्हणून तुज्या मड्याक टाळटलो.

पयशांचो केन्नाच गर्व धरूं नाकात. तुमी जर म्हणशात, तुमी गिरेस्त आसात तर तुमच्या लक्षांत हाडून दितां, तुमचे परसूय गिरेस्त लोक आसात. आनी त्याय परस आनीक गिरेस्त, तांच्याकय आनीक गिरेस्त आसात आनी हें केन्नाच सोंपचें ना. तिनसांजचो काजुलो भायर सरता आनी तो समजता आपूण जगाक उजवाड दितां, पूण जेन्ना नखेत्रां मळबांत उदेतात तेन्ना ताचो गर्व देंवता. नखेत्रांक दिसता तींच धर्तरीक उजवाड दितात. पूण चंद्रीम जेन्ना उदेता तेन्ना नखेत्रां मावळटात. चंद्रिमाक दिसता, आपल्याच उजवाडान धर्तरी हांसता. मागीर उदेंतेचो वाठार तांबसो जाता आनी सूर्य उदेता आनी चंद्रीम निस्तेज जाता आनी थोड्या वेळा उपरांत लुप्त जाता.

धनीक लोक जर हाचो विचार करीत तर तांकां धनाच्या अहंकाराची बाधा जावची ना.

उत्सवा निमतान मणिलालांनी चमचमीत मेजवानी दिली. निमणें तांणी खूब आगरो करून श्रीरामकृष्णांक आनी हेर भक्तांक मोगान आनी वासपूस करून खाणजेवण दिलें.

ते जेन्ना घरा कडेन पावले तेन्ना बरीच रात जाल्ली.

अध्याय : एकुणसाठ

कमलकुटीर, श्रीरामकृष्ण आनी केशव चंद्रांक भेट

नोव्हेंबर 28, 1883. बुधवार. दनपारच्या दोन वरांचेर म सर्कुलर रस्त्याच्या फुटपाथार लिला कॉटेजींच्या मुखार जंय केशव चंद्र सेन रावताले, थंय पावलां मारीत आशिल्लो. श्रीरामकृष्णांची तो मोटे उत्कटतायेन वाट पळयत आशिल्लो. केशवाचें दुखणें गंभीर आनी चिंतेचें जाल्लें. ह्या दुखण्यांतल्यान चड करून ते बरे जातलेशें दिसनाशिल्लें. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वरा सावन तांची प्रकृती पळोवपाक येवपाचे आशिल्ले.

सर्कुलर रोडाचे उदेंते वटेन व्हिक्टोरिया कॉलेज आशिल्ली. हे कॉलेजींत केशवाच्या ब्राह्मसमाजांतल्या अस्तुऱ्यांनी, चलयांनी शिक्षण घेतिल्लें. कॉलेजीचे उत्तरेक एके व्हड बागेंत घर आशिल्लें, जंय एक इंग्लीश घराबो रावतालो. मन पळयलें, त्या घरांत कितें तरी गडबड आसा आनी थंय कितें चल्लां काय म्हूण तो अजापांत पडलो. इतले म्हणसर प्रेत व्हरपी गाडी थंय पावली. गाडी चलोवपी काळ्या कपड्यांत आशिल्लो. घरांतले मनीस भायर आयले. ते दुख्खी आशिल्ले. त्या घराब्यांत कोणाक तरी मरण आयिल्लें.

हें मर्त्य शरीर फाटल्यान सोडून आत्मो खंय वता? हो सनातन विचार करीत म थंय वाट पळयत उबो रावन उत्तरे कडच्यान येतात त्यो गाडयो पळयत रावलो.

पांच वरांचेर लिला कॉटेजींच्या मुखार एक गाडी उबी रावली आनी श्रीरामकृष्ण, तांचे बराबर लाटू आनी राखाल धरून हेर भक्त गाडयेंतल्यान देंवले. केशव चंद्रांच्या घरच्यांनी तांकां येवकार दिलो आनी तांणी तांकां आनी हेर भक्तांक वयर सालांत दक्षिणे कडचे पडवेर व्हेले आनी थंय श्रीरामकृष्णांक आसनार बसयले.

थंय बसून जातकूच बऱ्याच वेळा उपरांत श्रीरामकृष्ण केशवांक पळोवपा खातीर सामके अधीर जाल्ले. केशवांच्या शिश्यांनी तांकां सांगलें, केशव मातशे विसव घेतात. थोड्या वेळा उपरांत ते थंय येतले. श्रीरामकृष्ण मात तांकां पळोवपाक खुबूच अधीर जाल्ले. तांणी केशवांच्या शिश्यांक म्हणलें, ''हें पळयात, तांणीच म्हजे कडेन येवपाची गरज कितें? हांवेंच भितर वचून तांकां कित्याक पळोवचें न्हय?''

प्रसन्न: (नमळायेन) महाराज थोड्याच वेळान ते येतले.

श्रीरामकृष्ण: तुमी चलात पळोवया. तुमीच हो चड बोवाळ करतात. म्हाका वचूंक दियात भितर.

श्रीरामकृष्णांचें मन दुसरे कडेन व्हरपा खातीर प्रसन्न केशवा विशीं उलोवंक लागलो. प्रसन्नान म्हणलें, ''केशव आतां एक वेगळेच मनीस जाल्यात. ते तुमचे सारकेच जगन्माते बराबर उलयतात. आई कितें म्हणटा तें आयकतात आनी ते हांसतात आनी रडटात.'' केशव जगन्माते कडेन उलयतात, हांसतात, रडटात हें आयकून श्रीरामकृष्ण भावाविश्ट जावन परम आनंदीत जाले आनी समाधीमग्न जाले.

ते थंडेचे दीस आशिल्ले. तांणी आंगार पाचव्या रंगाचो एक गरम रेशमी सदरो घाल्लो आनी ताचे वयल्यान एक शाल पांगुरिल्ली. शरीर ताठ, नदर थीर, पुरायेन समाधीमग्न. बरोच वेळ ते ते अवस्थेंत आशिल्ले. समाधी देंवपाचीं चिन्नां दिसना जालीं.

ल्हव ल्हव काळोख जालो. सालांत दिवे पेटयले. त्याच सालांत श्रीरामकृष्ण आतां वचपाचे आशिल्ले. सवकासायेन ते भानार येताले. तेन्ना तांकां थंय मोट्या कश्टान व्हरून बसयले. ती कूड बरे तरेन सजयिल्ली. कोच बी दवरिल्ले. तें सगलें पळोवन श्रीरामकृष्ण स्वता कडेनूच पुटपुटले, ''पयलीं ह्या गजालींची गरज आशिल्ली. आतां तांचो कितें उपेग आसा?'' राखालाक पळोवन तांणी म्हणलें, ''आरे, तूं हांगा कसो?'' मागीर ते कोचार बशिल्ले आसतना जगाचें भान विसरून भावविश्ट जाले.

जगन्मातेचें दर्शन आनी तिचे कडेन उलोवप
आत्म्याचें अमरत्व

तांणी भोवतणीं पळयलें, कोणा कडेन तरी पळयिल्ले भशेन तांणी म्हणले, ''आगे आई, हांव पळयतां, तूं लेगीत हांगा आयल्या बनारसी साडयेंत. तूं कशी दिसता पळय. आतां म्हाका त्रास दिवं नाका आं. हांगा बस आनी ओगी राव.''

श्रीरामकृष्ण खर ईश्वरी भावांत धुंद जावन गेले. बरो उजवाड आशिल्ले कुडींत

ब्राह्मभक्त श्रीरामकृष्णा भोंवतणीं बशिल्ले. लाटू, राखाल, म आनी हेर लागीं बशिल्ले. ईश्वरी भावांत आसतनाच श्रीरामकृष्ण स्वता कडेनूच उलयतालेः

''शरीर आनी आत्मो. शरीराचो जल्म जातलो आनी तें मरतलें पूण आत्म्याक मरण ना. तो सुपारे भशेन. जेन्ना सुपारी तयार जाल्ली आसता तेन्ना ती सालीक दसून रावता. पूण जेन्ना कच्ची आसता तेन्ना ती साली पसून वेगळावंक नजं. ईश्वराचो साक्षात्कार जाले उपरांत मनीस देहा बराबर एकजीव जायना. मागीर ताका देह वेगळो आनी आत्मो वेगळो हाचो बोध जाता.''

ह्याच वेळार केशव कुडींत भितर सरले. ते उदेंते कडल्या दारांतल्यान आयले. जांणी तांकां टावनहॉलांत वा ब्राह्मसमाज देवळांत व्याख्यान दितना पळयिल्ले, तांकां अस्थीपंजर केशवांक पळोवन सामको धक्को बसलो. तांकां उबे रावप लेगीत जमनाशिल्लें. वणटीचो आधार घेवन ते चलताले. मोट्या कश्टान कोचा मुखार येवन ते सकयल बसले. इतले म्हणसर श्रीरामकृष्ण कोचा वयल्यान उठून सकयल जमनीर बसले. केशवान तांकां बागोवन नमस्कार केलो आनी तेच अवस्थेंत ते बरोच वेळ श्रीरामकृष्णांच्या पांयांर तकली दवरून आशिल्ले. मागीर ते बसले. श्रीरामकृष्ण अजून लेगीत भावावस्थेंतूच आशिल्ले. ते स्वता कडेनूच कितें तरी पुटपुट्टाले. ते जगन्माते कडेन उलयताले.

ब्रह्म आनी शक्ती एकूच. नरलिला

केशवांनी मोट्यान म्हणलें, ''हांव हांगा आसां महाराज. हांव हांगा आसां.'' तांणी श्रीरामकृष्णांचो दावो हात घेवन सांसपिलो, पूण श्रीरामकृष्ण गाढ समाधींत आशिल्ले. ईश्वरी भावांत मग्न आशिल्ले. ते स्वता कडेनूच उलयतना झऱ्या भशेन उतरां तांच्या ओंठांतल्यान येतालीं आनी भक्त तीं तन्मय जावन आयकताले.

श्रीरामकृष्णः जों मेरेन मनीस उपाधींनी बांदिल्लो आसता तों मेरेन तो विवीधताय पळयता जशें केशव, प्रसन्न, अमृत अनी हेर. पूर्ण ज्ञान जाले उपरांत एक अखंड चैतन्य सगले कडेन पळयता.

तशेंच पूर्ण ज्ञान जाले उपरांत ताका कळटा, तेंच एक चैतन्य हें जीव, जगत, हीं चोवीस तत्वां जालां. तरीपूण ईश्वरी शक्तीचें प्रगटीकरण वेगवेगळ्या जिवांनी वेगळें वेगळें आसा. दुबाव विरयत तोच सगलें कितें जाला. पूण कांय कडेन चड प्रगटीकरण जालां. तर हेर कडेन कमी जालां.

विद्यासागरान एक खेपो म्हाका विचारिल्लें, 'तर मागीर ईश्वरान कोणाक चड तर कोणाक कमी शक्त दिल्या हें बरोबर आसा?' हांवें सांगलें, 'तशें जर नाशिल्लें तर एक मनीस पन्नास जाणां परस शक्तीवान कसो? आनी तशें जर नाशिल्लें तर आमी सगले तुमकां पळोवपाक कशे आयल्यात तर?'

ईश्वराची लिला ज्या आधारान प्रगट जाता थंय शक्ती विशेशतायेन प्रगट जाता. भाटकार भाटांत खंयय रावूंक शकता. पूण चड करून ताचो राबितो तागेल्या घरांतल्या सालांत आसता. भक्त, ईश्वराचें राबितो करपाचें साल. ईश्वराक भक्तांच्या काळजांत लिला करपाक आवडटा. थंयच ईश्वराची शक्ती विशेशतायेन दिश्टी पडटा.

अश्या भक्तांचें लक्षण कितें आसता? जेन्ना तुमकां व्हडलें कार्य करता आसतना मनीस दिश्टी पडटा तेन्ना समजुचें, ईश्वराची शक्ती ताचे भितर विशेशतायेन प्रगट जाल्या.

ती आद्यशक्ती आनी परब्रह्म एकूच आसा. एकाक सोडून दुसऱ्याचो विचार करपाक येवपाचो ना. हिरो आनी ताचें तेज जशें एक आसता तशें. हिऱ्या बगर तेजाची कल्पना करपाक जमना. तशेंच तेजा बगर हिऱ्याची कल्पना करपाक जमना. नाग आनी ताची वांकडी तिकडी गती. नागा बगर ताचे वांकडे तिकडे गतीचो विचार करपाक जायना ताचे वांकडे तिकडे गती बगर नागाचो विचार करपाक जमना.

ती आद्यशक्तीच, हें जीव, जगत, चोवीस वैश्विक तत्वां जाल्या. म्हणचे आद्यशक्तींतच सगलें आसपाविल्लें आसता आनी तेंच उत्क्रांत जाल्लें आसता.

राखाल, नरेंद्र आनी हेर तरणाट्यां खातीर हांव इतलों अस्वस्थ कित्याक जातां? हाजरान एक खेपो विचारलें, 'ह्या भुरग्यां विशीं जर सदांच हुसको करीत रावले तर तुमी देवाचें स्मरण केन्ना करतले?' (केशव आनी हेर हांसतात.) हें आयकून म्हाका मोटी चिंता जाली. हांवें जगन्मातेची प्रार्थना केली, 'आई, कसल्या पेंचांत हांव पडलां पळय! ह्या तरणाट्या भुरग्यां खातीर हांव हुसको करतां म्हणून हाजरा म्हाका तापयता.' मागीर भोलानाथानय हे विशीं विचारलें. ताणें म्हाका सांगलें, 'महाभारतांत अशे मनस्थितीचें वर्णन केलां. समाधींत मग्न मनीस समाधींतल्यान सकयल देंवतकीच ह्या अजापाच्या जगांत कित्याचो आलाशिरो घेवन रावतलो? देखुनूच तो सत्वगुणी भक्तांच्या सांगातान रावूंक सोदता. जेन्ना भोलानाथान महाभारतांतल्या गजालीं विशीं सांगलें तेन्ना म्हाका समाधान जालें.

हाजराचो कांयच दोश ना. साधक साधना करता आसतना साधकान 'नेति नेति' मार्ग आपणावंक जाय आनी मन सामकें देवा कडेन लावंक जाय. सिद्ध अवस्थेची गजालूच वेगळी. ईश्वराचो लाव जालें उपरांत जें पयलीं न्हयकारिल्लें तें परत मान्य

करता. लोणी काडपा खातीर तें ताका पसून वेगळावंक जाय, मागीर कळटा, लोणी आनी ताक, मुळांतूच तांचो एकामेका कडेन संबंद आसा. दोनय एकेच वस्तू पसून जाल्यांत. लोणी मुळांतल्यान ताका पसून वेगळें ना आनी ताक मुळांतल्यान लोणया पसून वेगळें ना. परमेश्वराचो लाव जाले उपरांत सामकें कळून येता, तोच सगलें कितें जाला. फकत कांय कडेन ताचें चड बरें प्रगटीकरण जालां तर कांय कडेन कमी प्रमाणांत.

दर्याक हुंवार येतकच सगली जमीन उदका सकयल खोल बुडटा. हुंवार येवचे पयलीं न्हंयेंतल्यान दर्यांत वचपाचें जाल्यार बोटीक वांकडीं तिकडीं वळणां घेत वच्चें पडटा. पूण हुंवार आयले उपरांत तेच न्हयेंतल्यान बोट सरळ दर्या कडेन व्हरूं येता. वांकड्या तिकड्या वळणान वचपाची गरज ना. शेत लुंवन जाले उपरांत शेतांतल्यान वतना रेवाडो घालून वचपाची गरज ना. शेतांतल्यान सरळ मदल्यान वचूंक येता.

ईश्वराचो साक्षात्कार जाले उपरांत सगल्या जिवांनी तो दिसता पूण मनशांत ताचें चड प्रगटीकरण जालां. तातूंत आनीक चड प्रगटीकरण सत्वगुणी भक्तांत. जांकां कामिनी-कांचन भोगाची इल्ली लेगीत इत्सा ना, अश्या लोकांत ताचें प्रगटीकरण चडच आसता. समाधीमग्न मनशाची समाधी देंवले उपरांत ताच्या मनान खंय विसव घेवचो? ते खातीर कामिनी-कांचनाची ओड नाशिल्लो सत्वगुणी शुद्ध भक्त हांचो सांगात ते आंवडेतात. नाजाल्यार समाधीवान म्हापुरुसांचें मन ह्या जगांत कशें रमतलें?

जें ब्रह्म तीच आद्य शक्ती. जेन्ना अचेतन आसता तेन्ना ताका ब्रह्म म्हणटात, पुरूष म्हणटात, जेन्ना निर्मिती, स्थिती आनी प्रलय जाता तेन्ना ताका शक्ती वा प्रकृती म्हणटात. एकाच सत्याच्यो दोन वटो. एक पुरूष आनी दुसरी प्रकृती. जो पुरूष तोच प्रकृती. दोनय आनंदमय आनी आनंदमयी.

जर तुमकां पुरूष तत्वाची जाणीव आसत, तर तुमी स्त्रीतत्वाची जाणीव न्हयकारूंक शकनात. जांकां बापायचें ज्ञान आसा ताका आवयचें ज्ञान आसतलेंच. (केशव हांसतात.) जांकां काळखाची कल्पना आसा तांकां उजवाडाची जाणीव आसतलीच. जांकां रात खबर आसा तांकां दीस खबर आसतलोच. जांकां सुखाची जाणीव आसा तांकां दुख्खाची कल्पना आसतलीच. तुमकां हे समजलांच आसतलें. आयलें न्हय ध्यानांत?

केशव: हय महाराज. हें सामकें खरें.

श्रीरामकृष्ण: म्हजी आई? कोण म्हजी आई? हं. ती सगल्या जगाची आई - जगन्माता. तिणेंच जग निर्माण केलां. तीच ताचें पालन करता. तिगेल्या भुरग्यांची ती सदांच राखण करता आनी धर्म, अर्थ, काम, मोक्ष जांकां जें जाय तें तांकां दिता. खरो

पूत आवयक सोडून रावूंक शकना. सगलें कितें आवयकूच खबर. भुरगें खाता, पियेता आनी मजा करता, भोंवता. तें हजार गजाली समजून घेवपाचे भानगडींत पडना.

केशव: हय. खरें आसा महाराज.

ब्राह्मसमाज आनी ईश्वराच्या ऐश्वर्याचें वर्णन – पयलींचें जिवन

हे प्रमाण उलयता आसतना श्रीरामकृष्ण देह भानार आयले आनी केशवां बराबर हांसत हांसत उलोवंक लागले. कुडी भितर लोक सगलेच तन्मय जावन सगलें कितें ओगी रावन पळयताले आनी आयकताले. केशव चंद्रांची प्रकृती इतली हुसको करपा सारकी आसून लेगीत दोगांतल्या एकानूय प्रकृती विशीं एक उतर लेगीत काडलें ना. एकानय एकमेकाचे प्रकृती विशीं वासपूस केली ना. हें पळोवन सगलेच लोक अजापीत जाले. ते दोगूय जाण ईश्वरा विशींच उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: (केशवांक) ब्राह्मसमाजांतले लोक ईश्वराचे व्हडविके विशीं कित्याक उलयतात? ए परमेश्वरा, तुवें चंद्राक उत्पन्न केला, सुर्याक घडयला, तुवें नखेत्रां तयार केल्यांत. हें परत परत सांगपाची गरज आसा? चडशे लोक बागेची तोखणाय करपांतूच दंग आसतात. ते बागेच्या धनयाक पळोवपाची इत्सा करपी सामके थोडे. व्हड कोण? बाग काय बागेचो मालक? गादयेर सोरो पियेवन जातकूच कोठयेंत कितले गॅलन सोरो आसा हें जाणा जावन घेवपाची म्हाका गरज कितें?

नरेंद्र म्हाका जेन्ना मेळटा तेन्ना हांव ताका केन्नाच विचारिना, तुजो बापूय कोण आनी तुज्या बापायचीं स्वताचीं घरां कितलीं? खरें सांगूं तुमकां? मनीस स्वताचे संपत्तीचेर चड मोग करता. आनी म्हणून ताका दिसता, देव लेगीत ताची तोखणाय करीत तर तो खोशी जातलो. एक खेपो संभून म्हाका म्हणलें, 'म्हाका आशिर्वाद दियात, हें सगलें म्हजें ऐश्वर्य ईश्वराच्याच चरण कमळां कडेन दवरून म्हाका मरण येवचें.' हांवें सांगलें, 'हें तुजे नदरेन ऐश्वर्य, ईश्वराक तूं कितें ऐश्वर्य दिवंक शकतलो? ताचे नदरेन हें सगलें फकत धुल्ल आनी सुकें तण.'

एक खेपो विष्णू देवळांतली हिऱ्याची मूर्त चोरयेक गेली. मथूरबाबू आनी हांव कितें जालां तें पळोवपाक देवळांत गेले. तें सगलें पळोवन मथूरबाबून उद्वेगान मुर्तीक लेखून म्हणलें, 'देवा, सामकी लज मरे. तूं सामको भिवकुटो, सामको उपेग नाशिल्लो. तुज्या आंगा वयलें सगलें भांगर चोरान येवन व्हेलें आनी तूं कांयच करूंक पावलो ना?' हें आयकून हांवें मथूरबाबूंक म्हणलें, 'अशें उलोवपाक तुमकां लजय दिसना?

कित्याय कितें उलयतात? भांगर भांगर म्हूण जें तुमी उलयतात तें ईश्वराक मातयेचो दिफळो. खुद्द लक्ष्मीच ऐश्वर्याची देवता. ताची सहचारिणी. तुमकां कितें दिसता? देवान न्हिदनासतना राती खळोवच्यो? कित्याक? चोरान इल्ले पयशे व्हेल्यात म्हूण? असलें उलोवप तुमकां सोबना. ईश्वराक ऐश्वर्यान कोण वश करूंक शकता? तो भक्तीन वश जाता. ताका कितें जाय? ताका खात्रेन ऐश्वर्य नाका. ताका भक्तां कडच्यान प्रेम, भक्ती, भाव, विवेक आनी वैराग्य जाय.'

ईश्वराचें स्वरूप आनी उपासनां मदलो भेद
त्रिगुणातीत भक्त

जांचो जसो भाव तसो तो ईश्वरा कडेन पळयता. तुमोगुणी भक्तांक दिसता, देवीक बकरो आवडटा म्हणून तो तिका बकऱ्याचो बळी दिता. रजोगुणी भक्त अन्न आनी हेर पदार्थांचो देवीक निवेद्य दाखयता. पूण सात्वीक भक्त मात पुजे खातीर भायलें अवडंबर करिना. तो पुजा करता हें कोणाक कळ लेगीत ना. फुलां नासत तर बेलाचीं पानां घेवन गंगाजलान तो देवाची पुजा करता. तो देवाक फोवांचो वा खडिसाकरेचो निवेद्य दाखयता. केन्ना केन्नाय देवाक दुदा पायस करून दाखयता. आनीक एक भक्ताचो वर्ग आसा. त्रिगुणातीत भक्त. ताचो भुरग्या भशेन सभाव आसता. भगवंताचें नामस्मरण ही ताची पुजा. फकत ताचें नांव घेवप इतलेंच.

केशवां कडेन संवाद
ईश्वराच्या दवाखान्यांत आत्म्याची चिकित्सा

श्रीरामकृष्ण: (केशवांक हांसत) तुमकां व्याधी कित्याक जाल्या? ताका कारण आसा. तुमच्या शरिरांत खूब अध्यात्मीक भाव घडून गेल्यात. म्हूण तुमच्या शरिरांत व्याधी जाल्या. जेन्ना भावना उंचाबळ जाता तेन्ना कांयच लक्षांत येना. तिणें शरिराक दिल्लो धपको बऱ्याच उसरां कळटा. हांवें पळयलां, तारूं जेन्ना गंगा न्हंयेंतल्यान वता तेन्ना वेळार ताची कांयच कल्पना येना. पूण आवयस! थोड्या वेळान पळयात ल्हारां देगेचेर उसळटात. तेन्ना ल्हारां आपटून केदो व्हडलो आवाज आयकूंक येता. मोटो खवदळ जाता. तर केन्नाय देग खचता आनी कुडको निखळटा आनी उदकांत पडटा.

एकाद्रे खोंपींत हती जर भितर सरत तर तो खोंपींत अच्छेव करता आनी खोंपूच मोडून पडटा. ईश्वरी भावनेचो हती शरिराचे खोंपींत भितर सरता आनी कूड विदीर्ण

करून सोडटा.

खरें कितें जाता तें तुमकां खबर आसा? घराक उजो लागता तेन्ना पयलीं पयलीं कांय थोड्यो वस्तू जळटात. मागीर आकांत जाता. तेच भशेन ज्ञानाचो उजो भितर सरता तेन्ना पयलीं काम, क्रोध ह्या दुस्मानांची होळी जाता. ते उपरांत हांवपण. आनी निमणें शरिराच्या सांपळ्यांत आकांत अच्छेव जावपाक लागता.

तुमी समजतात आसत, आतां सगलें सोंपलें म्हणून, पूण थोडी लेगीत पिडा आसल्यार ईश्वर तुमची सुटका करिना. दवाखान्यांत तुमी नांव घालें की तुमकां तो रोखडोच सोडूंक मेळना. जों मेरेन पिडा सामकी बरी जायना, तों मेरेन दोतोर तुमकां घरा वचपाक परवानगी दिवचो ना. तुमी दवाखान्यांत नांवाची नोंद केलीच कित्याक? (सगले हांसतात.)

दवाखान्याची ही देख आयकून केशव पोटभर हांसले. तांकां परत परत हांसपाक येतालें.

मागीर श्रीरामकृष्ण स्वताचे व्याधी विशीं उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्णः (केशवांक) हदू म्हणटालो, 'असो ईश्वरा खातीर परमानंद हांवें केन्नाच पळोवंक ना. आनी अशी पिडाय हांवें केन्ना पळोवंक ना.' हांव तेन्ना खर हागवणीचे पिडेन खुबूच बरो नाशिल्लों.

मेंदवाक जश्यो कितें लाखांनी मुयो चाबतात असो भास जातालो. पूण इतलें आसून लेगीत ईश्वरा विशीं अध्यात्मीक गजाली दीस-रात चलताल्यो. नाटागडचो दोतोर राम म्हजी प्रकृती पळोवपाक आयलो. हांव अध्यात्मीक गजाली करतां तें तांणी पळयलें आनी तांणी म्हणलें, 'हांकां पिशें लागूंक ना मूं! हांचे भितर कांयच ना. आसात तीं फकत हाडां. तरी हे अध्यात्मीक विचार करीत आसात.'

श्रीरामकृष्णः (केशवांक) सगलें ईश्वराचे इत्शेचेर निंबून.

ए माते, तुजेच स्वताचे गोड इत्शेन सगलें करप जाता,
तूं आसा सत्यमयी, मनीस कुळयेची सोडवणदार!
तूंच तुजें स्वताचें कार्य करता, मनीस फकत तें आपलें म्हणटा.

बसरा गुलाबांच्या रोंपांची माती मुळां मेरेन उस्तितात. उकत्या मुळांक दंव लागता आनी वलसाणीन रोंपां चडूच नेटान वाडटात. घडये तेच खातीर तुमकां लेगीत मुळां मेरेन धक्को लागला आसतलो. (केशव आनी श्रीरामकृष्ण हांसतात.) तुमी परत बरे

जातकूच तुमच्या हातांतल्यान खूब व्हडलीं कामां जातलीं अशें दिसता. जेन्ना जेन्ना हांव आयकतां तुमी बरे नात म्हूण, तेन्ना म्हजो जीव आकूळ पिकूळ जाता. फाटीं जेन्ना तुमी बरे नात म्हूण हांथरुणार आशिल्ले, तेन्ना फांतोडेर उठून हांव जगन्माते कडेन रडत रडत धरणें धरतालों. हांव जगन्माते कडेन मागतालों, 'ए आई, केशवाक कितेंय जायत जाल्यार, हांव कलकत्ताक कोणा बराबर उलयतलों?' कलकत्ताक येतकूच हांवें जगन्मातेक फळां आनी मिठायेचो निवेद्य दाखयलो. तुमी बरे जावचे म्हूण देवा कडेन मागलें.

केशवा वयलें श्रीरामकृष्णांचें प्रेम पळोवन आनी तांचे खातीरची व्याकूळताय पळोवन भक्तांक भरून आयलें.

श्रीरामकृष्णः ह्या वेळार खरें सांगचें जाल्यार म्हाका तितलोसो हुसको दिसलो ना. फकत दोन तीन दीस म्हाका चुटपूट लागली इतलेंच.

उदेंते कडल्या ज्या दारांतल्यान केशव भितर सरिल्ले त्याच दारा कडेन केशवांची पुज्य आई येवन उबी रावली. उमानाथान थंयच्यानूच मातशें मोट्या आवाजान श्रीरामकृष्णांक म्हणलें, ''महाराज, आई तुमकां नमस्कार करता.'' श्रीरामकृष्ण हांसले. उमानाथान परत सांगलें, ''आई म्हणटा केशवांक आशिर्वाद दियात. जाका लागून तो पिडे पसून सामको बरो जातलो.''

श्रीरामकृष्णः (केशवांचे आवयक) त्या आनंदमयी माते मुखार पदर पसर. तीच सगल्या दुख्खांक ना करतली. (केशवांक) घरा भितर चडसो रावूं नाका. बायलांच्या संगातान रावल्यार तूं चड चड दुर्बळ जातलो. फकत ईश्वराची कथा करीत रावल्यार तुका चड बरें दिसतलें.

गंभीरपणान उलोवन ते मागीर भुरग्यां भशेन हांसले. तांणी केशवांक म्हणलें, ''तुमचो हात पळोवया.''

एकाद्र्या भुरग्या भशेन तांचो हात आपल्या हातांत घेवन जशें कितें ताचें वजन करूंक लागले. निमणें तांणी म्हणलें, ''अंहं. तुमचो हात ल्हव आसा. ढोंगी लोकांचो हात जड आसता.'' (सगले हांसतात.)

उमानाथान दारा कडल्यानूच परत सांगलें, ''आई म्हणटा केशवांक आशिर्वाद दियात म्हूण.''

श्रीरामकृष्णः (गंभीरपणान) हांव कितें करूंक शकतां? ईश्वरूच सगल्यांक आशिर्वाद

दिता. तुजें काम तूंच करता. मनीस म्हणटात, तें आमीच केलां म्हूण. ईश्वर दोनदां हांसता. भाव भाव तांचे भितर जमीन वांटून घेतात तेन्ना वांटणी करतात आनी कुरवेक दोरी घालून म्हणटात, 'हां, हेवटेनची म्हजी आनी तेवटेनची तुजी.' ईश्वर हांसता आनी स्वता भितरूच म्हणटा, 'कितें? हें सगलें विश्व म्हजें आनी तातूंतल्यान इल्ल्याश्या मातयेच्या दिफळ्या खातीर ते म्हणटात हेवटेची जमीन म्हजी आनी तेवटेची तुजी.' ईश्वर आनीक एक खेपो हांसता. भुरग्याचें दुखणें भिरांकूळ अवस्थेंत आसा आनी आवय रडटा. तो आकांत पळोवं नजं. त्या वेळार दोतोर येवन म्हणटा, 'आई, तुमी मात लेगीत भियेवं नाकात. हांव तुमच्या भुरग्याक खात्रेन बरो करतां.' दोतोराक खबरूच नासता, तो भुरगो मरचो अशी इत्सा जर देवाची आसत तर कोणच भुरग्याक वांचोवंक शकना. (सगले शांत रावतात.)

दिस्तूच त्याच वेळार केशवांक खांकपाची उबळ आयली आनी ते बरोच वेळ सामके खांकूंक लागले. तांचे ते कश्ट पळोवन सगलेच दुख्खी जाले. तांकां खांकून खांकून खूब पुरो जालें. तांकां चड वेळ बसूंक जायना जालें. तांणी श्रीरामकृष्णांक साश्टांग नमस्कार घालो आनी मोट्या कश्टान ते वणटीच्या आधारान परत गेले.

ब्राह्मसमाज आनी वैदी देवता
गुरूगिरी करप बरोबर न्हय
दयानंद सरस्वती

श्रीरामकृष्णां खातीर थोड्या अल्पाहाराची तजवीज केल्ली. केशवांचो व्हडलो पूत तांचे म्हऱ्यांत बशिल्लो. अमृतान ताची वळख करून दिली आनी श्रीरामकृष्णांनी सांगलें, ''कोणाकूच आशिर्वाद दिवपाचें काम म्हजे कडेन ना.'' अशें म्हणून हांसत ते त्या भुरग्याचे फाटी वयल्यान हात भोंवडावपाक लागले.

अमृतः (हांसत) बरें आसा. तुमकां जाय तशें करात.

श्रीरामकृष्णः (भक्तांक) तुजो रोग बरो जावं हें म्हज्यान म्हणुंकूच जायना. बरें जावपाची शक्त दी म्हूण जगन्मातेक हांव केन्नाच सांगिना. म्हजें तिजे कडेन फकत इतलेंच मागणें आसता, 'आई, म्हाका शुद्ध भक्ती दी.' केशव स्वता कितें कमी आसा? संपत्तीचे फाटल्यान लागपी तांकां मानतात आनी साधूय तांकां मानतात. एक खेपो दयानंदाक मेळपाक गेल्लों. ते बागेंत रावताले तें हांवें पळयिल्लें. केशव येतले

म्हणून तांकां सामको हुसको जालो. मिनटा मिनटाक केशव आयल्यात काय ना तें पळोवपाक ते भायर येताले. मागीर म्हाका कळ्ळें, केशवान तांचे कडेन येवपाचें त्या दिसा थारायिल्लें. म्हाका दिसता केशवाचो होम, यज्ञ आनी वेदांत सांगिल्ल्या त्या देवांचेर श्रद्धा नाशिल्ली. हाका लेखून दयानंद म्हणटाले, 'कित्याक काय ईश्वरान इतल्यो गजाली केल्यात. ताका देवदेवता करपाक जायनाशिल्लें?'

श्रीरामकृष्णांनी फुडें सांगलें:

"केशव हेर धर्मीक उपदेशकारां भशेन हीन बुद्दीचे न्हय. ताणें कितल्याश्याच लोकांक सांगलां, जर तुमकां कांय दुबाव आसत तर दक्षिणेश्वराक वचून तांचें समाधान करून घेयात. म्हजोय सभाव तसोच. हांव लोकांचो मान सन्मान घेवन कितें करूं? म्हजी इत्सा आसा, केशवाचे सदगूण लाखपटीन वाडूं दी.

केशव खरेंच एक व्हड मनीस आसात. जांकां धनदौलत जाय तेय बी तांकां मानतात आनी साधूय तांकां मानतात."

अशे तरेन श्रीरामकृष्णांनी तांच्या शिश्यां मुखार केशवांची तुस्त तोखणाय केली.

थोडेंशें खावन घेवन श्रीरामकृष्ण परत वचपा खातीर गाडयेंत बसपाक आयले. ब्राह्मभक्त तांचे गाडये कडेन तांचे बराबर रस्त्या मेरेन आयले. सोपणां देंवतना श्रीरामकृष्णांनी पळयलें, तळमजल्यार उजवाड ना. तांणी अमृताक आनी केशवाच्या शिश्यांक सांगलें, "ह्या सगल्या सुवातांनी खूब उजवाड आसूंक जाय. उजवाडा बगर घर हें दळडीरपण येवपाचें लक्षण. अशें परत जावचें न्हय म्हूण जतनाय घेयात."

मागीर एक-दोग भक्तां वांगडा श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वराक वचपाक भायर सरले.

केशवांच्या घरा सावन दक्षिणेश्वराक वचपी रस्त्याचेर जयगोपाळ सेनाचें घर आशिल्लें. श्रीरामकृष्ण भक्तां वांगडा तांच्या घरा गेले. सांजेचीं सात वरां जाल्लीं. सालांत जयगोपाळांचे नातलग आनी शेजारी जमिल्ले. वैकुंठान (जयगोपाळाचो भाव) श्रीरामकृष्णांक म्हणलें, "महाराज, आमी संवसारी मनीस, आमचेर कृपा करात आनी आमकां कांय उपदेश करात."

श्रीरामकृष्ण: ईश्वराक जाणा जावन घेतले उपरांत संवसारांत तुजें कर्तव्य कर. एका हातान ईश्वराचे कमळ चरण धर आनी दुसऱ्या हातान तुजें काम कर.

वैकुंठ: संवसार कितें फटीचो आसा?

श्रीरामकृष्ण: हय, जों मेरेन देवाचो साक्षात्कार जावंक ना तों मेरेन संवसार फटीचोच

आसा. अज्ञानान मनीस देवाक विसरता आनी सदांच 'हांव' आनी 'म्हजें' करीत आसता. मायेंत बद्ध जावन कामिनी-कांचनांत भुल्लुसून मनीस तातूंत चड चड बुडटा. माया तांचें ज्ञान लुबाडून व्हरता. ताका लागून अशें जाता की वाट आसून वाट मेळना. एक गीत आयकातः

महामायेचे मोहिनीन, जेन्ना माया संवसार रेवडायता,
ब्रह्मा आपलें भान विसरून बसता
आनी विष्णू जाण वगडायता
तेन्ना मनशांक आनीक आस्त कसली उरता?...

तुमच्या अणभवा वयल्यान तुमकां खबर आसा, संवसार कितलो अनित्य आसा तो! पळयात. ह्या संवसारांत कितले लोक आयले आनी गेले. ते जल्माक येतात आनी ते मरतात. संवसार आतां आसा आनी दुसरे घडयेक ना. संवसार अनित्य आसा. जांकां तुमी सामके स्वताचे अशे समजतात ते, तुमी जेन्ना तुमचे निमणे दोळे धांपतात तेन्ना संवसारांतूच नासतात. कांय जाण अशे आसात की जांचे लागींचे नात्यांतले कोण नासतात. तरीपूण नातू आशिल्ल्यान काशीक वचून आत्मीक जीण घालोवपाक तयार नासतात. म्हणटात कशे, 'म्हज्या बाबूचें कशें जातलें?'

गीत म्हणटातः

पयलीं अशीर मार्ग, आनी थंय मानस,
पूण वाट जरी मेकळी आसली,
नुस्तें, एकदां दारांतल्यान सुरक्षीत भायर
परतें येवंक तळमळटा.

वाट जरी मेकळी आसली,
तरी आपल्याच कोसल्यांत बंद उरून,
किडो मरुंकूच रावता.

शेजारीः महाराज, एक हात ईश्वराच्या चरणाचेर दवरून एका हातान संवसार करपाचो

म्हणटात तें तरी कित्याक? संवसार जर अनित्यच आसा तर मागीर एक तरी हात संवसारांत घालपाचोच कित्याक?

श्रीरामकृष्णः ईश्वराचें ज्ञान जाले उपरांत संवसार अनित्य उरना. संवसारांत मागीर रावूं येता.

आनीक एक गीत आयकातः

मना, शेत कशें लायतात तें तुका खबर ना!
देखुनूच शेत पडंग उरलां तुजे जिणेचें.
फकत तुवें तातूंत वावर केल्लो जाल्यार
कितलें गिरेस्त पीक तुका मेळपाचें!

कालीच्या नांवान ताका वंय घाल
तुजें पीक तुका राखूंक जाय जाल्यार,
हीच सगल्यांत घट अशी वंय
यमाक लेगीत तिचे सरीं येवंक भंय..

तुमी आयकलां हें गीत?

कालीच्या नांवान ताका वंय घाल
तुजें पीक तुका राखूंक जाय जाल्यार,

हीच सगल्यांत घट अशी वंय
यमाक लेगीत तिचे सरीं येवंक भंय.

श्रीरामकृष्णः हय, खरीच वंय घट आसा. जर तुवें ईश्वराची प्राप्ती करून घेतली, तर तुका संवसार असार असो दिसचो ना. जाका ईश्वराचो साक्षात्कार जाला तो जाणा जाता, जीव, जगत सगलें कितें तोच जाला. तुमी जेन्ना भुरग्यांक भरयतात तेन्ना तुमी देवाकूच भरयतात अशी तुमची भावना जावंक जाय. तुमचे आवयबापूय हीं ईश्वराचीं आनी जगन्मातेचीं प्रगट रुपां आसात अशें तुमी तांचे कडेन पळोवंक जाय. तांची सेवा करूंक जाय. ईश्वराचें ज्ञान जातकूच संवसार केल्यार तो बायले कडेन शारिरीक

संबंद दवरिना. दोगांय जाणां देवाचे भक्त. तीं फकत देवा विशींच उलयतात. तांचो वेळ ईश्वर चिंतनांतूच घालयतात. देवाच्या हेर भक्तांची सेवा करतात. सगल्यां भितर देव आसा हें तांकां खबर आसा. आनी हें सगलें जाणा जावन तीं दोगांय भूतमात्रांचे सेवेंत दंग आसतात.

शेजारी: पूण महाराज, असलें घोव आनी बायलेचें जोडपें खंयच मेळपाचें ना.

श्रीरामकृष्ण: हय. असलें जोडपें मेळटा. पूण असले लोक सामके कमी. संवसारी लोक तांकां वळखूंक शकनात, पूण अशी जीण घालोवपाक दोगांय, घोव आनी बायल, हीं अध्यात्मीक आसूंक जाय. दोगांयनीय जर ईश्वरी आनंदाचो आस्वाद घेतला आसत तर अशी जीण घालोवप शक्य आसा. हे खातीर जोडप्याचेर भगवंताची खाशेली कृपा जाय. नाजाल्यार दोगांय मदीं गैरसमज जावं येता. अशे परिस्थितींत एकट्या कोणाकय वेगळें रावचें पडटा. जर घोव आनी बायल समंजस नासत तर जीण सामकी दुखखी जावंक शकता. बायल घोवाक दीस-रात खातली आनी म्हणटली, 'म्हज्या बापायन तुज्या सारक्या मनशा कडेन म्हजें लग्न कित्याक केलें? म्हाकाय खावपाक जेवपाक धड ना आनी म्हज्या भुरग्यांकय धड अन्न घालूंक येना. आंगार घालतलीं म्हणल्यार धड कपडे नात. भुरग्यांकय आंगार घालतलीं म्हणल्यार कपडे नात. आंगार भांगराची एक वस्त लेगीत करूंक ना. वा! कितें सुखांत दवरलां तुमी म्हाका! दोळे धांपून ईश्वराचें नांव घेत आसात. हीं सगलीं पिशेपणां सोडून दिसत.'

भक्त: हीं सगलीं आडमेळीं खरींच आसात. तातूंत भर म्हूण भुरगीं आयकुपां नासलीं तर ह्या आडमेळ्यांक शीम मेर ना. मागीर महाराज, हातूंतल्यान मार्ग कितें?

श्रीरामकृष्ण: संवसारी जीण सारप आनी त्याच वेळार अध्यात्मीक साधना करप सामकें कठीण. आनीक कितलींशींच आडमेळीं आसात, रोग, शोक, दळिद्र, बायले बराबर बरेच गैरसमज आनी आयकनाशिल्लीं भुरगीं, मूर्ख आनी हट्टी भुरगीं. हांवें आनीक तुमकां हे विशीं चड सांगूंक जाय अशें ना.

पूण हातूंतय मार्ग आसा. मदीं मदीं निर्जन जाग्यार वचून देवाची प्रार्थना करूंक जाय आनी ईश्वराचो साक्षात्कार करपाचो यत्न करूंक जाय.

शेजारी: मागीर घर सोडून वचुंकूच जाय?

श्रीरामकृष्ण: ना. ना. निखालस सोडपाचें ना. जेन्ना वेळ मेळटा तेन्ना खंय तरी निर्जन जाग्यार एक दोन दीस वचपाचें. ह्या वेळार मात संवसारा कडेन कसलोच संबंद दवरूं नाकात. विशयी मनशां बराबर संवसारीक गजालींचेर उलोवप नाका. एकांतांत रावात वा साधू संगतींत रावात.

शेजारी: साधू कसो वळखुचो?

श्रीरामकृष्ण: जाचें मन, प्राण आनी अंतरात्मो ईश्वरा कडेनूच लागला तोच खरो साधू. जाणें कामिनी-कांचनाचो त्याग केला तोच खरो साधू. जो साधू आसा तो बायले कडेन वायट नदरेन पळयना, बायले कडेन माता म्हणून पळोवपाक विसरना आनी तिचे संगतींत आसल्यार तिची माता म्हणून पुजा करता. साधू सदांच ईश्वर चिंतनांत गुंग आसता आनी ईश्वरी गजालीं बगर तो दुसऱ्यो गजालीच करिना. सगल्या भुतांत ईश्वर आसा हें जाणा जावन तो तांची सेवा करता. सादारणपणान हीं साधूंची लक्षणां आसात.

शेजारी: निर्जन जाग्यार वचून कितें सदांच रावंक जाय?

श्रीरामकृष्ण: रस्त्याच्या फुटपाथाचेर झाडां आसात तीं तुमी पळोवंक नात? जों मेरेन रोंपां ल्हान आसात, तों मेरेन चोंय वटेन वंय करची पडटा. नाजाल्यार गोरवां तांकां ना करतलीं. तांचें खोड एक खेपो जड आनी घट जालें की मागीर तांकां वंयेची कांयच गरज लागना. मागीर हती त्या झाडाक बांदलो तरी तीं झाडां मोडपाचीं नात. तेच भशेन तुमचें मन ह्या खोडा भशेन घट्ट आनी मोटें केलें तर मागीर तुमकां हुसको आनी भंय कसलो? पयलीं विवेक आपणायात. हाताक तेल लावन पणस फोडल्यार हाताक पांक लागचो ना.

शेजारी: विवेक म्हणचे कितें?

श्रीरामकृष्ण: विवेक म्हणचे अशे तरेन विचार करप की मनशाक कळटा, फकत ईश्वरूच सत्य आनी बाकी सगलें असत्य. सत म्हणचे नित्य आनी असत म्हणचे अनित्य. जो विवेकी आसता ताका खबर आसता, ईश्वरूच सत वस्त आनी बाकी कांयच अस्तित्वांत ना. विवेक उत्पन्न जाले उपरांत मनशाक जाणा जावन घेवपाची इत्सा जाता. उरफाटें, मनीस असत वस्तूचे फाटल्यान लागत - जशें शरिर सूख, मानसन्मान, कीर्त आनी धनदौलत तर मागीर ताका सत्स्वरूप जो ईश्वर, ताका जाणून घेवपाची इत्सा जायना. सदसद विचार उत्पन्न जाले उपरांतूच मनीस ईश्वराचो सोद घेता.

एक गीत आयकातः

ए मना, चल आमी कालीरुपी कल्पतरू खाला, भोंवंक या,
आनी थंय ताचे सकयल जिणेचीं चार फळां पुंजावया.
प्रवृत्ती आनी निवृत्ती ह्या तुज्या दोन इश्टिणीं मदल्या

फकत निवृत्तीकूच वांगडा घे. कल्पवृक्षा कडेन वतना,
सत्या विशीं विवेक ह्या तिच्या पुताक विचार...

मनाक स्वता भितर परतिले उपरांतूच विवेक उत्पन्न जाता आनी विवेकांतल्यान सत्य उमजता. तेन्ना मनाक इत्सा जाता, कालीरूप रुखा सकयल भोंवपाक वचपाची. त्या रुखा सकयल गेल्यार म्हणचेच ईश्वरा लागीं गेल्यार तुमकां कसल्याच यत्ना बगर चारय फळां - धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष प्राप्त जातात. ईश्वराचो साक्षात्कार जाले उपरांत मनशाची इत्सा आसल्यार धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष जीं संवसार करपाक गरजेचीं तीं लेगीत ताका मेळूं येतात.

शेजारी: मागीर संवसाराक माया कित्याक म्हणटात?

श्रीरामकृष्ण: जों मेरेन ईश्वराची प्राप्ती जावंक ना तों मेरेन नेति, नेति, हे साधनेची तरा वापरून मनशान जगाचो त्याग करचो. पूण जांकां देव प्राप्त जाला तांकां खबर आसा, ईश्वरूच सगलें कितें जाला. मागीर तांकां बोध जाता, ईश्वर माया, जीव जगत सगलें एकूच. ईश्वरा भितरूच जग आनी जीव आसा. समजा तुमी एकाद्र्या बेलफळाचें कट्टें, बियो आमी गोरोब हें वेगवेगळें केलां, आनी तुमकां कोणेंय विचारलें, त्या बेलफळाचें वजन कितलें तर तुमी कितें कट्टें बियो सोडून फकत गोरोबाचें वजन करतले? निखालस ना. बेलफळाचें खरें वजन जाणा जातले जाल्यार तुमकां सगल्या फळाचें वजन करतले. सगल्या म्हणचे कट्टें, गोरोब आनी बियो, मागिरूच तुमकां खरें वजन सांगूक जमतलें. कट्टें हें जग कशें आनी बियो जीव कसो. विचार करतना जीव आनी जगत हांकां अनात्मो अशें म्हणलां, अवस्तू म्हणून समजल्यात. त्या वेळार अशें दिसता की गोरोबच फकत सत्य वस्तू आनी कट्टें आनी बियो ह्यो असत्य वस्तू. विचार केले उपरांत अशें कळटा की फळाचे तिनय भाग मेळून एक वस्त जाता. मागीर अशें कळटा की ज्या वस्तूं पसून गोरोब जाला त्याच वस्तूं पसून कट्टें आनी बियो जाल्यात. बेलफळाचें ज्ञान म्हणल्यार ह्यो तिनूय गजाली जाणा जावंक जाय.

जग - ताचो लय जाले उपरांत ईश्वरांत आसपावता आनी ईश्वर, निर्मणी वेळार जगाच्या रुपान विकसीत जाता. ताका पसून लोणी आनी लोणी आसा थंय ताक आसा. जर ताक म्हणून कितें आसा तर मागीर लोणी म्हणून आसाच. आनी जर लोणी म्हणून कितेंय आसत तर ताक आसाच. जर आत्मो आसा तर अनात्मोय आसाच. जें नित्य स्वरूप परब्रह्म ताचीच जगस्वरूप लिला आनी जें परब्रह्म तेंच सत्यस्वरूप आनी जें सत्यस्वरूप तीच जगतलिला. जो ईश्वर म्हणून गोचर जाता तोच जीव जगत

जाला. जांकां ज्ञान जालां तांकां दिसता, तोच सगलें कितें जाला - आवय-बापूय, भुरगीं-बाळां, शेजारी-पाजारी, जीव-जंतू, बरें-वायट, पवित्र - अपवित्र सगलें तोच जाला.

पातकाची जाणीव आनी जापसालदारकी

शेजारी: तर मागीर कितें पापपुण्य नाच?

श्रीरामकृष्ण: दोनय आसात आनी दोनय नात. जर देवान मनशा भितर अहंकार दवरला तर ताणें ताचे भितर भेदबुद्दय दवरल्या आनी पापपुण्याची जाणिवूय दवरल्या. पूण ईश्वर थोड्या लोकांचोच तो अहंकार पुरायेन पुसून उडयता आनी हे थोडे लोक पाप-पुण्य, बरें-वायट हाचे पलतडीं पावतात. जों मरेन ईश्वर दर्शन जायना तों मेरेन भेदबुद्द, बऱ्या-वायटाचें ज्ञान उरतलें. तुमी तोंडान म्हणशात, 'पाप-पुण्य म्हाका सारकेंच दिसता. जसो देव करूंक लायता तशें हांव करतां.' पूण तुमकां काळजांत खबर आसता, हीं फकत वयलीं वयलीं उतरां. म्हणून तुमच्या हातांतल्यान वायट गजाल घडली रे घडली तुमचें काळीज रोखडेंच धडधडूंक लागता. ईश्वराचें दर्शन जाले उपरांत लेगीत ईश्वर भक्तां भितर - ताका जाय जाल्यार हांव दास हो अहंकार दवरता. ते अवस्थेंत भक्त म्हणटा, 'देवा, तूं प्रभू हांव तुजो दास.' ह्या भक्ताक ईश्वरा विशीं उलोवप, ईश्वरी काम हेंच ताका आवडटा. ह्या भक्ताक देवाची निंदा करपी लोकांचो सांगात आवडना. ईश्वराच्या कार्या बगर ताका दुसरें कसलेंच काम आवडना. असल्या भक्तांतय तो देहबुद्द दवरता अशेंच तुमकां समजून येतलें.

अज्ञान आनी अज्ञेय

शेजारी: महाराज, तुमी सांगतात, ईश्वराक जाणा जावन मागीर संवसार करात. ईश्वराक खरेंच जाणा जावंक येता?

श्रीरामकृष्ण: ईश्वराक इंद्रियांचे वा मनाचे वतीन जाणा जावंक येवचें ना हें खरें. पूण ज्या मनांत विशय वासना ना त्या शुद्ध मनान मात ताका जाणा जावंक येता.

शेजारी: ईश्वराक कोणाच्यान जाणा जावंक येतलें?

श्रीरामकृष्ण: बरोबर. ताका कोणाच्यान जाणा जावंक येतलें? तरीपूण आमकां जितली गरज तितल्या प्रमाणांत ताका जाणा जावन घेतलो म्हणचे जालें. बांयभर

उदकाची आमकां कितें गरज आसा? कळसोभर उदक म्हाका मेळ्ळें की जालें. एक मूय साखरेच्या दोंगरा म्हऱ्यांत गेली. तिका कितें सगलो दोंगर जाय? साखरेचे एक दोन कण मेळ्ळे की खूब जाले.

शेजारी: महाराज, आमी टायफोयड दुयेंती भशेन. कळसो भर उदकान आमचें कशें समाधान जातलें? आमकां पुरायेन देवाक समजुपाची इत्सा आसा.

संवसार रोगाचेर वखद
मामेकम शरण व्रज

श्रीरामकृष्ण: तेंय खरेच. पूण टायफोयड रोगाचेर वखद आसा.

शेजारी: महाराज, तें खंयचें वखद?

श्रीरामकृष्ण: साधूसंग. ईश्वराचो नामजप आनी ताचें गुणकिर्तन आनी सदांच ताच्या चरणीं प्रार्थना. हांवें जगन्मातेची प्रार्थना केल्ली, 'माते, म्हाका ज्ञान नाका. हें घे तुजें ज्ञान आनी हें घे तुजें अज्ञान. म्हाका फकत तुज्या पांयां कडेन शुद्ध भक्ती दी.' हें सोडून हांवें कितेंच मागलें ना.

जसो रोग तशें ताचेर वखद आसता. गीतेंत भगवंतान सांगलां, 'ए अर्जुना, तूं म्हाका शरण यो. सगल्या पातकां पसून हांव तुजी मेकळीक करतलों.' ताकाच शरण वचात. तोच तुमकां सदबुद्द दितलो. तो तुमचो सगलो भार स्वताचेर घेतलो. त्या वेळार तुमचो टायफोयड बरो जातलो. आतां आसा ते बुद्दीन ईश्वराक केन्ना समजूंक जमतलें? एका शेराच्या आयदनांत चार शेर दूद कशें जातलें? आनी ताणें आमकां समजावन दिले बगर आमकां ईश्वर समजतलो कसो? म्हणुनूच म्हणटां, ताका शरण वचात. ताची जशी इत्सा तशें तो करतलो. तो इत्सामयी. मनशा भितर शक्त खंय मेरेन पावतली?

अध्याय : साठ

निर्विकल्प समाधी

डिसेंबर 9, 1883. आयतार. श्रीरामकृष्ण अधर, मनोमोहन, राखाल, म, हरीश आनी कांय भक्तां वांगडा ल्हान पलंगाचेर बशिल्ले. दनपारचीं दोन वरां जाल्लीं. श्रीचैतन्यांचे उच्च अवस्थेचें श्रीरामकृष्ण तांकां वर्णन करून सांगताले.

श्रीरामकृष्ण: चैतन्यांक मनाच्या तीन अवस्थांचो अणभव आयलो. पयलो, जागृत अवस्था, जेन्ना तांचें मन स्थूल आनी सुक्ष्म पांवड्यांचेर आसतालें. दुसरो अर्द जागृत जेन्ना तांचें मन कारण शरिरांत आसतालें आनी थंय दैवी धुंदींत उरतालें. तिसरो, सामकी अंतस्थ अवस्था, जेन्ना तांचें मन परमात्म्यांत विलीन जातालें.

हें सामकें पांच कोशां कडेन, जांचो वेदान्तांत उल्लेख आसा, जुळटा. स्थूल शरीर म्हणल्यार अन्नमयकोश आनी प्राणमय कोश, सुक्ष्म शरीर म्हणल्यार मनोमयकोश आनी विज्ञानमयकोश, आनी कारण शरीर म्हणल्यार आनंदमय कोश. महाकारण ह्या पांचूय आवरणांचे भायर आसा. जेन्ना चैतन्यांचें मन तातूंत विरतालें, तेन्ना ते समाधींत वताले. हाका निर्विकल्प वा जड समाधी म्हणटात.

भायल्या जगाचें भान आसतना चैतन्यांनी ईश्वराचें नाम गायलें; अर्द भान आसतालें तेन्ना ते भक्तां बराबर नाचताले; आनी सामके अंतस्थ जाणिवेंत आसताले तेन्ना ते समाधींत वताले.

म: (आपले भितर) आपल्या वेगवेगळ्या अवस्थांचो महाराज उल्लेख करतात काय? चैतन्य आनी महाराजां मदीं बरेंच सारकेपण आसा.

श्रीरामकृष्ण: चैतन्य म्हणल्यार दैवी प्रेमाचें मुर्तीमंत रूप. ते पृथ्वीचेर ईश्वराचेर लोकांक प्रेम करूंक शिकोवपा खातीर आयले. ईश्वराचेर आपूण प्रेम करता तेन्ना आपणाक सगलें मेळटा. हठयोगाची गरज ना.

एक भक्तः महाराज हठयोग कसो कितें आसता?

श्रीरामकृष्णः हठयोग करता आसतना शरिराचेरूच मन केंद्रीत करतात. अंतशुध्दी करची म्हणून कोंड्याची नळी गुदद्वारांत घालून आंतकड्यो वयर ओडून घेतात. अभ्यासांत जीब जायतशी हालोवंक शकतात. आसन लावन बसतात. आनी केन्ना केन्नाय अंतराळांत उडटात. हें सगलें प्राणवायूचें काम. एकटो जादू दाखयतालो. दाखयतां दाखयतां ताची जीब ताळवेक घट्ट चिकटली. त्या खिणाक ताचें शरीर थीर जालें. हालचाल बंद जाली. लोकांक दिसलें, हो आतां मेलो म्हणून. एक थडें केलें आनी तातूंत ताका पुरलो. बरेच दीस तो त्या थड्यांत आशिल्लो. खूब दिसां उपरांत तें कित्याक लागून तरी मोडलें आनी तो जादुगार भानार आयलो आनी जागो जाले बराबर तो आड्डलो, 'चल मदारी, छुमंतर छुमंतर' (हांसतात.) हें सगलें प्राणवायूचें काम.

वेन्दातवादी हठयोग मानिनात. राजयोग आसा. राजयोग मनान, भक्तीन, विवेकान ईश्वरा कडेन एक जावप कशें तें सांगता. हो योग बरो. हठयोग बरो न्हय. कलीयुगांत मनशाची जीण अन्नाचेर निंबून आसता.

श्रीरामकृष्णांची तपस्या
श्रीरामकृष्णांचे खरे नात्यांतले लोक
आनी फुडलें महातीर्थ

श्रीरामकृष्ण नबतखान्याचे कडेक रस्त्यार उबे आशिल्ले. ते सुरूचे झाडींतल्यान येवन आपले कुडींत वचपाचे आशिल्ले. नबतखान्याचे पडवेर आड्या फाटल्यान तांणी मक ध्यानांत मग्न आशिल्लो पळयलो.

श्रीरामकृष्णः तूं हांगा आसा? तुका रोखडेंच फळ मेळटलें आनी थोडोसो अभ्यास करतकूच कोणतरी स्वताच फुडें येतलो आनी तुका पालव दितलो.

चकीत जावन मन श्रीरामकृष्णां कडेन पळयलें. म जमनिरूच बसून आशिल्लो.

श्रीरामकृष्णः तुजो वेळ आयला. योग्य वेळ आयले बगर शेवणें तांतीं उबोवपा खातीर ताचेर बसना. हांवें जें तुका सांगलां ती खरी तुजी मोख आसा.

इतलें म्हणून श्रीरामकृष्णांनी मची अध्यात्मीक मोख खंयची ती सांगली.

श्रीरामकृष्णः सगल्यांकूच खूब तपश्चर्या करची पडटा अशें ना. स्वता म्हाका मात खूब कश्ट काडचे पडले. उशें म्हणून मातयेचेर तकली दवरून न्हिदचें पडटालें, दीस कशे वताले तें कळच नाशिल्लें. फकत देवीक उलो मारतालों आनी आई,आई म्हणीत

रडटालों.

म श्रीरामकृष्णां कडेन फाटलीं दोन वर्सां सावन येतालो. तो इंग्लीश शिकिल्लो. पाश्चात्य तत्वज्ञान आनी विज्ञान हांची ताका आवड आशिल्ली. केशव चंद्र सेन आनी हेर पंडितांचीं व्याख्यानां आवडीन आयकतालो. श्रीरामकृष्ण ताका मदीं मदीं इंग्लीशमॅन म्हणटाले. श्रीरामकृष्णां कडेन येत पसून पाश्चात्य पंडितांचे ग्रंथ आनी इंग्लीश आनी हेर भासांतली व्याख्यानांची ताची आवड गेली. आतां फकत श्रीरामकृष्णांकच सदां पळोवचें आनी तांच्या मुखांतल्यान येवपी अमृतवाणी आयकत रावची हातुंतूच ताका आनंद जातालो.

हालीं दिसांनी तो श्रीरामकृष्णांच्या खंयच्या तरी एका वचनाचेर चिंतन करतालो. श्रीरामकृष्णांनी म्हणिल्लें, ''अध्यात्मीक साधना करतकूच ईश्वराचें दर्शन खात्रेन जावं येता.'' आनी तांणी हेंय सागिल्लें, ''ईश्वर दर्शनूच मनीस जिणेची मोख जावन आसा.''

श्रीरामकृष्णः (मक) तूं थोडीशी साधना करतकूच, कोणतरी येवन तुका मार्ग दाखयतलो. तूं एकादशी कर. तूं सामको म्हज्या नात्यांतलो, ना जाल्यार तूं असो आतऱ्यापयऱ्यान कित्याक येतलो आशिल्लो? एक खेपो किर्तन आयकतां आयकतां श्रीकृष्णाच्या वृंदावनांतल्या संवगड्यां मदीं उबो आसां असो दिश्टावो जालो. नरेंद्र उंचेल्या दर्ज्याचो, हिरानंद लेगीत. कसो भुरग्या भशेन सभाव ताचो! म्हाका ताका पळयन दिसलां. एक खेपो हांवें चैतन्यदेवाचे सवंगडी पळयिल्ले. भावावस्थेंत न्हय पूण ह्या म्हज्या दोळ्यांनी. पयलीं हांव अशे उन्नत अवस्थेंत आसतालों की ह्या म्हज्या उकत्या दोळ्यांनी हांवें चैतन्यदेवाच्या संवगड्यांक पळयल्यात. म्हाका दिसता, तुकाय हांवें थंय पळयला आनी बलरामाक लेगीत. तुज्या लक्षांत आयलांच आसतलें, जेन्ना हांव कांय लोकांक पळयतां तेन्ना हांव एकदम कांचवेवन उठ्ठां. कित्याक जाणा तूं? खूब दिसांनी आपल्या मनशांक पळयतकूच अशें जाता.

हांव जगन्माते कडेन रडत रडत प्रार्थना करतालों, 'आई, भक्त जर म्हाका मेळनात जायत तर म्हजे प्राण वतले. तांकां बेगीन म्हजे कडेन घेवन यो'. त्या दिसांनी जें जें मनांत येतालें तें खरें जातालें. पंचवटींत तुळशीवन केल्लें. थंयच जप ध्यान करूंक मेळचें म्हूण. खूब दिसतालें की ताचे भोंवतणी कोंड्यांची वंय करची म्हणून. रोखडेंच, गंगेच्या भरते वेळार ल्हारां बराबर कोंड्यांचो एक भरो आनी थोडी दोरी सामके पंचवटीच्या मुखार येवन पडली. देवळाच्या सेवकान तें पळयलें आनी खोशयेन म्हाका सांगलें.

ते ईश्वरी उन्नत अवस्थेंत म्हाका पुजा करप जमलें ना. म्हणलें, 'आई, म्हाका कोण पळयतलो? म्हजे भितर म्हाका सांबाळपाची शक्त ना. फकत तुजे विशीं कथा आयकुपाची इत्सा जाता. भक्तांक जेवण घालपाची इत्सा जाता. कोणय मुखार आयल्यार ताका मजत करपाची इत्सा जाता. हें सगलें कशें जातलें? म्हजो फाटराखणो म्हूण एक गिरेस्त मनीस धाडून दी. देखुनूच मथूरबाबून म्हजी इतली सेवा केल्या. आनी आईक सांगलें, 'आई, म्हाका तर केन्ना भुरगीं जावपार्ची नात. तरीपूण अशी इत्सा जाता की एक शुध्द भक्तीमान भुरगो म्हजे म्हऱ्यांत सदांच रावपी असो म्हाका धाडून दी.' म्हणून तर राखाल आयला. जांकां जांकां हांव म्हजे म्हणटां ते सगले म्हजे अंश, म्हजेच अवयव आसात.

श्रीरामकृष्ण परत पंचवटी कडेन वचूंक लागले. बराबर म बगर आनीक कोणच नाशिल्लो. श्रीरामकृष्ण हांसत हांसत ताका आपल्यो गजाली सांगताले.

पयलींची जीण, अद्‌भूत मुर्तीदर्शन
वडाची खांदी

श्रीरामकृष्णः हें पळय, एक खेपो हांवें काली देवळा पसून ते थेट पंचवटी मेरेनची सुवात व्यापून उडोवपी एक अद्‌भूत व्यक्ती पळयली. हाचेर तुजो विश्वास आसा?

म अजापीत जावन ओगीच रावलो. पंचवटीचे एके खांदयेचीं एक दोन पानां तोडून ताणें तीं तागेल्या बोल्सांत घालीं.

श्रीरामकृष्णः हें पळय, थंयची एक खांदी मोडून पडल्या. हांव तिचे सकयल बसतालों.

मः हांवें ताची तन्नी खांदी तोडून व्हेल्या. म्हज्या घरा कडेन दवरल्या.

श्रीरामकृष्णः (हांसत) कित्याक?

मः तिका जेन्ना पळयतां तेन्ना म्हाका आनंद जाता. हें सगलें सोंपले उपरांत हें थळ एक व्हडलें तीर्थ जातलें.

श्रीरामकृष्णः (हांसत) कसलें तरेचें तीर्थ? पानीहाटी सारकें?

श्रीरामकृष्ण चड करून दर वर्सा फाटलीं कांय वर्सां पानीहाटीच्या धर्मीक उत्सवाक वताले.

सांज जाली. श्रीरामकृष्ण तांगेले कुडींत ल्हान पलंगाचेर बसून जगन्मातेच्या

चिंतनांत निमग्न आशिल्ले, देवळांत सांजेच्यो आरती सुरू जाल्ल्यो. शंख घांटींचो आवाज आयकूंक येतालो. मन रातचो श्रीरामकृष्णांच्याच सांगातान रावपाचें थारायिल्लें. कांय वेळा उपरांत श्रीरामकृष्णांनी ताका वैश्णव संतां विशीं 'भक्तमाला' ह्या पुस्तकांतले कांय भाग वाचपाक सांगले. मन वाचलें:

जयमल नांवाचो एक राजा आशिल्लो. तो श्रीकृष्णाची काळजा सावन भक्ती करतालो. कृष्णाची पुजा करतना साग्रसंगीत सगले नेम पाळून तो पुजा करतालो. कृष्णाची श्यामसुंदर नांवान पुजा करतालो. इश्ट देवते विशीं पूर्ण समाधानी आशिल्ल्यान तो हेर देव-देवीं कडेन लक्ष दिनाशिल्लो. लागीं लागीं दनपार मेरेनचो वेळ इश्ट देवतेची पुजा करपाचो ताचो कडक नेम आशिल्लो. धन-दौलत वा ताचें राज्य हे विशीं धोको पत्करून लेगीत पुजेच्या नेमाक खंड पडूंक दिनाशिल्लो. हें गुपीत जाणा जावन ताच्या एका दुस्मानान सकाळच्या वेळार ताच्या राज्याचेर घुरी घाली. राजाच्या हुकमा बगर सैन्य झुजूंक शकना म्हणून तें शांतपणान घुरी पळयत रावलें. दुस्मानांनी राजधानयेच्या खंदका भोंवतणीं रेवाडो घालो. पूण तरी लेगीत राजा जयमल ताच्या देवाचे कुडींतल्यान भायर सरलो ना. ताची आवय ताचे कडेन आयली आनी रडत ताका दुस्माना कडेन झुजपाक प्रवृत करूंक लागली. राजान थंडपणान तिका सांगलें, 'तूं अशी चिंता कित्याक करता? श्यामसुंदरान म्हाका हें राज्य दिलां. ताका तें म्हजे कडच्यान घेवपाचें आसत तर हांव कितें करूं? उरफाटें ताका जर म्हाका राखपाचें आसत तर कोणूच म्हाका त्रास दिवंक शकचो ना. आमची धडपड व्यर्थ आसा.' आनी खरेंच ताचे मदीं श्यामसुंदर स्वताच देव तबेल्यांतल्यान राजाचो घोडो घेवन शस्त्रांनी तयार जावन दुस्मानां बराबर झुजपाक रणांगणाचेर गेलो. दुस्मानां बराबर तो एकटोच झुजलो आनी एकट्यानूच दुस्मानांक मारले. दुस्मानांच्या सैन्याक आड घालून देव परत देवळांत आयलो आनी घोडो थंयच लागीं बांदलो.

पुजा सोंपतकूच जयमल भायर येवन पळयत जाल्यार ताचो घोडो घामाघूम जाला आनी धांपेता. 'कोण म्हज्या घोड्यार बशिल्लो?' राजान नेटान सगल्यांक विचारलें. 'आनी हाका हांगा देवळांत कोणें बांदला?' म्हूण विचारलें. 'आमकां हातूंतलें कांयच खबर ना' अशें सगल्या अधिकाऱ्यांनी सांगलें. चिंतेस्त जावन राजा सैन्य घेवन झुजामळार गेलो. थंय सैन्याचो मुखेली सोडून दुस्मानांचें सगलें सैन्य मरून पडलां तें ताणें पळयलें. तो अजापीत जावन देखावो पळयतालो. इतल्यांत दुस्मान राजान लागीं येवन ताचे पांय धरले आनी म्हणलें, 'म्हाका तुमकां कितें सांगपाक जाय. हांव झूज कसो करतलों? तुमचो तो झुजारी एकटोच त्रैलोक्य जिखतलो. म्हाका तुमची राज्यलक्ष्मी नाका. तुमचें राज्य नाका. जाय जाल्यार हांव म्हजेंय राज्य तुमकां अर्पण करतां. पूण तो श्यामल झुजारी कोण आशिल्लो हें म्हाका सांगात. ताचेर हांवें नदर मात मारल्या, हांव म्हजें चित्तच शेणोवन बसलों.'

जयमलाचे तकलेंत उजवाड पडलो. तो दुसरो तिसरो कोण नाशिल्लो. तो स्वता श्यामसुंदरूच आशिल्लो. दुस्मान राजाकय सगलें कळ्ळें. ताणें जयमल राजाचे पांय धरले आनी ताच्या आशिवार्दान श्रीकृष्णाची कृपा जोडली.

भक्तमाल एकच बाजू दिवपी.
अंतरंगींचे कोण?
जनक आनी शुकदेव

श्रीरामकृष्णः ह्या सगल्याचेर विश्वास बसता तुजो? घोडेकार जावन दुस्मान सैन्याचो नाश केलो हें पट्टा तुका?

मः भक्तान व्याकूळतायेन देवाक उलो मारलो हे गजालीचेर विश्वास आसा. पूण दुस्मानान ताका घोड्यार बसून आयिल्लो पळयलो काय ना हें मात सांगूंक येना. कृष्ण घोड्यार बसून थंय गेल्लो आसत, तरीपूण खऱ्यानीच दुस्मानांनी ताका पळयला काय ना हें म्हाका खबर ना.

श्रीरामकृष्णः (हांसत) पुस्तकांत भक्तांच्यो बऱ्यो बऱ्यो गजाली सांगल्यात. पूण त्यो सगल्यो एकूच बाजू दिवपी. जे तांचे कडेन सहमत नात तांची ताणें निंदा केल्या.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं श्रीरामकृष्ण आनी म बागेंत उलयताले.

मः तर मागीर हांव हांगाच रावतां.

श्रीरामकृष्णः बरें तूं जो हांगा इतलो येता ताचो अर्थ कितें? हरशीं लोक साधूंक चडांत चड एक खेपो मेळपाक येतात. तूं हांगा इतले खेपो येता ताचो अर्थ तरी कितें?

म शांतपणान उबो रावलो. श्रीरामकृष्णांनी स्वताच त्या प्रश्नांची जाप दिली.

श्रीरामकृष्णः तूं म्हज्या अंतरंगांतलो भक्त म्हणून तूं हांगा येता न्हय? हाचो अर्थ असो की तुमी सगले म्हज्या नात्यांतले. तुमी म्हजे लोक, जशे - बापूय, पूत, भाव आनी भयण.

तुका सगलेंच सांगून उडयना. जर तुका सांगलें तर तूं हांगा परत आनीक येतलो?

एक खेपो शुकदेव ब्रह्मज्ञान मेळोवपा खातीर जनका कडेन गेलो. जनकान म्हणलें, 'पयलीं गुरूदक्षिणा दी'. शुकदेवान म्हणलें, 'पयलीं उपदेश दियात. तो मेळचे पयलींच कशी दिवं?' जनक हांसले आनी तांणी म्हणलें, 'ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत मागीर परत आनी गुरू शिश्य ही जाणीव उरतली तुजे भितर? म्हणून तुका म्हणलें पयलीं गुरू दक्षिणा दी म्हणून.'

सेवकाचीं विचार ल्हारां

रात जाले उपरांत चंद्रीम उदेलो. ताचें रुपयाळें चांदणें चोंय वटेन भरून गेलें. म एकटोच देवळाचे बागेंत भोंवतालो. रस्त्याचे एके कडेक पंचवटी ओंवळींचें वन, नबतखानो आनी श्रीरामकृष्णांची कूड आनी दुसरे वटेन गंगा व्हांवताली. जंय गंगेच्या उदकाच्या खळखळट्या ल्हारांनी लाखांनी कुडके कुडके जाल्ल्या चंद्रिमाचीं पडबिंबां दिसतालीं.

म स्वताच विचार करतालो. खरेंच ईश्वराचें दर्शन जावं येता? श्रीरामकृष्ण मात सांगतात तें शक्य आसा. ते म्हणटात जर मनशान थोडेशे यत्न करीत तर मागीर कोणतरी फुडें येतलो आनी तुका मार्ग दाखयतलो. बरें हांव लग्न जालां. म्हाका भुरगीं आसात. अशें आसून लेगीत म्हाका ईश्वराचें दर्शन जावं येता?

मन मातसो विचार केलो आनी तो मनांत म्हणूंक लागलो, खात्रेन दर्शन जावं येता. नाजाल्यार श्रीरामकृष्ण अशें कित्याक म्हणटले आशिल्ले? देवाची कृपा आसल्यार तें कित्याक शक्य ना? म्हजे भोंवतणचें विश्व पळय कशें आसा? सूर्य, चंद्रीम, नखेत्रां, जीवजंतू आनी चोवीस वैश्वीक तत्त्वां. तीं अस्तित्वांत आयलींच कशीं? तांचो निर्मातो कोण? हांव देवाचो कोण लागतां? हें सगलें ज्ञान जालें ना जाल्यार जीण खरेंच व्यर्थ आसा.

श्रीरामकृष्ण खात्रेन सगल्या मनशां भितर श्रेश्ठ पुरूश जावन आसात. म्हापुरूश आयज मेरेन म्हज्या आयुश्यांत हांवें पळोवंक नात. तांणी ईश्वराक पळयला. ना जाल्यार आई, आई म्हणीत रातदीस तिचे कडेन कशे उलयतले आशिल्ले? आनी अशें नाशिल्लें जाल्यार ईश्वराचेर अशें अगाध प्रेम कशें करूं येता? देवाचेर अशें प्रेम की तें भायल्या जगाक सामकें विसरायता. ते समाधीमग्न जातात आनी हालचाल करिनासतना थीर रावतात आनी प्रेमाचे उन्मत अवस्थेंत हांसतात आनी रडटात आनी नाचतात आनी गायतात.

अध्याय : एकसठ

दक्षिणेश्वराक भक्तांच्या सांगातांत

डिसेंबर 14, 1883. शुक्रार. सकाळचीं णव जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण स्वताचे कुडीच्या दारा लागीं आग्नेय कडले पडवेर उबे आशिल्ले. लागींच रामलाल, राखाल आनी लाटू थंयच खंयतरी भोंवताले. मन येवन श्रीरामकृष्णांक नमस्कार केलो. श्रीरामकृष्णांनी मायेन ताका म्हणलें, ''आयलो? बरें जालें. आयज दीस बरो आसा, बंगाली म्हयन्याचो तो निमाणो दीस आनी पुनवेचो दीस.'' अध्यात्मीक साधना करपा खातीर म कांय दीस श्रीरामकृष्णांच्या सांगातांत रावपाक आयिल्लो. श्रीरामकृष्णांनी ताका म्हणिल्लें, ''साधकान जर थोडीशी अध्यात्मीक साधना केली तर कोणूयपूण मुखार येवन ताका आधार करतलो.'' श्रीरामकृष्णांनी मक म्हणिल्लें, ''काली देवळांतल्या अतिथी घरांतलें अन्न सदांच खावप योग्य न्हय. साधू, अपंग लोकां खातीर फुकट अन्न दिवपा खातीर तें शिजयतात. तुजे खातीर तूं तुजो रांदपी घेवन यो.'' म्हणून मन स्वता बराबर रांदपी हाडिल्लो. श्रीरामकृष्णांनी ताचे खातीर रांदपाक एके सुवातेची तजवीज केल्ली. आनी रामलालाक गवळ्या कडेन दुदाचीय तजवीज करपाक सांगिल्ली

थोड्या वेळान रामलाल अध्यात्म रामायण वाचूंक लागलो. श्रीरामकृष्ण आनी म तें आयकूंक लागलेः

> शिवधनू मोडून रामान सीते कडेन लग्न केलें. सीतेक बराबर घेवन अयोध्ये कडेन वतना झुजारी परशुराम रुशी मुखार येवन उबो रावलो. रामा कडेन झूज करपाचे तयारेनूच तो आयिल्लो. परशुरामान रामा कडेन दुसरें एक धणू उडयलें आनी धणूक दोरी लावन दाखोवची म्हूण रामाक आव्हान केलें. दशरथ, रामाचे वडील सामके भियेले. हांसत रामान तें धणू दाव्या हातांत घेतलें आनी दोरयेचो टणकार करीत ताका बाण लायलो आनी परशुरामाक तो बाण खंय सोडचो तें

विचारलें. तें पळोवन झुजारी परशुरामाचो गर्व देंवलो. परशुरामान रामा मुखार नमस्कार घालो आनी राम परब्रह्म म्हणून ताची पुजा केली.

परशुराम स्तवन करता तें आयकून श्रीरामकृष्ण भावसमाधींत गेले आनी मदीं मदीं राम, राम नामाचो जप तांच्या गोड सुरांत म्हणूंक लागले.

मागीर श्रीरामकृष्णांनी रामलालाक गुहका विशीं वाचपाक सांगलें.

गुहक जाती भायलो, निशादांचो राजा, श्रीरामाचो एक जिवाभावाचो इश्ट. आपल्या वडिलांची प्रतिज्ञा पूर्ण करपा खातीर सीता, लक्ष्मणा सयत श्रीराम रानांत पावलो. गुहकान तांकां न्हंये पलतडीं व्हेलीं. रामान गुहकाक मायेन वेंग मारली आनी ताका सांगलें, वल्कलां न्हेसून आनी रानांत जातात तीं कंदमुळां खावन आमी वनवासांत रावतलीं. तांणी गुहकाक वचन दिलें, वनवास सोंपले उपरांत अयोध्येक परत वतना गुहकाक मेळटलीं. निशादांचो राजा थंडपणान तांची वाट पळयतालो, पूण जेन्ना चवदा वर्सां सोंपलीं आनी राम परतून आयलो ना तें पळोवन गुहकान चिता पेटोवन तातूंत समर्पण करपाची तयारी केली. तातूंत समर्पण करतलो इतल्यांत हनुमान, रामाचो दूत म्हूण थंय पावलो. मागीर राम आनी सीता विमानांतल्यान थंय पावलीं आनी गुहकाच्या आनंदाक शीममेर उरली ना.

केशव सेनांचो लाव
उपाय–तीव्र वैराग्य आनी संवसार त्याग

जेवले उपरांत श्रीरामकृष्णांनी थोडो वेळ विसव घेतलो. म लागींच जमनीर बशिल्लो. अशा वेळार दोतोर श्याम आनी हेर भक्त थंय पावले. श्रीरामकृष्ण उठून बसून तांचे कडेन उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्णः कर्म सदांच करपाचें पडटा अशें ना. फळ लागतकूच फूल जशें गळून पडटा तशें ईश्वराचो साक्षात्कार जातकूच कर्म गळून पडटा. जांकां ईश्वराचो लाव जाला तांकां संध्या बी करची पडना. संध्या, गायत्री मंत्रांत लीन जाता. त्या वेळार गायत्रीचो जप करतकूच पुरो. मागीर ॐकारांत विलीन जाता त्या वेळार गायत्री म्हणपाची लागना. फक्त ॐ म्हणटकच पुरो. संध्या बी कर्म कितले दीस? जों मेरेन हरीनामांत वा रामनामांत रोमांच उबे रावनात आनी दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवनात तों मेरेनूच. पयशे मेळोवपा खातीर वा कोर्टांतलो खटलो जिखपा खातीर कांय लोक ईश्वराची पुजा करतात. हें बरोबर न्हय.

एक भक्तः धनदौलती खातीर प्रत्येक जाण धडपडटा. केशव सेनान लेगीत तागेले

चलयेचें लग्न राजकुंवरा कडेन केलें.

श्रीरामकृष्णः केशवाची गजालूच वेगळी. खऱ्या भक्तांक तांणी कांयच यत्न केले नात तरी ईश्वरूच सगलें कितें दिता. खऱ्या राजाच्या पुताक तागेलें शिंवासन मेळटा तर कांय वकिलांक पयशे मेळोवपाक खुबूच त्रास काडचे पडटात आनी हे लोक हे खातीर दुसऱ्यांचे गुलाम जातात. असल्या लोकां विशीं हांव उलयनां. हांव उलयतां खऱ्या राजकुंवरां विशीं, खऱ्या भक्तांक कसलीच इत्सा नासता. ते पयशांची इत्सा धरिनात. आपूण जावन पयसो तांचे कडेन येता. अश्या भक्तांक यत्न करिनासतना जें कितें तांकां मेळटा तातूंत ते समाधानी आसतात. अशें गीता तांचें वर्णन करता.

सच्छील ब्राह्मण, जाच्या मनांत कसलीत कामना नासता, अस्पृश्यांच्या घरांतलें लेगीत अन्न घेवंक शकता. तो ताची इत्सा धरिना. तें आपसूक ताचे कडेन येता.

एक भक्तः महाराज, संवसारांत कशे तरेन रावंक जाय?

श्रीरामकृष्णः चिखलांतलें नुस्तें चिखलांत रावता तशें रावंक जाय. संवसारा पसून पयस वचून निर्जन जाग्यार एकांतांत मदीं मदीं ईश्वर चिंतन करतकूच ताचे भितर भक्ती उत्पन्न जाता. मागीर संवसारांत निर्लिप्तपणान रावपाक जमता. चिखोल आसा. नुस्त्याक चिखलांत रावपाचें आसता. ताच्या आंगाक चिखोल लागना. असो मनीस अनासक्त भावान संवसारांत, संवसारी म्हूण रावंक शकता.

श्रीरामकृष्णांच्या ध्यानांत आयलें, म थंय बसून लक्ष दिवन सगलें कितें आयकतालो.

श्रीरामकृष्णः (म कडेन पळोवन) तिव्र वैराग्य आसत तरूच ईश्वराचो लाव जावंक शकता. जाचे भितर तिव्र वैराग्य भिनलां ताका दिसता, संवसार म्हणचे उजो लागिल्लें रान.

बायल, भुरगीं खोल बांयोच कश्यो. असले तरेचें वैराग्य जर उत्पन्न जालां आसत तर मनीस घरादाराचेर तुळशीपत्र दवरून संन्यास घेता. फकत अनासक्त रावन ताचें समाधान जायना. कामिनी-कांचनच माया. मायेक जर वळखत तर तिची तिकाच लज दिसतली आनी ती पळ काडटली. एक मनीस वागाचें चामडें पांगरून दुसऱ्या एका मनशाक भिवयतालो. ताचेर दुसऱ्यान म्हणलें, 'आरे, तूं कोण तें खबर आसा. म्हाका तूं तर आमचो 'बाबी' कसो दिसता.' मागीर तो वाग हांसत थंयच्यान आनीक कोणाक भियेवपा खातीर दुसरे कडेन गेलो.

जितल्यो म्हणून अस्तुऱ्यो तितल्यो त्यो सगल्यो शक्तीचीं रुपां. तीं आद्य शक्तीच अस्तुरी जावन अस्तुरी रूप घेवन वावरत आसतात. अध्यात्म रामायणांत म्हणलां,

नारद आनी हेर रुशीमुनींनी रामाचें स्तवन केलें, 'ए रामा, दादले तितले ते तूं आनी अस्तुऱ्यो सीता. तूं इंद्र, सीता इंद्राणी, तूं शिव, सीता शिवानी. तूं नर, सीता नारी. चड कितें सांगपाचें? जंय दादलो थंय तूं आनी जंय अस्तुरी थंय सीता.'

त्याग आनी प्रारब्ध
वामाचार साधनांचो

श्रीरामकृष्ण: (भक्तांक) फकत इत्सा केली म्हणचे त्याग जायना. प्रारब्ध आनी संस्कार म्हणून आसाच. एक खेपो एका योगीन राजाक म्हणलें, 'म्हजे बराबर रानांत राव आनी ईश्वराचें चिंतन कर.' राजान जाप दिली, 'म्हाका तें जमपाचें ना. हांव तुमचे कडेन रावतलों खरो पूण अजून म्हजी भोगाची इत्सा आसा. हांव जर रानांत रावं, तर घडये हांगाच हांव राज्य तयार करतलों. अजून लेगीत म्हजी वासना वचूंक ना.'

नटवर मंजा भुरगेपणांत गायो पाळटालो. ताचे भितर कितल्योश्योच इत्सा आशिल्ल्यो. म्हणून ताणें एंडेलाचो कारखानो घालो आनी खूब पयसो मेळयलो. आलम बाजारांत एंडेलाचो ताचो वेपार बरो नेटान चल्ला.

एक संप्रदाय आसा. - जो बायलांक सांगाताक घेवन अध्यात्मीक साधना करची अशें सांगता. एक खेपो म्हाका कर्ताभजा संप्रदायांतल्या बायलां मदीं व्हेलो. त्यो सगल्यो म्हजे भोंवतणीं येवन बसल्यो. हांवें तांकां सगल्यांक आई म्हणून उलो मारलो. त्या बराबर त्यो आपले भितर फुतफुतूंक लागल्यो. त्यो अजून प्रवर्तक आसात. तांकां अजून मार्ग खबर ना. तांच्या मतां प्रमाण, प्रवर्तक हे नवशिके. ते उपरांत साधक, मागीर कश्ट करपी साधक आनी निमणो सगल्या सिद्धांतलो सिद्ध. एक बाई वैश्णवचरणां लागीं वचून बसली. तांकां ते विशीं विचारतकूच तांणी म्हणलें, ती ल्हान चलये भशेन दिसता. बायले कडेन पत्नी म्हणून पळयल्यार मनीस धर्मीक साधने पसून पयस वता. पुण अस्तुरेक आवयचे भावनेन पळोवप हो शुद्ध भाव जावन आसा.

कांय भक्तांनी काली मातेचें आनी हेर देवदेवतांचे दर्शन घेवपाक जाय म्हणून श्रीरामकृष्णांचो निरोप घेतलो.

श्रीरामकृष्ण आनी प्रतिमा पुजा
व्याकूळताय आनी ईश्वर लाव

म पंचवटींत आनी देवळांतल्या हेर सुवातांनी एकटोच भोंवतालो. श्रीरामकृष्णांनी

ताका खात्री दिल्ली, थोडीभोव साधना करतकूच ईश्वराचो साक्षात्कार जावं येता. आनी तिव्र वैराग्याचोय उपदेश केल्लो आनी तांणी अशेंय म्हणिल्लें की मायेक वळखतकूच ती आपूण जावन पळून वता. हे विशीं तो भोंवतना विचार करतालो.

दनपारच्या साडेतीन वरांचेर म श्रीरामकृष्णांचे कुडींत परत येवन जमनीर बसलो. ब्रावटन संस्थेंतलो एक शिक्षक कांय विद्यार्थ्यांक घेवन श्रीरामकृष्णांच्या दर्शनाक आयिल्लो. श्रीरामकृष्ण तांचे कडेन उलयताले. मदीं मदीं शिक्षक प्रश्न विचारतालो. प्रतिमा पुजे विशीं उलोवप चलतालें.

श्रीरामकृष्णः (शिक्षकाक) मुर्ती पुजेंत कितें दोश आसा? वेदान्त म्हणटा, जंय अस्तित्व उजवाड आनी प्रेम आसा, थंयच ब्रह्म प्रगट जाता. देखून परब्रह्मा बगर कांयच अस्तित्वांत ना. ल्हान चलयो बावलो बावली हांचे खेळ कितले दीस खेळत आसतात? जों मेरेन तीं लग्न जायनात आनी तांच्या न्हवऱ्यां बराबर संवसार करिनात तों मेरेन. लग्न जाले उपरांत बावल्याक तीं पेटयेंत दवरतात. ईश्वराचें दर्शन जाले उपरांत मुर्तीपुजेची खंय गरज आसा?

श्रीरामकृष्णांनी मक पळोवन म्हणलें, ''ईश्वरा खातीर व्यकूळताय उत्पन्न जातकूच ईश्वराचो लाव जाता. पराकाश्टेची व्याकूळताय जाय. खूब व्याकूळताय आसतकूच सगलें मन देवा कडेनूच लागता.''

भुरग्यांचो विश्वास आनी ईश्वरलाव
जटील नांवाचो भुरगो

एका मनशाक एक चली आशिल्ली. ल्हान आसतनाच ती विधवा जाल्ली. न्हवऱ्याचें तोंड लेगीत तिणें पळोवंक नाशिल्लें. बराबरच्या हेर चलयांचे न्हवरे पळोवन तिणें एक दीस बापायक विचारलें, म्हजो न्हवरो खंय? बापायन जाप दिली, 'गोविंद (कृष्णाचें एक नांव) तुजो न्हवरो. ताका उलो मारल्यार तो येवन तुका मेळटलो.' बापायचीं उतरां आयकून ती चली तिगेले कुडींत गेली. दार धांपलें आनी रडत गोविंदाक उलो मारपाक लागली. 'गोविंदा यो, म्हाका मेळ. म्हाका तुजें दर्शन दी. तूं कित्याक येना? योच.' ते ल्हान चलयेचो काकुळटेन मारिल्लो उलो आयकून परमेश्वराक रावूंक जायना जालें आनी ताणें तिका दर्शन दिलें.

भुरग्यां भशेन निरागस विश्वास जाय. आवयक पळोवपा खातीर ल्हान भुरग्याक

खर व्याकूळताय आसता तशी व्याकूळताय जाय. ती व्याकूळताय - फांतोडेर उदेंतेक तांबड्या मळबाची आसता तशी. असल्या मळबा उपरांत सूर्य उदेताच. अशी व्याकूळताय जाले उपरांत ईश्वर दर्शन जाताच.

जटील नांवाच्या भुरग्याची तुमकां एक काणी सांगतां. तो शाळेंत वतालो. शाळेंत वतना ताका रानांतल्यान वच्चें पडटालें. ते खातीर ताका खूब भंय दिसतालो. एक दीस आवयक ताणें हे विशीं सांगलें. तिणें म्हणलें, 'तूं भियेता कित्याक? तूं मधुसूदनाक उलो मार.' भुरग्यान विचारलें, 'आई हो मधुसूदन कोण?' आईन सांगलें, 'मधुसूदन हो तुजो व्हडलो भाव - दादा.' हे उपरांत एकटो वतना ताका रानांत भंय दिसतकूच ताणें मधुसूदन दादा म्हणून उलो मारलो. पूण कोणेंच जाप दिली ना. तेन्ना गळो काडून मोट्यान रडत ताणें म्हणलें, 'मधुसूदन दादा तूं खंय आसा? म्हजे म्हऱ्यांत बेगीन यो. म्हाका भंय दिसता.' मागीर भगवंताक रावूं नजं जालें. तो भुरग्याचे मुखार आयलो आनी ताणें म्हणलें, 'आरे, हांव हांगाच आसां. तूं भियेता कित्याक?' आनी अशें म्हणीत ताका रानांतल्यान ताचे बराबर येवन देवान ताका ताचे शाळेच्या रस्त्या मेरेन पावयलो आनी म्हणलें, 'तू जेन्ना जेन्ना म्हाका उलो मारतलो तेन्ना तेन्ना हांव येतलों. भियेवं नाका.' भुरग्या भशेन विश्वास जाय. हाकाच म्हणटात व्याकूळताय.

एका ब्राह्मणाच्या घरा कुलदेवतेक सदांच अन्नाचो निवेद्य दाखयताले. एक दीस कांय कामा निमतान त्या ब्राह्मणाक खंय भायर गांवांत वच्चें पडलें. भायर वचपा वेळार ताणें ताच्या ल्हान भुरग्याक सांगलें, 'आज तूं देवाक निवेद्य दाखय. देव जेवला काय ना तें पळय.' भुरग्यान देवाक निवेद्य दाखयलो पूण आसना वयली मूर्त ओग्गीच. ती उलयना वा खायना. भुरग्यान बरोच वेळ वाट पळयली तरी लेगीत मूर्त हाल्ली ना. पूण भुरग्याक सामको विश्वास आशिल्लो, देव आसना वयल्यान जमनीर बसतलो आनी जेवतलो म्हणून. परत परत तो देवाची प्रार्थना करतालो. देवा, सकयल यो आनी जेव. खूब उशीर जाला. आनी चड वेळ म्हज्यान बसूंक जायना. पूण मूर्त ओगीच रावली. भुरगो आकांतान रडूंक लागलो. ताणें म्हणलें, 'देवा, बाबान म्हाका तुका जेवय म्हणून सांगलां. तूं सकयल कित्याक येना? म्हज्या हातांतल्यान तूं कित्याक जेविना?' काळीज पिळवटून भुरगो थोडो वेळ रडलो. निमणें देव हांसत आसना वयल्यान सकयल देंवलो आनी पाटार बसलो आनी जेवलो. देवाक जेवोवन तो जेन्ना देवा कुडींतल्यान भायर सरलो तेन्ना ताच्या घरांतल्या मनशांनी म्हणलें, 'पुजा जाली. आतां निवेद्याचें ताट घेवन यो.' भुरग्यान म्हणलें, 'पूण देव सगलें जेवलो.'

घरच्यांनी विचारलें, 'अशें कशें?' भुरग्यान सरळपणान सांगलें, 'म्हणचे देव सगलें जेवलो.' सगले देवाकुडींत गेले आनी पान पुसून जेवला तें पळोवन अजापीत जाले.

सांज जावपाक अजून वेळ आशिल्लो. श्रीरामकृष्ण म कडेन उलयताले. नबतखान्याचे दक्षिणे कडेन ते उबे आशिल्ले. थंडेचे दीस. श्रीरामकृष्णांच्या आंगार लोकरेची शाल आशिल्ली.

श्रीरामकृष्ण: तूं खंय न्हिदतलो? पंचवटींतले खोंपींत?

म: नबतखान्या वयल्या माळ्या वयली कूड म्हाका दिवचे नात?

मन नबतखान्या वयली कूड पसंत केल्ली कित्याक तर ताचो सभाव कवी मनाचो. ते कुडींतल्यान ताका मळब, गंगा, चांदण्याचे बागेंतलीं फुलां पळोवंक मेळटालीं.

श्रीरामकृष्ण: ते तुका ती कूड दितले. पूण हांवें पंचवटींतली कूड सुचयिल्ली. कारण थंय ईश्वर चिंतन, ध्यान जावन गेलां. आनी हरी नामाचो जप थंय सदांच जाता.

जिणेचें ध्येय ईश्वराचें प्रेम

सांज जाल्ली. श्रीरामकृष्णाचे कुडींत धूप घाल्लो. ते ल्हान पलंगाचेर बशिल्ले आनी ध्यानांत मग्न जाल्ले, म जमनीर बशिल्लो. ताचे बराबर राखाल, लाटू आनी रामलालय आशिल्ले.

श्रीरामकृष्णांनी मक म्हणलें, ''मुखेल गजाल म्हणल्यार देवा विशीं भक्ती आनी मोग उत्पन्न करप.'' मागीर तांणी रामलालाक कांय पदां गावपाक सांगलें. श्रीरामकृष्ण प्रत्येक पदाचें पयलें कडवें म्हणटाले. रामलाल गावंक लागलो:

आरे, केशव भारतीचे खोंपींत कसलें दर्शन म्हाका जालें!
गोरा, आपले तुळा नाशिल्ले सोबितायेंत,
सहस्र झऱ्यांनी दुकां व्हांवयता!
पिशा हतया भशेन तो अतिआनंदान नाचता आनी गायता,
हिसपा भायर कसो मोग पियेला.

उपरांत ताणें गायलें:

मुक्ती दिवपाक जरी हांव केन्नाच नाराज नासतां
तरी हांव शुद्ध प्रेम दिवंक अनमनतां
सगल्यांत वरतो जो शुद्ध प्रेम जोडटा.
ताका लोक भजतात.
तिनूय लोकांचेर तो जैत जोडटा.

श्रीरामकृष्णांनी रामलालाक परत म्हणलें, "तें गीत म्हण पळोवया. गौर आनी निताई, तुमी भाग्यवान भाव." रामलाल गावंक लागलो आनी श्रीरामकृष्णय ताचे बराबर गावंक लागले:

गौर आनी निताई, तुमी सुभागी भाव!
तुमी कितले बरे तें हांवें आयकलां,
आनी म्हणून हांव तुमचे सरीं आयलां.
हांवें जेन्ना बनारसाक भेट दिली,
शिवान, काशीच्या स्वाम्यान
परब्रह्माच्या जल्मा विशीं म्हाका सांगलें,
माता सचीच्या घरा मनीस जावन
ब्रह्मा, हांव तुका वळखतां!
जायते साधू हांवें पळयल्यात
पूण तुजे इतलो मायेस्त कोणूच दिसलो ना.

ब्रजाक एकदां तूं
कनाय आनी ताचो भाव बलाय म्हूण जल्मला;
आतां आनीक एकदां, नादियांत,
तूं गौर आनी निताई म्हूण आयला,
तेन्ना तुवें घेतिल्लीं रुपां लिपोवन,
ब्रजाच्या मळांतल्यान मेकळेपणान धांवून,

एकदां तुवें मौजमजा केली; आतां खेळ म्हणून,
नादियेचे भुंयेर लोळटा तूं,
प्रभू हरीचें नांव गावन.
हांसून, आड्डून, एकदां तूं खेळ्ळा
ब्रजांत तुज्या गोरवां राखण्या इश्टां वांगडा;
आनी आतां तूं प्रभू हरीचें नांव गायता.

ए गौर, कितल्या शिटूकपणान तूं लिपयता
गाड काळशें-निळें रूप ब्रजाक तुवें घेतिल्लें तें!
पूण तुजे तिरके दोळे तुका फटयतात.
तुज्या नांवाच्या सुभागीपणा वरवीं
पातकी मेकळो जाता, अशें म्हणटात;
आनी म्हणून म्हजो आत्मो आशेन रावला.
आतूर काळजान हांव आतां ताकतिकेन येतां
तुज्या चरणां कडेनः प्रभू ! हांव तुजे कडेन मागतां,
तुजे सावळेंत सुगुराय म्हाका.

तुवें जगाईक आनी मधाईक तारले,
सामके वायट पातकी आसून लेगीत;
हांव तुजे कडेन मागतां, म्हाकाय तसोच वाटाय.
हांव जाणां सगल्यांक तूं भाव म्हूण वेंगायता,
जाती भायल्यांक लेगीत,
सगल्यांच्या कानांत प्रभू हरीचें
जिणे उद्धाराचें नाम तूं पुटपुट्टा.

रात बरी जाल्ली. नबतखान्याचे कुडींत म एकटोच बशिल्लो. पुनवेची रात. मळब, न्हंय, बाग, देवळाचो कळस, रूख आनी पंचवटी सगलें चान्न्यांत न्हावन गेल्लें. सगल्याक शांतताय पातळिल्ली. गंगेचो गोड झुळझूळ आवाज मात शांततेचो भंग करतालो. म एकांतांत श्रीरामकृष्णांचें ध्यान करतालो.

फांतोडेर तीन वरांचेर म जाग्या वयल्यान उठलो. श्रीरामकृष्णांनी सुचयिल्ले प्रमाण तो पंचवटी वटेन वचूंक लागलो. मक आतां नबतखानो आवडनाशिल्लो. आनी ताणें आतां पंचवटीचेच खोंपींत रावपाचो विचार केल्लो.

अचकीत पयसुल्ल्यान एक आवाज आयकूंक आयलो. कोणतरी काळीज पिळवटून उलो मारता कसो. 'मधुसूदन दादा, तूं खंय आसा?' पुनवेची रात. चंद्रिमाचें चान्नें. पंचवटीच्या दाट रुखांतल्यान चान्नें झिरपत आशिल्लें. म आनीक फुडे गेलो. थोड्या अंतराचेर ताणें पळयलें, श्रीरामकृष्णांचो एक भक्त निर्जन सुवातेर एकांतांत बसून उलो मारीत आसा. ''मधुसूदन दादा, तूं खंय आसा?''

म स्तब्धपणान ताका पळयतालो.

अध्याय : बासठ

दक्षिणेश्वराक
अंतरंग भक्तांच्या सांगातान गुरूरुपी श्रीरामकृष्ण
प्रह्लाद चरित्र, श्रवण आनी भावावेश
स्त्रीसंग निंदा

डिसेंबर 15, 1883. शेनवार. म श्रीरामकृष्णांच्या सांगातान दक्षिणेश्वराक रावतालो. श्रीरामकृष्ण तांगेले कुडींत बसून प्रह्लादाचें चरित्र आयकताले. रामलाल *'भक्तमाल'* ग्रंथांतले प्रल्हादचरित्र वाचतालो. म जमनीर बशिल्लो. राखाल, लाटू आनी हरीश हेय कुडींत बशिल्ले. हाजरा व्हरांड्यांत आशिल्लो.

प्रह्लाद चरित्र आयकतां आयकतां श्रीरामकृष्ण भावाविश्ट जाले. हिरण्यकश्यपू दैत्यांचो राजा आनी प्रल्हादाचो वडील. पुतान ईश्वराची भक्ती करूं नये म्हणून ताणें आपल्या पुताचो अतोनात छळ केल्लो. पूण ईश्वरी कृपेन प्रह्लादाक जिवो मारपाचे राजाचे सगले यत्न फुकट गेले. निमणें, नरशिंवाचो अवतार घेवन ईश्वरान हिरण्यकश्यपूचो वध केलो. नरशिंवाची रूद्रमूर्त पळोवन आनी शींवनाद आयकून सगले देव भियेले आनी प्रलयकाळूच आयला अशें समजून ब्रह्मादीक देवांनी प्रह्लादाकूच नरशिंव देवा कडेन, ताका शांत करपाक धाडून दिलो. तो एकाद्र्या भुरग्या प्रमाण स्तवन करूंक लागलो आनी भक्त वत्सल भगवान मायेन प्रह्लादाचें आंग सांसपूंक लागलो. भावाविश्ट भावांतूच श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''आहा! आहा! कितलें हें भक्तांचेर प्रेम!'' श्रीरामकृष्ण समाधींत गेले. हालचाल बंद जाली. दोळ्यांच्या कडांनी प्रेमदुकां दिसतालीं.

समाधीचो उपशाप जाले उपरांत ते म कडेन उलोवंक लागले. ईश्वर प्राप्ती खातीर साधना करता आसतना जे स्त्रीसंग करतात तांचे विशीं श्रीरामकृष्ण क्रोध आनी घृणा उक्तायताले.

श्रीरामकृष्ण: लज दिसना? भुरगीं जालीं, परत स्त्रीसंग! वीट दिसना! जनावरां सामकीं. रगत, मांस, मलमूत्र ह्या सगल्याची घाण येना? जो परमेश्वराच्या पांयांचें

चिंतन करीत आसता ताका परमसुंदर स्त्री लेगीत चितेच्या भस्मा भशेन दिसता. जें शरीर उरपाचें ना-जाचे भितर कृमी, घाण, मांस आनी हाडां आसात त्याच शरिराचो आनंद घेवंक लज दिसना.

म कांयच उलयनासतना लजेन मान सकयल घालून बसलो. श्रीरामकृष्ण परत उलोवंक लागले. ''ज्या मनशाक ईश्वराच्या परमानंदाच्या प्रेमाचो एक थेंब लेगीत जर मेळ्ळा आसत, जर ताणें आस्वाद घेतला आसत, तर ताका कामिनी-कांचन सामकें तुच्छ दिसतलें. खडीसाकरेचें सरबत जाणें घेतलां ताका काकय कशी गोड लागतली? व्याकूळतायेन ईश्वराची प्रार्थना केल्यार, सदांच ताचें नामगूण गायल्यार मनशाक ईश्वराचें प्रेम मेळटा.''

श्रीरामकृष्ण प्रेमानंदांत मग्न जाले आनी कुडींत नाच करीत गावंक लागलेः

पवित्र गंगेचे देगेर कोण हरीचें नाम गायता काय.
स्वर्गीय आनंद दातो, निताई आयला काय?...

सकाळचीं धा वरां जाल्लीं. रामलालान काली देवळांतली कालीपुजा केली. जगदंबेच्या दर्शना खातीर श्रीरामकृष्ण कालीच्या देवळा कडेन गेले. तांचे बराबर म आशिल्लो. ते देवळांत गेले आनी श्रीरामकृष्ण मुर्तीच्या मुखार बसले. एक दोन फुलां मातेच्या चरणांचेर घालीं. मागीर तांणी स्वताच्या माथ्यार फुलां घालीं आनी ते ध्यानाक बसले.उपरांत ते पदांच्या रुपान मातेचें स्तवन करूंक लागलेः

शिव प्रिये,
हांवें आयकलां तुजें नांव, तूं आमची भंय निवारिणी,
आनी देखून हांव तुजेर सगलो भार घालतां.
म्हाका वाटाय, म्हाका वाटाय, मोगाळ माये!...

मागीर काली देवळांतल्यान परत येवन श्रीरामकृष्ण कुडीचे आग्नेय वटेचे पडवेर येवन बसले. देवळांत जो प्रसाद वांटिल्लो तो तांणी घेतलो. भक्तांनी तो प्रसाद घेतलो. राखाल श्रीरामकृष्णां लागीं बसलो. आनी स्मायलच्या Self-Help पुस्तकांतल्यान लॉर्ड अर्स्किना विशीं वाचलें.

निश्काम कर्म, पूर्ण ज्ञानी मनशाक ग्रंथ वाचप आवश्यक ना

श्रीरामकृष्णः (मक) पुस्तकांत कितें म्हणलां?

मः लॉर्ड अस्कीन फळाची आशा धरिनासतना कर्तव्य कर्म करतालो. निश्काम कर्म.

श्रीरामकृष्णः तें तर खुबूच बरें. पूर्ण ज्ञानी मनशाचें लक्षण अशें की तो एक लेगीत पुस्तक बराबर बाळगिना. ताचें सगलें ज्ञान जिबेर आसता. देखीक शुकदेव. पुस्तकांत साकर आनी रेंव एकठांय आसता. साधू साकर तितली घेता आनी रेंव भायर मारता. साधू आपरोस घेता.

संकिर्तनकार वैश्णवचरण आयले आनी तांणी भक्तीपूर्ण गितां गायलीं. म रातचो नबतखान्यांतूच न्हिदलो.

अध्याय : त्रेसठ

साधना
ईश्वरा कडेन सगलें सोंपयात

डिसेंबर 16, 1883. आयतार. श्रीरामकृष्ण म बराबर कुडीचे अस्तंते कडेन गोल पडवेर बशिल्ले. सकाळचीं धा जाल्लीं. कणेर, मोगरी, जुयो, गुलाब आनी हेर फुलांचो परमळ कूडभर परमळटालो.

श्रीरामकृष्ण म कडेन पळयत गीत म्हणटालेः

ए अमृतमय माते, तुवें म्हाका वांचोवं जाय! तुजे कडेन हांव
आलाशिऱ्याक येतां,
पांजऱ्यांत बंद केल्ल्या आधारा विरयत एक शेवणें कसो.
हांवें कितलेच असंख्य गुन्यांव केल्यात, आनी दिकाहीन जावन हांव
हेडत आसां,
मायेचे भुलावणेन फटवल्लों, ज्ञानाच्या उजवाडाक वंचीत जाल्लों,
पयस मेरेन भरकटिल्ल्या पाडकाची आवय कसो, कांय नाशिल्लों.

रामचिंतन
सीते सारकी व्याकूळताय

श्रीरामकृष्णः पूण कित्याक? पांजऱ्यांतल्या शेवण्या भशेन हांव कित्याक म्हणून जीण जगूं? शी! लज मरे!

श्रीरामकृष्ण अशें म्हणटात थंय आसात, ते भावसमाधींत गेले. शरीर, मन थीर

जालें. दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवंक लागलीं. थोडया वेळा उपरांत, तांणी म्हणलें, ''आई, म्हाका सीते भशेन जावं दी. सगल्याचो विसर पडूं दी. शरिराचो विसर, हातपांय, इंद्रियां, कित्याचेंच भान उरचें न्हय. फकत एक ध्यास, राम खंय आसा?''

भक्ताची देवा खातीर व्याकूळताय कशी आसता हें मक शिकोवपा खातीर श्रीरामकृष्णांनी सीतेची देख घेवं ना मूं? सीतेची जीण राममय. चिंतनांत सदांच मग्न. शरिराक लेगीत विसरता, जें शरीर सगल्यांक प्रीय आसता.

दनपारच्या चार वरांचेर, प्राणकृष्णाचे सोयरे, मुखर्जी आयले. तांचे बराबर एक ब्राह्मण इश्ट आशिल्लो. तो शास्त्रग्रंथांत निपूण आशिल्लो.

मुखर्जी: तुमकां मेळून म्हाका खूब आनंद जालो.

श्रीरामकृष्ण: ईश्वर सगल्यां भितर आसता. सगल्यां भितर तेंच भांगर. कांय कडेन तें चड प्रगट जालां तर कांय कडेन उणें. ईश्वर संवसारी मनशां भितर आसता. हाचे विशीं दुबाव ना. पुण तांचे भितर असो लिपला, मातये पोंदा भांगर लिपलां तसो.

मुखर्जी: महाराज, ऐहीक आनी पारलोकिकांत फरक कितें?

श्रीरामकृष्ण: ईश्वराचो साक्षात्कार जावपा खातीर यत्न करीत आसतना साधकान नेति, नेति - हें न्हय, हें न्हय करीत त्याग करचो पडटा. पूण ईश्वराचें दर्शन जाले उपरांत ताका कळटा, ईश्वरच सगलें कितें जाला.

रामाक वैराग्य प्राप्त जाले उपरांत, दशरथ चिंतेंत पडलो आनी तो रुशी वशिश्ठा कडेन गेलो आनी रामान संवसार त्याग करचो न्हय म्हूण ताणीं रामाक समजावचें अशी तांकां विनवणी केली. रुशी रामा कडेन आयले आनी राम उदास आसा अशें तांकां दिसलें.

राजकुंवराच्या काळजांत खर वैराग्याचो उजो पेटिल्लो. वशिश्ठांनी ताका म्हणलें, 'रामा, संवसाराचो त्याग कित्याक करता? संवसार कितें ईश्वर विरयत आसा? म्हजे बराबर तर्क विचार कर.' रामाक कळळें, संवसार त्या परब्रम्हा पसुनूच उत्पन्न जाला म्हणून. तो कांय उलयलो ना.

ज्या पदार्था पसून लोणी केलां त्याच पदार्था पसून ताक केलां. हें जाका खबर आसता ताका कळटा, ताकाचेंच लोणी आनी लोणयाचेंच ताक. एक म्हणलें की दुसरें आयलेंच. मोट्या यत्नान लोणी काडटकूच म्हणचे ब्रम्हज्ञान मेळटकूच मनशाक कळटलें, ताका बराबर लोणी आनी लोणया बराबर ताक आयलेंच. जंय लोणी आसा थंय ताक आसाच. ब्रम्ह आसा अशी जाणीव आसत्र तर जीव-जगत, चोवीस तत्वां लेगीत आसताच.

ब्रम्हज्ञानाचो एकमात्र उपाय

ब्रह्म म्हणचे कितें हें उतरांनी सांगपाक येवपाचें ना. सगल्यो वस्तू उश्ट्यो जाल्यात. जशें अन्न जिबेन चाखतकूच जाता तशें. पूण ब्रह्म म्हणचे कितें हें कोणाकूच आयज मेरेन तोंडान सांगपाक जमलें ना. ते अजून उश्टें जांवंक ना. हांवें हें विद्यासागराक सांगलें. हें आयकून तांकां आनंद जालो.

पूण विशयवासनेचो लवलेश लेगीत आसल्यार साधकाक ब्रम्हज्ञान जावपाचें ना. कामिनी-कांचना पसून मन जेन्ना सामकें मुक्त आसतलें तेन्नाच ताका ब्रह्मज्ञान मेळटलें. जिचो वडील गिरीराज, ताका पार्वतीन म्हणलें, 'बाबा, ब्रह्मज्ञान जर जाय तर साधूसंग करात.'

योगभ्रश्ट ज्ञाना उपरांतचो संवसार

श्रीरामकृष्णः (मुखर्जींक उद्देशून) तुमी इतले गिरेस्त, तरी लेगीत देवाच्या पांयां कडेन मन दवरतात हें खरेंच बरें. गीतेंत सांगलां, योगभ्रश्टच भक्त जावन गिरेस्ताच्या जल्माक येतात.

मुखर्जीन गीतेंतली वळ म्हणून दाखयली.

श्रीरामकृष्णः देवान मनांत हाडल्यार ज्ञानी मनशाक तो संवसारांत दवरूंक शकता. ताचेच इत्शेन हें सगलें जीव-जगत जालां. तो इत्सामयी आसा.

मुखर्जीः (हांसत) ईश्वराक आनी इत्सा कसली? ताका कितें कमी आसा?

जीव-जगत कितें मिथ्या?

श्रीरामकृष्णः (हांसत) पूण तातूंत दोश कसलो? थीर आसलें तरी उदक, ल्हारांय आसलीं तरी लेगीत उदकूच. सोरोप वेंटाळें घालून ओग्गी बसलो तरी सोरोप. नागमोडीं वळणां घेत वांकडो तिकडो गेलो तरी सोरोपूच. मनीस ओग्गी बसून आसतना जो मनीस आसता तोच मनीस काम करीत आसतना आसता. परम सत्या पसून जीव--जगत वेगळावन कशें जातलें? तुमी जर तशें करीत तर तें वजनांत कमी भरतलें. बेल फळाच्यो बियो, कट्टें वेगळायल्यार बेल फळाचें पुरायेन वजन जावचें ना.

ब्रह्म निर्लिप्त आसा. वाऱ्यांत बरो वायट वास येता. पूण वारो स्वता निर्लिप्त आसता. ब्रह्म आनी शक्ती अभिन्न आसात. ती आद्यशक्तीच जीव-जगत जाल्या.

समाधी लावाचो उपाय
क्रंदन. भक्तीयोग आनी ध्यानयोग

मुखर्जी: साधक योगभ्रश्ट कित्याक जाता?

श्रीरामकृष्ण: अशी म्हणणी आसा. हांव जेन्ना आवयच्या गर्भात आशिल्लों, तेन्ना योगांत आशिल्लों. जगांत आयले उपरांत हांवें माती खाल्या. नाळ कापली वैजिणीन पूण मायेची बेडी कोण तोडटलो? कामिनी-कांचनूच माया जावन आसा. ह्या दोगांयकूय मनांतल्यान काडून उडयतकूच मनशाक योग साधता. आत्मो-परमात्मो म्हणचे लोहचुंबक, जिवात्मो सूय कशी. परमात्मो जेन्ना आत्म्याक ओडून घेता तेन्ना योग साधता. पूण सूय जर मातयेन भरिल्ली आसत तर चुंबक तिका ओडूंक पावना. माती निवळ केली की सुयेक चुंबक ओडून घेतलोच. कामिनी-कांचनाची माती निवळ करूंक जाय.

मुखर्जी: ती कशी निवळ करपाची?

श्रीरामकृष्ण: ईश्वराच्या दर्शना खातीर व्याकूळतायेन रडात. त्या दुकांच्या उदकानूच माती धुवन वतली. हे प्रमाण खूब निर्मळ जातकूच चुंबक ओडून घेतलें. तेन्नाच योग साधतलो.

मुखर्जी: वा! कितलीं मोलादीक उतरां!

श्रीरामकृष्ण: देवा खातीर दुकां गळयल्यार - ताचें दर्शन जावं येता. योगांत परिपुर्णता जातकूच समाधी लागता. ईश्वरा खातीर रडटकूच कुंभक आपसूक साधता. ते उपरांत समाधी.

आनीक एक मार्ग आसा. ध्यानाचो. सहस्त्र कमळांत शिव खाशेले तरेन प्रगट जाता. ताचें ध्यान करचें. शरीर व्हडलें ताट. जशें मन, बुद्द तातूंतलें उदक. ह्या उदकांत त्या सच्चिदानंद सुर्याचें पडबिंब पडटा. त्या पडबिंबाचेर ध्यान करतां करतां खऱ्या सूर्यबिंबाचें, ईश्वराचे कृपेन दर्शन जाता.

साधूसंग करात आनी
ताका मुखत्यार पद दियात

संवसारी लोकांनी सदांच साधूसंग करपाची गरज आसा. सगल्यांकूच साधूसंग करपाची गरज आसा. संन्याश्यांक लेगीत. तरी पूण संवसारी मनशांक ताची चड गरज आसा. तांचो रोग तांचे भितर चडूच बळावला. कित्याक म्हणल्यार संवसारी मनशाक

कामिनी-कांचनाचे मदीं रावचें पडटा.

मुखर्जी: हय महाराज, रोगान ताचीं पाळां मुळां घट केल्यांत.

श्रीरामकृष्ण: देवाक मुखत्यार पद दियात. ताका जाय तें ताका करूं दी. तुमी माजराच्या पिलां भशेन व्याकूळतायेन ताका उलो मारात. माजर पिलांक ताका जाय थंय दवरता. त्या पिलांक कांय खबर नासता. तें केन्ना तांकां हांथरुणार दवरता तर केन्ना रांदचे कुडींत.

मुखर्जी: गीता सारके शास्त्रग्रंथ वाचप बरें.

श्रीरामकृष्ण: फकत वाचून कितें फायदो? कोणें दुदाचें नांव आयकलां, तर कोणें तें पळयलां, तर कोण दूद पियेला. ईश्वराचें दर्शन जावं येता. इतलेंच न्हय ताचे बराबर उलोवंक येता. पयलें सोपण आरंभक - सुरवात करपी. तो अभ्यास करता आनी आयकता, ते उपरांत साधक. ईश्वराक आळयता, ध्यानचिंतन करता. नामगूण गायता. तिसरें सोपण सिद्धाचें, साक्षात्कारी पुरूश. ताका अंतर्यामीं देवाचें दर्शन जालां. निमणें सोपण सिद्धांचो सिद्ध. देखीक चैतन्यदेव. असो देवा कडेन एक वेगळेंच नातें जोडटा. देवा कडेन केन्ना वात्सल्य भावान पळयता तर केन्ना मधूर भावान (मोग्या भशेन) पळयता.

म, राखाल, योगीन, लाटू आनी हेर भक्त दैवी साक्षात्काराचीं उतरां आयकून आजापीत जाले. मागीर मुखर्जी आनी ताच्या हेर इश्टांनी श्रीरामकृष्णांक प्रणाम केलो आनी ते निरोप घेवपाक उठले. श्रीरामकृष्णय तांकां आदर दाखोवपाक उठले.

मुखर्जी: (हांसत) तुमीय उठपाचें वा बसपाचें?

श्रीरामकृष्ण : (हांसत) तातूंत कितें लुकसाण आसा? उदक थीर आसलें तरी उदक आनी हाल्लें तरी उदकूच. हांव वाऱ्यान पडिल्ल्या पाना भशेन. वारो त्या पानाक ताका जाय थंय व्हरता. हांव यंत्र आनी ईश्वर यंत्री.

श्रीरामकृष्णांचें दर्शन आनी वेदांतल्या गुपीत गजालींचेर भाश्य

मुखर्जी आनी ताचे इश्ट थंयच्यान गेले. म विचार करतालो. वेदान्त मता प्रमाण सगलें सपन कशें. मागीर जीव, जगत, अहंपण हें सगलें मिथ्या?

मन थोडोसो वेदान्ताचो अभ्यास केल्लो. ताणें जर्मन तत्वज्ञ, कांट आनी हेगेल वाचिल्ले-जांचें लिखाण म्हणल्यार वेदान्ताचो हय न्हयसो प्रतिध्वनीच.

पूण श्रीरामकृष्णांनी ज्ञान काय सादारण पंडिता भशेन तर्क विचार करून मेळोवंक नाशिल्लें. तांकां साक्षात जगन्मातेन सत्याचें दर्शन करून दिलां. मच्या मनांत हेच विचार घोळटाले.

थोड्या वेळा उपरांत श्रीरामकृष्ण म बराबर एकटेच अस्तंते कडले गोल पडवेर उलयताले. आनी कोणच थंय नाशिल्लो. शिंयाळ दिसांतली दनपार. सूर्य अजून अस्ताक वचूंक नाशिल्लो.

म: जग कितें मिथ्या?

श्रीरामकृष्ण: तें मिथ्या कित्याक? जग, सत्य काय मिथ्या ह्यो सगल्यो तत्वीक विचार करपाच्यो गजाली.

पयलीं वेदान्ता प्रमाण मनीस जेन्ना नेति नेति करता आनी ताका समजून येता, ब्रह्म जीव न्हय, जगत न्हय, चोवीस तत्वां न्हय. हें सगलें ताका सपन कशें दिसता. मागीर जें न्हयकारलां तें खरें दिसपाक लागता आनी ताका कळटा, ईश्वरूच स्वता जीव-जगत जाला.

समजा तुमी सोपणांनी माळयेर वतात. जों मेरेन माळयेची तुमकां जाणीव आसा तों मेरेन सोपणांचीय आसतलीच. जांकां उंचायेची जाणीव आसा तांकां खोलायेचीय जाणीव आसतलीच. पूण वयर माळयेर चडटकूच कळटा, ज्या जिनसां पसून माळी तयार केल्या त्याच जिनसां पसून जशें विटो, चुनो, माती हांचे पसून सोपणां केल्यांत. आनी बेल फळाची देख तर हांवें तुमकां दिल्लीच आसा. एकूच सत्य स्थीर आसा आनी अस्थीरय आसा.

अहंपण पयस करूंक जायना. जों मेरेन 'हांव' ची जाणीव आसा तों मेरेन जीव-जगाचो बोध आसतलोच. परमेश्वराचो साक्षात्कार जाले उपरांत कळटा, तोच जीव-जगत जाला पूण तर्क विचार करून हें समजना.

शिवाच्यो दोन अवस्था आसात. पयली समाधी अवस्था. हे अवस्थेंत तो महायोगांत आसता तेन्ना तो आत्माराम, आत्मसुखांत आसता. दुसरे अवस्थेंत तो समाधींतल्यान जाणीव अवस्थेंत येता आनी हे अवस्थेंत थोडोसो अहंपण बाळगिता. तेन्ना तो राम, राम, म्हणीत नाच करता.

शिवाचे अवस्थेचें वर्णन करून श्रीरामकृष्ण स्वताच्योच अवस्था अप्रत्यक्षपणान सांगताले. सांज जाल्ली. श्रीरामकृष्ण जगन्मातेचें नामस्मरण करीत, चिंतन करीत आशिल्ले. भक्तमंडळी निर्जन सुवातेर वचून तांगेले इश्ट देवतेचें ध्यान करूंक लागली. देवस्थानांत, कालीमंदिरांत, श्रीराधाकांताच्या देवळांत तेच प्रमाण शिवाच्या देवळांत

आरती जावंक लागल्यो.

आयज कृष्ण पक्षांतली द्वितीया. थोड्या वेळान चंद्रिमाचो उदय जालो. ताचो उजवाड देवळाच्या कळसाचेर, रुखांचेर, फुलांचेर, गंगेच्या खळखळ व्हांवपी उदकाचेर पडून सगलो वाठार चान्न्यांत न्हावन गेलो. श्रीरामकृष्ण तांगेले कुडींत पलंगाचेर बशिल्ले आनी म जमनीर बशिल्लो. वेदान्ता विशीं उलोवप सुरू जालें.

श्रीरामकृष्णः (मक) जग मिथ्या कित्याक म्हणून? तत्वज्ञान्याचीं तीं तर्कटां. ईश्वराचो साक्षात्कार जाले उपरांत कळून येता, ईश्वर स्वताच जीव-जगत सगलें कितें जाला.

जगन्मातेन म्हाका काली मंदिरांत दाखयलें, तीच सगलें कितें जाल्या. तिणें दाखयलें, सगलें कितें चैतन्यमय आसा. - मूर्त चैतन्यमय - वेदी चैतन्यमय - पडगो - चिपट सगलें चैतन्यमय - दाराची चौकट चैतन्यमय, संगमरी जमीन चैतन्यमय - सगलें कितें चैतन्ममय.

कुडीचे भितर पळयलें तर सगलेंच सच्चिदानंद रसांत थपथपलां. कालीमंदिरा मुखार हांवें एक दुश्ट मनीस पळयलो. पूण ताचे भितर जगन्मातेची शक्तीच कंपन करीत आसतना दिसली.

देखून जगन्मातेचो अन्नाचो निवेद्य माजराकूच खावंक घालो. म्हाका दिसलें, जगन्माताच सगलें कितें जाल्या. - माजर लेगीत! तेन्ना देवळाच्या कारभाऱ्यान मथूरबाबूंक पत्र बरोवन कळयलें, पुजारीबुवा जगन्मातेचो निवेद्य माजराक खावंक घालता म्हणून. मथूरबाबूंक म्हज्या मनाची अवस्था खबर आशिल्ली. तांणी परत बरोवन कळयलें. ते जें कितें करतात तें तांकां करूं दी. तांकां कोणेंच कितें म्हणचें न्हय. ईश्वराचो लाव जाले उपरांत हें सगलें बरे तरेन समजूंक लागता. तोच जीव-जगत, चोवीस तत्वां जाला. तरीपूण ईश्वरान अहंपण सामको पुसून उडयलो तर मागीर जें कितें उरता तें तोंडान सांगपाक येवपाचें ना. रामप्रसादान एका गितांत म्हणलां ते प्रमाण, 'तेन्नाच तुका कळटलें, तूं बरो काय हांव बरो तें.' मदीं मदीं ती अवस्था लेगीत म्हजी जाता. विचारान एके तरेचें दिसता आनी जेन्ना ईश्वरूच स्वता दाखयता त्या वेळार आनीक एक वेगळेच तरेचें दिसता.

अध्याय : चवसठ

जिवनाचें ध्येय – ईश्वर दर्शन; उपाय : प्रेम

डिसेंबर 17, 1883. सोमार. सकाळचीं आठ वरां जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण तांचे कुडींत बशिल्ले. म तांचे बराबर आशिल्लो. दोतोर मधू आशिल्लेच. आनी श्रीरामकृष्णां लागीं त्याच पलंगाचेर बशिल्ले. ते जाणटे मनीस आनी सभावान मोटे विनोदी. श्रीरामकृष्णांची प्रकृती बरी नासताली तेन्ना ते येवन वताले.

श्रीरामकृष्ण: थोडे भितर सांगपाचो मुखेल मुद्दो असो की त्या सच्चिदानंदाचेर खर मोग करपाक जाय. कसलो मोग? ईश्वराचेर मोग कशे तरेन करपाचो? गौरी पंडीत म्हणटाले, रामाक समजूंक जाय जाल्यार भगवती, जगन्माता जावंक जाय. पार्वतीन शिव मेळचो म्हणून जशी कठोर तपस्या केली तशी तपस्या करूंक जाय. पुरुशाक जाणा जावपाक प्रकृतीभाव आपणावंक जाय. सखीभाव म्हणात वा दाशीभाव म्हणात वा मातृभाव म्हणात.

म्हाका सीतेचें दर्शन जाल्लें. हांवें अशें पळयलें की तिगेलें सगलें मन रामा कडेन लागलां. हातपांय, वस्ती कित्याच कडेन कसलेंच लक्ष ना. तिगेली सगली जिणूच राममय जाल्या. तिचो राम नासल्यार रामाच्या विरहांत प्राण शरिरांत रावप सामकें अशक्य.

म: खरें आसा महाराज. रामा खातीर ती मोगान पिशीच जाल्या कशी.

श्रीरामकृष्ण: पिशी! खरें. हें योग्य उतर. ईश्वराचो साक्षात्कार जातलो जाल्यार मनशान ईश्वराच्या मोगान पिसो जावंक जाय.

कामिनी-कांचनाचेर मन आसल्यार तसलो मोग जावप शक्य ना. कामिनी सयत रमून वचप – कसलें सूख आसा तातूंत? ईश्वर दर्शन जाल्यार त्या सुखा परस कोटी पटीन चड सूख मेळटा. गौरी पंडीत म्हणटाले, ईश्वराचो परमानंद जेन्ना मेळटा, तेन्ना

शरिरा वयलीं सगलीं छिद्रां - केंसांची मुळां लेगीत म्हायोनी जातात. - आनी छिद्रां कणकणी साधकाक तांचो आत्म्या कडेन घडिल्ल्या एकवटाच्या आनंदाचो अणभव येवंक लागता.

पूर्णज्ञानीच गुरूपदवेक योग्य

श्रीरामकृष्णः व्याकूळतायेन देवाक उलो मारूंक जाय. ईश्वराचो साक्षात्कार कसो करून घेवचो हें गुरू कडच्यानूच शिकूंक जाय. गुरू स्वता पूर्णज्ञानी आसत तरूच मार्ग दाखोवंक पावतलो. पूर्णज्ञान जातकूच मनशाच्यो सगल्यो वासना ना जावन वतात. पांच वर्सांच्या भुरग्या भशेन ताचो सभाव जाता. दत्तात्रय आनी जडभरत हांचो सभाव भुरग्या भशेन जाल्लो.

मः हय महाराज. हे लोकांक खबर आशिल्ले पुरूश. आनीक कांय हांचे सारके कितलेशेच ज्ञानी जावन गेल्यात. लोकांक तांची खबर ना.

श्रीरामकृष्णः हय. ज्ञानी मनशाच्यो सगल्यो वासना ना जावन वतात. एकाद्री उरली जाल्यार लेगीत तिचे पसून ताका त्रास जायना. परिसाचो स्पर्श जाले उपरांत तरसादीचें भांगर जाता. मागीर ते तरसादीन मारपाचें काम जावप शक्य ना. तेच प्रमाण ज्ञानी मनशांच्या कामक्रोधाचो फकत दाखोवपाचो आकार तितलो उरता, पूण तो नांवा पुरतोच आसता. ताका लागून कांयच वायट घडना.

मः तुमी सांगतात ते प्रमाण ज्ञानी मनीस तिनूय गुणांचे पलतडीं आसता. सत्व, रज आनी तम ह्या खंयच्याच गुणांचे आधीन तो नासता. हे तिगूय डाकूच कशे आसात.

श्रीरामकृष्णः हय. तांकां मनशान पचोवंक जाय.

मः म्हाका दिसता ह्या जगांत घडये पूर्ण ज्ञानी तीन चार आसत.

श्रीरामकृष्णः अशें कित्याक म्हणटा तूं? उत्तर हिंदुस्थानांतल्या मठांनी कितलेच साधू संन्याशी दिश्टी पडटात.

मः हय. तसलो संन्याशी हांव लेगीत जावंक शकतां.

हें आयकून श्रीरामकृष्ण म कडेन बरोच वेळ एका सारके पळोवंक लागले. आनी तांणी म्हणलें, ''सगल्याचो त्याग करून.''

मः मायेचो त्याग केले बगर मनीस कितें मेळोवंक शकता? मायेचेर जैत मेळयलें ना जाल्यार फकत संन्याशी जावन कितें उपेग?

दोगय जाण थोडो वेळ शांत बसून रावले.

त्रिगुणातीत भक्त बाळकूच कशे

म: महाराज, त्रिगुणातीत भक्ती, ईश्वरी प्रेम कशें आसता?
श्रीरामकृष्ण: हें प्रेम मेळयले उपरांत भक्तांक सगलें चिन्मय आनी चैतन्यमय दिसूंक लागता. कृष्ण चैतन्यमय. ताचें धाम चैतन्यमय, भक्त लेगीत चैतन्यमय. सगलेंच चैतन्यमय. अशी प्रेम-भक्ती थोड्याच लोकांक मेळटा.
दोतोर मधू: (हांसत) त्रिगुणातीत भक्ती म्हणल्यार भक्त खंयच्याय गुणांच्या आधीन नासतात.
श्रीरामकृष्ण: (हांसत) हय. तशेंच तें. तो पांच वर्सांच्या भुरग्या भशेन, खंयच्याच गुणांच्या आधीन नासता.

दनपारच्या जेवणा उपरांत श्रीरामकृष्ण विसव घेताले. मणिलाल मल्लीक थंय आयले आनी तांणी तांकां प्रणाम केलो. श्रीरामकृष्ण पलंगाचेर न्हिदिल्ले आसतनाच मणि कडेन गजाली करताले.
मणि मल्लीक: तुमी केशव सेनाचे खबरेक गेल्ले म्हणून आयकलां.
श्रीरामकृष्ण: हय. आतां कशे आसात?
मणि मल्लीक: कांयच सुधारणा जावंक ना म्हणल्यार जाता,
श्रीरामकृष्ण: ते चडच राजसीक कशे दिसले. तांची भेट जावपाक बरोच वेळ बसचो पडलो म्हाका.

श्रीरामकृष्ण उठून कोचार बसले आनी ते भक्तां कडेन उलोवंक लागले.
श्रीरामकृष्ण: (मक) रामा खातीर हांव सामको पिसो जाल्लों. एंका संन्याश्यान दिल्ली रामलालाची मूर्त घेवन भोंवत आसतालों. ताका न्हाणयतालों, जेवंक खावंक घालतालों, न्हिदयतालों. जंय जंय वतालों, थंय थंय ताका बराबर घेवन वतालों रामलालाच्या ध्यासान हांव सामको पिसो जाल्लों.

अध्याय : पांसठ

दक्षिणेश्वराक भक्तांच्या सांगातान
दक्षिणेश्वराक म

डिसेंबर 18, 1883. मंगळार. श्रीरामकृष्ण आपल्या भक्तां बराबर आपले कुडीत बशिल्ले. तांणी देवेंद्रनाथ ठाकूर हांचे ईश्वराचे भक्ती विशीं, तांच्या वैराग्या विशीं खूब तुस्त केली आनी राखालाक आनी तरणाट्या भक्तांक लेखून ते उलयले, ''देवेंद्र खूब बरो मनीस पूण संवसारांत मात लेगीत पडनासतना ल्हानपणा सावन शुकदेवां भशेन त्यागी आनी रात दीस ईश्वराच्या चिंतनांत मग्न आसता. असले तरणाटे वैराग्यवान धन्य आसात.

संवसारी मनशा भितर एक ना एक वासना आसताच. तरी बऱ्याच वेळा देवा विशीं भक्तीय आसता. एक खेपो मथूरबाबू एका मुकदम्यांत घुसपले. कालीमंदिरांत तांणी म्हाका सांगलें, 'महाराज, जगन्मातेक हें फूल अर्पण करात.' आनी हांवें लेगीत दुबाव विरयत तें अर्पण केलें. पूण मथूरबाबूचो इतलो विश्वास की हांवें तें फूल अर्पण करतकूच तांचें काम जातलेंच जातलें.

रतीचे आईची केदी भक्ती. चड करून सदांच हांगा येताली आनी म्हजी सेवा करताली. ती वैश्णव आशिल्ली. कांय दिसां उपरांत तिणें पळयलें, हांव कलीमातेचो प्रसाद खातां. म्हणून तिणें येवप बंद केलें. तिची देवा विशीं भक्ती एकतर्फी. एक खेपो मेळून मनशाची पारख करपाक जायना.''

शिंयाळ्या दिसांतली सकाळ. श्रीरामकृष्ण तांगेले कुडीचे उदेंते कडेन दारा लागीं बशिल्ले. आंगार गरम शाल घेतिल्ली. तांणी सुर्या कडेन पळयलें आनी ते अचकीत समाधींत गेले. तांची दोळ्यांची हालचाल बंद जाली आनी ते जगाचें भान विसरले. बऱ्याच वेळा उपरांत समाधी देंवली आनी ते भानार आयले. राखाल, हाजरा, म

आनी हेर भक्त तांचे लागींच बशिल्ले.

श्रीरामकृष्णः (हाजराक लेखून) समाधी अवस्था प्रेम स्फुर्तीक लागुनूच जाता. एक खेपो श्याम बाजारांत नटवर गोस्वामी कडेन संकीर्तन चलतालें. थंय कृष्णाचें आनी गोपींचें दर्शन जालें. म्हाका अशें दिसलें की म्हजें सुक्ष्म शरीर श्रीकृष्णाच्या पावलार पावल घालून भोंवत आसा.

जोडाशंकोचे हरीसभेंत अशेंच संकीर्तन चालू आसतना म्हाका समाधी लागली. त्या दिसा तांकां भंय दिसलो, हांव देहाचो त्याग करतां म्हणून.

श्रीरामकृष्णांचें न्हावन जाले उपरांत ते परत गोपीं प्रेमा विशीं उलोवंक लागले. तांणी मक आनी हेर भक्तांक सांगलें, ''गोपींची फकत ही प्रेमाची ओड घेवची म्हणचे जालें.'' हीं पदां म्हणत रावः

इश्टिणी, सांग म्हाका, कुंजवन कितलें पयस आसा
जंय कृष्ण, म्हजो मोगी, रावता?
ताचो सुंगध म्हाका हांगा लेगीत येता;
पूण म्हाका आतां पुरो जालां आनी म्हज्यान आनीक चलूंक नजं जालां...

परतेंय तांणी गायलें :

इश्टिणी, हांव घरा वचनां,
कारण थंय कृष्णाचें नांव घेवप कठीण जालां...

श्रीरामकृष्णांनी राखाला खातीर सिद्धेश्वरी देवीक आडसर आनी साकर दिवपाची आंगवण केल्ली. तांणी मक विचारलें, तो पयशे दितलो काय म्हणून.

दनपरां श्रीरामकृष्ण, राखाल, म आनी हेर भक्तांक घेवन कलकत्तांतल्या सिद्धेश्वरी देवीक गाडी करून वचपाक भायर सरले. वाटेर तांणी आडसर आनी साकर घेतली. देवळांत पावले उपरांत श्रीरामकृष्णांनी भक्तांक सांगून आडसर आनी साकर जगन्मातेक दिलें. थंय तांणी पळयलें, थंयचे पुजारी तांगेल्या इश्टां बराबर देवी मुखार इस्पिकांनी खेळटाले. तें पळोवन श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''देवळांत इस्पिको खेळटात! हांगा ईश्वराचें चिंतन करपाचें!''

थंयच्यान ते मागीर यदू मल्लीकाच्या घरा गेले. यदूबाबून शानबाज पोशेग केल्लो.

तुस्त करपी लोकांच्या घोळक्यांत ते बशिल्ले. तांणी श्रीरामकृष्णांक येवकार दिलो.

श्रीरामकृष्णः (हांसत) तुमी ह्या इतल्या भाटांक, तोंडपुज्यांक तुमचे भोंवतणीं कित्याक दवरतात?

यदूः (हांसत) तुमी तांचो उद्धार करचो म्हणून. (हांसतात.)

श्रीरामकृष्णः तोंडा पुरती तुस्त करपी अशें समजतात की गिरेस्त लोक तांगेले तिजोरेचें दार तांकां उगडून दितले म्हणून. पूण ह्या गिरेस्तां कडच्यान पयसो सुटपाचो ना. एक खेपो कोल्यान एका बैलाक पळयलो. ते उपरांत कोलो ताचो सांगात कसोच सोडिना. बैल जंय चरता, थंय कोलोय ताचे फाटल्यान वचपाक लागलो. कोल्याचो विचार असो, बैलाचो अंडकोश लांबता तो केन्ना ना केन्ना सकयल पडटलो आनी हांव तो खातलों. बैल केन्ना न्हिदतालो, कोलोय लागींच न्हिदतालो. बैल उठून तण चरत भोंवूंक लागलो की कोलोय फाटल्यान फाटल्यान भोंवतालो. अशे खूब दीस गेले पूण अंडकोश काय पडना. बैलाचो अंडकोश ताच्या शरिराक चिकटून आशिल्लो. निमणें निराश जावन कोलो थंयच्यान नाच्च जालो. (सगले जाण हांसले.) तोंडापुरती तुस्त करपी लोकांची हीत गत जाता.

यदूबाबून आनी ताचे आवयन श्रीरामकृष्णांक आनी तांच्या भक्तांक अल्पोहार दिलो.

अध्याय : सांसठ

बेलाच्या रुखा सकयल आनी पंचवटींत

डिसेंबर 19, 1883. बुधवार. सकाळचीं 9 वरां जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वरा कडल्या बेलाझाडा लागीं म कडेन उलयताले.

हो रूख देवळाचे बागेंतले उत्तरेक उबो आशिल्लो. श्रीरामकृष्णांनी ह्या रुखा सकयल खर साधना केल्ली, ताचे उत्तरेक एक उंच वणत आशिल्ली आनी ताचे भायर सरकारी शस्त्रागर आशिल्लें.

बेलरुखाचे अस्तंतेक उंच सुरूच्या झाडांची रांग आशिल्ली जीं सळसळ आवाज करतालीं. रुखा सकयल गंगा व्हांवताली. दक्षिणेश्वरा कडेन तपोभुमी पंचवटी दिश्टी पडटाली. दाट झाडां झुडपां चोंय वटेन आशिल्ल्यान देवळां दिसनाशिल्लीं. भायल्या जगाचो बोवाळ बेलझाडा मेरेन पावनाशिल्लो.

श्रीरामकृष्णः (मक) पूण कामिनी-कांचनाचो त्याग केले बगर ईश्वराचो साक्षात्कार जावपाचो ना.

मः कित्याक म्हणटात अशें? वशिश्ठदेवांनी रामाक सांगलें ना, रामा, संवसार ईश्वरा पसून वेगळो आसतलो तेन्नाच न्हय तूं तो सोडटलो?

श्रीरामकृष्णः (हांसत) तांणी तशें म्हणिल्लें तें रावणाचो नाश करपा खातीर. तशें सांगलें म्हणुनूच राम संवसारांत रावलो. लग्न करून अवतार कार्य केलें.

म एकाद्र्या लांकडी पुतळ्या भशेन कांयच उलयनासतना उबोच रावलो. तितलें उलोवन श्रीरामकृष्ण आपले कुडींत परत वचपा खातीर पंचवटीचे वटेन चलत रावले. म तांचे फाटल्यान गेलो. धा वरां जाल्लीं.

निराकार साधना खूब कठीण

मः महाराज, निराकाराचो साक्षात्कार करून घेवपा खातीर कांयच साधन ना काय?
श्रीरामकृष्णः आसा तर! पूण तो मार्ग खुबूच कठीण. पयलींच्या काळांत रुशी खर तपस्या करून अंतर्यामीं ईश्वराचें ज्ञान करून घेताले आनी ब्रह्म म्हणचे कितें ताचो अणभव घेताले. पुण कितले कश्ट घेताले ते! सामके फांतोडेर तांगेल्यो रावतात त्यो सुवातो ते सोडटाले. सगलो दीस तपाचरणांत आनी ध्यानांत घालयताले. तिनसांज जातकूच परत घरा येताले. ते उपरांत कंदमुळां खावन दीस काडटाले.

पूण विशय बुद्दीचो लवलेश जरी आसलो तरी हे साधनेंत येस मेळपाचें ना. रूप, रस, गंध, स्पर्श आनी नाद हे विशय मनांत कूसभर लेगीत उरपाक जायनात. तेन्नाच मन शुद्ध जातलें. असलें शुद्ध मन आनी शुद्ध आत्मो एकूच. ते खातीर मनांत कामिनी-कांचनाक मात लेगीत सुवात उरूंक जायना. मन अशे रितीन शुद्ध जाल्यार आनीक एक गजाल अणभवाक येता. साधकाक समजून येता, ईश्वरूच करतो आनी आपूण ताचें साधन. सुख-दुख्खांच्या वेळार दुसऱ्यांचें हांव नासल्यार अडटलें, म्हजे बगर तांचें जावचें ना अशें ताका दिसना. एक खेपो एका मठवाशी साधूक एका इश्टान येतिश्ट मारलो. ते खातीर तो बेशुद्ध जालो. तो साबुद्दीर येतकूच ताच्या इश्टांनी ताका विचारलें, तुका दूद कोण घालता सांग पळोवया? ताणें जाप दिली - जाणें म्हाका मारलो तोच म्हाका आतां दूद घालता.
मः ही गजाल खबर आसा म्हाका महाराज.

थीर समाधी आनी उन्मनी समाधी

श्रीरामकृष्णः फकत जाणा जावन उपेगाचें ना. ताचो अर्थ पचोवंक जाय. ताचे बराबर तादात्म्य जावंक जाय. विशय चिंतन मनाक समाधीमग्न जावंक दिना. विशयबुद्द पूर्णतायेन ना जातकूच मन समाधींत स्थापीत जाता. असले थीर समाधींत म्हज्यान देहत्याग करूं येतां. पूण ईश्वराची भक्ती आनी ताच्या भक्तांचो सांगात भोगपाची म्हाका थोडी वासना आसा. म्हणून तर हांव शरिरा कडेन थोडें लक्ष दितां.

आनीक एक समाधीची तरा आसा. तिका उन्मनी म्हणटात. चोंय दिकांनी पातळिल्लें मन एकदम एकठांय हाडून ती समाधी मेळोवं येता. कशी ती कळ्ळी तुका. कळ्ळी न्हय?

म: हय महाराज.

श्रीरामकृष्ण: पातळिल्लें मन एका बराबर अचकीत एके सुवातेर हाडपाचें, पूण ही समाधी चड वेळ तग धरूंक शकना. विशय चिंतन मदीं येवन तिचो भंग जाता. योग्याचो योग भंग पावता.

कामारपुकूराक वणटींत बीळ करून मुंगुसां रावतात. त्या बिळांनी तीं सुशेगाद रावतात. थंय तांकां बरी ऊब मेळटा. केन्ना केन्नाय लोक मुंगुसाचे शेंपडेक वीट बांदतात. ते खातीर ते विटेच्या वजनान तें तागेल्या बिळा भायर येता. जेन्ना जेन्ना तें त्या बिळांत वचून सुसेगाद रावपाचें थारायता तेन्ना तेन्ना ताका विटेच्या वजनान भायर येवचें पडटा. विशयचिंतन लेगीत अशेंच योग्याक योगभ्रश्ट करता.

विशयी लोकांक मदीं मदीं समाधीचो अणभव येता. सूर्य उदेतकूच साळीक फुलता खरें, पूण कुपां आड सूर्य वतकूच साळकाच्यो पाकळ्यो बावून वतात. विशय विचार हें कूप कशें.

म: अध्यात्मीक साधना करतकूच ज्ञान आनी भक्ती दोनय मेळूं येतात?

श्रीरामकृष्ण: भक्तीच्या मार्गान हीं दोनय मेळूं येतात. गरज लागल्यार ईश्वर ताका ब्रह्मज्ञान दिता. साधक उच्च दर्ज्याचो आसल्यार ताका ज्ञान आनी भक्ती एकाच वेळार मेळूं येतात. ईश्वर-कोटी आसतात. तांचें अशेंच आसता. देखीक चैतन्यदेव. पूण सामान्य भक्तांची तरा वेगळी.

उजवाडाचे प्रकार पांच-दिव्याचो उजवाड, तरेतरेच्या उज्याचो उजवाड, आनी निमणें चंद्रिमाचो उजवाड, आनी सुर्याचो उजवाड. ह्या दोगांयचो मेळून उजवाड. भक्ती हो चंद्रिमाचो उजवाड आनी ज्ञान हो सुर्याचो.

केन्ना केन्नाय सूर्य अस्ताक वता म्हणसर चंद्रीम मळबांत उदेता. ईश्वराच्या अवतारांत एकाच वेळार ज्ञानसूर्य आनी भक्तीचो चंद्रीम पळोवंक मेळटा. ज्ञान आनी भक्ती दोनय एकाच वेळार कितें प्रत्येकाक इत्सा केले बराबर मेळूं येता? तें मनशाचेर निंबून आसता. कांय कोंड्यांची पोकळसाण खूब व्हडली आसता, कांय कोंड्यांची सामकी उणी. ईश्वर कसो आसा हें सगलेच जाण आकलन करूंक शकतात? एका शेराच्या आयदनांत पांच शेर दूद कशें जातलें?

म: पूण ईश्वराचे कृपे विशीं कितें? ताची कृपा आसल्यार उंट लेगीत सुयेच्या नेड्यांतल्यान वता.

श्रीरामकृष्ण: पूण ईश्वराची कृपा कितें अशीच मेळटा? भिकाऱ्यान पयसो मागलो तर तो ताका मेळटलो पूण ताणें सरळ रेलगाडयेचें भाडेंच मागलें जाल्यार तें कशें जातलें?

म कांयच उलय नासताना उबोच रावलो. श्रीरामकृष्ण लेगीत ओगीच रावले.

मांगीर अचकीच तांणी म्हणलें, ''हय, खरें आसा तें. ईश्वराची कृपा जाल्यार कांय जाणांक दोनय, ज्ञान आनी भक्ती मेळूं येता.''

मन श्रीरामकृष्णांक प्रणाम केलो आनी तो बेलाझाडा कडेन परत गेलो.

दनपार जाली. म अजून परत येवंक नाशिल्लो. श्रीरामकृष्ण बेलाझाडा कडेन वचपाक लागले. पंचवटीक पावतकूच तांकां म आपले प्रार्थनेचें आसन आनी उदकाचें आयदन व्हरतना दिसलो. मन श्रीरामकृष्णांक नमस्कार केलो.

श्रीरामकृष्णांनी मक म्हणलें, ''तुका सोदपाकूच हांव येतालों. इतलो उशीर जालो म्हणटकूच दिसलें, तूं वणत चडून पळून गेलो आसतलो. आयज सकाळीं हांवें तुका पळयलो आनी मातसो हुसको दिसलो आनी मनांत आयलें चड करून नारायण शास्त्री भशेन तुवें पळ काडला आसतलो. मागीर मनांत आयलें, 'ना, तो पळून वच्चो ना. कितेंय करचे पयलीं तो खूप विचार करून पावल घालतलो.''

तेच राती श्रीरामकृष्ण म, राखाल, लाटू, हरीश आनी हेर भक्तां बराबर उलयले.

श्रीरामकृष्णः (मक) कांय लोक वृंदावनांतले कृष्णाचे रासलिले संबंदीं अध्यात्मीक अर्थ लायतात. तुका कितें दिसता हे विशीं?

मः तरातरांचीं मतां आसात. आसलीं म्हणून कितें जालें? तुमी आमकां भीश्मदेव शरपंजरीं पडिल्ले आसतना ते रडटाले, ती गजाल सांगल्या. ते रडले कित्याक? ईश्वराची लिला तांकां मात लेगीत कळना म्हणून. तशेंच तुमी हनुमाना विशीं सांगलां. हनुमान म्हणटालो, 'म्हाका वार, तीथ, नखेत्र हें सगलें कांयच समजना. फकत रामाचें चिंतन करप म्हाका खबर आसा.'

तुमी अशेंय म्हणलां, 'निमणें दोनूच गजालीं बगर आनीक कांयच ना. ब्रह्म आनी ताची शक्ती.' तुमी अशेंय म्हणलां, 'ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत ह्यो दोनय परत एकूच असो बोध जाता. अद्वितीय एकमेव वस्तू.'

श्रीरामकृष्णः हय, खरें आसा. तुजें ध्येय ते मोखी कडेन पावपाचें, मागीर ते मोखी कडेन पावपा खातीर कांट्याकुट्यांनी भरिल्ल्या रानांतल्यान वचून मेळूं वा सरळ रस्त्यान वचूंन मेळूं. जायते मार्ग आसात. नांगटा एक मजेदार गजाल सांगतालो. तो म्हणटालो, तरातरांच्या मतां खातीर साधूंक मेजवानी दिवंक मेळ्ळी ना. एक खेपो संन्याश्यां खातीर मेजवानी दिवपाचें थारायलें. वेगळ्या वेगळ्या संप्रदायांच्या साधूंक आफयिल्ले. प्रत्येक जाण म्हणूंक लागलो, तागेल्या संप्रदायाक पयलीं जेवण दिवचें

म्हणून. निर्णय कांय जायना जालो. निमणें सगले जाण आयले तशेच रिकाम्या पोटार गेले आनी अन्न वेश्यांक वाडचें पडलें.

म: तोतापुरी खरेंच महान सत्पुरूश

श्रीरामकृष्ण: पूण हाजरा तर म्हणटा की ते सरसामान्य मनीस. पूण वितंडवाद करपांत अर्थ ना. प्रत्येक जाण म्हणटा, म्हजीच घडयाळ सारकीं वरां दाखयता. जाणा, नारायण शास्त्री भितर खूब वैराग्य उत्पन्न जाल्लें. व्हडलो पंडीत, बायलेचो त्याग केलो आनी खंयतरी काडून गेलो. कामिनी-कांचनाक मनांतल्यान पूर्णतायेन काडून उडयतात तेन्नाच योग साधतलो. कांय जाणां भितर योग्याचीं लक्षणां स्पश्ट दिसतात.

तुका शटचक्रां संबंदीं थोडेशें सांगपाचें आसा. योगी शटचक्रांतल्यान वता आनी ईश्वराचे कृपेन ताका ताचो साक्षात्कार जाता. शटचक्रां विशीं तुवें आयकलां?

म: वेदान्तांत हांकांच सात पांवडे म्हणलां.

श्रीरामकृष्ण: अंह. वेदान्तांत न्हय.. वेदांतलीं हीं शटचक्रां कशीं आसतात खबर आसा? सुक्ष्म शरिरांत हीं स साळकां योग्यांक दिसतात. मेणाच्या झाडांचीं फळां, पानां कशीं.

म: हय महाराज, हांवें वाचलां की एके तरेची कांच आसता. ते कांचेतल्यान पळयल्यार सामकी ल्हान वस्त लेगीत खूब व्हडली दिसता. तेच प्रमाण योगा वरवीं हीं सगलीं सुक्ष्म साळकां दिसूंक शकतात.

श्रीरामकृष्णांनी पंचवटींत रावपाक सांगिल्लें. ते प्रमाण म ते राती पंचवटींतले खोंपींत न्हिदलो. फांतोडेर उठून तो एकटोच गावंक लागलो:

प्रभो, म्हाका प्रार्थनेचो आनी तपस्येचो कांयच फायदो जालो ना.
हांव निचांतलो नीच; म्हाका तुज्या स्पर्शान पावन कर
पूण तूं, आरेरे! म्हाका मेळना...

अकस्मात मन जनेलांतल्यान पळयलें आनी थंय श्रीरामकृष्ण उबे आशिल्ले ताका दिश्टी पडले. म ही वळ म्हणटना श्रीरामकृष्णांचे दोळे दुकांनी भरून आयले.

हांव निचांतलो नीच; म्हाका तुज्या स्पर्शान पावन कर.

म परत गावंक लागलोः

हांव भगवें वस्त्र न्हेसतलों आनी कानांत शिपयांचीं रिंगां घालतलों;
असो, योग्याच्या भेसांत, जाग्या जाग्यांनी हांव भोंवतलों,
म्हजो क्रूर हरी म्हाका मेळ सर...

राखाला वांगडा श्रीरामकृष्ण वताले तें मन पळयलें.

डिसेंबर 21, 1883. शुक्रार. सकाळच्या वेळार श्रीरामकृष्ण आनी म बेलझाडा सकयल एकांतांत उलयताले. श्रीरामकृष्णांनी अध्यात्मीक साधने संबंदीं कांय गुपीत गजाली सांगल्यो आनी कामिनी-कांचनाचो त्याग करपाक सांगलें. तांणी फुडेंय सांगलें, केन्ना केन्नाय मनच आपलो गुरू जाता म्हणून.

दनपारच्या जेवणा उपरांत श्रीरामकृष्ण एक सुंदर भगवें वस्त्र न्हेसून पंचवटीक गेले. दोन वा तीन वैश्णव साधू थंय आशिल्ले. ते तांच्या संप्रदायाच्या वेशांत आशिल्ले.

दनपरां एक नानक पंथी साधू आयलो. तो निराकार देवाची पुजा करपी आशिल्लो.

श्रीरामकृष्णांनी ताका साकार ईश्वराचेंय चिंतन करपाक सांगलें. श्रीरामकृष्णांनी ताका म्हणलें, ''खोल बुडी मारात. उदकाचे वयर वयर पेंवतकूच रत्नां मेळनात. ईश्वर निराकार आसा. दुबाव ना. पूण तो साकारय आसा. साकाराच्या चिंतनान ईश्वराची भक्ती बेगीन प्राप्त जाता. मागीर निराकार करपांत हरकत ना. जशें पत्र एक खेपो वाचून जालें की भायर उडोवन दितात आनी तातूंतल्या मजकुरा प्रमाण काम करतात तशें.''

अध्याय : सातसठ

दक्षिणेश्वर, बलरामाचे वडील आनी हेर भक्तां बराबर उलोवप

डिसेंबर 22, 1883. शेनवार. राखाल, हरीश, म आनी लाटू श्रीरामकृष्णां बराबर दक्षिणेश्वराक रावताले. सकाळचीं 9 वरां जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण आग्नेय वटेचे पडवेर भक्तां वांगडा बशिल्ले. आनी श्यामपुकूरचे देवेंद्र घोश आयिल्ले.

एक भक्त: महाराज, देवा विशीं भक्ती कशी उत्पन्न जातली?

श्रीरामकृष्ण: फुडें चलात. सात दारां पलतडीं राजा बसला. सातय दारां काडटकूच तुमकां तो राजा दिसतलो. द्वारिका बाबूंनी चानक हांगा अन्नपुर्णेची प्रतिश्ठापना केल्ली. हांवें तांकां सांगलें, व्हडलीं नुस्तीं तळ्यांत खूब खोल उदकांत रावतात. थंय थोडें मसाल्याचें हांयस उडयात. मागीर ताच्या वासानूच नुस्तीं थंय येतलीं आनी उदकांत उडयो मारतलीं. भक्ती आनी प्रेम हें मसाल्याचे हांयस कशें.

श्रीरामकृष्ण आनी अवतार गुपीत

ईश्वर, मनीस रुपांत जगांत लिला करता. मनीस रुपांत तो स्वता अवतार घेता. जशे कृष्ण, राम आनी चैतन्यदेव. हांवें केशवाक म्हणलें, मनशांत देव चड प्रगट जाला. शेता धडेर बिळांनी पावसाळ्यांत कुल्ल्यो आनी नुस्तीं एकठांय जातात. तुमकां जाय जाल्यार त्या बिळांनी तांकां सोदचें पडटलें. ईश्वर जर तुमकां जाय आसत तर अवतारांतच ताका सोदचो पडटलो

ह्या साडेतीन हाताच्या मनशांतच जगन्माता प्रगट जाता. एक गीत आसा हे विशीं.

ए माते, हें असलें कसलें यंत्र तुवें केलां!
ह्या खेळण्यान कसलीं फकाणां तुवें चलयल्यांत?

साडेतीन हाती!...

पूण ईश्वराक जाणा जावन घेवपाचो आसत, अवताराक वळखुपाक जाय जाल्यार अध्यात्मीक साधनेची गरज आसा. तळ्यांत व्हडली नुस्तीं आसतात, पूण ते खातीर हांयस उडोवचें पडटा. दुदांत लोणी आसता, धंय करून घुसळावचें पडटा. सांसवांत तेल आसता. घाण्यांत घालून रगडचें पडटा.

एक भक्त: ईश्वर साकार काय निराकार?

श्रीरामकृष्ण: रावात. रावात. पयलीं कलकत्ताक चलात. तेन्नाच तुमकां कळटलें न्हय मैदान खंय आसा, आशियाटीक सोसायटी खंय आसा आनी बंगाल बँक खंय आसा तें. खडाद्याचे ब्राह्मण वसतींत वचपाचें आसत जाल्यार पयलीं खडाद्याकूच वच्चें पडटलें न्हय? निराकाराची साधना कित्याक जमची ना? पूण तो मार्ग खुबूच कठीण. कामिनी-कांचन पुरायपणान त्याग केले बगर तें जमपाचें ना. भितरल्यान आनी भायल्यान पुरायेन त्याग जावंक जाय. इल्ली लेगीत विशय बुद्द आसल्यार तातूंत सफळ जावप कठीण. साकार देवाची पुजा करप सोंपें, पूण सोंपी म्हणचे सामकीच सोंपी न्हय.

निराकार साघनेची, ज्ञान योगाचे साधनेची, भक्तां सामकार भासाभास करूंक जायना. खूब कश्टान थोडीभोव भक्ती साधल्या अशा वेळार जर तुमी तांकां सांगीत हें सगलें सपन कशें म्हणून तर भक्तीची हानी जातली.

कबीर निराकारवादी, शिव, काली, कृष्ण हांकां तो मानिनाशिल्लो. तांचीं फकाणां करतालो. तो म्हणटालो, 'काली शिताचेर आनी केळ्यांचेर जगता आनी कृष्ण माकडा भशेन नाचता, जेन्ना गोपी ताळयो मारतात.' (हांसतात.) निराकार साधकाक पयलीं घडये दशभुजा दर्शन घडटा. ते उपरांत चतुर्भूज, ते उपरांत द्विभूज, ल्हान गोपाळ आनी निमणें अखंड ज्योती दर्शन जावन तिच्यांतच तो लीन जावन वता.

दत्तात्रय, जडभरत हांचे सारके महात्मे, ब्रह्म दर्शन जाले उपरांत परत संवसारी पांवड्यार वा विशयी जगांत आयलेच नात अशें कांय लोक म्हणटात.

कांय लोकांच्या म्हणण्या प्रमाण शुकदेवान त्या ब्रह्म चैतन्याच्या दर्यांतल्या एका थेंबाचोच आस्वाद घेतिल्लो. दर्याच्या ल्हारांचो गाज आयकलो, पळयलो पूण तातूंत बुडी केन्ना मारली ना.

एका ब्रह्मचाऱ्यान म्हाका सांगलें, केदार धामाचे पलतडीं जो कोण वता तो आपलें शरीर दवरूंक शकना. तेच प्रमाण ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत तो तागेलें शरीर दवरूंक शकना. एकवीस दिसां उपसांत शरीर गळून पडटा.

एका व्हडल्या मळार एक उंचच उंच वणत आशिल्ली. चार इश्टांनी वणटी पलतडीं कितें आसा तें सोदपाचो यत्न केलो.

तातूंत तिगांनी एका फाटल्यान एक अशे वणटीचेर चडून पलतडचें मळ पळयलें आनी ते मोट्यान हांसले आनी तांणी दुसरे वटेन उडी घेतली. हे तिगय जाण पलतडच्या मळा विशीं कांयच खबर दिवंक पावले नात. फकत चवथो पलतड पळोवन परत आयलो आनी ताणें लोकांक ते विशीं म्हायती दिली. हो चवथो जसो ब्रह्मज्ञान जाले उपरांत शरीर दवरून लोकांक उपदेश दिवपी अवतारी वर्गांतलो.

पार्वतीन हिमालयाच्या घरांत जल्म घेतलो. ते उपरांत तिणें तिच्या बापायक तिगेली तरातरांचीं ईश्वरी रुपां दाखयलीं. वडिलान म्हणलें, 'बरें धुवे, म्हाका हीं सगलीं रुपां दाखयलीं तें बरे जालें, पूण तुजें आनीक एक रूप आसा. अरूप ब्रह्मस्वरूप. तें एक खेपो म्हाका दाखय.' तेन्ना पार्वतीन जाप दिली. 'बाबा, तुमकां ब्रह्मज्ञान जाय जाल्यार संवसाराचो त्याग करूंक जाय. आनी साधूसंग करचो पडटलो.' पूण हिमालयान हट्ट धरलो. मागीर तिणें ताका तिगेलें ब्रह्मरूप दाखयलें आनी रोखडेच गिरीराज बेशुद्ध जावन पडले.

श्रीरामकृष्ण आनी भक्तीयोग

आतां मेरेन ज्यो गजाली सांगल्यात त्यो सगल्यो तर्क विचारांच्यो गजाली. ब्रह्मच सत्य आनी जग मिथ्या हाकाच तर्क विचार म्हणटात. आनी हे नदरेन सगलें सपन कशें.

हो खुबूच कठीण मार्ग. ह्या मार्गान वचपी लोकांक भगवंताची लिला सपन कशी आनी जग मिथ्या दिसता. आनी ताचो हांव, नाच जाता. ह्या मार्गाचे अनुयायी ईश्वरी अवतार मानिनात. हो खुबूच कठीण मार्ग. असल्यो तर्क विचारांच्यो गजाली भक्तांनी चडश्यो आयकुच्यो न्हय.

हेच खातीर ईश्वर मनीस रुपांत अवतार घेता आनी लोकांक भक्ती मार्गाचो उपदेश करता. लोकांनी देवाक स्वता शरण वच्चें अशें तो तांकां सांगता. भक्तीच्या मार्गान गेल्यार ईश्वराचे कृपेन सगलें कितें मेळटा. ज्ञान आनी विज्ञान दोनय प्राप्त जातात.

ईश्वर जगांत लिला करता तो भक्तांच्या आधीन आसता. श्यामान, जगन्मातेन स्वताच भक्तीच्या दोऱ्यान स्वताक बांदून घेतल्या. केन्नाय भगवान लोहचुंबक जाता आनी भक्त सूय जाता तर केन्नाय भक्त जाता लोहचुंबक, आनी भगवान सूय. भक्त ताका ओडून घेता. तो आसा भक्त वत्सल आनी भक्ताधीन.

कांय लोकांच्या मतान वृंदावनांतल्यो गोपी, जशी यशोदा, पयलीं जल्मांत निराकारवादी आशिल्ल्यो. पूण त्या निराकाराचे निश्ठेन तांची उमेद भागली ना म्हणुनूच खंय मागीर तांणी वृंदावनांतल्या लिला प्रसंगा वेळार श्रीकृष्णाच्या सांगातान खूब आनंद

घेतलो आनी मनान त्यो तृप्त जाल्यो. एक दीस श्रीकृष्णान तांकां सांगलें, 'चलात तुमकां हांव नित्यधामाचें दर्शन करून दितां. आमी यमुनेर न्हावपाक वचुया.' गोपी उदकांत बुडी मारतात थंय आसात तांकां एकदम गोलोकांचें दर्श जालें, ते उपरांत अखंड ज्योती दर्शन जालें, हें सगलें पळोवन यशोदेन उद्‌गार काडले. 'कृष्णा, हें सगलें आनीक कांय पळोवपाची आमकां इत्सा ना. आतां तें तुजें मनीस रुपूच दाखय. तुका म्हजे मांडयेर घेतां आनी जेवण लायतां. तातुंतूच म्हाका गोडी आसा.'

म्हणुणूच अवतारांत ईश्वराचें सगल्यांत चड प्रगटीकरण जाता. ईश्वराच्या अवताराची ईश्वर मनीस रुपांत आसा मेरेन पुजा सेवा करूंक जाय. दीस उदेतकूच ईश्वर ताचे गुपीत कुडींत अंतर्धान पावता.

ईश्वराच्या अवताराक सगलेच वळखूंक पावनात. शरीर धारण करतकूच मागीर बाकीच्या लोकां प्रमाणूच राग, लोभ, तान, भूक, रोग, शोक, मोह हें सगलें ह्या मनशा भशेनूच भोगचें पडटा.

सीते खातीर राम रडलो. पंचभुतां मदीं सांपडिल्ल्यान.

पुराणांत हिरण्याक्ष दैत्याचो वध केले उपरांत लेगीत देव वराह अवतारांत तागेल्या भुरग्यां बाळां सयत सुखान रावतालो. तो भुरग्यांक सांबाळटालो आनी पोसतालो आनी सर्गांतल्या ताच्या निजधामाक वचपाचें विसरुनूच गेल्लो. निमणें शिवान तागेल्या त्रिशुळान ताच्या शरिराक मारून उडयलें आनी ईश्वर मोट्यान हांसत स्वधामाक परतलो.

दनपरां भवनाथ आयलो. राखाल, म, हरीश आनी हेर भक्त कुडींत आशिल्ले

श्रीरामकृष्णः (भवनाथाक) अवताराचेर प्रेम जालें की जालें. आहा, ह्या गोपींचें कितें विलक्षण प्रेम आशिल्लें कृष्णाचेर.

अशें म्हणून गोपींचो भाव घेवन ते गावंक लागलेः

कृष्णा, तूं म्हज्या प्राणांचो प्राण...

मागीर ते परत गावंक लागलेः

सखे, हांव घरा वचनां
थंय म्हाका म्हज्या कृष्णाचें नांव गावप कठीण जालां.

आनी ते परत गावंक लागलेः

त्या दिसा, इश्टिणी, ज्या वेळार तूं वनांत वताली
त्या वेळार हांव दारांत उबी आशिल्लीं..

श्रीरामकृष्णांनी फुडें सांगलें:

रास क्रिडा करता आसतना श्रीकृष्ण जेन्ना मदींच अदृश्य जालो तेन्ना गोपी दुख्खान पिशांतर कश्यो जाल्यो. रुखा कडेन पळोवन तांणी म्हणलें, 'ए रुखा, तूं कोण तरी तपस्वी आसपाक जाय. तुवें कृष्णाक पळयलाच आसतलो. तशें ना जाल्यार असो थीर समाधीमग्न तूं कसो रावूंक शकता?' तणान भरिले धर्तरि कडेन पळोवन त्यो म्हणटाल्यो, 'धर्तरि, तुका कृष्णाचें दर्शन जालांच आसतलें. नाजाल्यार तूं अशी रोमांचीत कशी जातली आशिल्ली? खात्रेन तुवें ताच्या स्पर्शाचें सूख भोगलां आसतलें.' माधवी वालीक म्हणटाल्यो, 'ए माधवी, आमचो माधव आमकां परत दी.' गोपी मोगान उन्मत्त जावन गेल्ल्यो.

अक्रूर कृष्णाक आनी बलरामाक मथुरेक व्हरपाक वृंदावनांत आयलो. जेन्ना ते रथांत चडले तेन्ना गोपींनी रथाची चक्रां घट्ट धरलीं. तीं कशींच रथाक फुडें वचूंक दिनात जालीं.

अशें म्हणून अक्रूराच्या भावांत श्रीरामकृष्ण गावंक लागले:

धरूं नाकात, रथाचीं चक्रां धरूं नाकात!
रथ कितें चक्रांनी चलता?
हीं चक्रां चलोवपी कृष्ण,
जाचे इत्शेन सगलें जगचक्र चलता.

श्रीरामकृष्ण: रथ कितें चक्रांनी चलता? जाचे इत्शेन सगलें जग-चक्र चलता-रथाच्या स्वामीचे आज्ञे प्रमाणूच सारथी रथ चलयता.

हीं सगलीं उतरां म्हज्या काळजाक सामकीं लागतात.

अध्याय : आठसठ

दक्षिणेश्वर. गुरूरुपी श्रीरामकृष्ण

डिसेंबर 23, 1883. आयतार. सकाळर्ची णव जाल्लीं. श्रीरामकृष्ण कुडीचे आग्नेय पडवेर राखाल, लाटू, म, हरीश आनी हेर भक्तां वांगडा बशिल्ले.

दक्षिणेश्वराक रावल्यार मक णव दीस जावन गेल्ले. मनोमोहन कोन्नेगार कडच्यान सकाळींच आलो. श्रीरामकृष्णांचें दर्शन घेवन आनी थोडोसो विसव घेवन तो कलकत्ताक वतलो. हाजरा लेगीत थंय बशिल्लो.

एक वैश्णव श्रीरामकृष्णांक गितां म्हणून दाखयतालो. तातूंतल्या एका गिताक लेखून तांणी हाजराक म्हणलें, त्या गितान म्हाका मात लेगीत समाधान जालें ना. पयलींच्या कवींचीं गितां बरीं आसतालीं आनी मनाचेर खूब परिणाम जातालो. पंचवटींत एक खेपो न्यांगटाक हांवें एक गीत गावन दाखयलें:

'शस्त्रां घे, मनशा शस्त्रां घे! मरण आपल्या अस्त्रांनी तुज्या घराचेर घुरी घालता' हांवें आनीक एक गीत गायलें:

'आई, म्हाका दुसऱ्या कोणाकूच दोश दिवपाचो नाः आरेरे! ज्या हातांनी हांवें बांय खणल्या तातुंतूच हांव बुडटां!

न्यांगटा, इतलो ज्ञानी. गितांचो ताका अर्थय कळ्ळो ना, पूण आयकतांच तो रडूंक लागलो. ह्या गितांचो भाव काळजाक भिडटा. म्हज्या तोंडांतल्यान रामप्रसादाचीं जगन्माते विशीं गितां आयकून पद्मलोचन शास्त्री लेगीत रडिल्ले. पद्मलोचन केदे व्हडले पंडीत.

जेवले उपरांत श्रीरामकृष्णांनी तांगेले कुडींत विसव घेतलो. म जमनीचेर बशिल्लो. नबतखान्याच्या चौघुड्याचे सुस्वर आवाज आयकून श्रीरामकृष्णांक खूब आनंद जातालो. ते उपरांत ते मक समजावन सांगताले, 'ब्रह्मच सगलें जीव-जगत जालां.'

श्रीरामकृष्णः (मक) खंयचे तरी सुवातेक लेखून कोणें तरी म्हाका सांगलें, 'ते सुवातेर हरीचें नांव कोणच गायना. थंयचें वातावरण पवित्र ना. ताणें तशें म्हणलें त्या खिणाक म्हाका दिसलें ईश्वर सगले जीव जाला. अगणीत बुडबुडे सच्चिदानंद दर्या वयलीं असंख्य पडबिंबां कसो.

परत म्हाका दिसता, सगले जीव म्हणचे त्या अखंड चैतन्याच्यो गुळयो. एक खेपो कामारपुकूर कडच्यान वर्धमानाक वतालों. एके सुवातेर एकदम मळार धांवलों. म्हणलें, पळोवया तरी थंय जीव कितें खातात आनी कशे जीवे रावतात तें. वचून पळयत तर थंय मुयांची रांग लागल्या. सगलो वाठार चैतन्यान भरून गेला.

हाजरा कुडींत येवन जमनीर बसलो.

श्रीरामकृष्णः परत म्हाका दिसलें, तीं पडबिंबां आसात. जीव वेगळे वेगळे थर आशिल्लीं तरातरांची फुलां कशे. परत म्हाका दिसलें, कांय व्हड तर कांय ल्हान.

ह्यो सगल्यो ईश्वरी रूपदर्शनाच्यो गजाली सांगतां सांगतां ते समाधींत गेले. आनी म्हणूंक लागले, 'हांव तयार आसां. हांव हांगा आसां.' हीं उतरां म्हणीत ते समाधींत गेले. शरीर स्तब्ध जालें. हे स्थितींत ते बरोच वेळ उरले आनी ल्हवू ल्हवू भायल्या जगाचें भान तांकां थोडें थोडें जावंक लागलें. आनी एकाद्र्या निरागस भुरग्या भशेन ते हांसूंक लागले. हांसत हांसत कुडींत हेवटेच्यान तेवटेच्यान पासयो मारूंक लागले.

क्षोभ वासना वतांच
परमहंस अवस्था जाता

अद्‌भूत दर्शन जाले उपरांत तांचे दोळे आनंदान चकचकूंक लागले. मुखामळार हांसो फांकलो, नदर शुन्यांत.

भोंवतां भोंवतां श्रीरामकृष्णांनी म्हणलें, ''वडा सकयल हांवें एका परमहंसाक पळयलो. तोय बी असोच हांसत चलतालो. म्हजीय तीच अवस्था जाल्या काय?''

ते मागीर तांगेले ल्हान पलंगाचेर बसले. आनी जगन्माते बराबर उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्णः म्हाका समजून घेवपाची मात लेगीत इत्सा ना. आई, फकत तुज्या पांयां कडेन शुद्ध भक्ती आसूं दी.

(मक) क्षोभ आनी वासना ना जावन वतकूच ही अवस्था प्राप्त जाता. (परत मातेक म्हणटात) आई, तुवें म्हजी पुजा थांबयल्या-इतलें पळय, हांव सगल्योच वासना सोडून दिनां. परमहंस हो तर बाळक. मागीर बाळकाक आवय नाका? जालें तर. तूं आवय आनी हांव भुरगें. भुरगें आवयक सोडून कशें रावतलें?

श्रीरामकृष्ण अशा मोगाळ आवाजान जगन्माते कडेन उलयताले की तें आयकून पाशाण लेगीत विरगळटलो. परत ते आई कडेन उलोवंक लागले, 'फकत सुकें अद्वैत ज्ञान! हांव थुकतां असल्या ज्ञानाचेर. जों मेरेन तुवें म्हजे भितर 'अहं' दवरला तों मेरेन तूं आसाच. परमहंस तर बाळक. बाळकाक आवय नाका?'

श्रीरामकृष्णांची ती देव दुर्लभ दिव्य अवस्था पळोवन म थक्क जावन गेलो. तो स्वता कडेन म्हणटालो, श्रीरामकृष्ण तर दयेचे सागर. सामके हेतू विरयत. म्हजे भितर आनी हेर साधकां मदीं श्रद्धा उत्पन्न जावची, चैतन्य जागृत जावचें आनी लोकोपदेश जावचो हेच खातीर गुरूपदाचेर भगवान श्रीरामकृष्णांची ही परमहंस अवस्था.

म आनीक विचार करूंक लागलो. अद्वैत, चैतन्य, नित्यानंद. अद्वैतज्ञान जातकूच चैतन्य प्राप्त जाता. तेन्नाच नित्यानंद मेळटा. श्रीरामकृष्णांक फकत अद्वैतज्ञानच जावंक ना तर सासणाच्या आनंदांत ते सद्दां मग्न आसतात. जगन्मातेच्या प्रेमानंदांत दीस रात मग्न आसतात.

श्रीरामकृष्णांची ही अवस्था पळोवन हाजरा हात जोडून मदीं मदीं म्हणटालो, 'कितले भाग्यवान, तुमी कितले भाग्यवान'.

श्रीरामकृष्ण: (हाजराक) पूण तुजे भितर विश्वास खंय आसा? तूं हांगा आसा तो जटील कुटीला भशेन. लिला खेळपा खातीर पालव दिवपाक.

दनपरां म एकटोच देवळांतले निर्जन सुवातेचेर भोंवूंक लागलो. ताच्या मनांत श्रीरामकृष्णांच्या अद्‌भूत अवस्थे विशीं विचार घोळत आशिल्ले. 'क्षोभ, वासना ना जावन वतकूच ती अवस्था येता.' तांच्या ह्याच उतरांचो तो विचार करतालो. म स्वता कडेनूच म्हणूंक लागलो. 'म्हजे गुरूरुपी श्रीरामकृष्ण कोण? स्वता भगवानूच आमचे खातीर देह धारण करून येवंक ना मूं? श्रीरामकृष्ण स्वताच म्हणटात, 'ईश्वरकोटी अवतारां बगर जड समाधींतल्यान (निर्विकल्प अवस्थेंतल्यान) आनीक कोणूच भुंयेचेर परत येवंक शकनात.'

अध्याय : एकुणसत्तर

जगतगुरू श्रीरामकृष्ण
गुपीत गजाली

डिसेंबर 24, 1883. सोमार. सकाळचीं आठ वरां जाल्लीं, श्रीरामकृष्ण आनी म उत्तरे कडल्या सुरूच्या रुखांच्या वनांत एकठांय उलयताले. आयज श्रीरामकृष्णां बराबर रावपाचो म चो इकरावो दीस.

शिंयाचे दीस. सूर्य निकतोच उदेल्लो. न्हंय उत्तरे कडेन व्हांवताली. भरती येवन गेल्ली. बेलारूख जंय श्रीरामकृष्णांनी व्हड अध्यात्मीक साधना केल्ली, तो रूख थोड्याच अंतराचेर दिसतालो. श्रीरामकृष्ण उदेंते कडेन तोंड करून शिश्यां कडेन उलयताले आनी तांकां ब्रह्मज्ञाना विशीं सांगताले.

श्रीरामकृष्ण: निराकार ईश्वर सत्य, पूण साकार ईश्वरय तितलोच सत्य. न्यांगटा म्हाका सच्चिदानंद ब्रह्मा विशीं शिकयतालो. तो सांगतालो, सच्चिदानंद ब्रह्म कसो अफाट सागर. सगले कडेन उदक, उजवे कडेन, दावे कडेन, वयर, सकयल, सगलें कितें उदकूच उदक भरलां. महाकारणाचें उदक, थीर. कार्य करपाक लागतकूच ताचेर ल्हारां येतात. निर्मणी, स्थिती आनी लय हेंच ताचें कार्य. परत न्यांगटा सांगतालो, जंय विचार थांबता तेंच ब्रह्म. कापराचीच देख घेयात. कापूर पेट्टकूच कांयच उरना. चिमटीभर गोबर लेगीत उरना. ब्रह्म वाणी आनी मन हांचे पलतडीं आसा. मिठाची एक बावली एक दीस दर्याची खोलाय मेजपाक गेली. पूण खबर दिवपाक परत मात ती आयलीच ना. गेली ती दर्यांतूच विरगळून गेली.

रुशींनी रामाक म्हणलें, 'रामा, भरद्वाज बी तुका अवतार म्हणटात, म्हणूं. आमी तशें म्हणपाक तयार नात. आमी शब्दब्रह्म ॐकाराचे उपासक, आमकां मानवरूप नाका.' राम हांसलो आनी प्रसन्न जावन तांची पुजा ग्रहण करून गेलो.

नित्य आनी लिला
दोनय सत्य

पूण नित्य आनी अनित्य लिला म्हणचे एकाच सत्याचीं दोन रुपां. हांवें पयलीं सांगलां ते प्रमाण माळी आनी तिचीं सोपणां. परब्रह्माच्यो तरातरांच्यो लिला. ईश्वरलिला, देवलिला, नरलिला आनी जगतलिला. अवतार म्हणचे नरलिला. परब्रह्म नरलिला कशी खेळटा जाणा? एकाद्र्या व्हडल्या पाख्या वयल्यान उदक पनेळांतल्यान घसघस करून सकयल पडटा न्हय तशी सच्चिदानंदाची शक्त, न्हय, तो सच्चिदानंद स्वताच मनीसरुपी पनेळांतल्यान सकयल येता. भारद्वाजान आनी हेर फकत बारा रुशींनीच राम अवतार आसा म्हणपाचें वळखल्लें. अवतारांक वळखप सगल्यांकूच जमना.

श्रीरामकृष्णांनी स्वता सांगिल्लें चरित्रामृत

श्रीरामकृष्ण: (मक) भगवान स्वता अवतार धारण करून घेता आनी लोकांक आपल्या ज्ञानाचें, भक्तीचें शिक्षण दिता. बरें म्हजे विशीं तुका कितें दिसता?

एक खेपो म्हजे बाबा गयेक गेल्ले. थंय रघुवीरांनी सपनांत येवन तांकां सांगलें, 'हांव तुज्या घरा पुत्ररुपान जल्म घेतलों.' ताचेर बापायन म्हणलें, 'भगवान, आमी दळिद्री ब्राह्मण. तुमची सेवा आमच्या हातांतल्यान कशी जातली?' रघुवीरांनी जाप दिली, 'ताचें विशी काळजी करूं नाकात. तें सगलें वेवस्थीत जातलें.'

म्हजी भयण, हदूची आवय गंधफुलां ओंपून म्हज्या पांयांची पुजा करताली. एक दीस तिचे तकलेर पांय दिवन हांवें म्हणलें, 'तुका काशींतच मरण येतलें.' मथूरबाबून एक खेपो म्हाका म्हणलें, 'बाबा, तुमचे भितर त्या ईश्वरा बगर आनीक कांयच ना. तुमचें शरीर फकत रिकामी खोळ. भायल्यान दुदी कसो दिसता, पूण भितर गर, बियो बी कांयच ना, बुरखो घालून कोण तरी वावुरता अशें एक खेपो म्हाका तुमचे कडेन पळोवन दिसलें.'

(मक) आई, म्हाका पयलींच कितल्योश्योच गजाली दाखोवन दिताली. पंचवटींत एक खेपो गौरांग आनी ताचे भक्त किर्तन करतना पळयलें. थंय हांवें बलरामाक पळयलो. आनी तुका लेगीत.

म्हाका गौरांगाचो अणभव स्वता अणभवपाची इत्सा जाली. आमच्या गांवांत श्याम बाजारांत आईन तो म्हाका दाखयलो. हो जमो एकठांय जालो. वणटीर, झाडांचेर लोक चडले. दीस रात म्हजे बराबर रावताले. सात दीस म्हाका एकांत म्हणून दिलो

ना. माग्गीर जगन्मातेक म्हणलें, 'आई, पुरो जालें. आतां आनीक नाका.'

देखून आतां हांव शांत आसां. परत एक खेपो जल्म घेवचो पडटलो. ते खातीर म्हज्या भक्तांक सगलें ज्ञान दिनां. (हांसत) समज सगलें ज्ञान तुका दिलें तर मागीर तूं असो आपखोशयेन म्हगेर येतलो?

तूं चैतन्य भागवत वाचता हें आयकून हांव तुका वळखलां. तूं सामको म्हजो. तेंच एक तत्व-जसो बापूय आनी पूत. तुमी सगले हांगा परत जमल्यात. जेन्ना तुमी कलमी वालीचो एक भाग धरून ओडटात तेन्ना सगल्यो खांदयो तुमचे कडेन येतात. तुमी सगले नात्यांतले. भाव भाव. समजा राखाल, हरीश आनी हेर पुरीक गेले आनी तूं लेगीत थंय आसा. तूं कितें थंय वेगळो रावतलो?

हांगा येवचे पयलीं तूं कोण हें तुका खबर नाशिल्लें. आतां तुका स्वताची वळख जातली. परमेश्वरच गुरू जावन सगलें समजावन दिता.

तोतापुरीचो उपदेश
गुरूरुपी भगवान
स्वस्वरुपाची जाणीव करून दिता

न्यांगटान वागीण आनी बोकड्यो हांची काणी सांगली. एक खेपो एके वागणीन बोकड्यांच्या कळपाचेर घुरी घाली. एका शिकाऱ्यान तिका पयसुल्यान पळयली आनी तिका मारून उडयली. वागीण गाबणी आशिल्ली. मरतां मरतां तिणें एका पेट्याक जल्म दिलो. तो पेटो बोकड्यांच्या कळपांतूच वाडूंक लागलो. पयलीं पयलीं बोकड्यांनीच ताका पाळ्ळो. तो बोकडेचेंच दूद पियेतालो. मातसो व्हड जातकूच ताणें पालो खावपाक सुरवात केली. बोकडयां प्रमाण बें बें करूंक लागलो. करतां करतां ल्हान पेट्याचो एक व्हडलो वाग जालो. तरीपूण ताचें तें पालो खावप आनी बें बें करप चालूच आशिल्लें. दुसऱ्या जनावरान घुरी घालतकूच बोकड्यां भशेन जीव घेवन तो धांवतालो.

एक दीस एका भयंकर वागान ह्याच कळपाचेर घुरी घाली. थंय त्या कळपांतूच ताचे भशेन एक वाग तण खाता आनी बोकडयां बराबर धांवन वता तें पळोवन ताका अजाप जालें. तेन्ना ताणें त्या बोकड्यां फाटल्यान धांवचें सोडून त्या तण खावपी वागाक धरलो. पूण तो बें बें करीत पळून वचपाचो यत्न करतालो. पूण त्या भयंकार वागान ताका उदका कडेन फरफटत हाडलो आनी म्हणलें, 'आता ह्या उदकांत तुजें

तोंड पळय. तुजें बुडकुल्या येद्या वागाचें तोंड आसा. तें तोंड म्हजे भशेनूच आसा.' ताणें मागीर ताच्या तोंडांत थोडो मांसाचो कुडको घालो. पयलीं त्या तण खावपी वगान तो कसोच खालो ना. पूण मागीर ताका रूच लागतकूच तो मिटक्यो मारीत खावंक लागलो. निमणें त्या रानटी वागान त्या तण खावपी वागाक म्हणलें, 'सामकी लज मरे! तूं त्या बोकड्यां बराबर रावन तांचे सारकोच तण खातालो.' आनी मागीर त्या वागाक स्वताचीच लज दिसूंक लागली.

तण खावप म्हणल्यार कामिनी-कांचनांत घुसपून रावप. बोकडे भशेन बें बें करीत धांवप म्हणचे सरसामान्य जिवां प्रमाण आचरण करप. वागा बराबर चलप, वचप म्हणल्यार चैतन्य दिवपी गुरूक शरण वचून ताचो आलाशिरो घेवप.

जो गुरू साधकाचें अध्यात्मीक चैतन्य जागयता ताकाच आपलो म्हणून समजूंक जाय. स्वताचें खरें मुखामळ पळोवप म्हणल्यार स्वताचें स्वस्वरूप वळखप.

श्रीरामकृष्ण उठून उबे रावले. चोंय वटेन सामकी शांतताय आशिल्ली. फकत सुरूच्या रुखांचो सूं सूं आवाज आनी गंगेचो झुळ झुळ आवाज ती शांतताय इबाडटाली. म कडेन उलयत उलयत ते पंचवटींतल्यान तांगेले कुडी कडेन वताले. म भारावन गेल्ले भशेन तांचे फाटल्यान वतालो. पंचवटीक पावतकूच वडा भोंवतणीं बांदिल्ल्या पाराक तकली तेंकोवन तो पांयां पडलो.

हांगा तांणी खर अध्यात्मीक साधना केल्ली तीच ही सुवात. हांगाच ते जगन्मातेच्या दर्शना खातीर कळवळ्यान रडिल्ले. हांगाच ते जगन्माते बराबर आपुलकेन उलयिल्ले. हांगाच तांणी जगन्मातेचें ईश्वरीय दर्शन घेतिल्लें.

श्रीरामकृष्ण आनी म ओंवळी कडच्यान नबतखान्या कडेन पावले. नबतखान्या लागीं हाजरा आशिल्लो. श्रीरामकृष्णान ताका म्हणलें, ''चड खावं नाका आनी नाका आशिल्लीं सोवळेपणाचीं पिशेपणां सोडून दी. असल्या कर्मठपणान ज्ञान मेळना. गरजेपुरतींच सोवळेपणां करचीं. तांचें सवंग करूं नाका.''

मागीर ते कुडींत येवन पलंगाचेर बसले. श्रीरामकृष्ण दनपारच्या जेवणा उपरांत विसव घेताले. तेन्ना सुरेंद्र, राम आमी हेर भक्त कलकत्ता सावन आयले.

एक वर जाल्लें. म एकटोच सुरू रुखांच्या वनांत भोंवतालो. इतल्यांत हरीश थंय आयलो आनी श्रीरामकृष्णांनी ताका आफयलां म्हूण सांगलें. कोण तरी शिवसंहिता वाचतलो. शिवसंहितेंत योग आनी स चक्रां विशीं म्हायती आसा.

म श्रीरामकृष्णांचे कुडींत आयलो आनी श्रीरामकृष्णांक पांयां पडलो. भक्त जमनीर बशिल्ले. शिवसंहिता कोण वाचनाशिल्लो. श्रीरामकृष्ण भक्तां कडेन उलयताले.

प्रेमभक्ती आनी वृंदावन लिला
अवतार आनी नंरलिला

श्रीरामकृष्ण: गोपी कृष्णाचेर काळजांतल्यान मोग करताल्यो. ही प्रेमभक्ती. असले भक्तीचे दोन प्रकार आसतात. अहंता आनी ममता. हांवें ताची सेवा केली ना जाल्यार तो बरो ना जातलो. हाका म्हणटात अहंता. हे भावनेंत ईश्वराचो बोध जावचो हो हेत नासता. ममता म्हणचे 'म्हजें म्हजें करप'. गोपींक कृष्णा विशीं ही ममता आशिल्ली. कृष्णाच्या पांयांक कितेंय जायत ह्या भंयान गोपी तागेलें सुक्ष्म शरीरं पांयां पोंदा घालपाक तयार जाल्यो.

यशोदा म्हणटाली, 'तुमच्या त्या चिंतामणी कृष्णाक हांव वळखना. म्हजो तो, म्हगेलो गोपाळ.' गोपीय म्हणटाल्यो, 'खंय आसा तो आमचो प्राणवल्लभ? तो आमचो काळजांस्वामी.' ताच्या ऐश्वर्याची तांकां मात लेगीत जाण नाशिल्ली.

भुरग्यां कडेन पळयात. ल्हान भुरगें म्हणटा, 'हो म्हजो बाबा.' कोण तरी त्या भुरग्याक म्हणटा, 'ना तो तुजो बाबा न्हय.' तें भुरगें म्हणटा, 'हय तो म्हजोच बाबा.'

ईश्वर मनीस रुपांत अवतार घेतकूच ताका मनशा भशेनूच वागचें पडटा. म्हणुनूच अवताराक वळखप कठीण. जेन्ना ईश्वर अवतार घेता, तेन्ना ईश्वर मनिसूच आसता. तीच तान, भूक, तेच रोग, शोक, तेंच दुख्ख, केन्नाय भंय लेगीत. रामाक सीते खातिरूच सामकें दुख्ख जालें. कृष्ण ताचे वडील नंदाचीं पांयतणां आनी लांकडां पाट तकलेर घेवन गेला.

नाटकांत साधूचें सवंग घेतकूच तो साधू भशेनूच वागता. राजाचें काम करपी नटा सारको न्हय. जसो भेस तसो अभिनय.

एक बहुरुपी एक खेपो सारको त्यागी साधू जालो. सवंग सामकें खरेंशें जाल्ल्यान गिरेस्त लोकांनी ताका एक रुपया दिवपाचें थारायलें. पुण ताणें तो घेतलो ना आनी तकलेन नाका म्हणीत गेलो. मागीर तागेलें सवंग देंवोवन तागेल्या सदांच्या कपड्यांत येवन ताणें तांकां म्हणलें, 'हं, आतां दियात तो रुपया.' तांणी म्हणलें, 'आरे! तूंच तो रुपया नाका म्हणून गेल्लो न्हय? आनी आतां परत तूंच मागता?' ताचेर ताणें जाप दिली, 'तेन्ना हांव साधूच्या भेसांत अशिल्लों. साधून पयशे घेवपाचे नासतात.' ईश्वराचें लेगीत अशेंच आसता. जेन्ना ईश्वर मनीस रुपांत येता तेन्ना तो थेट सामको

मनशा भशेन वागता.

वृंदावनांत गेल्यार कृष्णलिला जंय जाल्ली थंयचीं कितलींशींच थळां पळोवंक मेळटात.

सुरेंद्र : आमी थंय सुटयेंत गेल्ले. पयशे दिवचे म्हणून प्रवाश्यांक सामके त्रास करतात. पंडे आनी हेर लोक सूंट कशे तुजे फाटल्यान लागतात. आमी तांकां सांगलें, आमी दुसऱ्या दिसा कलकत्ताक वतात म्हणून. पूण आमी त्याच दिसा वृंदावन सोडलें.

श्रीरामकृष्णः कितें? सामकी लज न्हय? तुमी दुसऱ्या दिसा वतात म्हूण सांगून तुमी त्याच दिसा गेले? सामकी लजेची गजाल.

सुरेंद्रः (खंती जावन) जंगलांत मदीं मदीं आमी बाबाजी पळयले. निर्जन जाग्यार बसून साधना भजन करताले.

श्रीरामकृष्णः तुमी तांकां कितें दिलें?

सुरेंद्रः ना महाराज.

श्रीरामकृष्णः तें तुमी बरें केलें ना. साधू भक्तांक थोडें तरी तुमी दिवंक जाय. जांचे कडेन ऐपत आसा तांणी अशे लोक जेन्ना मेळटात, तेन्ना तांकां दिवंक जाय. हांव झुरबाबू बराबर वृंदावनांत गेल्लों. मथुरेचो ध्रुवघाट दिश्टी पडलो त्या खिणाक चक्क करून म्हाका वसुदेव कृष्णाक कडेर घेवन यमुना न्हंय वलांडून वता तो दिसलो.

एक दीस सांजचो असोच यमुनेचे वेळेर भोंवतालों. वेळेर तणाच्यो ल्हान ल्हान खोंपी आशिल्ल्यो. वाटेर उंच बोरी आशिल्ल्यो. गोरवां परतुपाचो तो वेळ. गोरवां रानांतल्यान घरा कडेन परत येतालीं. येतना तीं तांच्या गेतांनी धुल्ल उसळायत येतालीं. न्हंयेंतल्यान तीं चलत वचून पलतडीं वतात अशें म्हाका दिसलें. मागीर हांवें तांगेले राखणे गोरवांक घेवन पलतडीं वतात ते पळयले. हें सगलें पळयतकूच 'कृष्ण खंय आसा?' हांवें अशें म्हणलें आनी हांव बेशुद्ध जालों. श्यामकुंड, राधाकुंड पळोवपाची इत्सा जाली. मथूरबाबून थंय वचपाक पालखी धाडली. खूब पयस वचपाचें आशिल्लें म्हणून खावपाचे जिनस पालखेंत दवरिल्ले. पाचव्याचार मळा वयल्यान वतना हांव भावनावश जालों आनी रडलों, 'ए कृष्णा, तीं सगलीं थळां आयजूय तशींच आसात. तूं मात हांगा ना. ह्याच मळार तूं गोरवांक राखतालो.' हृदय फाटल्यान पांयांनी चलत येतालो. हांव दुकांनी भिजून गेल्लों. भोयांक रावात तुमी अशें लेगीत म्हज्यान म्हणूंक नजं जालें.

राधाकुंड, श्यामकुंड पळयलें. थंय साधू लोक मातयेच्या खोंपींनी रावताले. येवप्या-वचप्याचें लक्ष तांचेर वच्चें न्हय म्हूण ते रस्त्याक फाट करून ध्यान साधना करताले. द्वादश वन मुद्दाम पळोवचें. बंकु बिहारीची मूर्त पळोवन म्हाका समाधी लागली. तसले अवस्थेंत म्हाका ताका स्पर्श करूंक जाय आशिल्लो. गोविंदाजीक

दोनदां पळोवपाची इत्सा नाशिल्ली. मथुरेक आसतना कृष्ण म्हाका राखणो कसो सपनांत आयलो. हृदूक आनी मथूरबाबूक तसलेंच सपन पडलें.

(सुरेंद्राक) तुमचे कडेन दोनय आसात. योग आनी भोग. रुशी तरातरांचे आसतात. ब्रह्मर्शी, देवर्शी आनी राजर्शी. शुकदेव ब्रह्मर्शीची देख. हे एक लेगीत ग्रंथ स्वता कडेन दवरिनाशिल्ले. देवर्शीची देख नारद. जनक हे राजर्शी, निश्काम कर्म करपी.

जगन्मातेच्या भक्तांक धर्म आनी मोक्ष दोनय मेळटात. तशेंच ह्या भक्तांक अर्थ आनी काम हांचोय लाव जाता. तुमी जगन्मातेचे पूत आसात. अशें म्हाका एक खेपो दर्शन जालें. तुमचे कडेन दोनय आसात. योग आनी भोग. अशें नाशिल्लें जाल्यार, तुमचें मुखामळ सुकें आसतलें आशिल्लें.

सर्वत्यागी लोकांचें मुखामळ सुकें आसता. गंगेच्या घाटार हांवें एक खेपो जगन्मातेचो एक भक्त पळयलो. तो स्वता तर खातालोच पूण तेच बराबर देवीची पुजाय करतालो. ताचो संतान भाव आशिल्लो.

पूण चड पयशे आसप बरें न्हय. हांव पळयतां, यदू मल्लीक संवसारांत सामके बुडल्यात. हाचें कारण म्हणल्यार तांचे कडेन पयसो खूब जाला. नवीन नियोगी हांचे कडेन लेगीत योगय आसां आनी भोगय आसा. दुर्गा पुजेच्या वेळार हांवें पळयलें, बापूय आनी पूत दोगय देवी मुखार चंवरान वारो घालताले.

सुरेंद्रः महाराज, ध्यान कित्याक जमना?

श्रीरामकृष्णः तुमी देवाचें स्मरण करतात आनी ताचे विशीं मनन करतात न्हय?

सुरेंद्रः हय महाराज. आई जगन्माते म्हणीत न्हिदतां.

श्रीरामकृष्णः हें खूब बरें. देवाचें स्मरण आनी मनन केल्यार पुरो.

श्रीरामकृष्णांनी सुरेंद्राचो भार स्वताचेर घेतलो. आतां सुरेंद्राक कसली चिंता?

श्रीरामकृष्ण आनी योग शिकवण
शिवसंहिता

सांजवेळ जाली. श्रीरामकृष्ण भक्तां सयत जमनीर बशिल्ले. योग आनी शटचक्रां विशीं उलोवप चलिल्लें. हे विशीं सगली म्हायती शिवसंहितेंत सांगल्या.

श्रीरामकृष्णः इडा, पिंगळा आनी सुशुम्ना ह्यो तीन मुखेल नाडयो आसात. सगलीं कमळां सुशुम्ने भितरूच आसतात. तीं सगलीं चिन्मय आनी चैतन्यमय आसात. मेणाचो रूख कशीं. ताच्यो खांदयो, ताळयो, फळां सगलेंच मेणाचें. कुंडलिनी शक्ती मुळाधार कमळांत आसता. तें चवदा पाकळ्यांचें कमळ आसा. आद्यशक्ती स्वताच सगल्या शरिरांत कुंडलिनी रुपान रावतां. एकाद्र्या वेटाळें घालून बशिल्ल्या सोरपा भशेन.

ती कुंडलिनी न्हिदिल्ले अवस्थेंत आसता. (मक) भक्ती मोगान ही कुंडलिनी बेगीन जागी जाता. ती जागी जाली ना जाल्यार भगवंताचें दर्शन जावपाचें ना. आतूरतायेन आनी मना पसून सामकें गुपीत निर्जन सुवातेर वचून हें गीत गा.

'जाग, माते, कुंडलिनी, तूं नित्य आनंद स्वरुपिणी
प्रसुप्त भुजंगाकारिणी मुळाधार पद्मवासिनी'

रामप्रसाद संगीत सिद्ध आशिल्ले.

व्याकूळतायेन गीत गायल्यार ईश्वर दर्शन दिता.

म: ह्या सगल्याचो एक खेपो - फकत एकूच खेपो अणभव आयल्यार मनांतलें दुख्ख, खेद ना जावन वता.

श्रीरामकृष्ण: हय. खरेंच. दुख्ख, खेद ना जावन वता. योगा संबंदीं कांय गजाली हांव तुका सांगून दवरतां. इतलें खरें की पिलांची पुरायेन वाड जाले बगर पक्षीण तांतीं फोडिना. तांतयाची वाड जाय मेरेन पक्षीण तांती उबयत रावता. कांय अध्यात्मीक साधना करपाची गरज आसा. गुरू शिश्या खातीर सगलें करता हें दुबाव विरयत खरें. पूण निमणें ते शिश्या कडच्यान थोडी भोव साधना करून घेतात. व्हडलें झाड कापपाच्या वेळार खोडा कडेन सगलें कापून जातकूच कापपी थोडो पयस वता. मागीर झाड आपसुकूच कडकड करीत सकयल पडटा.

शेता खातीर उदक हाडपाक शेतकामती न्हंयेंतल्यान पाट खणटा. खणटा खणटा. आनी थोडेंशें खणटकूच, न्हंयचें उदक शेता कडेन व्हांवतलें अशे दिसतकूच, शेतकामती मातसो पयस उबो रावता. मागीर माती भिजत भिजत आपसुकूच सकयल पडटा आनी उदक व्हांवन घसघस करीत पाटांतल्यान येता. अहंकार आनी हेर उपाधींचो त्याग करतकूच ईश्वराचें दर्शन जाता. हांव पंडीत, हांव अमक्याचो चलो, हांव गिरेस्त, हांव मानाचो अधिकारी - असल्या उपाधींचो त्याग करतकूच ईश्वराचें दर्शन जाता.

ईश्वरूच सत्य, हेर सगलें असत्य. संवसार अनित्य. हाचेंच नांव विवेक. विवेक आंगांत भिनले बगर अध्यात्मीक उपदेश मनांत रुजना.

साधना करतां करतां साधक ईश्वराचेच कृपेन सिद्ध जाता. पूण श्रम करुंकूच जाय. ते उपरांत दर्शन आनी आनंदाचो आस्वाद घेवंक मेळटलो.

अमूक जाग्यार भांगरान भरिल्लो हांडो आसा अशें कानार येतकूच तो थंय धांवत वता. ते सुवातेर वतकूच, थंय खणपाक सुरवात करता. घामान बुडबुडटा पूण खणप चालूच आसता. खूब खणटकूच कुदळ कित्याक तरी आदळटा. मागीर तो कुदळ थंयच उडयता आनी हांडो सोदता. हांडो दोळ्यांक दिसतकूच तो सामको नाचूंक

लागता. मागीर हांडो भायर काडून पवनां जमनीर ओत्ता. हातांत घेवन मेजता आनी आनंदान सामको पिसो जाता. दर्शन, स्पर्श, आनंद भोगप. अशें न्हय?

म: हय महाराज.

श्रीरामकृष्ण मातसो वेळ ओग्गी रावले आनी परत उलोवंक लागले, जी म्हजीं मनशां तीं रागार लेगीत जावं, येतलींच येतलीं. नरेंद्राकूच पळय न्हय. पळय कितलो सुंदर सभाव ताचो!

पयलीं पयलीं म्हजे कालीमातेक गाळी मारतालो. उतरां दितालो. एक दीस रागान हांवें म्हणलें, फटिंगा, खबरदार हांगा परतो येत जाल्यार.

मागीर तो ल्हवूच भायर गेलो आनी ताणें गुडगुडेची तयारी केली. आपलो मनीस जेन्ना आसता तेन्ना ताका कितलोय तापयलो, धमकायलो जाल्यार लेगीत तो मनांत राग दवरचो ना. तुका कितें दिसता?

म: तुमी म्हणटात तें खरें महाराज.

श्रीरामकृष्ण: जल्मा पसून नरेंद्र नित्य सिद्ध. निराकाराचेर ताची श्रद्धा आनी निश्ठा आसा.

म: (हांसत) जेन्ना जेन्ना तो हांगा येता, तेन्ना तो जिणेक एक उबारी हाडटा.

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) खरेंच, उबारी हाडटा.

डिसेंबर 25, 1883. मंगळार. शुक्ल पक्षांतली एकादस. सकाळचीं इकरा जाल्लीं.

श्रीरामकृष्णांचें जेवन अजून जावंक नाशिल्लें. म, राखाल आनी हेर भक्त तांचे कुडींत बशिल्ले.

श्रीरामकृष्ण: (मक) एकादस करप खूब बरें. ताणें मन खूब पवित्र जाता आनी देवा विशीं भक्ती उत्पन्न जाता. अशें न्हय तें?

म: हय महाराज.

श्रीरामकृष्ण: दूद, ल्हायो खावपाक हरकत ना. तुकाय तशें दिसता, न्हय?

अध्याय : सत्तर

श्रीरामकृष्ण रामाचे आनी सुरेंद्राचे बागेंत म दक्षिणेश्वराक

डिसेंबर 26, 1883. बुधवार. श्रीरामकृष्ण मणिलाल मल्लीक, म आनी हेर भक्तां वांगडा गाडयेंत बसून रामाचे बागेंत वताले. रामान ती बाग हालींच विकती घेतिल्ली. ती बाग सुरेंद्राचे बागेक तेंकुनूच आशिल्ली. राम श्रीरामकृष्णांक ईश्वराचे अवतार मानुनूच तांची पुजा करताले. ते मदीं मदीं दक्षिणेश्वराक श्रीरामकृष्णांच्या दर्शनाक येताले. मणिलाल मल्लीक हे ब्राह्मसमाजाचे वांगडी. ब्राह्म ईश्वरी अवतार मानिनात.

श्रीरामकृष्ण: (मणिलालाक) ईश्वराचेर ध्यान करतलो जाल्यार पयलीं ईश्वर उपाधी, मर्यादे विरयत आसा असो विचार करूंक जाय. ईश्वर उपाधीचे पलतडीं आसा. पूण निराकाराच्या रुपान देवाचें ध्यान करप खूब कठीण. पूण देवाच्या साकार रुपांत, मनीस रुपांत ध्यान करप सोपें. शरीर म्हणचे फकत खोळ कशें. लापयांवां भितर ज्योत पेट्टा वा कांचेच्या आवरणा भितर आशिल्ली मोलादीक वस्तू दिश्टी पडटा ते भशेन.

बागेंत पावले उपरांत श्रीरामकृष्ण गाडयेंतल्यान देंवन, राम आनी हेर भक्तां वांगडा पवित्र तुळशी वनांत गेले. थंय म्हऱ्यांत उबे रावन तांणी म्हणलें, ''कितलें सुंदर! खूब बरी सुवात आसा. ईश्वरी ध्यान करपाक खूब बरी सुवात ही.''

श्रीरामकृष्ण घरांत बसले. तें घर तळ्याचे दक्षिणे वटेनच्यान आशिल्लें. रामान तांकां फळां आनी गोड-गोड खावंक दिलें. तांणी तें भक्तां वांगडा खोशयेन खालें. थोड्या वेळा उपरांत ते बागेंत भोंवपाक गेले.

मागीर श्रीरामकृष्ण सुरेंद्राचे बागे कडेन वचपाक भायर सरले. ते चलत वताले. थोड्याश्या अंतराचेर तांणी एका झाडा सकयल एक साधू बांकार बशिल्लो पळयलो. ते रोखडेच त्या साधू म्हऱ्यांत गेले आनी खोशयेन ताचे कडेन उलोवंक लागले.

श्रीरामकृष्ण: तुमचो संप्रदाय खंयचो? तुमी गौरी, पुरी वा हेर कसली उपाधी लायतात?

साधू: लोक म्हाका परमहंस म्हणटात.

श्रीरामकृष्ण: ही बरी गजाल. हांव 'शिव' हो भाव बरो. पूण म्हाका तुमकां कितें सांगूंक जाय. निर्मणी, स्थिती आनी लय हें ईश्वराचे शक्तीन रातदीस चालू आसा. ही आद्यशक्ती आनी ब्रह्म हीं एकूच. ब्रह्मा बगर शक्तीक अस्तित्व ना. जशें ल्हारांक उदका बगर अस्तित्व ना. वाद्य संगीत वाद्यां बगर आसूं नजं.

जों मेरेन ईश्वर आमकां लिलामय जगांत दवरता तों मेरेन आमकां द्वैत दिसतलें. जो शक्ती मान्य करता ताणें ब्रह्मय मान्य करूंक जाय. जांकां रात खबर आसा तांकां दीस खबर आसुंकूच जाय. जांकां ज्ञानाची जाणीव आसा तांकां अज्ञानाची जाणीव आसतलीच.

पूण ईश्वर भक्तांक अशी एक अवस्था दाखोवन दिता जी ब्रह्मज्ञान आनी अज्ञान ह्या दोनांचेय पलतडीं आसता. उतरांनी वर्णन करूंक येना. जें आसता तें आसताच.

साधू कडेन मजेंत उलोवणें जाले उपरांत श्रीरामकृष्ण गाडये कडेन आयले. साधूय तांचे बराबर चलत आयलो. श्रीरामकृष्णांक तो साधू खूब वर्सांचो इश्ट कसो दिसतालो. ते एकमेकाच्या हातांत हात घालून चलताले.

श्रीरामकृष्ण सुरेंद्राचे बागेंत पावले. पयलीच गजाल ते उलयले ती साधू विशीं.

श्रीरामकृष्ण: ते एक बरे मनीस. (रामाक) तुमी दक्षिणेश्वराक येतले तेन्ना तांकां घेवन येयात. ते खरेंच एक बरे मनीस. एका गितांत एक वळ आसा. तातूंत अशें म्हणलां, साधू मनशाक वळखतलो जाल्यार तो स्वता साधू आसूंक जाय.

ह्या साधूचो ईश्वराच्या निराकार रुपाचेर विश्वास आसा तें बरें. पूण ईश्वर सगुणूय आसा आनी निर्गुणूय आसा. तो आनिकूय खूब कितें आसा. नित्य आनी अनित्य, लिलामय जगत हीं एकाच सत्याचीं आंगां.

जे वाणी आनी मन हांचे पलतडीं आसतात ते जिणेच्या रुपांत जल्माक येतात. ते तरातरांचीं रुपां घेतात आनी कितल्याश्याच कार्यांनी मग्न आसतात. त्या एकांत ॐकाली आनी ॐकृष्ण निर्माण जाल्यात. समजा एका घराच्या धनयान घराब्याच्या एका भुरग्याक मेजवानेक आमंत्रण दिवपाक धाडलो तर त्या भुरग्या कडेन लोक मायेन आनी आपुलकेन वागतले. कित्याक तर तो एका प्रतिश्ठीत मनशाचो चलो वा नातू आसा म्हणून.

सुरेंद्राचे ते बागेंतल्या घरांत श्रीरामकृष्णांनी अल्पोहार केलो आनी ते भक्तां वांगडा दक्षिणेश्वराक वचपाक भायर सरले.

अध्याय : एक्यात्तर

कलकत्ता – ईशान मुखोपाध्यायांच्या घरा येतात

डिसेंबर 27, 1883. बिरेस्तार. देवळांतली बाग सकाळच्या मंगल आरतींच्या गोड संगितान भरून गेल्ली. त्याच वेळार फांतोडेर सकाळचो चौघुडो वाजतालो.

हांतरुणा वयले उठून श्रीरामकृष्ण गोड स्वरांत ईश्वराचें नामस्मरण करताले. कुडींत जीं सगल्या दैवतांचीं चित्रां आशिल्लीं तांकां पांयां पडून ते अस्तंते कडले पडवेर गेले. थंयच्यान तांणी गंगेचें दर्शन घेवन तिका ते पांयां पडले.

कालचे रातीं जे लोक देवळाचे बागेंत राविल्ले ते श्रीरामकृष्णांचे कुडींत आयले आनी तांकां पांयां पडले. राखाल तांचेच बराबर रावतालो. बाबूराम काल रातींच थंय आयिल्लो. म चवदा दीस जाले तांच्या सांगातांत आशिल्लो.

श्रीरामकृष्णांनी मक सांगलें, ''आयज ईशाना कडेन वचपाचें आमंत्रण आयलां. बाबूराम म्हजे बराबर येतलो. तूंय म्हजे बराबर यो.' म श्रीरामकृष्णां बराबर वचपाक तयार जालो.

सकाळचीं आठ वरां जाल्लीं. श्रीरामकृष्णां खातीर आयिल्ली गाडी नबतखान्या मुखार उबी रावली. चोंय वटांनी फुलझाडां, मुखार न्हंय, थंडे दिसांतल्या नितळ सुर्याच्या उजवाडान चकचकतालीं. श्रीरामकृष्ण दैवतांच्या परत एक खेपो पांयां पडले. मागीर जगन्मातेचें नांव घेत बाबूराम आनी म हांच्या वांगडा वचून गाडयेंत बसले. भक्तांनी श्रीरामकृष्णां खातीर लोकरीची शाल, गरम कानटोपी आनी मसाल्याचो बोटवो बराबर घेतिल्लो.

श्रीरामकृष्ण खूब उमेदींत आशिल्ले आनी भुरग्यां भशेन प्रवासाचो आंनंद घेताले. अदमास णव वरांचेर गाडी ईशानाच्या घरा मुखार उबी रावली.

आपल्या नात्यांतल्यां सयत येवन ईशानान श्रीरामकृष्णांक येवकार दिलो आनी

व्हड उमेदीन तांकां पयले माळयेर सालांत बसयले. थंय ईशानाच्या पुताची श्रीशाची श्रीरामकृष्णां कडेन वळख करून दिली. अलीपुराक तो वकिली करतालो. तो हुशार विद्यार्थी आशिल्लो. पयल्या दोन परिक्षांनी विश्वविद्यालयांत तो पयलो आयिल्लो. पूण तो विनयशील आशिल्लो.

कर्मबंधनांचेर उपाय

श्रीरामकृष्णः (श्रीशाक) तू कितें करता?

श्रीशः महाराज, हांव अलीपुराक वकिली करतां.

श्रीरामकृष्णः (मक) अशे मनीस आनी वकिली करतात! (श्रीशाक) बरें. तुका कितें विचारूंक जाय? घडये तुका विचारपाचें आसत, संवसारांत अनासक्त जावन कशें रावप. अशेंच न्हय?

श्रीशः वेव्हाराचे मुर्वतीक लागून संवसारांत कितलीं तरी काळीं कर्तुबां करचीं पडटात. तशीं कोणूय पुण्यकर्मां करतात तर कोण पापकर्मां करतात. हें सगलें कितें फाटल्या जल्माच्या कर्मांचीं फळां? तेच खातीर ते ह्या जल्मांत अशें करतात?

श्रीरामकृष्णः खंय मेरेन मनशाक कर्म करचें पडटा? जों मेरेन ईश्वराचो लाव जायना तों मेरेन. ईश्वराचो लाव जाले उपरांत सगलीं कर्मा गळून पडटात. त्या वेळार जीव पाप-पुण्या पलतडीं वता. फळ धरतकच फूल झडटा. फूल येत रावता, फळ येवचें म्हूण. संध्या आनी हेर कर्मां भक्तान कितले दीस मेरेन करपाचीं?

जों मेरेन भगवंताचें नांव घेतकच आंगार कांटो फुलना आनी दोळ्यांनी मोगादुकां येनात तों मेरेनूच. हें सगलें जाता ईश्वर लावा खातीर.

ईश्वराचो लाव जाल्ल्याचीं हीं लक्षणां. हाका लागून भक्तांक कळटा, तांकां ईश्वराचे शुद्ध भक्तीचो लाव जाला म्हूण. ईश्वराचो लाव जातकच मनीस पाप-पुण्याचे पलतडीं वता.

प्रसाद म्हणटा, कामना आनी मुक्ती ह्या दोगांकूय हांव नमस्कार करतां;
काली आनी परब्रह्म एक म्हणपाचें गुपीत जाणा जाल्ल्यान,
दोनूय पुण्य आनी पाप हांवें सोडून दिल्यांत.
ईश्वराचे जितलो तूं लागीं पावता तितलीं तो तुजीं कर्मां उणीं करता.

श्रीशः संवसारांत रावन ईश्वरा कडेन वचप खुबूच कठीण.

अभ्यासयोग
संवसारी लोक आनी निर्जन सुवातेर साधना

श्रीरामकृष्ण: कित्याक म्हणटा तूं अशें? अभ्यासयोग म्हणून कितें आसा? कामारपुकूराक हांवें मेस्तांच्यो बायलो फोव विकतना पळयल्यात. सगलें कितें सांबाळून. तांगेलें काम तीं कशीं करतात तें तुका सांगतां.

वानांत मुसळान मोट्यामोट्यान त्यो फोव कांडटात आनी वानांतले फोव एका हातांत सारीत आसतात. दुसऱ्या हातान भुरग्याक मांडयेर घेवन ताका दूद दितात. तातूंत थंय गिरायकां येतात. तांचे कडेन त्यो उलयतात. हेवटेनच्यान मुसळान कांडप चालूच आसता आनी त्यो गिरायकां कडेन वाणपण करीत आसतात. त्यो गिरायकांक म्हणटात, 'तुमी फाटले पयशे दिवपाचे आसात. आतां कितेंय व्हरचे पयलीं ते दिवन उडयात. मागीर व्हरात.' पळय, एकाच वेळार त्यो हें सगलें करतात. भुरग्याक दूद दिवप, कांडटा आसतना फोव सारप, कांडून जाल्ले फोव भायर काडप, परत गिरायका कडेन उलोवप हाचेंच नांव अभ्यासयोग. तांचें मन 95 टक्के त्यो भुरग्यांक दूद दितात, गिरायकां कडेन उलयतात, तशेंच जे संवसार करतात तांणी 95 टक्के मन ईश्वराक दिवंक जाय. ना जाल्यार विनाशाक आमंत्रण आनी मरणाच्या बचक्यांत. तांगेलीं संवसारांतलीं कामां पांच टक्के मनान करपाचीं.

ज्ञान प्राप्त जाले उपरांत मनशाक संवसारी म्हणून संवसारांत रावूं येता. पूण ते आदीं ताणें ज्ञान मेळोवंक जाय. संवसार करपी उदकांत मनरुपी दूद घालें जाल्यार तातूंत तें एकठांय जावन वतलें. देखुनूच त्या मनरुपी दुदांत विरजण घालून ताचें धंय करून तें निर्जन जाग्यार घुसळावंक जाय आनी लोणी काडूंक जाय. मागीर तें लोणी संवसाररुपी उदकांत दवरल्यार चलता. म्हणुनूच अध्यात्मीक साधना करपाची गरज आसा. सुरवातीक निर्जन सुवातेर रावप गरजेचें आसा. अश्वत्थाचो जेन्ना रोंपुलो आसता तेन्ना ताका वंय घालपाची गरज आसता. नाजाल्यार गोरवां खावन उडयतलीं. पूण तोच रोंपुलो व्हडलो जावन खोड मोटें जातकच वंय काडून उडयल्यार जाता. इतलेंच न्हय पूण एकाद्रो हती हाडून जरी ताका बांदलो तरी त्या रुखाक कांयच जायना.

देखुनूच साधनेचे सुरवातीक साधकान मदीं मदीं निर्जन सुवातेर वचूंक जाय. अध्यात्मीक साधनेची खूब गरज आसा. तुमकां शीत जेवपाचें आसा. समजा तुमी बसल्यात थंयच म्हणूंक लागले, ह्या लांकडांत उजो आसा. त्या उज्याचेर तांदूळ शिजतले अशें म्हणीत रावल्यार कितें शीत तयार जातलें? तुमी दोन लांकडांचे कुडके हाडूंक जाय आनी ते एकामेकाचेर घासूंक जाय. तेन्ना कितें तातूंतल्यान उजो पेट्टलो.

भांग पियेतकच ती आंगांत जिरता आनी तुका सूख जाता. पूण तुमी ती खाली ना वा तिचें कांयच केलें ना आनी खंय तरी बसून तोंडान फकत 'भांग, भांग' म्हणलें तर ती तुमकां चडटली?

मनीस जिणेचो उद्देश
दूद पियेयात

तुमी पुस्तकां वाचून खूब कितें शिकतात. पूण ईश्वराची भक्ती जर नासत आनी ईश्वराचो साक्षात्कार करून घेवपाची इत्सा नासत तर तें सगलें निरुपेगी. विवेक, वैराग्या विरयत पंडिताचें सगलें लक्ष आसता कामिनी-कांचनाचेर. गीद खूब उंचायेर उडटा. पूण ताचे दोळे हाडांच्या फोंडाचेर असतात.

जे विद्येच्या पालवान ईश्वर जाणा जावंक येता तीच विद्या. बाकी सगलें निरुपेगी. बरें, ईश्वरा विशीं तुजी कितें कल्पना?

श्रीश: महाराज, ताचे विशीं म्हाका अशें दिसता, तो कोण तरी एक ज्ञानमय-सर्वज्ञ पुरूष आसा. ताची सृश्ट पळोवन ताच्या ज्ञानाची साक्ष पट्टा. एक देख सांगतां. अती थंड प्रदेशांत नुस्तीं आनी दुसरे जलचर प्राणी जिवे रावपाची तांची मांडणी पळयल्यार पुरो. जशी जशी थंडी वाडपाक लागता तसो तसो उदकाचो संकोच जाता. पूण अजापाची गजाल म्हणल्यार गोठेवन बर्फ जावचे पयलीं उदक हलकें जाता. आनी तें पातळटा आनी म्हणून कुडकुड्याचे थंडेंत लेगीत तळ्यांतल्या उदकांतलें नुस्तें सहजतायेन रावूंक शकता.

उदकाचो वयलो सगलो वाठार जरी गोठेवन सगलो बर्फ जालो तरी सकयल उदक आसा तशेंच आसता. खूब थंड वारो आयलो तरी तो वयल्या बर्फाक लागून आडावन उरतलो. सकयल उदक दुगदुगीत उरतलें.

श्रीरामकृष्ण: ईश्वर आसा, हें ताचें विश्व पळोवनूच समजूं येता. पूण ताचे संबंदीं आयकप हें एके तरेचें आनी ताका पळोवप हें वेगळेंच. ताचे कडेन उलोवप तर सामकेंच वेगळें. कोणें दुदाचें नांव आयकलां, कोणें तें पळयलां, तर कोणें ताचो सुवाद घेतला. दूद पळयतलो तेन्नाच आनंद जातलो न्हय? आनी दूद पियेतलो तेन्नाच तुज्या आंगांत शक्त येतली न्हय? भगवंताचें दर्शन जाले उपरांतूच मनाक शांती मेळटली. ताचे कडेन उलयले उपरांतूच तुका परमानंद मेळटलो आनी शक्त वाडटली.

मुमुक्षत्व वेळ आयले उपरांतूच येता

श्रीश: पूण आमकां प्रार्थना करपाक उसरपत खंय मेळटा?

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) तेंय खरें. योग्यं वेळ आयले बगर कांयच जायना. एका ल्हान भुरग्यान न्हिदूंक वतना तागेले आवयक म्हणलें, 'आई, हांव आतां न्हिदतां. म्हाका मुतूंक जातलें तेन्ना म्हाका उठय.' ताचेर आवयन म्हणलें, 'पुता, तें जातकच तुका आपसूक जाग येतली. म्हाका उठोवपाचो वेळूच येवचो ना.'

कोणाक कितलें दिवपाचें हें देवान पयलींच थारावन दवरलां. एक मांय मापान मेजून तिगेल्या सुनांक तांदूळ दिताली. पूण तितल्या तांदळांचें शीत तांकां पावनाशिल्लें. एक दीस जालें कितें! तें माप फुटून गेलें. सुनांक खोशी जाली. मांयन तांकां सांगलें, 'बायांनो नाचात, हांसात, पूण म्हज्या हातांनी म्हाका तांदूळ मेजूंक येता.'

मुखत्यारपण

देवाच्या पांयां कडेन सगलें समर्पण कर. दुसरें कितें करूंक जाता तुज्यान? देवाक मुखत्यार कर. मागीर ताका योग्य दिसता तें तो करतलो. व्हडल्या मनशाचेर जर कोणें भार घालीत तर तो केन्नाच ताचें वायट करचो ना. अध्यात्मीक साधनांची गरज आसा खरी पूण साधक दोन तरांचे आसतात. एके तरेच्या साधकाचो माकडाच्या पिला भशेन सभाव आसता. दुसरे तरेच्या साधकाचो सभाव आसता माजराच्या पिला भशेन. माकडाचें पील स्वता कशेंय करून ताचे आवयच्या पोटाक दसून आसता. तेच प्रमाण कांय साधक समजतात इतलो जप करचो पडटलो, इतलें ध्यान करचें लागतलें, इतलें तप करचें पडटलें, तेन्नाच भगवंताची प्राप्ती जातली. असलो साधक स्वताच्या यत्नान परमेश्वराक पळोवंक सोदता.

माजराचें पील मात स्वताचे आवयक धरून रावूंक शकना. तें जमनीर पडून रावता आनी फकत म्यांव म्यांव करता. तें सगलें आवयचेर सोडटा. माजर ताका केन्ना हांतरुणाचेर दवरता तर केन्ना लांकडां फाटल्यान पाख्याचेर, तर केन्ना तोंडांत धरून हेवटेच्यान तेवटेच्यान भोंवडायत आसता. ताका मात स्वता माजराक धरून रावपाचें खबर नासता. कांय कांय साधक स्वता हिशोब करून एकाद्री साधना करूंक शकनात. इतलो जप करतलों, इतलें ध्यान करतलों, हें तांकां जमना. ते फकत व्याकूळतायेन रडत रडत परमेश्वराक आळयत आसतात. आनी तांचें रडप आयकून देवय स्वस्थ बसूंक शकना. तो येवन तांकां दर्शन दिता.

दनपरां यजमानान श्रीरामकृष्णांक आनी भक्तांक मेजवानी दिवपाचें थारायिल्लें. श्रीरामकृष्ण हांसत हांसत कुडींतूच पासयो मारताले. मदीं मदीं संकिर्तनकारां बराबर उलयताले.

ईश्वर करतो, तरीपूण
कर्मा खातीर जीव जापसालदार

संकिर्तनकार: खरें पळयल्यार ईश्वरूच 'साधन' आनी तोच 'कारण'. दुर्योधनान कृष्णाक म्हणलें, 'आगा भगवाना, तूंच म्हज्या काळजांत बसला. तूं म्हाका करूंक लायता तें हांव करतां.'

श्रीरामकृष्ण: (हांसत) हय, तें खरें. ईश्वरूच आमचे वरवीं कर्मां करता. दुबावा विरयत तोच खरो करतो आनी मनीस ताचें साधन. पूण हेंय खरेंच की कर्मा प्रमाण फळ मेळपाचें चुकना. तिखट मिरसांग खातकच पोट जळटलेंच. देवानूच नेम केला की तिखट मिरसांगो खातकच पोट जळटलेंच. पातक करतकच ताचें फळ भोगचें पडटलेंच.

पूण जो पुर्णत्वाक पावला, जाका ईश्वराचें दर्शन जालां, ताच्या हातांतल्यान पाप घडुंकूच नजं. पट्टीचो गावपी पळय आसता तो बेसूर आनी बेताल गावपाचो ना. जो गावपाक शिकून तज्ञ जाला तो सुरांतूच सा, रे, ग, म, प, ध, नी गायतलो.

जेवण तयार जालें. श्रीरामकृष्ण आनी हेर भक्त भितर घरांत गेले. जंय तांकां चमचमीत पक्वान्नां मोट्या आदरान वाडून यजमानान तांची सेवा केली. श्रीरामकृष्ण परत ईशानबाबूचे कुडींत येवन बसले. श्रीश आनी म बराबर आशिल्ले. श्रीरामकृष्णांनी श्रीशा बराबर परत उलोवप सुरू केलें.

गृहस्थी खातीर
ज्ञानयोग काय भक्ती योग?

श्रीरामकृष्ण: ईश्वरा विशीं तुजी भाववृत्ती कशी? 'तोच हांव' काय मालक आनी दास? संवसारी मनशान ईश्वराक मालक, प्रभू म्हणून पळोवप चड बरें. संवसारी मनशाक जिणेचीं कर्त्यव्यां स्वता करूंक जाय हाची जाण आसता. अशें आसतना

'हांवूच तो' हो भाव कसो येतलो? हांवूच तो म्हणप्यांक सगलें जग सपन कशें दिसता. ताचो स्वताचो देह, मन लेगीत सपन कशें. -इतलेंच न्हय ताचो 'अहं' लेगीत सपन कशें. मागीर संवसारांत काम करप ताका जमपाचें ना. म्हणुनूच असल्या संवसारी मनशां खातीर स्वता आपूण सेवक आनी ईश्वर मालक म्हणून भाव दवरप चड बरें.

हनुमानाचो सेवक भाव आशिल्लो. ताणें रामाक म्हणलें, 'रामा, केन्नाय हांव चिंतन करतां, तूं पूर्ण आनी हांव तुजो अंश तर केन्नाय म्हाका दिसता, तूं प्रभू आनी हांव तुजो दास. पूण ज्या वेळार म्हाका सत्याचें ज्ञान जाता तेन्ना म्हाका दिसता की 'हांवूच तूं' आनी 'तूंच हांव.'

पूर्ण ज्ञानाचे अवस्थेंत मनशाक हांवूच तो अशें दिसूंक शकता. पूण ती सरसमान मनशाच्या अणभवा पलतडची गजाल.

श्रीशः तुमी म्हणटात तें सामकें खरें. सेवक भाव आपणायतकच मनीस चिंता विरयत जाता. सेवकाचो तागेल्या प्रभूचेर पूर्ण विश्वास आसता. सुणें खूब स्वामीभक्त आनी म्हणुनूच तें धनयाचेर सगलो भार घालून स्वता स्वस्थ आसता.

साकार निराकार
नाम महात्म्य

श्रीरामकृष्णः बरें, तुका देव साकार रुपांत आवडटा काय निराकार सत्य आवडटा? खरें सांगचें जाल्यार जो साकार तोच निराकार. ताच्या भक्तांक तो साकार स्वरुपांत दर्शन दिता. परमेश्वर जसो कितें एक व्हडलो महासागर. अनंत जलरास, उदकूच उदक-खंयच तड दिसना. त्या उदकाचें हांगा थंय बर्फ जाल्लें दिश्टी पडटा. खूब थंडेन उदक गोठेवन बर्फ जालां. सामकें तेच प्रमाण भक्तीचे थंडेन सच्चिदानंदाचें साकार रुपांत दर्शन जाता. आनी परत सूर्य उदेतकच बर्फ वितळून वता. आशिल्लें तशें उदक परत जाता. तशेंच जो कोण ज्ञानमार्गान वता - विवेक वैराग्याचो मार्ग - ताका साकार रुपांत ईश्वराचें दर्शन जायना. ताका सगलें निराकार कशें दिसता. ज्ञानाचो सूर्य उदेतकच साकार बर्फ वितळून वता. पूण लक्षांत दवर, साकार आनी निराकार हीं एकाच सत्याचीं दोन रुपां.

तिनसांज जातकच श्रीरामकृष्ण दक्षिणेश्वराक वचपाक तयार जाले. बसकेचे दक्षिणे वटेनच्यान जो ओटो आसा ताचेर उबे रावून ते ईशाना कडेन उलयताले. थंयच कोणें

तरी म्हणलें, ईश्वराचें नांव घेतलें म्हणून ताचें सदांच फळ मेळटा अशें ना. ईशानान ताचेर म्हणलें, ''अशें तुमच्यांनी कशें म्हणूं येता? अश्वत्थ रुखाचें बीं सामकें ल्हान खरें पूण तातूंतल्यान एदें व्हडलें झाड जावपाची शक्त आसता. झाड जावपाक खूब वेळ वता इतलेंच.''

श्रीरामकृष्णः हय, हय. फळ दिसपाक खूब वेळ वता हें खरें.

ईशानाच्या घराक तेंकुनूच तांच्या मांवाचें घर आशिल्लें. श्रीरामकृष्ण गाडयेंत बसपा खातीर ह्या घराच्या दारा कडेन उबे आशिल्ले. ईशान आनी तांचे ईश्ट तांकां निरोप दिवपाक तांचे भोंवतणीं उबे आशिल्ले.

श्रीरामकृष्णांनी ईशानांक म्हणलें, ''तुमी संवसारांत, त्या चिखलांत रावपी नुस्त्या भशेन रावतात. तें नुस्तें चिखलांत रावता पूण ताच्या आंगाक चिखोल लागना. हे मायेच्या संवसारांत विद्या आनी अविद्या, दोनूय आसात. परमहंस कोणाक म्हणटात? जे हंसा प्रमाण दूद उदक एकठांय आसलें तरीय उदक सोडून फकत दुदूच घेतात, तेच परमहंस. तेच प्रमाण ते मुये भशेन रेंव आनी साकर सरभरस करतकच तातूंतली रेंव सोडून साकर तितली व्हरतात.''

समन्वय आनी निश्ठाभक्ती
अपराध आनी ईश्वरकोटी

तिनसांज जाल्ली. दक्षिणेश्वरा कडेन वतना श्रीरामकृष्ण वाटेर रामाच्या घरा कडेन रावले. रामबाबूच्या सालांत श्रीरामकृष्ण भक्तां वांगडा बशिल्ले. ते महेंद्र स्वामी बराबर उलयताले. महेंद्र वैश्णव पंथाचे आनी रामांचे शेजारी. श्रीरामकृष्णांचें तांचेर खूब प्रेम आशिल्लें.

श्रीरामकृष्णः (गोस्वामींक) विष्णूचे भक्त आनी शक्तीचे भक्त हांची मोख एकूच. फकत मार्ग वेगळे वेगळे. खरे वैश्णव शक्तीची निंदा करिनात.

गोस्वामीः (हांसत) शिव आनी पार्वती हे आमचे आईबाबा.

श्रीरामकृष्णांनी आपल्या इंग्लीश उतरांतल्या गोड आवाजांत म्हणलें, ''थँक यू'' आनी म्हणले, ''हय, आई आनी बाबा.''

गोस्वामीः ते भायर निंदा करप हें पातक. तातूंतले तातूंत भगवत भक्तांचीं सगलीं पातकां माफ करूं येत पूण भक्तांची निंदा करप माफ करूंक जावचें ना.

श्रीरामकृष्णः पूण हो पातकांचो दोश सगल्यांकूच लागू नासता. ईश्वर कोटींक -

ईश्वराचे अवतार – हांकां तो लागना. ते पातकांचे पलतडीं आसतात. श्रीचैतन्य देवा सारके अवतार ही एक बरी देख.

भुरगोच जर बापायचो हात धरून अशीर दोंगुल्लेचेर चलत रावलो तर तो खळयेंत पडूं येता, पूण बापायन जर भुरग्याचो हात धरलो तर तशें केन्नाच जावचें ना.

आयकात, हांवें जगन्माते कडेन शुद्ध भक्ती मागली. तिका म्हणलें, 'आई, हो घे तुजो धर्म आनी हो तुजो अधर्म, दोनूय घे. म्हाका तुजी शुद्ध भक्ती दी. ही घे तुजी शुद्धताय आनी ही घे तुजी अशुद्धताय. दोनूय तुजीं घे. म्हाका तुजी शुद्ध भक्ती दी. आई, हें घे तुजें पातक आनी हें घे तुजें पुण्य. दोनूय तुजीं घे. म्हाका तुजी शुद्ध भक्ती दी म्हणचे जालें.'

गोस्वामी: हय महाराज, खरें आसा तुमचें.

श्रीरामकृष्ण: सगल्यांच्या मतां सामकार माथें बागोवचें. तरीपूण निश्ठाभक्ती म्हणून कितें आसा न्हय? वंदन तुमी सगल्यांकूच करूंक शकतात. पूण तुमची मोख पळय आसा तिचेर काळजांतल्यान प्रेम करूंक जाय. ताकाच म्हणटात निश्ठाभक्ती.

रामरुपा बगर दुसरें खंयचेंच रूप मारुतीक आवडनाशिल्लें. गोपींक वृंदावनांतल्या राखण्याच्या रुपान आशिल्ल्या कृष्णाचेर अशी निश्ठा की द्वारकेच्या मुकूटधारी कृष्णाक तांच्यांनी पळोवंक नजं जालें. बायल, मांवाचे, देराचे पांय धुवपाक उदक दिवन, पाट, ताट दवरून सेवा करता पूण तिगेल्या घोवाची ती जे तरेन सेवा करता तशी ती आनीक कोणाची करिना. घोवा कडेन संबंदच वेगळे आसतात.

रामबाबून मिठाय दिवन श्रीरामकृष्णांची सेवा केली. आतां तें दक्षिणेश्वराक वचपाक भायर सरले. तांणी गरम शाल आनी कानटोपी घाली आनी म आनी भक्तां वांगडा ते गाडयेंत बसले. राम आनी तांगेल्या इश्टांनी श्रीरामकृष्णांक नमस्कार केलो आनी तांचो निरोप घेतलो.

8139
Deva/Deva
MAH

माणिकराव
गावणेकार

मूळ बंगाली भाशेंत 'श्री श्री रामकृष्ण कथामृत' ह्या नांवान ही दीसपटी ग्रंथरुपान उजवाडाक आयली. तातूंत स्वता महेंद्रनाथ गुप्त 'म' ह्या नांवान तिसरो पुरुशी जावन अध्यात्माचो हो विशय आमचे मुखार हाडटा. हो सुमार देड हजार पानी ग्रंथ स्वामी निखलानंदांनी इंग्लीशींत The Gospel of Shri Ramakrishna ह्या नांवान अनुवादीत करून संवसारा मुखार हाडलो.

ताचेंच हें कोंकणी रूप.

भौ. माणिकराव गावणेकारांनी आपल्या जाण्टेपणांत मोटे कश्ट घेवन हो ग्रंथ कोंकणींत अनुवादीत केला. कोंकणी वाचकांक हें अध्यात्मधन ह्या ग्रंथावरवीं उपलब्ध जालां.

भौ. माणिकरावांनी हो येदो व्हड वावर केल्ले खातीर ÷अध्यात्माची भूक लागिल्ले म्हजे सारके तांचे रिणी आसात.

- सुरेश जयवंत बोरकार
परवरी-गोंय

माणिकपद्म
प्रकाशन
बांदोडें, फोंडें-गोंय

Price: 50/-